मन भुलवण्यो काणयो

विभूतिभूषण बंद्योपाध्याय

अणकारपी : ज्योती कुंकळकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
MANGALORE

Konkani
A-Novel
Devanagari Script
004179
-A
L:B01 - R001(Dev.A)

मन भुलवण्यो काणयो

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
MANGALORE

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पाकृती दिल्या. शिल्पांत तीन जोतिशी बुध्दभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुध्दोधनाक सांगतात अशें दाखवलां. शिल्पांचे सकयले वटेन एक बरोवपी ते सांगप बरोवन घेता. भारतांतल्या लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळ्यांत पुर्विल्ली नोंद आसूंये.

नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेकडों, इसवी.

नॅशनल म्युझियम, नवी दिल्ली हांचे बरेपणान.

मन भुलवण्यो काणयो

* बरोवपी *

बिभूतिभूषण बंद्योपाध्याय

* अणकारपी *

ज्योती कुंकळकार

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

साहित्य अकादेमी

Man Bhulabanyo Kanayo (मन भुलवण्यो काणयो)
Konkani translation by Jyoti Kunkoliekar of Bibhutibhushan Bandyopadhyay's
Selected short stories in Bengali
Sahitya Akademi, New Delhi (2011), 70 ₹

© **Sahitya Akademi**

First Edition : 2011

4179
Sh. Stories → Dev
Jyo

SAHITYA AKADEMI
Rabindra Bhavan, 35, Ferozeshah Road, New Delhi 110 001
Sales Department :
Basement in 'Swati' Mandir Marg, New Delhi 110 001

Regional Offices
172, M.M.G.S. Marg, Dadar (East), Mumbai 400 014
4, D. L. Khan Road, Kolkata 700 025
Central Collage Campus, Dr. Ambedkar Veedhi, Bengaluru 560 001
Chennai Office
Guna Building, 443, Anna Salai, Teynampet, Chennai 600 018

मोल : 70 ₹

ISBN 978-81-260-2961-7

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

Email : sahitya@mtnl.net.in
Website : http:/www.sahitya-akademi.gov.in

Typeset at Swarnamudra Prints, Goa 403 107 and Printed by New Age Printing Press, Mumbai 400 025.

Accn No:004179

अनुक्रमणिका

प्रस्तावना	
तालनम	1
एक उंडी शिताखातीर	8
कसो फटयलो बार्शेलाक!	15
मसाला भूत	23
वामाचरणाचें नशीब उगडलें	30
मेडल	40
म्हाका वाटावपी वामा	51
वागाचो मंत्र	60
हरुन - अल - रशीदाची सत्वपरिक्षा	70
काशी कविराजांची काणी	77
बडो बागदिनीचें मरण	85
भुताटकेचो पलंग	92
लाकडां तोडपी	100
रंकिनीदेवीचें खड्ग	106
नीलगंजचे फालमनसायब	114
खुकू	126
म्हजे शिक्षक विधूबाबू	136

प्रस्तावना

विभूतिभूषण बंद्योपाध्याय (१८९४ - १९५०) हे बंगालातल्या रवीन्द्रोत्तर कालखंडातल्या सगळ्यांत म्हत्त्वाच्या साहित्यिकांमदले एक. 'पथेर पांचाली' 'अपराजित' आनी 'आरण्यक' हो तांच्यो तीन म्हत्त्वाच्यो कादंबऱ्यो आधुनिक बंगाली साहित्यांतल्यो अभिजात अशो साहित्यकृती अशें मानतात. कांदबऱ्यो आनी लघुकथाभायर विभूतिभूषण बाबूंनी तरणेपिरायेच्या वाचकांखातीर साहसकथांची चार पुस्तकां आनी पन्नासापरस् चड लघूकथा बरयल्या. कुमार वाचंकाखातीर ताणी स्कॉटच्या 'इन्व्हानहो' ह्या पुस्तकाचो अणकारय केला. विभूतिभूषणबाबूंनी सगळ्या साहस कथांचें लिखाण १९२०च्या दशकाच्या उत्तरार्धक आनी १९४० च्या दशकाच्या पुर्वार्धाक केलें. ह्या कालखंडांत बंगालांतले शाळकरी विद्यार्थी आफ्रिका, इजिप्त, चीन, नेपाळ हांचे फाटभुंयेचेर बरयल्ल्या कल्पनारम्य अशा साहसकथांचे भुकेल्ले आशिल्ले. त्या काळांत जगाच्या वेगवेगळ्या भागांत प्रवास करप हें आजच्या इतकें सहजसोपें नाशिल्लें आनी तेखातीर पयसुल्ल्या देशांविशी भुरग्याभनांक रोमांचक अशी ओड आशिल्ली. दूरदर्शन आनी संगणक हाणी तेन्ना तांची दिसा सपनां पळोवपाची क्षमताय नश्ट करूंक नाशिल्ली ; कारण हीं दोन साधनां भारतांत त्या काळार नाशिल्लींच.

फक्त बाजारातले मागणीच्या दबावाकलागून विभूतीभूषण बाबूनी धाडसकथा बरयल्यो पूण त्यो कथां काळावांगडा तिगून उरल्यो ना. ह्यो कथा तांकां हेमेंद्र कुमार हांच्या कथांचे क्षीण अशें अनुकरण आसा आनी तेखातीर त्याकाळार तांचो वाचंकाचेर चड प्रभाव पडलो ना.

तरी लेगीत बाल आनी कुमार वाचकांखातीर बरयल्या कथांनी विभूतिभुषण बाबूनी आपलें काळीज ओतिल्लें. 'पथेर पांचाली ' ही तांची साहित्यकृती, अपू आनी दुर्गा ह्यो दोन धाकल्यो, जिशास भुरग्यांनी घेतिल्ल्या सैमाचो आनी संवसाराची सोद चित्रायता हे आमी विसरूंक शकनात. बालसुलभ अशी जिज्ञासा आनी अजापाची भावना विभूतीभूषण बाबूंनी आपल्या जिविताच्या शेवटामेरेन जपल्या. आपल्या बालवाचंकामुखार तें जें जग दाखयतात तें ताणी स्वतः पळयल्लें आनी

अणभवल्लें जग आसा. ह्याच जगाचें चित्रण ताणी काळाचो स्पर्श दिवन पथेर पांचालीतय बरेतरेन केलां.

विभूतिभूषणबाबूंनी आपलें उत्तरायुष्य कलकत्यांत अध्यापक म्हूण जरी घालयलें तरी बंगल्याच्या गांवगिऱ्या जिविताचो तांकां सामको लागींच्यान अणभव आशिल्लो. ताणी आपल्या कथा कादंबरींनी शारी जिवीताचें चित्रण केल्लें दिसता. पूण तशें करतनाय तांची नदर आनी शैली ही शारांतल्या संघर्षमय आनी धकाधकीच्या जिविताकडेन मेळ घालपी नाशिल्ली. शारी जिवितांतली गुंतागुंत आनी गती तांकां आवडनाशिल्ली. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या संथ जिवीताचें चित्रण करपांतच तांकां समाधान दिसतालें.

ह्या कथासंग्रहांत ज्या कथांचो अणकार दिला त्यो कथा वेंचून काडटना दोन मुखेल उद्देश दोळ्यामुखार बाळगिल्ले. पयलो म्हणल्यार ल्हान पिरायेच्या वाचकांच्या मनांत जाणी भंय आनी संदेह अशो भावना जागरूक केल्श अशे भुतांखेताकं लागी आयिल्लो घडणुको दाखोवप. तशें पळयल्यार ह्या इलेक्ट्रानीक युगांत घडये ह्या संदेह कथांची रूच कमी जायतय बीन.

ह्या संग्रहांतल्यो 'मसाला भूत', 'भुताटकेचो पलंग', 'म्हजे शिक्षक विधूबाबू', 'खुकू' आनी कांय प्रमाणात 'मेडल' अशो फक्त पांचूच कथा कलकत्याचे फाटभुंयेचेर बरयल्यात. हेर कथांनी बंगल्यातल्या गावगिरे जिणेची तासां चितरायल्या. साहस विभूतिबाबूंच्यो कांदबऱ्यो ह्या संग्रहांतल्यान वगळ्यात कारण त्या स्वयंपूर्ण आसात. म्हूण त्या कादंबऱ्यांतले कांय भाग अणकारून ह्या संग्रहांत दिवप हें संदर्भाक सोडून जातलें आशिल्लें. पूण ह्या थरारकथांतली रौद्ररसाची कल्पना 'रंकिनीदेवीचें खड्ग ' सारके कथेंतल्यान वाचंकांना येतही. विभूतिबाबूंक जिणेचें गूढ आनी पराभैतिक तासांचे गुढ अशी ओड आशिल्ली. ह्या संग्रहांतल्यो पांच कथा अशा पराभैतीक जगाचें चित्रण करपी अशो आसात.

वंचीत आनी दलीत लोकांविशी विभूतीभुषणबाबूंक दिसता ती आस्था, हें तांच्या साहित्याचें खाशेलपण 'काशी कविराजांची गोष्ट ' हे भूतकथेंत सावत्र आवयकडल्यान छळ करपांत येवपी चल्याचे चित्रण केलां. त्या चल्याक ताची सख्खी आवय भूत जावन येवन धीर दिता. 'बडो बागदिनीचा मृत्यू' हे कथेंतूय आमकां गरीब दुबळ्या अशा एका सकयले जातीच्या बायलेच्या असहाय्य अवस्थेचें चित्रण दिसून येता. सभ्य समाज समजूपी समाजान भायरायिल्ले बडो बागदिनीक गांवाभायर एकली एकसुरी मेल्लें अवस्थेंत मेळटा. शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक जेन्ना

तिची कूड दाट वनांत मेळटा, तेन्ना ती थंय कशी पावली आसतली हाचें गावकऱ्यांक अजाप जाता, पूण ते तिका रोखडे विसरूनय वतात. ती कशी मेली हे विशीं कसले गुपीत आसता ही गजाल लेखक चडकरुन मांडटा. ती फक्त उपासमारेन आनी अशक्तपणाक लागून मरता पूण लोकांक मात हाची जाणीव आसना. बडी बागदिनी खावपाक आपल्यो चिचे बोरां तरी मेळटली हे आशेन आपल्या घरांतल्यान रानाकडेन गेल्ली आसता. चिचो बोराच तीं मेळोवंक शकताली. गांवकार ती भूत बाधेन मरता म्हणून जाहीर करतात. पूण ती उपासमारी आनी गरीबीचो बळी थरील्ले आसता.

सहज सादी भाशा आनी वास्तववादी नजर हें विभूतीभूषण बाबूंच्या साहित्यांचे लक्षात घेवपासारकें एक खाशेलेपण. विलक्षण कल्पनाशक्ती आनी सैमाविशींचो मोग हे गुण आसूनय ताच्यो कादंबऱ्यो आनी कथातल्या तपशीलांची वर्णना प्रामाणिक आसात. गावगिऱ्या बंगलांतल्या वातावरणाच्या जित्या चित्रणाखातीर आनी समृध्द कल्पनाशक्तीच्या कुशल वापराखातीर 'पथेर पांचाली' हे तांचे कादंबरीचें खूब कवतूक. पूण सैमाचें सविस्तर वर्णन आनी कठोर समाजीक रुढी हांकां कितले कुशलतायेंन लिपयल्ले हें आपूण नदरेआड करूंक शकना, इकुणिसाव्या शेंकड्यांतले कुलीन ब्राह्मण समाजांतले सावकारी पाश, बालविवाह, आनी बहुपत्नीप्रथा ह्या दोशांचे चित्रण ताणी स्पश्ट केलां. 'बडो बागदिनीचो मृत्यू' ही कथा प्रसन्न निसर्ग आनी काय शळकरी भुरग्यांलें धाडस हांचे संथ शैलींतल्या वर्णनाने सुरू जाता, पूण तिची शेवट मात खुबूच दुःखी सुरांत जाता. हो दुःखी सूर कथेच्या सुरवातीक विद्यार्थी आनी शिक्षकांचे उमळशीकेच्या वर्णनाआड आसा.

विभूतीविभूषण बाबूंच्या लिखाणांत मोपासांप्रमाण चिंतूंक येना अशीं वळणां आनी नाट्यमयता हीं खाशेलींपणां नात. विभूतीबाबूंच्या नदरेक आनी भलायकेक जुळपी लेखक म्हणल्यार रवींद्रनाथ आनी चेकॉव्ह. ह्या दोन म्हान लेखकांसारकेच कथेचो शेवट मेकळो आसचो अशें विभूतीभुषणबाबूंक दिसता आसूंक जाय 'तालनम', 'एक उंडी शिताखातीर' आनी ' लाकूडतोडपी' ह्या कथाजिवीताचो एक भाग आमकां दाखयता. पूण ताच्याहून चड म्हणल्यार त्यो आमकां जीवन प्रवाहीपणाची जाणीव करून दितात. 'रंकिनीदेवीचें खड्ग ' वा ' वाना' ह्या सारख्या थरारक कथांनीलेगीत नाट्य आनी अचकीत मोडणी दिवप ह्या घटकांक थंड केल्यात. नाट्यमयावयलो तांचो अविस्वास हो समाजाक संघर्षाक म्हत्व ना दिवपाची तांची जी नदर आशिल्ली तिचोच एक भाग आशिल्ले आनी ज्या जगांत रावतात त्या जगातलें असमानतायेची गरिबीची दळदिरे जिणेची, समाजांतल्या दोशांची आनी आपूण सदांच सहन करीत

आशिल्ल्यी, पूण चेकॉव्ह आनी टागोर हांच्या सारकेच विभूतीबाबूय जिणेतले असमानतायेचो आनी विविधतायेचो स्विकार करतात. विभूतीबाबूंच्या साहित्यांत वंचीत आनी गरीब लोकांविशींची काकळूट दिसता. संताळ श्रमीक आनी ताचें चली ठुपी हांची शोकांतिका वा तालनमी आपोवंक ना म्हूण गोपाळाक आयिल्ली खर निरशेवणी आमी विसरूंक शकना.

विभूतिबाबूंक तर कांय आमी भुरगेवयाच्या वाचप्यांचो लेखक म्हणूंक शकंना पूण तांच्यातय जसो काय एक भुरगो लिपून बसला आनी आपले कथनशैलीन भुरग्यांची मनां घट करून दवरूपाची एक जन्मजात अशी देण तांकां मेळळया.

ल्हान भुरग्यांच्या अंकाखातीर ते नेमान वीस वर्सा लेखन करीत आशिल्ले. ‘ मौचाक’ (म्होंवाचें पोळें) नावाच्या एका बंगाली अंकांच्या संपादकांनी तांका एक साहसकथा बरोवपाची विनवणी केली. आनी ती मान्य करून ताणी त्या मासिकाखातीर ‘चांदेर पहाड’ (चंद्रावयलो दोंगर) ही कथा बरयली.

ह्यो कथा इंग्लीशींत अणकार करता आपूण कमी पडटा अशें म्हाका दिसता. कारण विभूतीबाबू हे चेकॉव्हासारकेच सामके सादे लेखक. तांची शैली सामकी सादी - सोपी आसा आनी तरीय दरेका टप्प्यार तांच्या जगाची जादू अणकारीत प्रस्तूत करप म्हाका कठीण दिसता. इंग्लीश आनी बंगाली ह्या दोनूय संस्कृताय सामक्यो वेगळ्योच.

जीवनानंद दास हांचे सारकोच विभूतीभूषणबाबूंच्या तरेकवार लेखनकृतींच्या पावंड्यार खूब फरक दिसता. कांय कांय रचणूको व्हड आसात तर कांय असामान्य आसात तांच्या लिखाणांतल्यो वाक्यरचना शिथील आनी निष्काळजीपणान केल्ले आसा आनी शैलीची चडशी काळजी करूंक ना. अशे दिसता. अणकारण्यांमुखार शैली ही व्हड समस्या उबी रावता - तांचे शैलीचो बऱ्यांतबरे अणकार करपाचो की तिचो मुळचो रंग कायम दवरपाचो अशी दोट्टी अवस्थेत अणकारांपी पडटा. विभूतीभुषणबाबूंची शैली मुळांत जशी आसा, तशीच अणकारप्यांनी ती दवरूंक जाय, हो दुसरो पर्याय हांव स्वीकारलो. ड्रायडन हाणी म्हणलां, *"It is one thing to draw the outlines true, the colouring it self perhaps tolerable, but another thing to make all these graceful by the spirit that animates the whole."*

म्हजे वाचक म्हजेकडेन सहमत आसतले अशी म्हाका आशा आसा. मूळ बंगाली कथा ना वाचिल्ले वाचक विसाव्या शेकड्यांच्या तिसऱ्या आनी चवथ्या दसकांत बरयल्ल्या ह्या कथांचा आनंद घेवपाक शकतात. तर तांका त्या काळच्या बंगालांतल्या गावगिऱ्यां वाठारांतल्या लोकजिवनाची, पुर्वग्रहांची आनी चालीरितींचो कांयशी कल्पना

येवकं शकना.उनाड भुरग्यांचो आनंद वसंत ऋतूंतल्या बंगालच्या सकाळचें चैतन्य आनी ह्यो कथा वाचतना अणभवपाक शकतलें. गांवांतल्या कथा कथकाचे शैलींत विभुतूभूषणबाबू आमकां ह्यो कथा सांगतात. 'पथेर पांचाली' हे कांदबरीचे इंग्लीश आनी फ्रेंच भाशेत अणकार जाल्ल्यान अस्तंती जगाचो आनी तांचे कादंबरींचेर काडिल्ल्या सिनेमांखातीर विभूतीबाबुंचे नांव अस्तंती देशांत नामनेक पाविल्लें.

१९९६ हे विभूतिभूषण बंद्योपाध्याय हांचे जन्मशताब्दी वर्स. हो संग्रह म्हणल्यार विभूतिभुषण बाबूंचे प्रतिभेक दिल्ली विनम्र आदरांजली. तांचे समृध्द निर्मजेचो ल्हानशी वळख ह्या कथासंग्रहांतल्यांन वाचप्यांक जाली जाल्यार म्हाका खोस जातली.

अशोक देव चौधरी

1.

तालनम

पावस ! पावस ! पावस ! फाटले सेगीत पंदरा दीस पावस विसव घेनासताना रकतालो. बंगालाच्या पावसाळ्यांतलो हो भाद्रपद म्हयनो आसलो. कालसावन खुदिराम भट्टाचार्याल्या घरांत अन्नाचो एक गोटोलेगीत शिजूंक नाशिल्लो.

खुदिराम एक पुरयत. गरीब. पदराक थोडोसो शेताचो कुडको आनी पुरयतपण हो धंदो ! पुरयतपणाक वता तांगेर थोडेभोव मेळपी पयशे इतलीच ताची जोड.

खुदिराम आतऱ्यापयऱ्यान आपल्या शिश्यांकडेन वचून भटपणाचे थोडेभोव पयशे जमयतालो आनी आपणाल्या कुटुंबाक असो तसो पोसतालो ! खुदिरामाच्या घरांतले गरिबीची ही एक काणी ! ह्या उटंगाराच्या पावसा दिसांनी कितलिशींच आस्तिक कुटुंबालेगीत उपाशीं पडिल्लीं थंय खुदिरामाची कसलीं गजाल ! तांच्या शिश्यांनी तांका जें थोडेभोव भात दिल्लें तें कितले दीस पावतलें? ह्या म्हयन्याच्या शेवटाक जेन्ना 'औश' जातीचें भात पिकून गावकाऱ्यांच्या हातांत तांदूळ पडटले तेन्नाच त्या भातातलो ताचो वांटो ताका मेळपाचो आशिल्लो. मागीरच ताच्या भुरग्यांक दोन वेळचें जेवण फाव जावपाचें.

नेपाळ आनी गोपाळ हें खुदिरामाचे दोग पूत. नेपाळ सुमार बारा वर्सांचो जाल्यार गोपाळ धा वर्सांचो. तांकां जेवण मेळ्ळयार आयज कितलेशेच दीस जावन गेल्ले. देखून ते लोकांचेर आनी संवसाराचेरूच वाजेल्ले.

"गोपाळ, तुका भूक लागूंक ना रे? " नेपाळान गोपाळाक विचारलें. गोपाळ नुस्तें गरोवपाक गरो बांदतालो "हय दादा, भूक खरी लागल्या !" गोपाळान म्हणलें.

"मागीर अम्माक वचून सांग आमकां भूक लागल्या म्हूण !"

"हें पळय, आई पयलींच म्हजेर पिकार आसा. तूं सांगशीत जाल्यार........"

"आसूं पिकार ! सांग तिका आपणाक भूक लागल्या म्हूण !"

इतल्यान ताका शिव बॅनर्जीचो चलो चुन्नी घरावटेन येता तो दिश्टी पडलो.

"ए चुन्नी. यो मरे हांगा " नेपाळान ताका उलो मारलो.

चुन्नी पिरायेन नेपाळापरस व्हडलो आशिल्लो. खात्या-पित्या घरांतलो. आंगणाचे वंयेकडेनूच रावून ताणे विचारलें, "कितें?"

"आरे, भितर तरी यो !"

“ना. ना. आदीच दनपार जाल्या. आई जटीमावशेगेर बसल्या. तिका आपोवपाक वतां.”

“जटीमावशेगेर? कित्याक?”

“आई थंय ताडफळांचो रोस काडटा. फुडल्या मंगळारा भाद्रपदांतली नम न्हय? तांगेर तालनमीची परब मनयतात नकळो तूं. लोकांकय ते जेवपाक आपयतात.”

“खऱ्यांनीच?”

"तुकां खबर ना? ते आमकां आनी गांवातल्या थोड्या लोकांक जेवपाक आपयतले."

"आमकांय आपयतले ते?"

" आमकां सगळयांक आपयतले जाल्यार तुमकांय ते आपयलेबगर सांडचेनात."

चुन्नी थंयसावन गेलो. नेपाळान आपल्या धाकल्या भावाक उमळशिकेन विचारलें, "गोपाळ आयज वार कोण? शुक्रार सो ऽ दिसता! आं! म्हणजे ते फुडल्या मंगळारा जेवपाक आपयतले."

"वा! खूब बरें जातलें!" गोपाळय सुमाराभायर खोशी जालो.

"ए! ओगी राव. पिसो खंयचो! लोक ताडफळांनी तालनम कित्याक मनयतात खबर आसा तुकां?"

गोपाळाक कांयच खबर नाशिल्लें; पूण तालनमीची परब लागीं पावल्या हें कळ्ळूनूच ताका खोशी जाल्ली. आय़ज वार कोण हें ताका खबर नाशिल्लें; पूण परब मात पयस नाशिल्ली हें खरें!

जटीमावशेलें घर सामकें लागीं आशिल्लें. नेपाळान गोपाळाक मातसो राव म्हूण सागलें.

"हांव भितर वतां. तांकां ताडफळां जाय पडटलीं. तीं एकादलीं ताडफळां विकतीं घेतलीं."

त्या गांवांत ताडाचीं झाडां नाशिल्लीं. गांवाभायर मात ताडाच्या झाडांनी रेवडायिल्ल्या एका तळयाचे भोंवतणी कुचकुचीत फळां भरिल्लें ताड आशिल्लें. नेपाळ त्या सुवातेवयलीं ताडाचीं फळां हाडून गांवांत विकतलो.

जटीमावशी दारांत उबी आशिल्ली. जटीमावशी म्हणल्यार नटवर मुखर्जीची बायल. सगळेजाण तिका जटीमावशी म्हूण उलो मारी.

"कितें काम आसा रे?" जटीमावशेन विचारलें.

"ताडफळां विकतीं घेता जटीमावशे?"नेपाळान विचारलें.

"हय. हय. हाड. आमकां मंगळारा दिसा जायच पडटलीं."

इतल्यान गोपाळ थंय येवन आपणाल्या भावाफाटल्यान उबो रावलो. जटीमावशेन म्हणलें, "कोण रे तो? गोपाळ? आरे, ह्या पावसांत खंय गेल्ले तुमी? आनी तेय बीन इतले सांजेर!"

"नुस्तें गरोवपाक." मातसो लजत नेपाळान जाप दिली.

"मेळ्ळें नुस्तें?"

"फकत दोनूच भोपर्शी फारावल्यांत. आतां आमी घरांच चल्ले."

"चलात तर. पयलींच काळोख जाला आनी हो पावसाळो! –चिखलान मार्गाचेर निसरड जाल्या. सांबाळून वचात आं."

जटीमावशीन ताडफळांचें व्हडलेशें मनार घेना आनी तालनमीचेंय कांय सांगिना. पूण नेपाळ आनी गोपाळाक मात मनापासून दिसतालें ती आपणांक मंगळारा दिसा जेवणाचें आपोवणें दितलीच. हें येवजून नेपाळान तिका विचारलें. - "मागीर...अं.. मावशे, ताडफळां

जाय न्हय तुमकां?"

" हाड थोडीं. एका पयशाक कितलीं दितलो?" जटीमावशेन वासपूस केली.

"हरशीं हांव पयशाक दोन दितां. पूण मावशे, तुकां म्हूण हांव पयशाक तीन दियन." –नेपाळान आशेन सांगलें.

"फळां बरीं रसाळ, वांटकुळीं आनी काळींच आसा मरे? तालनमी दिसा आमी बऱ्या रसाळ ताडफळांच्यो पोळयो करतात."

"जटीमावशे, हांव तुजेखातीर बरीं काळींच ताडफळां हाडटां."

ते दोगूय जटीमावशेच्या घरांतल्यान भायर सरले.

गोपाळान आपल्या भावाक विचारलें, "दादा, तूं मावशेक ताडफळां केन्नां हाडून दितलो?"

"फाल्यां."

"दादा, तिचेकडल्यान ताडफळांचे पयशे घेवं नाका आं."

"कित्याक रे? कित्याक पयशे घेवं नाका?" नेपाळान अजापून विचारलें.

"पयशे घेतल्यार ती आमकां जेवणाक आपोवचीना."

"ना. ना. तशें कांय ना. म्हाका ती फळां पावसांत भिजून काडचीं पडटलीं. ती फुकट दिवन उपकारचेंना."

पावसाच्या आनी वाऱ्याच्या आवाजाक लागून गोपाळ रातभर जागोच उरलो. दुसरे वटेनच्या जनेलांचीं दारां सुमान बांदिल्लीं. पूण वाऱ्याच्या नेटान ती परतून परतून तुट्टालीं आनी धडधड आवाज करीत उगडटालीं. जनेलांतल्यान वारो आनी पावस बेबंदपणान भितर सरतालो. अशे काळखी राती मागीर गोपाळाक बरी न्हीद पडनासून तळमळे लागताले. अर्दवट न्हिदेंत तो येवजितालो, जर दादान जटीमावशेक ताडफळां विकतीं दिलीं जाल्यार ती एकादलीं आमकां जेवपाक आपोवंचीना? आपयतली काय?

गोपाळ फांतोडेर बेगीनच हातरुणावेल्यान उठलो. थंड पावसाचे फांतोडेर सगळे लोक सुस्त न्हिदिल्ले. दाट पडपी पावस थांबिल्लो खरो पूण जायजायशी दिसपी रिमझीम चालूच आशिल्ली. गोपाळ पावलांचो आवाज करिनासतना चलत चलत घराभायर सरलो आनी ताडांच्या झाडांनी रेवडायल्ल्या तळयालागीं पावलो. तळयाभोवतणची जमीन धोंपरामेरेन चिखलान भरिल्ली. (एक शेतकार) गणेश कावडा नांगर खांदार मारून आपल्या शेताकडेन वतालो. ताणे गोपाळाक विचारलें, "धाकल्या बाबा, इतले सकाळीं खंय चल्लो?"

"तळयांतलीं ताडफळां काडपाक?"

"हय. पूण त्या जाग्यार जिवाणी आसतात. असल्या पावसा दिसांचो तूं थंय ना गेल्लोच बरो."

पूण ताडाच्या झाडांचे दाट गर्दींत गोपाळ ताडफळां सोदपाक गेलोच.

तळयाचे देगेक ताका एक मोट्टें, रसाळ काळेंच ताडफळ मेळ्ळें. ताणें तें उखल्लें. सोदंता सोदंता ताका आनीक तीन ताडफळां मेळ्ळीं. पूण गोपाळ पिरायेन ल्हान आशिल्ल्यान

तीं सगळी तांचेकडेन व्हरूंक जमना जालीं. ताणे यत्न केलो. निमणे ताणें एक व्हडलें आनी एक धाकलें अशीं दोनूच फळां घेतलीं आनी मोटे आशेन जटीमावशेच्या घरावटेन धावूंक लागलो.

जटीमावशी घरामुखार शिताडो घालताली. गोपाळाक पळोवन ती अजापली. “गोपाळ? इतले सकाळीसो? ” तिणे मातशें अजापून विचारलें.

गोपाळाचें मुखामळ फुल्लें. ताणे म्हणलें, “जटीमावशे, हांवें तुजेखातीर बरीं बरीं ताडफळां हाडल्यांत.”

जटीमावशेन ती दोनूय ताडफळां घेतलीं. एकूय उतर उलयनासताना ती घरांत गेली.

खिणभर गोपाळाक दिसलें, तालनमीचे परबेविशीं विचारचें. पूण ते विचारपाचें धाडस ताका जायना जालें. तोय बीन कांयच उलयनासतना थंय सावन चलूंक लागलो.

इश्टावांगडा खेळटनाय ताचें मन सैरभैर जाल्लें. ती पावसाळी दनपार ताणें माडाच्या चुडटांतल्यान पडपी थेंबे पळयत सारली. पावस आनी वाऱ्याच्या तालार धोलपी कोंड्याचीं रानां बारीकसाणेन पळयत ओंवळीच्या झाडाकडल्या फोंडकुलांतले, बेबक्यांचें डरांव डरांव आयकत रावलो.

“आई, हालींसरां बेबक्यो ना काय कितें गे त्यो? डरांव डरांव आयकूंक येनाशें.” गोपाळान आवयक विचारलें.

“आरे, बेबक्यांक पावसाच्या ताज्या उदकांत मजा दिसता. तांका साचयल्लें उदक आवडना. ”

–“आयज वार कोण गे आई?”

–“सोमार. पूण तुका कित्याक रे वार ?”

–“ह्या मंगळारा तालनम मगे?”

–“आसूं येत. म्हाका बाबा खबर ना. आरे, आमचेकडेन पोटभर ना जेवपाक. ती तालनम आनी खंयची?”

दीस बरोच वयर सरिल्लो. दनपारा नेपाळान गोपाळाक विचारलें, “तुवें जटीमावशेक ताडफळां दिल्यांत? खंयसावन हाडलीं तुवें ती? आपणाक आतां ताडफळां नाका अशें मावशी म्हाका म्हणटाली. तुवें तिका फुकटच दिलीं खंय? अशें कित्याक केलें तुवें? एका पयशान शेरभर चिरमुल्यो येतल्यो आशिल्ल्यो. कशें कळना तुकां?”

–“आरे, ती आमकां जेवपाक आमंत्रण दितली. फाल्यां तालनम न्हय?”

–“तुवें ताडफळां विकती दिल्लीं जाल्यारय ती आमकां आमंत्रण दितलीच आशिल्ली. भोटोच तूं तकलेन.”

–“फाल्यां मंगळार न्हय?”

–"हय."

फाल्यां जेवपाक आपयतली हे आशेन आनी उमळशिकेन गोपाळाक ते राती न्हीदच पडली ना. रात सोंपून सोंपनासली. घरालागच्या रुखार काजुले लिकलिकताले. तो लिकलिकपी काजुल्यांकडेन पळयत फायचे परबेचीं सपनां रंगोवंक लागलो. केन्नां एकदां सकाळ जातली ?ऽणपाची वाट पळयत रावलो.

लावण्यदिदीन –जटीमावशेले धुवेन ताटभर शीत हाडलें आनी गोपाळाचे पत्रावळीर वाडलें. जटीमावशेन शितार रोस वाडलो. उपरांत तिणे ताका परमान्न आनी ताडपोळयो वाडल्यो. तिणे हांसते नुरेन म्हणलें, "गोपाळान बरीं बरीं ताडफळां हाडून दिलीं म्हूण म्हाका ताडपोळयो करपाक मेळ्ळयो. घे आनीक घे. आयज तालनम न्हय."

सुरबूस जेवणाचो परमळ सगळयाक पातळिल्लो. खाजूर, ताडफळांच्या परमळान गोपाळ खुशालभरीत जाल्लो. सगळयांचें जेवन सोंपिल्लें. गोपाळान परतून परतून ताडपोळयो मागून घेतल्यो. परमान्न, भजीं, ताडपोळयो........ जेवण बरें रंगतालें. लावण्यदिदी परत ताका वाडपाखातीर आयली.

–"गोपाळ, ए गोपाळ, आरे, गोपाळ."

गोपाळ जागो जालो. दोळे उगडून पळय जाल्यार मुखार तेंच पावसान भिजिल्लें झाड, त्याच जनेलांतल्यान दिसपी तोच फळांचो रूख. –आरेरे, तो आपलेच कुडींत आसलो. न्हिदेंत तालनमीच्या जेवणाचें सपन पळयतालो, तो गोंदळ्ळो....... ताचे आवयन ताका जागो केल्लो. ती ताच्या हातरुणाकडेन उबी रावून ताका उठयताली.

–"आरे, हे पावशी दीस. सकाळ जाली ताचो लेगीत अदमास येना. पळय तुकां आदींच कळाव जाला. उठ."

गोपाळ आवयच्या तोंडाकडेन पळयतूच रावलो.

–"आयज वार कोण गे आई?"

–"मंगळार."

हय. बरोबर. आयज तालनम. म्हळयार व्हदळचें तें जेवण......... सपनच तर तें!

सकाळ उलगल्ली. पूण पावशी कुपांक लागून वेळ कळनासलो. गोपाळ घरामुखावयल्या रुख्याच्या खोडार बसलो. पावस येनासलो पूण मळब भरून आयिल्लें. अदींमदीं वारें आंगांक झोंबतालें. गोपाळ बरोच वेळ मोटे उमळशिकेन थंयच बसून रावलो....... पूण जटीमावशेल्या घरच्यान कोणूच तांकां जेवणाचें आमंत्रण दिवपाक आयलो ना.

ताडपोळयांक बंगाली भाशेंत तालेर पिठे म्हणटात. ताडफळांच्या दाट रोसांत तांदळाचें पीठ कालोवन, ताच्यो गुळयो करतात आनी लाटफळयांचेर लाटून तुपान तव्याचेर भाजतात.

थोड्या वेळान गोपाळाक घराफुडल्या रस्त्यावयल्यान जगबंधू चक्रवर्ती आनी तांची भुरगीं वतात तीं नदरेक पडलीं. तांचें फाटोफाट राखाल आनी ताचो पूत सोनू वतना दिश्टी पडलो. तांचे फाटल्यान कलीब बॅनर्जीलो व्हडलो पूत पांचू आनी ताचो शेजारी हरेन हाकाय ताणे पळयलो. हे सगळे खंय वता काय? गोपाळ चितूंक लागलो. म्हणटा म्हणसर गोपाळाक नवीन भट्टाचार्य, तागेले भाव आनी भुरग्यांचो चोमो वतना दिश्टी पडलो.

दिनू भट्टाचार्याच्या पुतान कुडीरामान गोपाळाक पळोवन विचारलें, –"गोपाळ, तूं बसून सो रावला? तूं वच्चो ना."

"तुमी खंय वतात?"

–"आमी जटीमावशेगेर तालनमीच्या उत्सवाक वतात."

–"तुमकां आपोवंक ना? तशें ती सगळयांकूच आमंत्रण दितली अशें ना."

निरशेवणेन आनी तिडकीन गोपाळ आपल्याक आडावंक शकलो ना. तिडकीनूच तो बशिल्ल्या जाग्यावयल्यान उठलो. ताच्या आंगाचो उजो उजो जातालो. कित्याक दिवंचीना आमंत्रण आमकां? जटीमावशी आमकां मुजरत आमंत्रण दितलीच. फकत तुमकांच कशी ती आमंत्रण दिवंक शकता? आमी मागीर वतलीं.

कुडीरामांक गोपाळाच्या वितरागाचें कारण कळ्ळें ना. ताणें अजापून म्हणलें, "आरे, तूं म्हजेर कित्याक तापता इतलो? इतली तिडक येवपासारकें कितें म्हणलां हांवें तुका?"

सगळे जाण फुडें चलत रावले. गोपाळाच्या दोळयांतल्यान निरशेवणेचीं आनी अपमानाचीं दुकां व्हांवपाक लागलीं. संवसारान ताचेकडेन केल्ल्या अधर्मी आनी अन्यायी वागणुकेक लागून ताचें मन दुखावल्लें.

फाटल्या कितल्याश्याच दिसांसावन तो जटीमावशेल्या तालनमीच्या आमंत्रणाकडेन मोटे आशेन दोळे लावन बशिल्लो........ आनी आतां अचकीत ताचें मन खंती जाल्लें. दुकांनी भरिल्ल्या दोळयांनी तो हितेन, देवेन, गुटके आनी हेरांक आपल्या बापाय-काकासयत जटीमावशेल्या घरा वतना पळयतालो.......

थंय आशिल्लो तालनमीचो सुवाळो!

♦ ♦

2.

एक उंडी शिताखातीर

बंगालाच्या मानभूम जिल्ह्यांतलो तो जंगली प्रदेश आशिल्लो. दोंगरांची एक व्हडली रांग पातळिल्ली. वैशाख म्हयन्यांत पळसाचे सगले रूख फुलिल्ल्यान सगळया जंगलाकूच जशे परीं उजो लागिल्लेवरी दिस. नदर पावता तोवेर, म्हणल्यार सामकें नाकतीतरण भागासावन निळया दोंगरांमेरेन पळसाच्या फुलांचो जसो कितें तांबडोगुंज दर्याच पातळिल्ले भाशेन दिसतालें.

हांव ह्या जंगलाचे शिमेर आशिल्ल्या एका डाक बंगल्यांत रावतालों. पळसाच्या भारान आकर्शीत जावन हांव थंय आयिल्लों. त्या जंगलांतल्या रुखांपासून मेळटल्या उत्पन्रा संबंदीं इल्ली म्हायतीय म्हाका जाय आशिल्ली.

एका सांजवेळा, काळोख पडचे पयलीं हांव नाकतीतरण जंगल पळोवन परतून येता आसतना म्हाका एक मनीस दिश्टी पडलो. ताचे वांगडा एक सान चली आशिल्लें. एका झाडाचे सांवळेंत ती दोगांय बशिल्लीं. तो मनीस एक ल्हानशी पोटली सोडयतालो. ती पोटली उगडले उपरांत तो तातूंतल्यान कितेंशें काडून खावंक लागलो. एके पांयवाटेच्या कोनश्याक एक निर्जन असो तो वाठार आशिल्लो. जंगलांत काळोख वाडत आशिल्लो आनी मुखार बागमतीचें रान पातळिल्लें आशिल्लें. कितें करतालो जायत तो मनीस थंय? म्हाका उत्सुकताय दिसली. त्या मनशाचे तकलेचेर काळया-धव्या केंसांचें जंगल मातिल्लें. जाल्यारूय ताचे पिरायेचो अदमास काडूंक मेळनासलो. ताचे लागच्या सामानांत थोड्यो तिस्त्यो-वादऱ्यो आशिल्ल्यो, एक पिंजकी गोधडी आशिल्ली. आनी जातूंत आमी च्याचो पालो वा बिस्कुत्यो बी दवरतात तसल्या एका पत्र्याच्या ल्हानश्या दब्यांत दोन शेर मक्याचे दाणे आशिल्ले. बस्स! इतलोच कितें तो ताचो संवसार आसलो जावंये. तें ल्हान चली चार-पांच वर्सां पिरायेचेंशें दिसतालें. तागेल्या कमरा भोंवतणी एक पिंजको आंगसो रेवडायल्लो आनी कमराक एक काळो दोरोय बांदिल्लो आशिल्लो.

हांवें त्या मनशाक विचारलें, "खंयची तुमी? खंय वचपाक भायर सरल्यांत?"

मानभूमचे बोली भाशेंतल्यान ताणें जाप दिली, "हांव तोरंगा वतां. फस्क आसा तुजे लागीं? "

"फस्क? आसा..... पूण तोरंग हांगाच्यान कितलेंशें पयस आसा? "

"हांगा सावन तोरंग बरेंच पयस आसा. लागीं लागसार धा मैल."

"तुमी खंयचे? काळोख जावंक लागला. "

"हांव पुरुलियाचो. मातशी एक काडी दियात पळोवया. हें चली जेन्ना फकत दोन वर्सांचें आशिल्लें, तेन्ना तागेली आवय भायर पडली. आतां म्हाका सांगात, हे सान चलयेक एकली सोडून हांव जंगलांत जळोव पुंजावपाक कसो वचूं? हांव पुरुलियाक गेलों. थंय भीक मागून दोन वर्सां काडलीं."

म्हाका त्या मनशाविशीं चडूच उत्सुकताय दिसली. ते भायर, त्या निर्जन डाक बंगल्यांत परतुपाबगर म्हाका आनीक दुसरें कांयच कामूय नाशिल्लें. म्हूण ताचे कडेन खबरी करच्यो, अशें हांवें थारायल्लें. हांव एका व्हडल्या फातराचेर बसलों. ताका एक विडी दिली आनी स्वता एक फुसकावपाक सुरवात केली. ताणें आपणाली काणी सांगपाक सुरवात केली. तो जिल्ह्याच्या भितरल्या भागांतल्या एका ल्हानश्या गांवगिऱ्या वाठारांतलो आशिल्लो. तें खेडें आशिल्लें. थंयच्यान धा-बारा मैलांच्या अंतराचेर पळस, वड आनी सायलाच्या रुखांची ताच्या गांवाचेर सांवळी आशिल्ली. तें खेडें बागमती आनी झालडा जिल्ह्यांतल्या दोंगरां मदले एके निर्जन दोंडीत वशिल्लें. पेल्यान आसलें गुपाट जंगल. त्या मनशाची पयलींची दोग भुरगीं मेल्लीं. हें चली मातशें व्हडलें जावंचे पयलींच ताची आवय संवसाराक अंतरिल्ली.

त्या वाठारांतल्या जायत्या रहिवाश्यांभशेन तो मनीसूय जंगलांतल्या झाडांच्यो खांदयो तोडी आनी चंदनकेवडीच्या बाजारांत व्हरून विकी. ताची बायल मरतुकूच मात तो वोता-पावसांत जंगलांत जळोव पुंजावंक वचपाचो बंद जालो. कारण ते चलयेक एकलें जंगलांत सोडून वचप शक्य नाशिल्लें. ते दोन वर्सांचे चलयेचो सांबाळ करपाक आनीक कोणूच नाशिल्लो. देखून तो मनीस काम सोदपाखातीर म्हूण पुरुलिया गांवांत आयलो.

हांवें ताका विचारलें, "त्यो खांदयो विकून कितले पयशे मेळटाले तर तुका?"

विडयेचो एक झुरको घेवन ताणें म्हळें, "एक मोवळेचे तीन ते चार आणे मेळटाले. प्रत्येक मोवळे फाटल्यान दोन पयशे सरकारी चौकिदाराक दिवंचे पडटाले. तांदूळ सवाय आशिल्ले. ताका लागून आमचें अशें तशें भागतालें.मागीर ते चलयेची आवय खवसली आनी हांवें पुरुलियाक वचपाचो विचार केलो. म्हणलें, 'हो मात्सो व्हडलो गांव. थंय आमचें पोट सोपेंपणी भरतलें !"

"पुरुलिया खऱ्यांनीच व्हडलो गांव तर!"

"हय व्हय. खूब व्हडलो, फाटल्यान दोन वर्सांत म्हाका ताची लांबाय-रुंदाय मेजप जमूंक ना. बाबू, तो बरोच व्हडलो गांव."

हांवें ताका दुसरी विडी दिली. ताची काणी बरी रुचीक लागताली. हांवें विचारलें, "मागीर फुडें?"

आपुण आपल्या पयशिल्ल्या गांवांतल्यान कशे भशेन पुरुलियाक आयलो आनी थंय येतकच दुसरो पुराय दीस आपूण पुरुलियाक, नोकरी करता अशें सांगपी आशिल्ल्या

KONKANI CENTRE LIBRARY
कोंकणी पुस्तकालय

गांवकारांक सोदपात कसो घालयलो, हें ताणें म्हाका सांगलें. सांजवेळचो काळोख देंवता आसतना तो एका व्हडल्या घराच्या दरवंट्या मुखार उबो रावलो. त्या घरांतल्या मनशांनी ताका दोन पयशे दिले. त्या मनशान आनी ताचे चलयेन त्या पयशांचे चणे घेवन खाले आनी उपरांत ती दोगांय एका झाडापोंदा न्हिदलीं. अर्दे रातीर पोलीस आयले आनी त्या दोगांकूय ताणीं दुसरेकडेन खंयतरी वचपाक सांगलें. दुसऱ्या दिसा ताका ताच्या गांवकार शेजाऱ्याचो पत्तो मेळ्ळो. तो ताजो शेजारी बेठ्योच फटिच्यो गजाली सांगपी म्हणपाचें कळ्ळें. कारण ताणें आपूण सरकारी अधिकाऱ्याचो शिपाय म्हूण थंय काम करता अशें थंय सांगिल्लें. खरेंपणीं तशें नाशिल्लें. तो तंबाखू आनी गिमांत मातयेचीं आयदनां विकपा सारकेले किरकोळ वेवसाय करी. तो आनी ताची बायल सामके ल्हान दोन कुडीच्या खोपींत रावतालीं.

तरीय लेगीत, त्या शेजाऱ्यान आपणाल्या वारांडाच्या कोनश्याक त्या दोगांकूय न्हिदपा खातीर थोडी सुवात दिवपाची तयारी दाखयली. पूण फकत त्या दोगांयनी आपणाली जेवपा-खावपाची सोय मात आपली आपणेंच करपाची. अशे दशेंत त्या दोगांयनी अशीं तशीं दोन वर्सां थंय काडलीं. मागीर दुकळ पडलो आनी तांदळाच्यो दरो अचकीत वाडल्यो. शारांत तांदळाचो दर अठरा रुपया मण (म्हणल्यार सवाय दोन रुपया एका शेराक) जालो. भीक मेळप लेगीत कठीण जालें. इतलेंय आसून पुरुलियातूच कशें तरी जियोवपाची ताची इत्सा आसली. पूण त्या गांवकारान ताका त्रास दिवपाक सुरवात केली आनी ती सुवात सोडून वचपाक फर्मायलें. दिसपट्टी तांची झगडी जावंक लागलीं.देखून थंय आनीक रावप नाका जाल्लें........ आनी देखुनूच तो आपल्या मूळच्या गांवांक तोरंगाक वचपाक भायर सरिल्लो.

आमच्यो ह्यो अश्यो गजाली चालू आशिल्ल्यो तेन्ना ते सान चलयेन त्या पत्र्याच्या दब्याचेर ठेको धरिल्लो.

त्या मनशान मायेन ते चलयेकडेन पळेलें आनी मोट्या अभिमानान म्हणलें, "हाचें नांव ठुपी. हांवेंच दवरलां ताका ."

त्या अभिमानी बापायक बरें दिसचें म्हूण हांवें म्हणलें, "ठुपी ? वा ! सोबीत नांव दवरला तुवें ताका ! "

त्या मनशान आत्मविस्वासान म्हणलें, "हय व्हय. ठुपी."

मागीर ताणें म्हाका तंबाखुखातीर दोन पयशे दिवपाची विनवणी केली.

म्हजेलागीं त्या वेळार बोल्सांत चड पयशे नाशिल्ले.म्हूण खोमसाच्या बोल्सांत उरिल्ले दोन पयशे हांवें ताका दिवन उडयलें. ठुपी त्यावेळार कितें तरी उलयलें. बापायन ताका उबारून खांदार घेतलें आनी तो फुडें चलपाक लागलो.

जंगलांतली वाट चडटेची आशिल्ली. म्हूण फुडलो देखाव दिसच नाशिल्लो. जमनीचो वयलो भाग मळबाचे धारेवरी दिसतालो. पोटली खाकेक मारून आनी ठुपीक खांदार घेवन तो मनीस अस्तंतेवटेन गेलो. अस्तंमत्या वेळावेलें मळब सांजेच्या रंगांनी भरून गेल्लें. ताचे फांटभुंयेर त्या मनशाची सावळेची आकृताय जशे परी कोरांतिल्ले भाशेन आनी स्पश्ट बरी दिसताली. अशें दिसताले, जसो कितें सुर्यास्ताचे दिकेनूच तो चलूंक लागिल्लो.

त्या मनशाक घर नाशिल्लें. जगपाक लेगीत जाय तितलें अन्न नाशिल्लें. इतलेंय आसून इतले मायेन तो आपणालें पांच वर्सांचे धुंवेक घेवन व्हडा आशेन परत आपणाल्या गांवा वटेन चलूंक लागिल्लो हे गजालीचें म्हाका अजाप दिसलें. जशे परी दुर्दम्य अशी आस ताका आपणाल्या आडवटेनच्या विराण वाठाराकडेन ओडून व्हरताली. पुरुलियांत जर ताका फाव तितलें अन्न मेळपाची मारामार आंसली, जाल्यार ताच्या त्या पयशिल्ल्या, वसाड गांवांत ताका कोण मुठभर तांदूळ दितलो आसलो काय? हांव अशें येवजिता आसतनाच तो मनीस आनी तागेली ती ल्हान धूव म्हजे नजरेच्या आंवाठांतल्यान पयस पयस पावलीं.

हें सगळें घडलें फाटल्या म्हयन्यांत. तेन्ना तांदळाचो दर मणाक अठरा रुपया इतलो

आशिल्लो. तो ल्हव ल्हव करून चडतूच आशिल्लो आनी तिसांचेर पाविल्लो. बत्तीस रुपया, चाळीस रुपया. मजगतीं हांव उदेंत बंगालांतल्या (आतां बांगला देशांत आशिल्ल्या) कोमिल्ला गांवांत पाविल्लों. इतलें दुख्ख, दळडीर हाचे पयलीं म्हाका केन्नांच दिसूंक नाशिल्लें. प्रत्यक्ष पळयलें बगर कोणाचोच ताचेर विस्वास बसपासारको नाशिल्लो.

हांव कोमिल्ला गांवांत म्हज्या एका सोयऱ्यागेर रावतालों. हाडांचो सांगाडो जाल्लीं कितलींशीच भुरगीं आनी म्हातारीं दादले-बायलो हातांत मातयेचे वाडगे घेवन सकाळ सावन राती मेरेन भीक मागतना दिसताली. कसली भीक? शीताची न्हय. तर शीत शिजोयतकूच जें उदक भायर उडयतात त्या निवळाची, पेजेची. आमकां इल्लो तरी निवळ दियात, ... दियात गा........ कोमिल्ला गांवांत वतना आनी थंयच्यान परत येतना आगबोटींत आनी रेल्वेंत काळजाक पीळ घालपी कितल्याश्याच भूक बळीच्यो काणयो हांवें आयकल्यो.

हांव बिहारांत आयलों. थंयची परिस्थिती कितें वेगळी नाशिल्ली. बेहेरगोरा शाळेंचें रांदचे कुडींतल्यान शिजयल्ल्या शिताचेरूच निवळ रकतालों आनी भायर भुकेल्ल्या आनी उगत्या नागड्या भुरग्यांची खेट तातूंतलों आयदनभर निवळ आपणाक मेळचें म्हूण उबीं आशिल्लीं. सकाळ सावन राती मेरेन ती भुरगीं थंय त्या निवळाखातीर वाट पळयत उबी रावतालीं आनी तसल्या एका घोंटभर निवळाखातीर रस्त्यावेल्या सुण्यावरीं झगडटालीं.

ते शाळेच्या हेडमास्तरान म्हणलें, “डोंब आनी कहार जातींतलीं हीं भुरगीं कितेंयतरी मेळटलें हे आशेन सेगीत भायर उबीं राविल्लीं आसतात आनी शिताच्या गोंट्याखातीर सुण्यावांगडा झटापट करीत आसतात.”

रेल्वेन पुरुलिया साकून आदरा गांवांत येतना म्हाका नागडीं, पोट फाटीक तेंकिल्लीं भुरगीं मिठायेचे भायर उडयल्ले दोणे चाट्टना दिसलीं. अशे वायट परिस्थितयेंत दुकळ एखाद्या भुता भाशेन अख्ख्या देसाक पिडटालो. भाद्रपद म्हयनो सोंपपाक पाविल्लो, अश्या समयार हांव आदरा गांवांत पावलों. थंय जायते कामगार एका कॉंट्रॅक्टराकडेन कामाक आसले. दोंगरी वाठाराच्या एका भागाचें ब्लास्टिंग करपाचें काम ते करताले. जंगली भागांतल्यान खडपांचे व्हडले फातर मेळोवपाखातीर ते मजूर सुरंगांचो वापर करताले. खडपांचे ते फातर उपरांत टाटानगराक धाडटाले. थळाव्या भाटकारान तो वाठार कंत्राटदाराक रेंदाक दिल्लो.

एक दीस म्हाका थंयच्या ल्हानश्या वखदा घरांत गर्दी दिसली. अशीर वारांदांत एका कामगाराक न्हिदयल्लो. ताचे फाटीक आनी हड्डुयाक बँडेज बांदिल्ली. बँडेज रगतान भिजिल्लें आनी अजुनूय त्या कामगाराक जाल्ले दुखापतींतल्यान रगत व्हांवतालें.

“कितें जालें? ” हांवें विचारलें.

दोतोरान सांगलें, "अशें हांगां सदांच जायत आसता. ब्लास्टिंगच्या वेळार आर्माचे गुळयेच्या वेगान येवपी खडपांच्या फातरान ह्या कामगाराचे फाटीचो कणोच मोडून उडयला. हांवें फकत मुळावे टाकेच घाल्यात ताका. आतां ताका ताकतिकेन टाटानगर हॉस्पिटलांत व्हरतले. आंबुलान्स तयारूच आसा."

हांव ते गर्देत रिगलों. पांच-स वर्सांचें एक चली त्या कामगारा सावन मातशें पयस बशिल्लें म्हाका दिसलें. तें रडनासलें. थंडसाणीन आनी निश्चिंतपणान तें चली तणाची काडी चघळीत बशिल्लें.

हांवें ते चलये कडेन पळेलें. हय, तें ठुपीच !

हांव ताका आठ म्हयन्या पयलीं मानभूम जिल्ह्यांत मेळिल्लों. जखमी जाल्लो तो कामगार म्हणल्यार तोच तो ठुपीचो बापूय. 'हय, हांव ताका ठुपी म्हणटा' अशें व्हडा अभिमानान ताणें तेन्नां सांगिल्लें."

"तो कामगार खंय सावन आयिल्लो," हांवें ते गर्देतल्या थोड्या लोकांक विचारलें.

कोणेंशें सांगलें, "तो मानभूमांतल्यान आयला."

"तागेल्या गांवांचें नांव खबर आसा तुका? "

"तोरंग."

"ताचे कोणूच इश्ट वा सोयरे बी नात तर? "

"हांगां ताची एक धाकटुली धूव सोडल्यार आनीक कोणूच ना. हांगां लोक खूब पयशिल्ल्या गांवांतल्यान येत आसतात. कारण हांगां आमकां शीत मेळटा न्हय?"

"कंपनी तुमका कितलेंशें अन्न दिता तर? " हांवें विचारलें.

"दर सप्तकाक एका मनशाक पांच शेर तांदूळ दिता आमकां कंपनी ! "

ठुपीच्या बापायच्या प्रवासाची कल्पना हांव करू शकतालों. तो तोरंग ह्या आपणाल्या जल्मगांवांक गेल्लो आसतलो. थंय ताका आपणाली खोंप मोडून पडिल्ली दिसली आसतली. मागीर ताणें मको आनी हेर हलकीं धान्यां खावपाक सुरवात केल्ली आसतली आनी तेंय मेळना जालें तेन्नां तो खंयच्या तरी वालींची पाळां मुळांक खावन दीस सारूंक लागलो आसतलो. त्या वाठारांतल्यान आयिल्ल्या कामगारांच्या तोंडांतल्यान हांवें हीच गजाल परत परत आयकल्ली. अखेरेक ठुपीचो बापूय हांगां आयलो कारण हांगां पयशे मेळटाले. आनी ताचेय परस म्हत्वाचें म्हणल्यार तांदूळ मेळटाले. गांवगिऱ्या वाठारांत जाल्यार पयशे दिवनूय तांदूळ मेळनासले. हें हांवें बेहेरागोरा गांवांत पळेल्लें.

आंबुलान्स आयली. ठुपीच्या बापायक लोकांनी कशेभाशेन गाडयेंत दवरलो. ताणें वेदनेक लागून आ ऽ... असो आवाज काडलो. ठुपी कडेन पळेलें लेगीत ना वा ताका उलोय मारलो ना.

दोतोरान म्हणलें, "टाटानगर हांगाच्यान सत्तावीस मैलांचेर आसा. तो रस्तोय सामको इबाडला. चड करून हो मनीस वाटेरूच सोंपतलो. कारण रगत व्हांवतालें तें अजून थांबूंक ना."

सायलाच्या जंगलांतल्यान वचपी खडयेच्या अशीर रस्त्यावेल्यान आंबुलान्स वेगान गेली. ठुपीचो बापूय परत अनिश्चित फुडाराकडेन, अस्तंतेच्या मळबाकडेन वचपाक गेलो. जल्मा जल्मा कडल्यान मरणा कडेन, उजवाडांतल्यान काळखा वटेन. आपणाल्या माणकुल्या ठुपीचो पत्कर कोण घेतलो, कोण ताचो सांबाळ करतलो हाचो हुस्को काडपाक आतां ताका वेळ नासलो.

◆ ◆

3.

कसो फटयलो बार्शेलाक!

नुस्तें धरपाक शितारी , तांस, गरो आनी हांयसां घेवन वचपी, नुस्तें पागपाचे कलेंतल्या फिशाल गरोवप्याक बंगाली भाशेंत 'बार्शेल' अशें नांव आसा. बंगालींत बर्शी' ह्या उतराचो अर्थ 'गरो' जे कुशल गरोवपी जाळाबदला गरो वापरतात, तांकां 'बार्शेल' म्हूण वळखतात. हातांत दांडो घेवन महामार्गार लुटमारी करपी डाकूंक जशे बंगालींत 'लाठेल' म्हणटात तशें ह्या बर्शीवाल्या नुस्तें पागप्यांक 'बार्शेल' अशें म्हणटात.

'बार्शेल' हें उतर खबर नाशिल्ल्यांखातीर हांगा आनीक मातशी विसकटावणी गरजेची आसा. हातांत दांडो घेवन वचपी दरेक मनीस हो डाकू आसताच अशें ना तेचतरेन शितारेन नुस्तें गरोवपाक वचपी दरेक मनीस हो 'बार्शेल' आसताच अशें ना.

रामहरी होरे हे एक आमच्या गांवचे नांवाजते अशे 'बार्शेल' आशिल्ले. तांचे नुस्तें गरोवपाचे कुशळतायेक लागून ते गांवांत तशेंच सरभोंवतणच्या वाठारांतय फामाद आशिल्ले. ते खूब पुर्विल्ल्या काळचे आनी प्रतिष्ठित अश्या ब्राह्मण कुटूंबांतले. आंगलोटान बरे लांबशे आनी घटमूट. तांच्यो पिळदार मिशो दुसऱ्याचेर छाप मारताल्यो. दोळे मोट्टे आनी तांबडे. गांवांतल्या आमकां भुरग्यांक तांचो थर्त भंय दिसतालो. एका काळार रामहरीचें घराणें खुबूच आस्तिक आशिल्लें पूण आतां ती गिरेस्तकाय तितलीशी उरूंक नाशिल्ली.

रामहरीक आपल्या शेताची थोडीशी येणावळ मेळटाली. ते येणावळीतल्यान घर-संसार चलयतना ताचो जीव गळयाकडेन येतालो. आयजमेरेन ते कोणाचीच चाकरी करिनासतना आपल्या पांयांर उबे आशिल्ले. रामहरी आतां हे पन्नाशीचे पिरायेचेर कोणाची चाकरी करतले? अशक्य गजाल!

नुस्तें गरोवपांत ते सामके तरबेज आशिल्ल्यान खूब जाण नुस्तें पागपाविशीं सल्लो घेवपाक तांच्या घरा येताले.

"होरेमशाय, आयज न्हंयेंत नुस्तें गरोवपाक जाय. हांयस म्हूण कितें लावं?

"तुमी कितें लायतले?"

"शेण आनी गांयडोळ."

"तुर्ताक न्हंयेक पावसाचें निवळ उदक आसा. तुमी थोडी माती आनी भाताचो कुणो लायात!"

रामहरी अणभवी आशिल्ले. तांच्या अणभवाचेर कोणूच प्रस्न करिनासले. तांचे म्हणणें सगळयांक मानवतालें. ताणी आपले जिणेंत तरेकवार नुस्तीं धरिल्लीं. ते जेन्ना गरोवणेच्यो खबरी सागताले तेन्ना लोक सामके लक्ष दिवन आयकताले. गांवांतले जाणटे लोक हे तांचें आयकुपी रसीक! आमचेसारकीं भुरगीं-बाळां मात ओगीच गर्दी करून तोंड धांपून उबीं रावतालीं. ही गजाल सुमार वीस वर्सां पयलींची .... तेन्ना हांव आसन बारा-तेरा वर्सांचो भुरगो!

आषाढ म्हयन्यांतली एक सकाळ! दाट पावसान शेतां, तळीं उदकान उपाट भरिल्लीं.

हाबूल आयलो आनी म्हणूंक लागलो, "शांतुदा, गरोवंक वचुया. जाटेमारीचे पोंयेंत बांव नुस्तें बरें मेळटलें पळय."

"तुकां रे कशें कळ्ळें?"

"नाराकाका, गोपाळ आनी बाकिच्यांनी बरीं व्हडलीं भोपशीं धरल्यांत."

"तुजेकडेन व्हडल्यो बडयो आसात?" आसा जाल्यार म्हाका एक दी मरे!"

"म्हजेकडेन फकत दोनूय आसात... आनीक आसात; पूण खोल उदकांत नुस्तें गरोवपाचें आसत जाल्यार तांचो कांय उपेग ना."

दनपरां तीन वरांच्या सुमाराक आमी चौगजाण जाटेमारी पोयेंकडेन गेले. चौगूय एकेच पिरायेचे. बसपाखातीर बरो जागो सोदूंक म्हूण लाकडी साकवापोंदा वच जाल्यार थंय आमका रामहरी होरे नुस्तें गरोवपाक बशिल्ले दिश्टी पडले. हांयस घाल्लो दबो आनी तीन-चार लांबशो गरोवपाखातीर शिताऱ्यो, अशें सामान घेवन आशिल्लें. चित्त एकवटावन ते गरयताले. शांतूक तांचेविशीं खुबूच आदर आशिल्लो. ताणे म्हळें, "हें पळय, रामहरी काका थंय गरयता."

"खंय?" हांवें विचारलें.

"ते तडीक. झाडा सकयल."

अचकीत एक खोडयाळी कल्पना म्हजे तकलेंत चकचकली. ह्या फिशाल बार्शेलचे गरयेक नुस्तें ओडटलें हें म्हाका कळ्ळें. आमकां जर नुस्तें जाय तर आमी तांच्याच शेजरा गरोवंक बसचें पडटलें.

"आमी रामहरीकाकांचे उजवेवटेन गरोवपाक बसुया," हांवें इश्टांक सुचयलें.

"शे! घडये तांकां हे आवडचेंना. ताणी आमकां तापयले जाल्यार?" हाबूलान म्हळें.

“तापोवं थंय. तांचे गरयेकडेन नुस्त्यांचें भिरेंच भोंवता पळय. पळय..... बारीक पळय.”

कितलेय ज्याल्यार रामहरीकाका. हे सामके धार्जण्याचे गरोवपी आसले. नुस्तेंमारी ह्या विशयाचे चलते-भोंवते ज्ञानकोशूच. सगळयो मांडण्यो तांकां खबर आशिल्ल्यो.... कसल्या हांयसाक कसलें नुस्तें ओडटा, त्या हांयसांत कसले मसाले आनी हेर जिनस मेळोवपाचे, शितारेच्या तांसाची लांबाय कितली आसूंक फावो, व्हडलें नुस्तें फारोवपाक केद्या आकाराची गरी बांदची पडटा................अशे एक वा कितलेशेच प्रस्न.

आमी रामहरीकाकांचे लागीच वचून बसले. ताणी तोंड वांकडें करून आमचेकडेन पळयलें. ताणी नुस्तें ओडून येवपाखातीर आदींच मसालो शिंपडून दवरिल्लो. म्हूण तांकां आमचें येवप आवडलें ना. आनी दुसरें म्हणल्यार आमी काय तांचेभशेन वरांची वरां शांतपणान आनी जिद्दीन बसून रावूंक शकचेना हेलेगीत तांकां खबर आशिल्लें.आमी शाळकरी पोरां आशिल्ल्यान बोवाळ घालतलीं आनी नुस्तें बुजून पळून वतलें हाची तांकां खात्रीच आशिल्ली.

आपले एकाग्रतेंतल्यान भायर येत रामहरीकाका तापोवणेच्या सुरांत आमकां म्हणूंक लागले, “कितें रे, हांगा बसतले काय कितें तुमी?”

“हय काका. बसूंक दियात न्हय आमकां हांगा.”

“आरे रे रे! दुसरो आनीक खंयचोच जागो मेळ्ळो ना रे तुमकां? हांगांच बसपाचें आसा जाल्यार थंडपणान बसा. माकडांसारके किचीकिची करून म्हजें लक्ष हालोवंक नाकां.”

आमी सामके थंडपणान आनी गंभीर रितीन अर्दवर बसले, पूण आमचे गरयेक एकूय नुस्तें लागलें ना. मागीर आमी आनी कशे थंडपणान बसतले? पयलीं आमी ल्हवू आवाजांत उलोवपाक सुरू केलें. आमच्यो गजाली रंगूंक लागल्यो तशे आमचे आवाजूय वाडूंक लागले.

पाचान व्हडल्यान शांतूक हुकूम फर्मायलो, “शांतू, तेवटेनच्या त्या फाटल्या चिबडांच्या शेतांतल्यान थोडीं चिबडां घेवन योरे.”

रामहरी बार्शेलाचें ध्यान हाल्लें. ते आमचेर तापले, “कितें जालां रे? कित्याक बोवाळ घालता इतलो?”

आमी ओगी जाले खरे पूण कांय खिणां खातीरच.

इतले मदीं हाबूल आनी पाचा हाणी कांट्यारी वंय हुपून, आमचेखातीर शेतांतल्यान तीन मोट्टीं, रसाळ, पाचवींच चिबडां हाडिल्लीं.

ती चिबडांच आमकां वाद करूंक पुरो जालीं. आनी तांचेवयल्यान वाद सुरू जालो. हांवें म्हणलें, “तुमी म्हजेपरस व्हडली शीर घेतल्या. हें कशें? म्हाकाय तुमी घेतला तेदोच

वांटो मेळूंक फाव. ह्या चिबडांचे चार सारके कुडके जावंक जाय. हांवें हांगां इतलो वेळ शितारे कडेन आनी गरयेकडेन लक्ष दिलां....... मागीर म्हाका तुमचेपरस बारीक कुडको कित्याक?"

पाचा म्हणूंक लागलो, "सगळ्यांत व्हडलो वांटो म्हाका..... कारण हांवें चिबडां काडून हाडल्यांत."

जटीश म्हाल्याचो भुरगो केश्टो म्हणपाक लागलो, "ना, ना! चारूय वाटे सारकेच जावंक जाय."

रामहरीकाका मर्दीच आडुले, "कितें चल्लां रे? तुमी हांगा कित्याक म्हूण आयल्यात....... नुस्तें धरपाक काय चिबडां खावपाक?"

"काका, नुस्तें आमचे लागींच येना," हांवें म्हळें.

"कशें येतलें? अं! तुमी मनापासून नुस्तें धरतात? तुमी खेळटात! अक्कल नाशिल्लीं पोरां....... फकत दुसऱ्यालीं चिबडां चोरपाक आनी गोंदळ घालपाक! तुमकां लागून एक लेगीत नुस्तें म्हजे लागीं आयलें ना. कुंडो आनी आमटाण कालोवन हांवें कितलो बरो मसालो केल्लो हांयंसांखातीर."

- आनी अचकीत काका उलोवपाचे थांबले. नुस्तें मारपाचे कलेंतलो आपलो एक गूट आपणे सांगून उडयलो हें तांचे तकलेंत आयलें.

हांव पाचाच्या कानांत फुतफुतलो, "आतां आयच्यान मतींत दवर...... तांदळाचो कुंडो आनी मिश्रण हें नुस्तें धरपाक खूब बरें हायस!" काकान नकळटां हांयंस कसलें करपाचें आसता तें सांगून सोडलें.

हाबूलान उदकांतल्यान गरी भायर काडली आनी वाजेवन म्हणलें, "शे! अजूनमेरेन एकय नुस्तें फारावलें ना रे."

बार्शेलान फालतुपणान आमचे बडयेकडेन आनी गरयेकडेन पळयलें, "वा! वा! तुमचे शितारेचे दोरयेची लांबाय कितली आसा? ती उदकाचे खोलायेइतली आसूंक जाय. खोल उदकांतलें नुस्तें गरोवपाचें आसा. थंयचें उदक कितलें खोल आसा हाचो विचार नाकां करपाक? देड शाणे! मूर्ख खंयचेकडले! आनीक कितें म्हणप तुमकां?"

"उदकाची खोलाय? ती आमी केन्नांच मेजली ना." हांवें म्हळें.

रामहरी बार्शेलाचें पाशियेंस सोंपलें. ते तिरकसपणान उलयले, "पाणयाची खोलाय तुमी मेजीच नाशिल्ले. तुमकां फकत चिबडांच खांवप तितकें खबर आसा. उदकाची खोलाय मेजपाची आसत जाल्यार दोरयेक एक वजन बांदून ती उदकांत सोडात. ती कितलीमेरेन बुडटा ती पळयात, आनी थंय एक लाकडाचो कुडको बांदात. अशी मेजतात उदकाची खोलाय. कळ्ळें!"

ताणी सांगिल्लेंप्रमाण हांवें केलें आनी गंभीरपणान जाप दिली. "अडीज यार्ड - म्हणल्यार साडे स फूट."

म्हाका काकांचे हुशारकायेविशीं आदर दिसलो. रामहरी बार्शेलान आमकां मार्गदर्शन केल्लें. आतां नुस्त्याचीं भिरींची भिरीं आमचे गरयेभोवतणी जमतलीं असो म्हाका विश्वास दिसपाक लागलो.

थोडोवेळ आमी भुरगे ओगी बसलेउपरांत कुजूबुजू करपाक लागले. करतां करतां आमची वादावादी आनी मागीर मोटमोट्यान झगडीं सुरू जालीं, विशय फकत दोरयेची लांबाय. दर एकलो दुसऱ्याची चूक काडपाक उतावीळ जाल्लो.

पाचान म्हळें, "ती बडी म्हजेकडेन दियात. लाकडाचो कुडको हांव सारक्या जाग्यार बांदतां."

"तुकां कितें कळटा तातुंतलें दी, ती बडी म्हजेकडेन."सभाविकपणान हांवें म्हणलें.

"आतां मातसो ओगी रावशीत. आपणाक खूब व्हडलो बार्शेल समजता. न्हय रे हो?"

"पाचा, तोंड सांबाळ आं."

"तूंच सांबाळ तुजें तोंड."

आमी एकामेकाचेर अशे आड्डवपाक सुरवात केली.

रामहरीकाका गर्जले. " देवा, देवा!, कितें करपाचें आतां ह्या पोरांचें? म्हजीं सगळी तयारी, सगळे कश्ट फुकट गेले. चलात, तुमी सगळे चलूंक लागात पळोवया हांगासरल्यान. दुसरो जागो पळयात. वतात काय ना हांगासावन?"

आमकां काकान लागींलागीं धावंडावूनच कशे घाले. म्हणटकच आमी तांचेपरस मातशे पयस वचून गरोवपाक बसले. मदीं उंच तण वाडिल्ल्यान बार्शेलाक आमी सारके दिसनाशिल्ले. आमी ते सुवातेर बरोच वेळ गरयलें.

आमच्या मुखावयल्यान पोंय उपाट भरून वोतताली. पोंयेंतल्या उदकांत फुलां पडिल्लीं. हायासिंथाचे रोपेय पावसांतल्या उदकांत उफेताले. पोंयेचे पलतडी तालाचीं आनी कोंड्याचीं रानां आशिल्लीं. पावसान भिंजिल्ल्यान तीं सगळीं पांचवीचार आनी ताजी तट्तट्टीत दिसतालीं...... मळब आनी धर्तरी हांचेमदीं एकादलें पांचवे धारेसारकी दिसतालीं. उदकाचे कडेक बकीं भोंवतना दिसतालीं.

अचकीत आमकां चिडुल्ल्या आवाजांतली किळांच आयकूंक आयलीं. आमी सगळयांनी रामहरीकाकांचे दिकेन पळयलें. ताणी अचकीत शॉक आयिल्लेवरी उदकांतल्यान शितारी भायर काडली. ते पुटपुटले, "देवा सायबा! पळळो."

"रामहरीकाकांक सेर्त व्हडलें नुस्तें फारावलेंशें दिसता. चला पळोवया." हाबूलान म्हळें.

काकांकडल्यान आमकां समजलें, तांचे गरयेक खऱ्यांनीच एक व्हडलें नुस्तें लागिल्लें. पूण ताणी शितारी वयर ओडली तेन्ना तें नुस्तें गरयेसयत तांचाचो कुडको तोडून उदकांत पळ्ळें. हातांत तुटकी शितारी घेवन रामहरीकाका व्हन्याभाशेन पळयत उबे आशिल्ले.

काकाक बरीच तिडक आयिल्ली. ताणी सगळो दोश आमच्याच माथ्यार फोडलो. "तुमी म्हजो आख्खो दीस कुसयलो. तुमी त्या नुस्त्याक म्हजे गरयेकडेन येवपाक दिलें ना आनी म्हाकाय थंडसाणेन बसपाक दिलें ना. दनपारच्या तीन वरांसावन तुमी म्हाका त्रास दीत आसात. तुमी येतात तरी कित्याक हांगा नुस्तें गरोवपाक? तुमकां कितें तरी कळटा तातुंतलें? नुस्तें धरप हो पोरांचो खेळ न्हय! इतकें बरें नुस्तें मेळिल्लें म्हाका. पूण तें तुमकां

लागून गेलें. तांच तोडून घेवन पळ्ळें तें. आयज दीस सामकोच बरो गेलो ना. आता आनीक आनीक हांव बसना. फाल्याच्यान म्हजे म्हऱ्यांत येशात तर पळयात.''

रामहरीकाका ओगीच आमकां दोश दिताले. तांस तोडलो त्या नुस्त्यान पूण दोश मात आमकां? हाबूलान म्हज्या कानांत सांगलें, ''काकांचे शितारेचो तांस आदींच काडिल्लो .... म्हूण तांणी तो ओडीनाबरोबर तुटलो. आमी काय त्या नुस्त्याक शिकोवंक नाशिल्लें तांस तोडून वच म्हूण. निमणे काका थंयसावन तणतणत गेले.'' पूण ताचे उपरांत कितें घडलें तें तर आमच्या चिंतनाभायलें.

सुमार पंदरा मिनटां उपरांत, उदकाच्या शेळयाचे उजवे कडेक, एक लाकडाचो कुडको उफेतालो. तो उदकांत बुडटालो तसो मदींच वयर उफेतालो. हांवें तें हाबूलाक दाखयलें. उदकाच्या प्रवाहाची दिका उरफाटे वटेन आसुनय तो लाकडाचो कुडको जमनीचे दिकेन येतालो. त्या लाकडाच्या कुडक्याक कोण हे दिकेन ओडून हाडटालो?

हाबूलाना विचारले, ''शांतुदा, हो कितें प्रकार?''

म्हाका अचकीत दिसलें, तो लाकडाचो कुडको रामहरीकाकाचे शितारेक बांदिल्लो आसूंक जाय आनी तांचो गरो अजूनय त्या नुस्त्याच्या तोंडांत आसूंक जाय.

हांव उमेदी जालों. हय. कितें जालां आसतलें तें म्हजे तकलेंत आयलें. हांवें हाबूलाक म्हळें, ''रामहरीकाकांचे गरयेचें सुटून गेल्लें नुस्तें त्या लाकडासकयल आसतलें. तें खर्शेलां आसतलें तेखातीरच तें जमनीचे दिकेन येता आसतलें, चल, आता ताका आमी धरूया.''

हाबूलान म्हळें ''पाचा, तूं सामकींच भुरगेंपणा करता. त्या नुस्त्याकडेन झ़गडपाक जाय जाल्यार त्या नुस्त्याक पयलीं कपड्यान धापूंक जाय. .... तेखातीर तुजो वालो दी''

''सांबाळून आ! नुस्तें बरेंच मोटें आसा आनी मोट्या नुस्त्याक उदकापोंदा सैतानाइतलें बळगें आसता.''

आमी सगळे कामाक लागले. गरयेचो तांस मातसो ओडलो आनी आमकां उदकांतली नुस्त्याची धडपड कळून आयली. ते झटापटींत आमच्या आंगार खूब उदक शिपडलें. त्या चड मस्त्या नुस्त्यान म्हाका आनी हाबूलाक कांय फूट उदकांत ओडले. हाबूल आडुलो, ''तांस चड ओडूं नाका.. .... तो परतून तुट्टलो. नुस्तें खूब व्हडलें आसा........... सांबाळून.''

पंदरा मिनटां ते नुस्तें बरेंच झगडलें, धडपडलें. जाणी व्हडलीं व्हडलीं नुस्तीं धरल्यांत तांकां अशा वेळार नुस्त्यांक नमवप कितलें कठीण आसता तें खबर आसतलें. हें नुस्तें एखादलें उदकांत पोंदा वचत आनी हायासिंथच्या जंजाळासकयल लिपत असोय भंय दिसतालो. जर हे तरेन लिपत तर ताका परत धरूंक आमचेकडे जांवचें नाशिल्लें.

पूण ते नुस्तें खर्शेल्लें हें आमकांय कळटालें.ताका पुरो जाल्लें. ताच्या नाकान अडेज इंच लांबायेचो गरो शिरकल्ल्यान ताचेकडेन आनीक झगडप जायनाशिल्लें. अशे थकिल्लें नुस्तें सदां जमनीचे दिकेन पेंवत येता हें आमकां खबर आशिल्लें. पाचा बेगीबगीन फुडें गेलो........... त्या नुस्त्याक कपड्यान धांपलें. आमी सगळ्यांनी तें नुस्तें ओडून तडीक हाडलें. खऱ्यानीच खूब व्हडलें आशिल्लें नुस्तें! रोहू जातीचें. पांच शेर वजनाचें !

रामहरी बार्शेलाचें घर गांवांत भितर सरता थंयच आशिल्लें, काळोख जाल्लो. आमचे बार्शेलकाका हुक्को ओडीत बशिल्ले .... ते आपुणच आपल्याची समजूत घालताले जांव येत. आमी खोशयेन बोवाळ घालीत गांवांत गेले. आमकां पळोवन काकांक अजाप जालें. ताणी विचारलें, " मेळ्ळें तरी कितें तुमकां?"

आमी ह्याच प्रस्नाची वाट पळयताले. आमकां कितें मेळ्ळां तें दाखोवपाक आमी सामके उताविळे जाल्ले.

रामहरीकाका आपल्या करडाचें पाखें आशिल्ले खोपीचे पडवेवयल्यान सकयल देंवले. ताणी आमकां म्हणलें, "तुमी कसली शितारी व्हेल्ली? हांवें काय तुमकां व्हडली शितारी आनी व्हडलो गरो घेवन वतना पळोवंक ना."

हांवें म्हणले, "ही शितारी पळयात काका, खूब घट्ट आसा ही."

पूण सांगून सांगून लेगीत आमी बार्शेलकाकांक पटोवन दिवपाक शकलेना. आमचेकडेन दुबावान पळयत, अविश्वासान ताणी म्हणलें, "निमणे हें नुस्तें तुमच्याच नशिबांत आशिल्लें. नाजाल्यार हे गरयेन तुमी हे पांच शेर वजनाचें नुस्तें कशे धरतले आशिल्ले? हांव इतलें मन लावन गरोवपाक बशिल्लो......... आनी तुमी मजा म्हूण गरोवपाक आयिल्ले.........नशीब म्हूण तुमकां हें नुस्तें मेळ्ळें. हांवें सांगूंक ना, त्या नुस्त्याच्या नशीबांत आयजूच मरण बरयल्लें. नाजाल्यार इतली धाकली गरी आसुनूय तुमी ताका जमनीर ओडून हाडूंक पांवचेंच नाशिल्ले. "

आमी जिखले अशा थाटांत घरा आयले खरे पूण मनांत खंयतरी मातशी लजय दिसताली. म्हूण त्या नुस्त्याची व्हडली बोडकी आनी सुमार एक शेर इतल्या वजनाचे नुस्त्याचे कुडके आमी बार्शेल रामहरीच्या घरा धाडले - तांचो हक्क म्हूण.

◆ ◆

4.

मसाला भूत

दनपारचो वेळ आशिल्लो. बडा बाजार वाठारांतल्या मसाला बाजाराचे वेव्हार निकतेच सुरू जाल्ले. ढोलयो हजारी विश्वास आपणाल्या मसाल्याच्या पसऱ्यार सुशेगादीन बशिल्लो. ह्या दिसांनी बाजारांत मातशी मंदीच आशिल्ली. कितल्याश्या पसऱ्यांचेर तर मात्तूय गिरायक नाशिल्लेंच म्हणल्यार जाता. कलकत्त्याभायल्या गिरायकांची मात तितली गर्दी दिसताली.हजारीच्या पसऱ्यार गिरायक त्या मानान कमीच आशिल्लें. दाव्या हातान ताडाच्या पानाच्या पंख्यान वारो घेता घेता हजारी झेमूंक लागिल्ल्यान मदींमदीं फुडले वटेन झेलकतालो............ इतल्यांत कोणाचो तरी वळखीचो आवाज आयिल्ल्यान तो मातसो कांचवेलो. आरे विश्वास, विश्वास मोशाय दोन फावटी उलो मारून जतीन भद्रान आपल्या हातांतली बडी एका कोनशाक दवरली आनी तो मुखावयल्या रित्या स्टुलाचेर बसलो.

जतीन हो हजारी विश्वासाचेच पिरायेचो. दोगूय खूब पयलींचे इश्ट.भाग्यलक्ष्मी इतले दीस जतीनाचेर फुगून बशिल्ली. हालींच ताणे हजारीच्या सांगण्यान मसाल्याच्या बाजारांत दलाली सुरू केल्ली. त्या धंद्यांत चड-थोडे पयशे तो जोडटालो. जतीनान मारिल्लो उलो आयकून हजारी उमळशिकेन उठून उबो रावलो. एखाद्र्या फायदेशीर वेव्हाराची खबर मेळ्यारच जतीन आपणाकडेन येता, हें हजारीक बेसबरें खबर आशिल्लें, म्हूण तो जतीनाची बरीच सरबरसाय करतालो.

जतीनान म्हणलें, "हें पळय हजारी, फकत पसरो घालून गिरायकांचे आशेन रस्त्याकडेन दोळे लावन पळयत बसून कांय पयसो येना - झेम मात येता. तेखातीर मातशी हेवटेन-तेवटेनची खबर घेवंची पडटा... समजलें?"

"यो. यो, जतीन. बरो आसा न्हय? खूब दीस जाले जागूच ना. कसली खबर हाडल्या?"

"खबरूच दिवपाक तर आयलां बरीच. म्हायती पुंजावंची पडटा. हातार हात दवरून बसलो म्हूण पयशे मेळनात, समजलें? ह्यावेळार म्हाका कितलो वांटो दितलो तें उलय-हो जतीन भद्र उलयता चड पूण खबर हाडटा ती मात सामकी पक्की आसूं. आतां हांव सांगता तें सारकें लक्ष दिवन आयक!"

उपरांत जतीन हजारी म्हऱ्यांत बसून ल्हवू आपणे हाडिल्ली खबर सांगूंक लागलो. तो सुचयता त्या वेव्हारांत मोट्या फायद्याचो वास येतासो दिसून हजारी जतीनाचें म्हणणें इतलो मन लावन आयकूंक लागलो. अशे तरेन कि सत्यनारायणाची पोथीलेगीत लोक इतल्या एकचित्तान आयकना आसतले !

जतीनान हाडिल्ली खबर अशी - ग्रॅहम ट्रेडिंग कंपनीची एक व्हडली म्हालाची बोट एम. एस. रंगून हे इस्ट इंडिजातल्या एका बंदरातल्यान खूब म्हाल घेवन कलकत्त्याक येताली..ते बोटीर जो म्हाल आशिल्लो तातूंत मसाल्याचेच साक चड आशिल्ले. मिरसांगो, हळद, जिरें, तमालपत्र असो तरेकवार मसालो. दर एक साक अडेज मणापरस चड. असल्या शेंकड्यानी मसाल्याच्या साकांनी ती बोट उपाट भरिल्ली. बोट बंगालच्या उपसागरांतल्यान गंगेच्या पात्रांत भितर सरली. ते राती खूब धुंवट पडिल्लें. वेळ भरतेची आशिल्ली. गंगेच्या पात्रांत भितर सरिनाफुडें ती बोट धुंवटाकलागून तडीक आदळून न्हंयेंत बुडली. डायमंड हार्बर हुंपून बोट गंगेच्या पात्रांत भितर सरताली तेन्नां हो अपघात घडिल्लो.

बोटीच्या सारंगान खूब यत्न केलो पूण बाबडो हो अपघात टाळपाक शकलो ना. बोटीबरोबर कितलेशे लोकय उदकांत बुडून मेले. बोटींतलो चडसो म्हाल फुकट गेलो पूण मसाल्याचे साक मात उदकार उफेवंक लागले. मसाल्याची पोतीं तशीं सोपेपणान बुडत....... वा मसालो तितलोसो इबाडयना. ते साक अशे उदकार उफेतात ते पळोवन कलकत्ता पोर्ट कमिशनाच्या मनशांनी ते देगेर हाडले. फाल्यां सकाळी साडे आठांक त्या सगळया मसाल्याच्या साकांची पावणी करतले.

जतीनान जें सांगिल्लें तें शिटूक आनी धूर्त हजारी विश्वासाच्या चट् करून लक्षांत आयलें.कितल्याश्याच लोकांक नाडून, म्हालांत भेसळ करून तो आयज इतलो गब्बर जाल्लो. वेव्हाराची उलोवणी ताणे तेन्नाच सा केलीं.

वतां आसतना जतीनान परत एक फावट हजारीक चत्राय दिली. पळय बाबा, पयसो मेळोवपाचो आसा जाल्यार ही संद हातची सोडू नाका. म्हाल तुका सामको सवाय मेळटलो. फाल्यां सकाळी साडे आठांक पावणी. हांव सकाळी सात वरांचेरूच येवन तुका घेवन वतां.

दुसरे दिसा सकाळीं जतीन सात वरांचेर येवन हजारीक खिदिरपुराक घेवन गेलो. पावणेचे सुवातेर पावतकच तांकां लोकांचो आवाज आयकुंपाक आयलो. जतीन फुडे फुडें चलतालो ताचे फाटोफाट हजारी आपलो धोलारो सांबाळीत धांवतालो. एदी व्हड संद ताका हातची वगडावपाची नाशिल्ली.हजारीन जतीनाक ज्या साकांची पावणी जावपाची आसा ते

मेजपाक धाडलो आनी आपणे पावणी करतल्या सायबामुखार वचून ताका सलाम केलो.सायबाच्या कानांत कितें तरी दोन मिनटां फुतफुतलो आनी धांवत वचून पावणेची बोली बंद केली.

जतीनान विचारलें, "कितें रे हजारी, जमयलें मरे सगळें?"

हजारी खरशेत खरशेत उलयलो, "तें मागीर सांगतां. काम जालें. आतां मेरेन कितले साक मेजले?"

"शंबर साक मेजून जाले."

खरें तर, एकार एक उंच उंच अशे ते दाळून दवरिल्ले साक पळोवन हजारीचे दोळे न्हिवले. वा! अशी संद जिवितांत फकत एकदांच येता! आतां हे सगळे साक आपणाल्या गुदावांत व्हरून दवरले म्हणटकच हजारीक सू जातलें. आतां कळाव करून उपेग नाशिल्लो. हजारीन बेगीबेगीन जतीनांक उलो मारून सांगलें, "हें पळय भाऊ, शुभकामांक वगत कित्याक? आतां लॉरी आपोवन हे सगळे साक गुदावांकडेन धाड. तोमेरेन हांव मुखार वतां."

सगळो म्हाल एके खेपेन लॉरीकडेन व्हरप जमलेंना. दुसरे खेपे थरिल्ले साक लॉरींत भरून जतीन गुदावावटेन गेलो तेन्नां सांजवेळचीं चार वरां जाल्लीं. पळे जाल्यार सगळे साक हेवटेन तेवटने उडयल्ले.मसाल्याचे साक हजारीच्या पसऱ्यामुखार फुटपाथार राशीक उडयल्ले. ते गुदावांत व्हरून दवरूपाक फकत तीन मानांय दवरिल्ले. चारूय वट्या लोकांची खेट जाल्ली. हेवटेन पुलिस फाटीक लागिल्ले, "जल्दी माल उठावो,!" हजारी फकत आडुतालो जसो कितें तो म्हाल सारको लावंकच शकनाशिल्लो.

हो सगळो गोंदळ चल्ला तो पळोवन जतीन खासा आपूण कामांक लागलो. जीव मारून काम करून ताणे सांजवेळे भितर सगळे साक गुदावांत पावयले. उपरांत सगळे साक लागीं लागीं मांडून पळयले पूण तशें मांडल्यार गुदावांत सगळे साक पावचे नाशिल्ले. मागीर साक एकार एक दवरले. गुदावांक वयर तेंकतासर दवरचे पडले. दरेक साक घुमटासारको फुगिल्लो. म्हणटगच चड जागो लागतलोच. अशे तरेन साक गुदावांत भरून, घामाघूम जावन जतीन आनी हजारी घरा पावले तेन्नां रातचीं धा वरां जाल्ली. ते राती हजारीच्या नोकरान सदचे भशेन गुदावांक कुलूप लायले आनी तो गुदावा भायरूच न्हिदलो.

फांतोड जावचे आदीं मसालाच्या गुदावांतल्यान कितें तरी आवाज आयकूंक येवंक लागिल्ल्यान आशिकुशिच्या पसरकारांची न्हीद मोडली. चोर आसूंक जाय अशें समजून ताणी हजारीच्या नोकराक उठयलो ताणे बेगीबेगीन गॅसीचो दिवो पेटयलो आनी तो बारीकसाणेन

हेवटेन तेवटेन नियाळूंक लागलो. पूण चोर गुदावांत वतलोच कसो ? गुदावाच्या दाराक तर कुलूप आसा. ते सारकें बरें दिसता. कांय वेळान परतून दूम - दूम अशे आवाज आयले. सगळयांनी कान फुलयले. हे आवाज हजारीच्या मसाल्याच्या गुदावातल्यानच येता अशेंच सगळयांचें मत जालें. पूण गुदावाचीं दारां–जनेलां तर बंद आशिल्लीं. भायल्यान बरें व्हडलें खंडेगाळ कुलूप लायिल्लें. अजाप! चोर भितर गेलो तरी कसो? आनी जर भितर चोर–बीर कोण ना जाल्यार मागीर हे आवाज कोण करता? मदीं मदीं अशें दिसतालें जशे कांय जाण गुदावातल्यान भायर वचपाक भितरल्यान दारार मारतात! फांतोडेचे पयलीचो थोडो वेळ अशे तरेन भितल्ले आवाज आयकूंपातूच गेलो. ते परस अजापाची गजाल म्हणल्यार, सकाळ जायनाफुडें गुदावाचे भितरल्यान येवपी आवाजूय ल्हवू ल्हवू बंद जाले. ते रातची घडणूक इतल्यार सोपली.

दुसरे दिसा सकाळीं मसाल्याच्या बाजारांत सगळेकडेन नेटान खबर पातळ्ळी - हजारीच्या मसाल्याच्या गुदांवांत एक भिरांकूळ खबर घडल्या. सगळो म्हाल चोरांनी चोरला. खरे तर जे घडूंकूंच ना तें धा पटींनी चड वाडोवन लोक एकामेकांक सांगूंक लागले.

ह्यो गजाली हजारीच्या कानांर पडल्यो. तो धांवत धांवत गुदावाकडेन आयलो. ताणे कुलूप उघडून भितर पळयलें....... सगळे साक तर मांडिल्ले तशेच आसा. एकय साक चोरयेक वचूंक ना! मागीर हो कितें प्रकार? कांय न्हय. ताणे मनांत म्हटलें. आपले हे मसाल्याचे साक पळोवन जांका दुस्वास दिसला ताणीच ही बदमासपणा केल्यांत आसतली. ताणीच मजा पळोवपाखातीर चोरयेची फट खबर पातळ्ळया आसतली.

पूण हजारीच्या नोकरान हरेनान लेगीत ताका म्हणले, "राती गुदावांतल्यान भिरांकूळ आवाज येताले ते कितें?"

त्या आवाजाचो गूट हजारीलेगीत उगतो करूंक शकलो ना.

समजा चोर आयिल्लोच जाल्यार तो कांय उलय नासतना फकत आवाज करून गेलो. हो कितें प्रकार? हजारीक भंय दाखोवपाखातीरूच हजारीच्या दुस्मानांनी हो प्रकार केलो काय? कोणाकडेन हे गजालीचेर आनी उलवपूच ना अशे हजारीन थारायलें. आयज घरा वचनासतना आपणेच गुदांवाचेर पाळत दवरप असो विचार करून तो थंयच रावलो.

राती न्हिदचेपयलीं हजारी आपल्या नोकरावांगडा गुदावं उगडून भितर गेलो आनी ताणी दरेक साक नियाळ्ळो. उपरांत जनेलां भितरल्यान उगती दवरली. दारांक भायल्यान एक न्हय हॉब्ज कंपनीची चार लिवरांची बरीं दोन घटशीं कुलूपां लायलीं. हजारी नोकराकडेन गजाली मारून गुदावां मुखारूच सुस्त न्हिदलो. मध्यानरात जाल्ली.

रात उलगतासतना खंयच्या तरी आवाजान हजारीची न्हीद म्होडली. हरी नोकर त्या आदींच आवाजान जागो जाल्लो. आदल्या रातीच्या प्रकाराचो ताका बेसबरो उगडास आसलो. देखून तो कांयच उलय नासतना ओग्गी न्हिदून रावलो पूण थोड्या वेळान परतून आवाज येवंक लागले. कसले आवाज आशिल्ले ते? धपास - धपास - दूम - दूम-दूम-दूम-दाम! गुदांवांत भितरले साक एकामेकांचेर नेटान आदळटाले! जशे कितें दैत्य-दानवांची एकामेकां लागीं लडाय चालू आशिल्ली!

आतां मात हजारी आनी हरी धडपडत उठले आनी दिवो पेटोवन कुलूप सारकें लायिल्लें आसा काय ना तें पळोवपाक लागले. दोनूय कुलूपां बंदच आशिल्ली. हजारीन जनेलाचे खांचीतल्यान भितर पळयलें. पळय जाल्यार दोन व्हडले साक भितल्ल्यान गुदांवाच्या दाराक धपाटो दिताले. हे साक जिते जाले काय? काय ताच्या पळोवपांत कांय चूक जाली? काय न्हीद सारकी जावंक नाशिल्ल्यान आनी हुसक्यान तकली सारकी ना? हजारीन दोळे धांपून घेतले.

हजारीन दोळे उगडले, तेन्नां सकाळचीं किर्णां दारां-जनेलांनच्या वारांवातल्यान गुदांवांत पातळटालीं आनी भितल्लें चित्र सारकें निवळ दिसतालें. वांगडा आवाज-बिवाज सामकेच बंद जाल्ले.

हरीन म्हळें, "बाबू, त्या दिसांय हांवें पळयलां, सकाळ जातकच आवाज बंद जाता."

हजारीन आनीक वासपूस करी नासतना कुलूप उगडून भितर पळयलें. खंयच कांयच नाशिल्लें. साक आशिल्ले तशेच आसात पूण कालचे परस मातशे वेगळें म्हणल्यार साकाची आदी केल्ली मांडणी तशी आयज दिस नाशिल्ली. दरेक साक आपल्या जाग्यांवयल्यान हालिल्लो. कांय सांक उबे आशिल्ले ते आडवे जाल्ले. विशेश म्हणल्यार फाटलेवटेनचे साक सामकेच आडवे-तिडवे जाल्ले.

हजारी मोट्या हुस्क्यांत पडलो. हो जर चोरूच तर तो आवाज कित्याक करतलो? आनी भितर सरतलो कसो? जनेलांक गच्च वारांव आसात.... तातूंतल्यान मनीस भितर सरप शक्यूच ना आनी चोर भायर वतलो तरी कसो ? अशक्यूच! मागीर कितें? बोटींत मेल्ली मनशां आतां भूत जावन त्या मसाल्याच्या साकांत वचून बशिल्लीं?

दोन राती हेचतरेन गेल्यो. आयज तिसरी रात. हजारीचो हुस्को खूबच वाडलो. हो प्रकार खरो आसा तरी कितें हाचो सोद लावंकूच जाय आशिल्लो. आनीक दोन मानांय सांगाताक घेवन तो रातचो गुदांवांभायर राखीत बसलो.गुन्यांवकार कोणूय आसूं, तो जर

सांपडलो जाल्यार हजारी ताका सोडपाचो ना. रातचो जागोच उरचो म्हूण ताणे दिसाची खूब न्हीद काडिल्ली. टण् – टण् – टण्– लागींच्या घरांतल्यान फातोडचीं चार वरां जाल्ल्याचे ठोके आयकूंक आयले. हजारी मात्तूय न्हिदूं नाशिल्लो. सामको दोळ्यांत तेल घालून राखतालो. शे ! खंयच कांयच ना पूण अचकीत हो कसलो प्रकार? शेंकड्यांनी लोक व्हडान स्वास घेवन एकाच वेळार उस्वास सोडून जसो आवाज येता तसो वादळी वाऱ्यासारको आवाज आयकूंक आयलो.

हजारी उडकी मारून उठलो आनी ताणे दिवो पेटयलो. दाराचकडेन न्हिदिल्ल्यां दोगांक उठोवन ताणे तांकां म्हळें, "तुमी बेगीन गुदांवांच्या फाटलेवटेन वचून पळयात.... चोरांनी तर भुयार बीन खणलां जाल्यार?"

हजारीन गुदांवांचें दार उगडलें. खंयचें भुंयार आनी खंयचे चोर! सगळे साक आपलो जागो सोडून एके रांकेन उबे रावपाक लागले.

हरीन भियेल्ल्या सुरान म्हळें, "बाबू, मातशे हांगा पळयात न्हय?"

हजारीन दोळे ताणशीत म्हळें, "आं ? हें कितें? म्हजे मसाल्याचे साक नाचतात."

दुसऱ्या दोगजाण नोकरांचे तर हात-पांय भंयान लडलडपाक लागले. इतल्यांत एक अजापाची घडणूक घडली. सगळे साक एका फाटल्यान एक ठक-ठक करीत गुदावांतल्यान भायर सरले. सैंधव मीठ-पादीलोणाचो साक तर सगळयांच्या मुखार वचून थेट गंगेचे दिकेन धावूंक लागलो. हेर सगळे साक उबे जावन फुटपाथावयल्यान धिनीक धिनीक करून नाचत, मुखार उडक्यो मारीत, परेड करीत स्ट्रँड रोडावयले ट्रेनीचे रूळ हुंपून चलूंक लागले. पावणेंतल्यान हाडिल्ले साक फुडें आनी तांचे फाटल्यान गुदेंवांतले बाकीचे साक एके रांकेन चलताले. अशे तरेन हजारीलो गुदांव पुराय रितो जालो.

रात सोंपत येताली. मळब कुपांनी भरून आयिल्लें. गंगेच्या उदकार हय-न्हंयशें चान्नें शिंवरिल्लें. हजारी विश्वास एकलोच उबो आशिल्लो. हें सत काय सपन? अजापान आनी सूद विसरून तो फकत तोंड आ करून हो प्रकार पळयतालो. व्हडल्यान आड्डून लोकांक आपोवया म्हणपाकय ताचे कुडींत त्राण ना जाल्ले.

रांकेत वचपी मसाल्याचे साक गंगेचे देगेर पावले आनी गंगेच्या उंचेल्या घाटावयल्यान धपधप करुन गंगेच्या उदकांत उडक्यो मारून बुडपाक लागले. एका फाटल्यान एक एक करीत सगळे साक गंगेंत उडक्यो मारूंक लागले. ह्यावेळार लेगीत पावणेतले साक पयलीं उदकांत बुडले आनी उपरांत गुदांवांतले बाकीचे साक बुडले.

एके रातीन आशिल्ल्याचें नाशिल्लें जालें.

ही घडणूक आयकतच हजारीच्या शेजारचे पसरकार सामके विद्वानावरी जावन, मान हालयत म्हणूंक लागले, "हॉ! हॉ! हें आमकां पयलींच खबर आशिल्लें. अपशकूनी उमाशेचे राती ती बोट बुडिल्ली आनी तो म्हाल त्या कंजूस हजारीन विश्वासान विकतो घेतलो! नशीब, आमी त्या वेव्हारांत पडले ना. आमी तो म्हाल घेतिल्लो जाल्यार आमचीय अशीच दशा जातली आशिल्ली!"

♦ ♦

5.

वामाचरणाचें नशीब उगडलें

वामाचरण जल्मलो तेन्ना नाकीपुराच्या जदू चक्रवर्तींनी ताचें भविश्य सांगिल्लें, "हो भुरगो एक दीस राजा जातलो."

जदूबाबू त्या वाठारांतले एक प्रतिष्ठित ज्योतिशी आशिल्ले. लोकांक तांचे भविश्यवाणीचेर विश्वास आशिल्लो, आदर आशिल्लो पूण कितलींशी वर्सां उलगलीं, वामाचरण राजा जावपाचो सोडच राजाचो दरबान जावपाचीय शक्यताय दिसली ना!

आपल्या भुरगेपणांत वामाचरण आपल्या मामागेर रावतालो. सवे यत्तेंत नापास जातकच ताणे शाळा सोडली. त्याच वर्गांत म्हजेपरस ल्हान भुरग्यांवांगडा बसपाक म्हाका लज दिसता अशें तो नापास जावनूय मोट्या नेटान म्हणटालो. त्याच वर्गांत परतून बसप आपले मान-मर्यादेक सोबना अशें ताका दिसतालें.

ही जाली ताचे शाळेच्या शिक्षणाची काणी. पूण ताच्या मामाक वामाचरणाचे मान-सन्मानाचें कांयच पडूंक नाशिल्लें. ताणी वामाचरणाक सरळ सांगिल्लें, "तुकां जर शिकपाचें ना तर आमगेर रावून सद्दां दोनदां परात परातभर शीत गिळपाक रावप कित्याक? तूं आपलो तुज्या स्वत:च्या घरा वच."

म्हणटकच तो आपल्या घरा परत आयलो. तेन्ना तो सुमार पंदरा वर्सांचे पिरायेचो आशिल्लो. ताचो गांव म्हणल्यार बंगालांतलो एक आडगांव आशिल्लो आनी थंय रावून काय कोणाक बरी नोकरी मेळची नाशिल्ली.

इतले मजगतीं, ताचो एक भावोजी तांगेर कांय दीस रावपाक आयलो. तो रेल्वे खात्यांत अधिकारी म्हूण कामांक आशिल्लो. ताणे वामचरणाक रेल्वे स्टेशनार टेलेग्राफ ऑपरेटर म्हूण नोकरी मेळोवपाक टेलेग्राफी शिकपाक सांगलें. तारेवरवीं संदेश धाडपाच्या उपकरणाचो संच आनी टेलेग्राफीक कोड कशे शिकचे हाचेसंबंदी म्हायती दिवपी पुस्तिका लेगीत ताणे वामाचरणाक धाडली.

आतां वामाचरण आपली नुरा गंभीर दवरून वावरूंक लागलो. आपल्या पिरायेच्या भुरग्यांवांगडा आपणे इश्टागतीचें नातें दवरलें जाल्यार हे भुरगे आपणाक मान दिवंचे नात असो भंय ताका दिसपाक लागलो. म्हूण तो जाणकार मनशासारको झेत हाडून भोवपाक लागलो. इतलेंच न्हय तर भुरग्यांनी ह्या संवसारांत कशें वागचें तेविशीं तांकां उपदेश करपाक लागलो.

देखीक, एकदां खुबशीं भुरगीं वामाचरणाल्या आंगणांत आशिल्ल्या आतेराच्या झाडार चडून बोवाळ घालतालीं. वामाचरण कडक नुरेन तांच्या म्हऱ्यांत गेलो आनी ताणे भुरग्यांक सकयल देंवपाक फर्मायलें.

तांकां बरेच तापयले. "आतेरां तोडपाक तुमी तुमचो वेळ फुकट वगडायतात. घरा पोटभर खावपाक मेळना तुमकां? चलूंक लागात हांगांसावन! पोटाखातीर कितेंयतरी कश्ट करून जोडशात जाल्यार तुमचें आनी तुमच्या घराचेंय कल्याण जातलें."

वामाचरणाचें हें उलोवणें भुरग्यांच्या मनाक लागलें. ती भुरगीं गरीब घराब्यांतलीं हें गांवांत सगळयांक खबर आसलें. वामाचरणाचीं तापोवणी तांकां लागलीं म्हूण ती खेळ थांबोवन सगळींजाणां मोन्यांनी घरा परतलीं.

ह्याच अदमासाक ताच्या भोवाजीन ताका टेलिग्राफीक कोडाची संवकळ करपाक उपकरण दिल्लें.

वामाचरण आपल्या घराचे अस्तंत दिकेवटेनचे कुडींत बसून दिसभर तें उपकरण चलोवपाची संवकळ करीत आसतालो. गांवची भुरगीं अजापान ताका पळयतालीं. पावस आसूं वा वत आसूं; शीं आसूं वा उबाळ – वामाचरणची येसाय चालूच आसतालो. केदी चिकाटी आशिल्ली ताच्या आंगांत! महाभारतकाळांत गुरू द्रोणाचार्या कडल्यान धनुर्विद्या शिकतना अर्जुनानलेगीत येदी चिकाटी दाखोवंक ना जातली! हय. ताणे त्या लाकडी सवण्याच्या दोळयाचो बाणान सारको तीर सादला आसतलो; पूण चिकाटेचे बाबतींत तो वामाचरणाचो काय हात धरूंक शकचोच ना. कांय वर्सां टेलिग्राफीक कोडाचो सराव केल्याउपरांत ताणे रेल्वेच्या ऑफिसांत अर्ज केले पूण नोकरी मेळोवपांत ताका यश मेळ्ळें ना. तरीय, आपले पिरायेच्या भुरग्यांमुखार तो नेट मारूंक लागलो, "तुमकां खबर आसा, ईस्ट इंडियन रेल्वेच्या खूद्द आय.टी. सायबान म्हज्या अर्जाक जाप दिल्या. पळयात, हांगा तांची सय आसा."

एकल्या भुरग्यान ताका आदरान विचारले, "वामाचरणदादा, कितें बरयलां त्या पत्रांत?"

ताणी बरयलां, सद्याक तांच्या ऑफिसांत शिर्विसो नात. –नो व्हेकन्सी! म्हाका काय रोखडीच शिर्विस मेळची ना, पूण व्हेकन्सी जाली काय ते म्हाका कळयतले. एक मिनीट राव आं...... "

उपरांत ताणे खणांतल्यान एक सर्वीस एनव्हलप काडलो. तातूंत कागदाची एक ल्हानशी चपटी आशिल्ली. ताचेर कितेंतरी टायप केल्लें. वामाचरणान ती चपटी त्या भुरग्याच्या तकलेवयर धरली आनी विचारलें, "दिसता न्हय तुकां?"

पूण फुडें ताचें कांयच जालें ना. कितलेशेच म्हयने सोपले पूण वामाचरणाक टी. आय.चें पत्र काय आयलें ना.

पूण दरेका कुपाक एक रुपयाळी देग आसता. कोणेच चिंतनासतना वामाचरणाच्या

जिविताक एक वेगळेंच मोडण मेळळें. वामाचरणाचो बापूय त्या काळच्या फौजदारी कचेरेंत (कोर्टांत) नाझर आशिल्ले. ते मेहेरपूरच्या कोर्टांत नोकरी करताले. तेन्ना मिस्टर बॉमपास जॉइंट थंय सचीव आशिल्ले. नाझराकडेन तांचे बरे संबंद आशिल्ले.

वामाचरणाचे बापूय रिटायर जाल्ले. फाटल्या खूब तेंपासावन तांकां पेन्शन मेळटालें. ते आपल्या व्हडल्या दिवाणखान्यांत बसताले आनी आपले भोंवतणी बशिल्ल्या आपल्या पिरायेच्या गांवकऱ्यांक सरकारी नोकरेंतल्यो आपल्यो यादी सांगताले, "तुमकां खबर आसा, त्या बॉमपास सायबांक ट्रेझरीचें सगळें काम हांवें शिकयल्लें. सायब तेन्ना तरणाटे आनी त्याच दिसांनी विलायतेंतल्यान हांगां आयिल्ले. ट्रेझरीचो हिशेब दवरुपाचें काम म्हणल्यार तांच्या जिवार येतालें. गांजा आनी भांग हांचें वजन आनी विक्री हांचो हिशोब दवरप हें आपलें काम अशें म्हाका दिसना, नाझर! अशेंच ते सदां म्हणटाले. मागीर हांव तांची कशी तरी समजूत घालून ताका मातसो थंड करी."

त्या गांवगिऱ्या वाठारांत वामाचरणाचे बापूय हे एकलेच सरकारी कर्मचारी आशिल्ले. दर एकलो तांचें म्हणणें सामकें लक्ष दिवन आयकताले. पेन्शनर जावन आतां तांकां पंचवीस वर्सां जाल्लीं. वामाचरण इकूणीस वर्सांचो जाल्लो तेन्ना ताच्या बापायन सप्तकी हितवादींत बातमी वाचली, रेव्हेन्यू बोर्डाचे सदस्य म्हूण बॉमपास सायबांची कलकत्याच्या रायटर्स बिल्डींगेतले कचेरेंत नेमणूक जाल्ली.

ते बॉमपास सायबांक मेळपाक लागून कलकत्याक गेले. मिस्टर बॉमपास आता पन्नाशीकडेन पाविल्ले. वामाचरणाच्या बापायक पळोवन तांकां खूब खोशी जाली. ताणी विचारले, "नाझर, हांव तुमचेखातीर कितें करूं?"

सायबान थंयचे थंयच वामाचरणाक नोकरी दिली. –खुलनाच्या सर्व्हे कॅम्पात वामाचरणान एका सप्तकाभितर नोकरेक रुजू जावपाचें. थंय सर्व्हेयर भूमापनाचें काम करताले. वामाचरणाच्या बापायन मोटे उमेदीन ही खबर गांवकऱ्यांक सांगली. एक व्हडलें काम जाल्ल्यान ताणी सत्यनारायणाची पुजाय घाली.

भितरले कुडींत शेजारी सत्यनारायणाचो प्रसाद घेत आसतना वामाचरणाचे बापूय दिवाणखान्यांत बसून आपल्या बॉमपास सायबांकडें जाल्ले भेटीचें वर्णन करताले. सायबान म्हणलें, "नाझर, तुमचो चलो मॅट्रीक पास जाल्लो जाल्यार हांव ताका सब-डेप्युटी करतलों आसलों!"

वामाचरण खुलनाक सर्व्हे कॅम्पार रुजू जावपाक गेलो. ताचे आवयन आग्रो धरिल्लो इतले लांबचे सुवातेर आपल्या एकल्या एकसुऱ्या भुरग्यान एकल्यान वचूं नये, म्हूण वामाचरणाचे बापूयय ताचेवांगडा गेले.

परत एकदां नशिबान दाव फसलो. खुलना कॅम्पांत सुमार दोन म्हयने काम केल्याउपरांत

वामाचरण आपल्या बापायवांगडा घरा परतलो. ताणे थंयचे नोकरेचो राजिनामो दिल्लो. खुलना कॅम्पावयलें जिवीत खुबूच दगदगीचें जाल्लें. थंयचें न्हंयचें उदक खार आशिल्लें. सुंदरबनाचें भिरांकूळ जंगल लागींच आशिल्लें. रातीवेळार थंयच्यान सोरोप भायर सरताले. आनी थंय रावप्यांक रानांतल्यान सरपण हाडून स्वत:चें जेवण स्वत:च करचे पडटालें. वामाचरणा सारकेलो पोर थंय आनी कसो रावतलो?

वामाचरणाच्या बापायन "हातूंत हुस्को करपासारकें कांयच ना" अशें सगळयांक नेटान सांगलें, "हांव परतून एक फावट बॉमपास सायबांक मेळून पुताखातीर दुसरी नोकरी मागून घेतां " अशें ताणी म्हणलें. पूण वामाचरणान आपल्याक कांयच कळय नासतना राजिनामो दिलो म्हूण सायब तिडकल्ले. वामाचरणाचे बापूय तांका मेळपाक गेले तेन्ना सायबांच्या शिपायान तांकां सांगलें, " सायब कामात आसा. तांकां कोणाकच मेळपाची फुरसद ना."

वामाचरणाच्या बापायन ही अपेक्षा करू नाशिल्ली. ते सामके विरूस जावन घरा आयले आनी त्या धक्क्यानूच ते गेले.

पूण काळ काय कोणाखातीर रावना. सगळयांसारकी वामाचरणाचीय पिराय वाडत आशिल्ली. बापूय जितो आसतनाच ताचें लग्न जाल्लें आनी आतां तीन भुरगीं वाडोवपाचीं जापसालदारकी ताचेर येवन पडिल्ली.

ज्या भुरग्यांक वामाचरण पयलीं नेटान उपदेस करतालो, तातुंतले कांय जाण बरें शिक्षण घेवन नोकरेक लागिल्ले. वामाचरणाच्या बापायच्या पेन्शनाक लागून कुटूंबाची उपासमार अशी तशी थांबिल्ली; पूण आतां सगळयाच कुटूंबाची जापसालदारकी आपल्या एकल्याच्या खांदार येवन पडिल्ल्यान वामाचरणाक खूब वायट दिसतालें. ताका आपलीं तीन भुरगीं, विधवा भयणीचीं तीन भुरगीं आनी आपली आवय अशा सगळयांकच पोसपाचीं आशिल्ल्यान ताका हुसको जाल्लो. निरशेल्ले अवस्थेंत वामाचरण दिसभर न्हंयेदेगेवयल्या एका झाडाचे सावळेंत आपल्या नशिबाचो विचार करीत बशिल्लो. न्हंयेन धपको दिवन देगेचो थोडो भाग उडयिल्लो. वामाचरण सदां दनपरां थंय वचून बसतालो. आतां सांज जायत आयिल्ली. न्हंयेच्या उदकार नाचपी हायसिंथ वनस्पतीचीं फुलां ताका दिसतालीं. ही घडये हुंवाराकलागून येवपी भरती आसतली.

अस्तमतेक वचपी सुर्याच्या किरणांक लागून झाडांचे शेंडे तांबडे दिसताले. ती सुवात निर्मनुष्य आनी गांवांपासून सुमार देड मैलांचेर, न्हंयेच्या तोंडाकडेन आशिल्ली. वामाचरण सदांच हांगां नुस्तें गरोवपाक येतालो.

कितलेशेच दीस तो चिंतेस्त आशिल्लो. आपूण स्वत: जावन ताणे खुलना कॅम्पातले

नोकरेचो राजिनामो दिल्लो....... ताका कितलीं वर्सां जालीं...... चवदा काय पंदरा? आपणे राजिनामो दिलो तें बरें केलें? अशें चिंतता चिंतता अचकीत ताची नदर वयले वटेन गेली. ताका कितेंतरी नवी आनी वेगळीच गजाल दिश्टी पडली. कितें काय तें?

न्हंयेकडली वयली वट खूब उंचायेर आशिल्ली. उबी चडटी पन्नास फूट उंचायेर ती सुवात आशिल्ली. घडये गेल्या कांय दिसांनी थंयची माती व्हांवून गेल्ली आसूंक जाय. थंय एका हांड्याचें तोंड दिसतालें. अर्दे हांडो अजुनय मातयेपोंदाच पुरून उरिल्लो. वामाचरणाक अचकीत जाणट्यांकडल्यान आयकल्ल्यो गजाली याद जाल्यो. ते सुवातेर, खूब वर्सांपयलीं खंय हो गांव गवळी लोकांचो गिरेस्त गांव आशिल्लो. ही गजाल गांवकाऱ्यांक खबर आशिल्ली. वामाचरणान तो हांडो बारकायेन पळयलो. तो व्हडलो आनी खूब खोल पुरिल्लो आसूंक जाय अशें ताका दिसलें. पुर्विल्ल्या काळार लोक आपली धन-संपत अशीच रांजणांत घालून जमनीपोंदा पुरून दवरताले. वा! हो हांडो सेर्त रुप्याच्या नाण्यानी उपाट भरिल्लो आसूंक जाय!

वामाचरणान चोरयां हेवटेन तेवटेन पळयलें. आशी-कुशीक कोण नाशिल्लो. ती सुवात निर्जन आनी गांवापासून पयस आशिल्ली. देखून कोणूय चुकून थंय पावतालो. म्हूण तो हांडो चुकून कोणाचेच नदरेक पडला आसत आनी जर थंय कोणूय पावला आसतच तर कोणूय थोडे मनीस पावल्या आसतले.

ताका दिसलें, न्हंयेंत नुस्तें धरपी खारव्यांनी तो हांडो पळयला आसतलो. पूण न्हंयचें वोल्त मातशें धोक्याचें आशिल्ल्यान खारपी थंय पावनाशिल्ले. ते कदमतोला (कदंबाच्या झाडालागचें मोड्ण) मेरेन वच; पूण चातकोलामेरेन येनाशिल्ले.

वामाचरण उठलो आनी ताणे आपली गरी उखल्ली. आपल्याक कोणे ते सुवातेर पळोवंचे न्हय अशें ताका दिसलें.

घरा वतकच शांतपणान ताणे हे गजालीचेर चिंतलें. आतां हांवें कितें करूंक जाय? खरें म्हणल्यार तो रांजण तेच राती घरा व्हरपाक जाय. पूण हें काम ताका एकल्याक करपाक जमतलें आसलें ? एकल्यानूच न्हंयचे देगेर त्या चडावार वचप आनी एकल्यानूच तो जमनींतल्यान खणून भायर काडप हें काम जोखमीचें. तो हांडो घडये फुटून न्हंयेंत पडूंक शकतालो........ मागीर तो ताच्या हातसून निसरूंक शकतालो........ तो एकतर न्हंयेच्या प्रवाहांत व्हांवून वचूंक शकतालो वा न्हंयेच्या तळाक वचून बसूंक शकतालो. ना, निसणीर चडून तरी त्या हांड्या मेरेन पावुंकूच जाय आनी मागीर तो हांडो जतनायेन जमनींतल्यान खणून भायर काडपाक जाय. हें काम सफळ करपाक दोग जाण तरी जायच. एकलो निसण घट धरपाक आनी दुसरो, तो खजिनो सकयल हाडपाक.

वामाचरण सबंद सांजवेळभर अस्वस्थ आशिल्लो. निमणे ताणे आपल्या व्हडल्या पुताक वांगडा व्हरपाचें थारायलें. निताई फकत बारा वर्सांचो आशिल्लो. तो गांवचे शाळेंत शिकतालो आनी फुटबॉल तशेंच कबड्डी ह्या खेळांत कुशळ आशिल्लो. तो घट काळजाचो आनी धाडशी भुरगो आशिल्लो. वामाचरणान निताईक आपणावांगडा रातचो एका कामाखातीर वचपाक आपयलो. तशेंच 'ही गजाल आईक सांगप ना' अशेंय फर्मायलें.

बापूय-पूत दोगूय न्हंयेकडल्या त्या झाडापोंदा मध्यानराती उपरांत पावले. ताणी आपणावांगडा एक निसण, एक कुदळ आनी एक घट राजू घेतलो.

निताईक आपल्या काळजाचे ठोके मेजपाक येवंक लागले. आपल्या बापायन आपणाक हांगां कित्याक हाडला हाची मातपसून खबर ताका नाशिल्ली. केन्नाकेन्नाय खारवी व्हडलीं नुस्तीं न्हंयेच्या उदकांत कोंड्याच्या जाळांत दवरताले. तें नुस्तें चोरपाक बाबान आपल्याक वांगडा हाडला आसूं येता असो ताचो अदमास आशिल्लो. पूण ही निसण कित्याखातीर?

ते जेन्ना ते सुवातेर पावले तेन्ना मात निताईक अजाप दिसलें. तो आपल्या बापायक म्हणपाक लागलो "बा, हें तर चातकोलाचें मोड्‌ण! खारवी लोक नुस्तें धरपाक इतले पयस जाळ घालतात?"

वामाचरणाक चडटेर पावपाक बरीच कसरत करची पडली. निताईची उमळशीक खिणाखिणाक वाडटाली. वयर चडावार कितें तरी आसतलें काय? थंय व्हडलीं व्हडलीं नुस्तीं ना, हें समजतकच तो निरशेलो. आपलो बाबा कसलीं तरी वखदी झाडाचीं मुळां हुमटिता काय? पूण वखदी वनस्पत फकत रातचीच हुमटिता हें तो जाणा आशिल्लो.

निताईक मातसो भंयसो दिसतालो. रात काळखी आशिल्ली आनी न्हंयेचीं ल्हारां एकार एक देगेक आदळटालीं. मसंडभूंय लागींच आशिल्ली आनी भुताटकेचो जागो म्हूण हो जागो फामाद आशिल्लो. निताई अस्वस्थ जालो. एके वेगळेच, गूढ अशे भावनेन ताच्या मनाचो ताबो घेतलो.

ताच्या बापायन न्हंयेचे देगेक, वयले वटेन खणपाक सुरवात केली. काळोख आशिल्ल्यान तो कितें काडटा तें ताका स्पश्ट दिसनाशिल्लें. एक फावट ताणे विचारले, " बाबा, तुमी झाडाचीं मुळां हुमटितात?"

वामाचरण निताईचेर गुरगुरलो, " चूप ! एक उतर उलोवं नाका. निसण घट्ट धर."

निताई ओग्गी बसलो. पूण बाबाचें तें मुळां खणप कितलो वेळ चलतालें! कितें तरी खणटा ते तणाचीं मुळां काय रानवटी झाडां? एकल्यान निसण धरून धरून ताका आखुडिल्लेवरी जातालें. पूण बाबाचे तिडकीचो ताका भंय दिसतालो. म्हूण ताणे कांयच

विचारलें ना.

शेवटाक, बऱ्याच वेळान वामाचरण निसणीवयल्यान देंवलो. ताच्या खांदार एक जड जड असो मातयेचो रांजण आशिल्लो. खरेंच बरेंच कठीण काम आशिल्लें तें. निताईक अजाप दिसून ताणे विचारलें, "त्या हांड्यात कितें आसा, बाबा?"

"आतां मातसो वोगी रावशीत? सारकी बडबड चलयल्या. जें दिसता तेविशीं तूं

कांयच विचार करूं नाका. ती पारय आनी निसण घेवन घरा वच. हांव येता तुजे फाटल्यान."

आपणाक कोणे पळोवचें न्हय म्हूण वामाचरणान कोंड्याचें आळींतलो रस्तो धरलो. रातीवेळार गांवचो जागल्या गस्त घालीत भोंवतालो. खांदार हांडो घेवन वतना ताणे आपणाक धरचो न्हय अशें वामाचरणाक दिसतालें.

ताका आपल्या काळजाचे ठोके आयकूंक येताले. कितलो जड आशिल्लो तो हांडो! तातूंत कितेंयतरी वजनदार जड अशें कितें तरी आसुंकूच जाय अशें दिसलें, त्या हांड्याचें तोंड एका फातराच्या थाळय़ान सीलबंद केल्लें........ तें उगडपाखातीर चड करून पारयच वापरुंची पडटाली.

घरा परततकच वामाचरणान भायलें दार बंद केलें आनी बायलेक म्हळें, " दिवो हाड पळोवया."

हांडो उगडपाखातीर तो सामको उतावीळ जाल्लो. निताईचे आवयन एकली एकसुरी हिक्स कंपनीची कवची फुटिल्ली गॅसबत्ती हाडली. तिणे ती गॅसबत्ती उंचायेर धरली आनी ती अजापान उलयली, " कितें आसा तातूंत? हें तुमी स्मशानघाटा वयल्यान हाडलां काय कितें?"

मोट्या अजापान आनी उतावीळपणान वामाचरणान हांड्याचेर पारयेन घाव घालो. रोखडीच हांड्याक वेर गेली आनी रोखडीच तातूंतल्यान कुसट्टाण भायर सरली. डांबरासारको पातळ पदार्थ भायर आयलो. तो पदार्थ कुडीत जमनीर सगळ्याक.

निताईची आवय अजापीत जावन उबी रावली. तिका दिसलें, गरिबी आनी गरजेक लागून आपलो घोव पिसोबीन जावंक ना न्हय?

"खंयच्यान तुमी हो हांडो असले रातचो घेवन आयल्यात म्हूण देव जाणा! आतां कितें करतले तुमी?"

वामाचरण जमनीर बसलो. ताका निरशेवणेचो धकोच बशिल्लो. तागेले सगळे त्रास फुकट गेल्ले. त्या हांड्यांत रुप्याचो एक बारीक कणलेगीत मेळ्ळो ना. तातूंत कितें भायर आयलें तर काळ्याशा पदार्थाची घाण! कसलें दळदिरें नशीब ताचें!

वामाचरणाक ते राती न्हीद लागली ना. तो खऱ्यानीच दळदिरो मनीस. खरें म्हणल्यार अशा पुरून दवरिल्ल्या हांड्यांत पयशांचीं नाणीं वा भांगराचीं पोवनां आसताच आसता! पूण वामाचरणान खणून काडिल्ल्या रांजणांत मात कुसट्टाणी येवपी डांबर आशिल्लो.

दुर्भाग्य जशें हात धुवन ताचे फाटीक लागिल्लें. नाजाल्यार, बॉमपास सायबांनी इतक्या मोगान दिल्ले सरकारी नोकरेचो ताणे कित्याक म्हूण राजिनामो दिल्लो? ताका मेळिल्ली संद नशिबानच झोमून घेतली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं वामाचरणाले शेजारी तो डांबरावरी दिसपी द्रवपदार्थ पळोवपाक

आयले; पूण तो पदार्थ कितें तें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. निमणे मामूदपूर बाजारगांवच्या एका जाणट्या कविराजांनी –म्हणल्यार वैद्यराजानी – तो पदार्थ कितें आसा तें वळखलें.

तो काळो द्रवपदार्थ म्हणल्यार खूब पोरनें अशें साजूक तूप –तें खूब वर्सां त्या हांड्यांत जमनीपोंदा आशिल्लें आसूंक जाय.

ताणी वामाचरणाक विचारलें, "अशें कितलें तूप आसा ह्या रांजणांत. हें तूप खूब मोलादीक. कारण खूब वर्सांसावन दम्याचें दुयेंस वा ताळयाचे रोग आशिल्ल्या दुयेंतीक वखद म्हूण हें तूप वापरतात. भौबाजारांतले सेन असलें सगळें तूप विकतें घेतात."

वामाचरण आनी ते जाणटे वैद्यराज कलकत्याक गेले.

भौबाजार रस्त्यार सेन हांगेलें आयुर्वेदीक वखदाचें व्हडलें आनी नांवाजतें दुकान आशिल्लें. ते भारतांतल्या वेगवेगळया जाग्यांनी वखदां धाडीच, ते भायर परदेशांतय धाडटालो.

ताणी तें तूप तपासून पळयलें आनी म्हणलें, "हय. अस्सल तूप हें. म्हाका जाल्यार दिसता हें दोनशीं वर्सांपयलींचें आसूंक जाय. हें तुमगेर आशिल्लें?"

वामाचरणान तें तूप कशें मेळळें ताची काणी सांगली. मागीर सुरू जालें वांटपण. "हांव शेराक सात रुपया दितलों. तेपरस एक पयसोय चड दिवंचो ना."

बरेंच वांटपण केल्याउपरांत ते शेराक धा रुपया दिवपाक तयार जाले. वैद्यराज वांगडा नाशिल्ले जाल्यार वामाचरण तें तूप दोन रुपया शेर ह्या मोलान विकतलो आशिल्लो.

दुसरो एक मनीस हो सगळो प्रकार कितलोसोच वेळ मेरेन पळयत आशिल्लो. ताणे जाणटेल्या वैद्यराजाक मातसो कडेक व्हेलो आनी म्हणलें, " हें पळय, हांव खैरागरच्या राजेसायबांचो इस्टेट मॅनेजर. अर्द वर जालें हांव तुमचीं उलोवणीं आयकतां. राजेसायबांचे आवयक बऱ्याच तेंपापासून दम्याचें दुयेंस आसा.तांकां वखद-विर्सद करूंक आमकां पोरनें तूप जाय –आनी तुमचेकडेन कलकत्यांतलें सगळयांत पोरनें तूप आसा. हांव शंबर रुपया शेर करून तूप घेतां. तें सगळें तूप वजन करून म्हाका दिवन उडयात!"

वामाचरणान आतां नव्या हांड्यांत तें तूप हाडलां. त्या तुपाचें वजन भरलें साडेबारा शेर! मूळ हांड्यांत हाचेपरसय अदीक तूप आशिल्लें. पूण तो हांडो फोडलेउपरांत थोडें तूप फुकट गेल्लें. उरिल्लें तूप वामाचरणान नव्या हांड्यांत भरिल्लें.

वामाचरणाक त्या तुपाचे वट्ट एक हजार दोनशे पन्नास रुपया खैरागर संस्थानाच्या मॅनेजराकडल्यान मेळळे.

जदू चक्रवर्ती नांवाजते ज्योतिशी आशिल्ले आनी तांची भविश्यवाणी घडये खरीय

जायत! कारण वामाचरणाचें अजून खूब आयूश्य मुखार आसा........ घडये एक दीस तो राजा जायतलेगीत......... कोणे सांगचें!

♦ ♦

ही कथा सुमार 80 वर्सां पयलींची आसा. तेन्नाच्या 1250 रूपयांचे मोल आयज काय न्हय म्हणल्यार दोन लाख रूपया तरी जातलें.

6.

मेडल

खूब वर्सांपयलीं घडिल्ली ही घडणूक. आयज जेन्ना म्हाका ते घडणुकेची याद जाता तेन्ना ती म्हाका खरी घडल्या शी दिसचना. घडये तेन्ना हांव दुयेंत आसूंक जाय वा चड उमेदीन आसूंक जाय. खरेंच काय हांवें ती घडणूक म्हज्या दोळयांनी पळयिल्ली? पूण दुसरें मन म्हणटा, हांवें जें कितें पळयलां तें खरेंच आशिल्लें....... फकत एक सपन वा कल्पना म्हूण फाफडून उडोवंक शकना. तो अणभव खऱ्याचोच आशिल्लो, आयज जें म्हाका ताचेविशीं दिसता तें सत्य न्हय.

हांव आयज तुमकां ती घडिल्ली गजालूच सांगता -आं. ताचेपयलीं तुमकां एक सांगूंक जाय, फाटल्या धा वर्सांत म्हाका कसल्याच दुयेंसांचो त्रास जाल्लो ना. म्हजें मन आनी बुद्द-दोनूय सामकीं निरोगी आनी ठाकठीक आसात. चार वर्सां पयलीं जेन्ना ही गजाल घडली, तेन्ना म्हजें मन आनी कूड पुराय निरोगी आशिल्ली!

हांव एक शिक्षक आशिल्लो, म्हजें जिवीत आपलें सादें-सुदें. शिक्षकाच्या जिवितांत आनीक कितें आगळें वेगळें घडटलें? विश्वास बसनाशिल्लो आनी असामान्य म्हणचें असो कसलोच अणभव म्हाका तोमेरेन येवंक नाशिल्लो. एक सामान्य शाळा मास्तराच्या रंगहीण आनी एकसुऱ्या जिणेची म्हाका संवंय जावन गेल्ली. शाळेचें काम आनी दादल्या-मनशान घर-संवसाराखातीर करपाचीं कामां, हातूंतूच म्हजे दीस वताले.

उबाळाची सुटी सोंपून शाळा सुरू जाली. पावसाचे दीस. एक दीस वर्गांत हांव शिकयता आसतना दोग विद्यार्थी झगडपाक लागले. कसले तरी वस्तीखातीर ते झगडटाले. हांव तिडकलों. तेन्ना वर्गांतल्या दुसऱ्या एका भुरग्यान म्हणलें, "सर, कामाक्षीकुमार सुधीराकडचें पदक आपूण घेवंक सोदता."

"पदक? कसलें पदक?"

सुधीर उबो रावलो. म्हणूंक लागलो, "सर, हें पदक म्हजें."

हांवें त्या झगडपी दुसऱ्या विद्यार्थ्याक विचारलें, "कितें रे? कामाक्षी... तूं कित्याक घेता सुधीरालें पदक?"

त्या विद्यार्थ्याचें नांव आशिल्लें कामाख्याचरण मौलिक. तो म्हणूंक लागलो, "ना

सर. म्हाका फकत तें पदक एकदां पळोवपाचें आशिल्लें; पूण म्हाका तो पळोवंक दिनाशिल्लो......."

"हें पळय. तें पदक सुधीरालें. तें झोपून घेवपाचो अधिकार तुकां ना. ओगीच वर्गांत बोवाळ करूं नाकां."

उपरांत हांवें वर्गांत 'शांतताय आनी इश्टागतीचें वातावरण राखपाची गरज' ह्या विशयाचेर एक व्याख्यान दिलें. पूण त्या पदकाविशीं आतां म्हाकाय उमळशीकशी लागिल्ली. हांवें सुधीराक विचारलें, "खंय आसा तें पदक? आनी तुकां तें खंय मेळ्ळें?"

म्हाका दिशिल्लें, सुधीराक खेळांचे सर्तींत तें ल्हानशें पदक मेळ्ळां जांवक जाय. कलकत्याक दर वर्सा बॅडमिंटन, पेंवप आनी धांवप ह्या खेळांच्यो सर्ती जातात. चड करून त्या खेळांतले एखादले सर्तींत वांटो घेतिल्लेखातीर सुधीराक तें मेळ्ळां आसूंक जाय आनी तो नेट मिरोवपाखातीर आपल्या इश्टांक तें दाखयता आसूंक जाय. घडये पदक मेळिल्लेखातीर दनपरां शाळेक सुटी मेळटली, अशें तो समजला आसुंये. ताका लागून एकाच्या हातसून दुसऱ्याच्या हातांत आनी दुसऱ्याच्या हातसून तिसऱ्याच्या हातांत अशें भोंवत भोंवत तें म्हजेकडेन आयलें, तेन्ना हांवें तें नाखुशीनूच हातांत घेतलें. पूण तें पळयले उपरांत म्हजी तें खेळाचे सर्तींत मेळिल्लें सादें-सुदें पदक न्हय; अशी खात्री पटली. तें एक खूब पोरनें, जडशीळ आनी कुशळतायेन कोरिल्लें पदक दिसलें. म्हाका तें बारीकसाणेन पळोवपाचें आशिल्लें.

वर्गांत उजवाड मातसो थोडोच आशिल्लो. पूण त्या पदकाचे दुसरे वटेन म्हाका तरणाटे व्हिक्टोरिया राणीचें मुखामळ कोरिल्लें दिसलें. म्हजें वक्ल हांव शाळेच्या ऑफिसांत दवरून आयिल्लों. इतले म्हणसर, तें पदकपळोवपा खातीर विद्यार्थ्यांनी म्हज्या मेजाभोंवतणी गर्दी केल्ली. हांवें तांकां तापोवन आपआपणाल्या बाकार बसपाक फर्मायलें. एका विद्यार्थ्याक आपोवन हांवें म्हणलें, 'ह्या पदकाचेर कितें बरयलां तें वाचून दाखय पळोवया!'

तो सवेचो विद्यार्थी. ताणे आडखळत आडखळत वाचलें, "Crimea, Sebastopal, Victoria Regima..."

"आनी फाटले वटेन कितें कोरला?"

"Sergent S. B. Parkins, Sixth Dragon Guards in the year 1854..."

म्हाका खऱ्यांनीच अजाप दिसलें. क्रिमीयन वॉरांत सॅबेस्टोपालच्या रणभुंयेर शूरपणा दाखयल्लेखातीर खंयच्या तरी सार्जंट पार्कीन्साक हें पदक बहाल केल्लें!

त्या पदकान म्हज्या दोळयांमुखार इतिहासाचें एक पर्वूच उबें केलें. कलकत्यातल्या एके शाळेंतल्या साद्या-सुद्या वर्गांत म्हाका क्रिमिया आनी सेबॅस्टोपाल हांची याद जाली....... 'द चार्ज ऑफ द लायट ब्रिगेड' ही कविता याद जाली. हें पदक क्रिमियातल्यान

कलकत्यातल्या नीलमणी दास गल्लींत रावपी सुधीर साहा नांवाच्या त्या भुरग्यामेरेन कशें पावलें काय!

"सुधीर, हांगा यो. खंय मेळ्ळां तुकां हें पदक?"

"सर, हें पदक म्हजें. म्हज्या आज्यान दिलां तें म्हाकां."

"पूण तुज्या आज्याकडेन तें पदक कशें पावलें खबर आसा तुकां?"

"हय सर, खबर आसा. म्हज्या आज्याक हें तांच्या बाबाकडल्यान मेळ्ळां.एका ब्रिटीश सायबान म्हज्या पणज्याकडेन घाण दवरिल्लें. म्हज्या पणज्याचें सोन्याचें दुकान आशिल्लें. सोन्याचे पयशे फारीक ना जाल्ल्यान त्या सायबान तें पदक म्हज्या पणज्याकडेन घाण दवरिल्लें.......... पूण हें पदक सोडोवन व्हरपाक तो परत केन्नाच आयलो ना.........."

हांवें मनांत काळाचो हिशेब केलो. श्यायशीं वर्सांपयलीं त्या सार्जंट पर्लीन्साक हें पदक मेळिल्लें. ताका हें पदक समजा ताच्या विसाव्या वर्सा जर मेळ्ळां आसत, तर आयज तांची पिराय एकशे स वर्सां आसतलीं. हांवें अदमास काडलो –ह्या खिणाक तो सर्जंट पार्किन्स आपल्या कर्माप्रमाण सेर्त सर्गांत वा नरकांत खंयतरी लिपून रावला आसतलो.

शेनवार आशिल्ल्यान शाळा सकाळी इकरा वरांचेर सुटली. हांवें पयलींच म्हज्या गांवांत वचपाचें थारायल्लें. तें पदक गांवांत व्हरून म्हज्या शेजरा रावपी म्हज्या एका काकाक दाखोवचें अशें म्हाका दिसलें. तांचो इतिहासाचो अभ्यास बरो आशिल्लो. आनी हें पदक पळोवन तांकां खोशीच जातली. हांवें तें पदक सुधीराकडल्यान घेतलें आनी गांवाकसाकून येतकच परत दितां अशें सांगलें. शाळा सुट्टकच मेसांत वचून हांवें म्हजी बॅग घेतली. सियाल्ढा स्टेशनार येवन दनपरां अडेज वरांचेर सुटपी ट्रेनींत बसलो. ट्रेन सांजेची. पांच वरां जावन वतकच हांव गांवांत पावलो.

भाद्रपद म्हयनो आसून लेगीत गांवांत वचपाची वाट सुकीच आशिल्ली. कोलकत्याकसाकून बऱ्याच दिसांनी आयिल्लो. पावसान भिजिल्लें पाचवेचार तण पळोवन खोस दिसली. गांवांतल्या म्हज्या घरांत कोणूच रावनासलो. एक जाणटी बायल म्हजेखातीर जेवण करून दिताली. हांव तिका आत्या म्हणटालो. तिचेचकडल्यान म्हाका कळ्ळें, वृंदावन आयला.

वृंदावन हो म्हजो वर्गमित्र. सद्याक ताणें बंगालाभायर वचून राबितो केल्लो. खूब वर्सांनी ताका मेळपाक जाय ह्या विचारान म्हाका खोस जाली. हांवें च्या घेतली. आनी तें पदक वृंदावनाक दाखोवपा खातीर घेवन हांव भायर सरलों.

हांव न्हंयचे देगेवयल्यान वचपाक लागलों. दीस पावसाचे आशिल्ल्यान न्हंय उपाट

भरून व्हांवताली. न्हंयेचें उदक दोनूय कुशींच्या शेतामदीं रिगिल्लें. हांव कांय वेळ देगेवयल्या एका फातरार बसलों. वागोळीं आपआपल्या झाडांचेर परततालीं. वाट एकसुरी आनी निर्जन आशिल्ली. पावसाच्या उदकांन भरिल्ल्या व्हाळाक लागून न्हंयेची देग एके वटेन मोडिल्ली आनी सकयले वटेन न्हंयेचो प्रवाह वेगवान आनी धोक्याचो दिसतालो. म्हाका तो बारीकसाणेन पळयनसो दिसलो. हांव देगेर उबो रावलों –सकयल न्हंयेचें उदक वेगान खळखळटालें.

अचकीत म्हाका एक विचित्र अशी रावूंक जमना अशी इत्सा जाली ह्या चडावावयल्यान त्या प्रवाहांत उडकी मारची....... ती इत्सा दर एका खिणावांगडा चड आनी चड खर जांवक लागली. उदकाचो वेग खुबूच आशिल्लो. तातूंत उडकी मारल्यार आनीक आनी ना. हें म्हाका खबर आशिल्लें. म्हाका पेंवपाक येना हाची म्हाका खात्री आशिल्ली; पूण तरीय........ तरीय......... त्या प्रवाहांत उडकी मारपाची एकसारकी इत्सा जाताली. म्हाका दिसतालें हांव थंय उबो रावलो तर म्हाका उडकी घेवंचीच लागतली......... नाजाल्यार म्हज्या जिवितांतल्यान कितें तरी वगडावतलें...

इत्सा नासतनाय हांव न्हंयेदेगेवयल्यान कडेक सरलों. म्हजें मन अस्पश्ट अशा दोन भावनांतल्यान झोपाळे घेतालें. म्हाका कोणतरी संमोहीत करता अशें दिसपाक लागलें. ते सुवाते वयल्यान पयस वचपाची इत्सा आनी शक्ती हांव शेणोवन बसलों. म्हाका दिसूंक लागलें ... हांव खूब जड जाला....... म्हाका हालपाकच येना........

म्हज्या उरल्या सुरल्या इत्सा शक्तीच्या आदारान शेवटाक त्या जाग्यावयल्यान कसोतरी पयस गेलों.

हांव वृंदावनागेर वतालों. अजापाची गजाल म्हणल्यार व्हदळची ती विचित्र इत्सा म्हज्या मनांतल्यान पुरायपणान गेल्ली. कांय वेळापयलीं जसो दुसरोच कोणतरी म्हज्या मनाचेर नियंत्रण दवरता अशें म्हाका दिसलें आनी म्हज्या मनाच्या व्हदळच्या स्थितीचें अजाप दिसपाक लागलें. म्हज्या मनांतल्या त्या विचित्र इत्सांचो, प्रवाहाचो अर्थ तरी कितें आशिल्लो?

हांव वृंदावनाच्या घरा गेलो. बऱ्याच वर्सांनी ताणी भेट जाल्ल्यान म्हाका खोशी जाली. आमी रातच्यो उसरांमेरेन खूब गजाली केल्यो. आमची सुखां-दुख्खां, आमचे जीवन- आमकां खूब उलोवपाचें आसलें. भाद्रपद आशिल्ल्यान वातावरण दमट आशिल्लें. घरांत गुदमरिले भशेन जाल्ल्यान वृंदावनान म्हळें, "आमी मातशे मेकळे हवेंत वचून गजाली मारूंया. आयज रातचो तूं म्हज्या बरोबर जेव. तूं हांगाच जेवतलो. असो निरोप आईन तुज्या आत्याक धाडला."

वृंदावन रावतालो तें घर दोन मजली आशिल्लें. आमी टेर्‌रासार गेले. टेर्‌रासार एक ल्हान कूड आशिल्ली. तें कुडींत वृंदावनाचो काका रावता, हें म्हाका खबर आशिल्लें. घराच्या फाटलेंवटेन कुशीक बांदकामाखातीर लाइल्ली बांबूची परांज दिसली. हांवे विचारलें, " वृंदावन, हांगा बांदकाम चल्लां काय कितें?"

"हय, काकाची कुड सारखी करता. पावसाखातीर कुडीच्या उत्तरेकडले वणटीचो प्लास्टर गेला आनी विटोय भायर येवपाक लागल्या."

वृंदावन कुडीत गेलो पूण म्हाका मात अस्वस्थ करपी एक विचित्र अशी भावना जाणवपाक लागली. कुडीत वतकच म्हाका तान लागली. उदक हाडपाक वृंदावन सकयल गेलो. हांव कुडींत पासयो मारत रावलो. कुडींत काळोख आसलो आनी हांव एकलोच आशिल्लों.

हांव बांबूच्या त्या परांजीकडे गेलो. आनी परत ती इत्सा विजेभशेन म्हज्या मनात चकचकली दिसलें, हांगाच्यान सकयल उडी मारूंया ! बरें जातलें. मारूंया उडी आनी हांगच्यान उडी मारपाची इत्सा म्हण्का मनांत आयली. हांव उडी मारपाचे तयारींत आसतलों इतल्यान फाटल्यांतल्यान वृंदावनाचो आवाज आयकूंक आयलो, "आरे ! यो भितर कुडींत यो! आईन च्या धाडला. थंय काळखांत कितें करता?"

च्या समोसा घेत - घेत आमी गजाली केल्यो. आमचो वेळ आनंदान गेलो. एक वर जातकच जेवण तयार आसा काय ना, हें पळोवपाक वृंदावन सकयल गेलो.

तो सकयल वतकच म्हाका कुडींत गुदमरिल्ल्यो भशेन जावपाक लागिल्ल्यान हांव परत टॅर्‌रासार आयलों. परत एकदां गवड्यांनी बांधिल्ल्या परांजेकडे येतकच त्या प्रखर इच्छेन म्हज्या मनाचो ताबो घेतलो.

जसो कोणतरी म्हज्या कानात फुतफतलो - "हीच वेळ आसा! तुकां अडोवपाक लागी कोणूच ना! कित्याक उडी मारीना तूं?"

तर दुसरो आवाज कुजबुजलो, "हांगच्यान उडी मारपाक तूं कितें पिसो काय कितें? तुज्या हाडांचो चुरो जातलो. हांगाच्यान उडी मारल्यार.

म्हाका घुंवळ आयिल्ल्या भशेन दिसपाक लागलें. मनांत इतलो गोंदळ जालो विचार करपाक जायना जालें.

हांव ते परिस्थितीन कितलो वेळ आसलो आनी त्या वेळांत नक्की कितें घडालें हें म्हाका याद जायना. म्हाका वृंदावनान मोट्यान मारिल्लो उलो आयकूंक आयलो. ताणे आपल्या हातांनी म्हाका वयर ओडलो.

"आवयस ! हांगच्यान उडी मारतालो काय कितें? नशीब, तूं त्या बांबूच्या परांजेचेर उडी माल्ली, म्हूण तूं वाचलो, जालां कितें तुकां ? "

म्हज्या मनांत गोंदळ जाल्लेभशेन दिसपाक लागलें. म्हाका अस्वस्थ दिसपाक लागलें. हांवें वृंदावनाक म्हळें, किते जाले तें म्हाका कांयच याद ना!"

वृंदावनान म्हाका कुडींत थोडोवेळ विसव करपाक सांगले. सगळे जाण म्हणपाक लागले, गर्मीखातीर आनी ट्रेनच्या प्रवासाखातीर म्हाका तशें जाता आसुयें. पूण म्हाका खबर आसलें, जेन्ना हांव सकयल पडलो तो अपघात न्हय. हांव कितें करता, हाचे पुराय भान दवरूनच हांवें सकयल उडी माल्ली.

पूण हांवें ज्या खिणाक टॅर्रसावेल्यान हांवें उडी मारली, तो खीण मात म्हाका याद जायना. तो म्हत्वाचो खीण याद करपाचो हांवें खूब यत्न केलो, पूण व्यर्थ!

हांव मात्सो वेळ खाटीर आड पडलों. आनी म्हाका मात्शे बरें दिसपाक लागलें. पूण हांव कुशीर वळ्ळों आनी म्हज्या हड्ड्याक किते तरी तोंपता अशें दिसलें. आ! ते आशिल्लें हांवे बोल्सांत धडील्ले सुधीराचें पदका ते हाव सामके विसरूनूच कसो गेल्लों! ते पदक हांवे वृंदावनाक दाखयलें.

तांणे आनी ताच्या घरच्या प्रत्येकान ते पदक खूप तोखणायेन आनी नवलायेन पळयले.

राती हांव म्हजे कुडींत परत आयलों. थंय दुसरो कोणूच नाशिल्लों. पूण म्हाका दिसपाक लागलें, वृंदावनाच्या घरांतल्यान भायर आयल्यापासून खूब भंय आनी धसको सो दिसतालो. म्हाका ते कुडींत एकल्यान रावपाची संवंय आशिल्ली आनी एकल्यान रावतना म्हाका पयलीं केन्ना अशी बेचैनी जांवक नाशिल्ली, पूण आतां मात, म्हजे हे कुडींत म्हाका अदृश्य अशा दुसऱ्या कोणतरी परकी मनशाचें अस्तित्व दिसतालें. खऱ्यांनीच म्हाका जिवाक बरें दिसनाशिल्लें. तकलेंत कसलो तरी गोंदळ जाल्लो.

हांवें दिवो पालयलो. म्हजे तकलेवयर पोरसाचे दिकेन उगडपी व्हडलें जनेल आशिल्लें. पुनवेउपरांतची रात आशिल्ल्यान निवळ चान्ऱ्यान भायलें सगळें चित्र दिसतालें. वारें येवपाखातीर हांवें जनेल उगतेंच दवरिल्लें. वरभर न्हिदला आसत - म्हाका जाग आयली – कोणतरी जनेलांतल्यान म्हजेकडेन नदर लावन बसला अशें म्हाका दिसपाक लागलें. हांव भियेलों. अस्पश्ट अशा ह्या भंयान हांव भियेलों, "तें कितें?" हें काय म्हाका खबर नाशिल्लें; पूण तें कितें तें पळोवपाकय म्हाका धाडस जायनाशिल्लें. हांवें फाटल्यान पळयलें ना. पूण म्हाका खात्री जाली की 'ताणे' त्या 'कोणेतरी' आपल्या घट हातांनी जनेलाचें वारांव धरल्या आनी 'ते' म्हजेकडेन एकसारके पळयता. हांवें वळून पळयल्लें जाल्यार 'ते' म्हाका दिसतले आशिल्लें.

हांवें दोळे गच्च धांपून घेतले आनी कांयच पळोवप ना अशें थारयलें. न्हिदय

येनासली. कित्याक तर कुडींत हुंदीर कुशिल्ले सारको वा एखादले चड जाल्ले जखमेवयलें बँडेज काडटकच आयोडिन, स्पिरीट वा घाव्याची घाण हांच्यो एकठांय येवपी कुसट्टाणी कशो येताल्यो. हांव खूब दिसानी कलकत्याकसाकून हांगा रावपाक येवंक नाशिल्लो. ताकालागून नोकरांनी कुडी सारक्यो निवळ करूंशिल्ल्यो.

कोणतरी म्हाका परतून परतून सांगतालो, "फाटी वळ ! फाटी वळ आनी जनेलाकडेन पळय. कित्याक पळयना?"

कसल्यातरी अपशकुनी, वायट आनी हिंसक अशा शक्तीचें आसप म्हाका हे कुडींत जाणवतालें. ते शक्तीक म्हजेकडेन येवपाचें आशिल्लें...... हांव ते शक्तीकडेन झगडलों. पूण फुकट! ती शक्ती म्हाका फरफटत फरफटत जशे संकटांकडेन वा मर्णाचे बर्फाळ शांततायेकडेन घेवन वताली. ना – ना – केन्नाच ना – कितेंय जांव......... फाटीं वळून पळोवप ना. अशें हांवें थारायलें.

कशी कोण जाणा. पूण म्हजी खात्री जाली की ती अपशकुनी शक्ती कुडीच्या भितरल्या भागांत कांयच करूंक शकनाशिल्ली. तिचो प्रभाव कुडीच्या भायरूच िततलो आशिल्लो. हे कुडींत पिळग्यान पिळग्यो आमच्या कुलदेवतेची पुजा करताल्यो......... आनी म्हजें मन म्हणटालें की आमची कुलदेवताच ते अघोरी शक्तीक कुडीभितर येवपाक आडायताली.

अशे राती आपलो आत्मोच आपलेकडेन उलयतालो. एका थकिल्ल्या अशा आवाजान हांव भियेलों – कितें काय तें? मनशाचो एक थकिल्लो असो आवाज म्हाका जनेलाकडेन आयकुपाक आयलो. कोणतरी जनेलाच्या वारांवाचेर ल्हवू टकटक करून म्हजें लक्ष ओडपाचो यत्न करतालो....... एकदां, दोनदां, तिनदां........ म्हाका खूब भंय दिसतालो. कोणाक आपोवया? काय आदाराखातीर आड्डुया? काय जनेलांत पळोवया. म्हाका याद जाली की, एका व्हडल्या मुंगसान कुडीचे वणटीन आपलें घर केल्लें. दनपरा कुडींतल्यान भायर-भितर येताना हांवें तें पळयल्लें, घडये त्या मुंगसाक भूक लागल्या आसूंक जाय आनी तें खावपाक किडे बीन मारपाचो यत्न करता आसूंक जाय....... अशें आसत तर तो आवाज सेर्त.............

ह्या विचारान म्हजो आत्मविश्वास परत आयलो, देवा रे! कसले कसले भयाचे विचार म्हज्या थकिल्ल्या मनांत आयले. म्हाका सूऽ जालें आनी हांव कुशीर परतलों. आतां शांतपणान म्हाका न्हीद लागतली अशें दिसून हांव न्हिदपाचो यत्न करूंक लागलों. पूण म्हजी ही भावना चड वेळ तिगली ना.

म्हाका एकसारकें दिसपाक लागलें, कोणतरी अदृश्य रुपांत हांगां लागींच आसा. म्हजे कुडींत आसा. ही गूढ शी जाणीव आनी तो अदृश्य आत्मो म्हाका विसव घेवपाक

दिवपाचो ना. हो विचार एकसारको एखादले सुयेसारको म्हज्या मनाक तोंपपाक लागलो.

म्हाका झेमेल्लेवरी दिसतालें. पूण न्हीद मात येनासली. दोळे उगडपाची वा उठून हाथरुणार बसपाचोय म्हाका भंय दिसतालो.......... आनी जनेलाचेर ती ल्हवू आवाजांत चालू आशिल्ली टक्टक् म्हाका कोण आसा म्हणपाची याद करून दिताली......... ती टक्टक् म्हाका म्हणटाली, "फाटीं वळ..... फाटीं वळ........ जनेलाकडेन पळय!"

म्हज्या आंगांतल्यान घामाच्यो पांवळयो ओततात्यो, पूण त्यो भायल्या दमट हवेखातीर अशें हांव समजतालों.

ल्हव ल्हव फांतोड जाली. उजवाडपाक लागलें. मनशांचे आवाज आयकुपाक येवपाक लागले. आतां म्हजो भंय गेलो, आनी हांव सकाळी णव वरांमेरेन न्हिदून रावलों. उठटकच सगळें आवरून हांवें च्या घेतली आनी म्हज्या इतिहासतज्ञ काकांक मेळपाक गेलो. काल वृंदावनागेर चड वेळ गेल्ल्यान हांव तांकां मेळपाकच शकलों ना!

काकान म्हाका जें कितें सांगलें ताणे हांव घुंवळ्ळो. ते म्हणूंक लागले, "आतां कसो आसा सुरेन? आरे, काल रातीं हांवें तुकां पळयल्लो. बरीच रात जाल्ली म्हूण हांवें तुकां उलो मारलो ना. हांव तेन्ना तेर्रासाचेर शतपावली करतालों. आनी तुजेवांगडा आनीक एकलो आशिल्लो – कोण तो? शिखाभशेन उंच आशिल्लो. तुजो इश्ट? आमच्या बंगाली लोकांक अशी लांबाय चुकून आसता."

हांवें अजापान काकाकडेन पळयलें! काल राती म्हजेवांगडा कोणूच नाशिल्लो!

हांवें म्हणलें, "कितें म्हणटा तुमी? म्हजेवांगडा काल राती एक उंच मनीस आशिल्लो? ना बाबा. म्हज्यावांगडा कोणूच नाशिल्लो. हांव एकलोच आशिल्लो."

हें आयकून म्हजेपरस म्हज्या काकांक चड अजाप जालें. "खरें? तुज्यावांगडा दुसरो कोण नाशिल्लो? तूं एकलोच आशिल्लो ? पूण म्हजी नदर तर इतकी कुड्डी जावंक ना."

हांवें हांसून म्हणलें, "हय काका. पूण घडये तुमी चुकल्या आसतले....... आतां पिराय जाली न्हय तुमची! ना. खरेंच म्हजेवांगडा आनीक कोणूच नाशिल्लो. आनी तुमच्या घरामुखावयल्या दाट बागेंतल्या सावळयांकलागून स्पश्ट दिसना. ताका लागून घडये....."

काका उमाण्यान पडिल्लेवरी जाले. ताणी म्हणलें, "अजापच म्हणपाचें. म्हजी नदर खरेंच इतकी कमी जाल्या? तुवें आंब्याच्या झाडाकडेन पावतकच बॅटरी दिवो पेटयलो. तेन्ना तो उंच मनीस तुज्या फाटल्यान चलतना म्हाका दिसला. बागेंतल्यान भायर पावतकच तुवें दिवो पालयलो आनी नितळ चान्यांत म्हाका तो उंच मनीस

तुज्याफाटल्यान वतना दिसला. तो तुज्यापरस बरो एक फुटभर उंच आशिल्लो. तुज्या सामको फाटल्या फाटल्यान येतालो....... पूण तुमी सावळेंतल्यान चलताले म्हणटकच म्हाका तो मनीस कोण तो कळना जालो. तुकां उलो मारचो आनी त्या इश्टाविशीं विचारचें, अशें म्हाका दिसतालें....... म्हजी नदर इतकी कमी जाल्या काय?''

हांवें परत काकाक ठामपणान सांगलें , ''काल रातीं हांव एकलोच आशिल्लों आनी म्हजेवांगडा दुसरो कोणूच नाशिल्लो. घडये काकांच्या कुड्डे नदरेकलागून तांकां तशें दिसलां आसूंक जाय.''

मागीर हांव वृंदावनागेर गेलो. पोरन्यो यादी उगडास कहून ताचेकडेन गजाली मारपांत दीस बरो गेलो. दिसाच्या उजवाडांत आदले रातीचो तो अणभव इतको हांसपाचो असो दिसलो , वृंदावनाक म्हाका तो सांगचोसो लेगीत दिसलो ना.

सांजचे ट्रेनीन म्हाका गांव सोडपाचो आशिल्लो. वृंदावनावांगडा हांवें च्या घेतली आनी रेल्वे स्टेशनार पावलों. तिनसांजचो काळोख वाडत वतालो. हांव बौरीपाडाच्या मोठया आंबराईतल्यान चलत वतालों. ती आमराई हुपूंक म्हाका लागीं लागीं पांच मिनटां लागलीं. अर्धी आमराई हुपतकच कित्याक कोण जाणा, हांवें फाटल्यान वळून पळयलें –आनी म्हाका जें दिसलें, ताणे म्हज्या सगळया आंगांत वीज संचरल्लेवरी धक्को बसलो. हांव लागीं लागीं बेशुध्दूच पडलों.

सांजेच्या काळखांत थंय कोण उबो आशिल्लो? म्हजी कूड थरथरली. भंयान म्हज्या मनार ताबो मेळयलो. कोण तो?

एक परकी आनी भिरांकूळ अशी अपशकुनी मनशाची सावळी त्या काळखांत म्हाका दिसली. तो मनीस उंच आशिल्लो. झोपानी तो उबो आशिल्लो. तो एका इंग्लीश सोजिरासारको दिसतालो. ताचे तकलेर पोरन्या काळार सोजिरांचे तकलेर आसता, तशी उंच आनी खास तरेची टोपी आशिल्ली. ती एके स्टीलचे पट्टेन खाडकेक बांदिल्ली आशिल्ली –पोरन्या चित्रांत दिसता तशी.........

म्हजेकडेन टक लावन पळयत आशिल्ल्या एका पुतळयासारको तो दिसतालो. म्हजेपासून तो फकत धा हात अंतराचेर उबो आशिल्लो. हो प्रकार तरी कितें हें पळोवपाखातीर हांव ताचे म्हऱ्यांत धांवलो पूण तो पुतळो कांय हाल्लो ना.

आतां तो म्हजेपासून सामको एका हाताचेर आशिल्लो. म्हाका त्या सोजिराची ताठ आकृताय आनी तागेले टोपयेची ती स्टीलची पट्टी सारकी दिसताली.

म्हजीं धोपरां कडकडूंक लागलीं. म्हजें सगळें आंग मुयेलें. तकली पांखांवरी ल्हव जाली. घुंवळ येताशी दिसली. कांय खिणांत हांव घुंवळ येवन पडपाचो. सोजिराची आकृताय एकसारकी म्हजेकडेन पळयतूच आशिल्ली. आतां म्हजे पांय लोखंडासारके जड जाले आनी हांव संमोहीत जाल्ल्यासारकों, असहाय थंयच उबो रावलों.

आनी दिस्त त्याच खिणाक कांय जाण हातांत लाटन घेवन आमराईंत येतना म्हाका दिसले. तांच्या आवाजान म्हज्यांत बळ आयलें आनी हांव आदाराखातीर आडुलों. ते धांवत आयले पूण म्हाका त्या वालींनी आनी झोपांनी खूट कसो उबो रावला तें पळोवन अजापलें. "तुमी ह्या रानांत कितें करतात? कितें घडलां बाबू?" ताणी अजापून विचारलें.

लाटणाच्या उजवाडान ताणी म्हजें तोंड नियाळ्ळें! तुमी? पूण तुमी दुयेंतशे दिसता. तोंड धवें पडलां. तुमी भियेवपासारकें कितें पळयलें? ही बौरीबगान सुवात तितकीं बरी न्हय. लोक हे वाटेन वचपाक कांचवेतात."

एकल्यान लाटण वयर उबारलो तेन्ना ती आकृताय अजून थंयच उबी आशिल्ली म्हाका दिसली. तें पळोवन एकल्यान म्हणलें, "तूं ह्या झाडाकच सो पळयता? माथ्यार

झोंप सांडून कुशीच्यो खांदयो ताच्यो मारल्या. रातीवेळार हो मनीसूच कसो दिसता म्हूण खूब जाण हाका फटवतात, तुमी भियेल्यात. तुमी हांगासल्ल्यान गेल्यार बरे."

तें झाड हें म्हाकाय आतां पटलें. तें अशेतरेन मारिल्लें की ती सारकी गुरख्याची तोपी कशी दिस. शे! ओगीच भियेलो हांव. कालूच काकान म्हाका वक्ल बदलूंक सांगिल्लें. शी! लजशी! हांवूच जर असो फटवत तर जाणटेल्यांक आनी कसो दोश दिवं? ह्या लोकांनी म्हाका स्टेशनामेरेन व्हरून सोडलो.

दुसरे दिसा हांवें सुधीराक तें मेडल व्हरून दिलें. सुधीरान म्हणलें, "सर, तुमी आयज म्हजेवांगडा आमगेर येशात? म्हजो आजो तुमकां मेळपाक सोदता!"

हांव सुधीरागेर गेलों. ताच्या आज्यान म्हणलें, "मास्टरमशाय, तुमी मेडल पळोवपाक व्हेलां अशें म्हाका सुधीरान सांगलें तेन्ना म्हाका कच्च जालें. टेलेग्राम धाडपाक सोदतालों पूण म्हाका तुमच्या गांवचो पत्तो खबर नाशिल्लो. म्हज्या जल्मापयलीं हें मेडल एका ब्रिटीश सोजिरान म्हज्या बापायक दिल्लें. तो सोजीर बेबदो आशिल्लो. ताणे तें सोऱ्याखातीर घाणाक दवरिल्लें तें परत व्हेलेंच. आमच्या कुटूंबाभायर कोणाकच हें मेडल पचना. एकदां हांव नाका म्हणटा आसतना तें म्हज्या भावोजीन व्हेलें त्याच सांजवेळा तो गच्चेवयल्यान सकयल पडलो आनी आनीक जिवो उरलो ना. तें मेडल आमकां ताच्या बोल्सांत मेळ्ळें.

"गच्चेवयल्यान सकयल पडलो? मेडल ताच्या बोल्सांत मेळ्ळें?" म्हज्या तोंडांतल्यान आपसूक भायर आयलें.

"हय मास्टरमशाय....... सुमार सत्तावीस-अट्ठावीस वर्सां पयलींची गजाल ही....... जाणी कोणे आमचेकडल्यान हें मेडल व्हेलां तांकां तें रोखडेंच परतून हाडून दिवंचें पडलां.......... कोण रातचो भियेला........ कोणाक फाटल्यान कोण चलत येता सो दिसला........ सगळ्यांकच ह्या मेडलाचो वायट अणभव आयला. तेचखातीर हांव तुमकां रकाद दिवपाक सोदतालों.

कांय दिसाउपरांत हांव परतून म्हज्या गांवांक गेल्लों. तेन्ना त्या जाग्याक हांवें भेट दिली. म्हाका अजाप जालें. म्हाका भियेवन उडोवपी त्या झाडाची थंय इल्लीय खूण नाशिल्ली. हांवें ती सुवात सोद सोद सोदली. तें झाड पडलें आसूं येत पूण थंय त्या झाडाचें खोडय उरू नये! थंय तर सपाट जमीन आशिल्ली! मोडिल्ल्या झाडाची इल्लीय कुरू नासतना!

◆◆

7.

म्हाका वाटावपी वामा

हांव बावीस-चोवीस वर्सांचो आशिल्लो तेन्ना सचीश कविराजांनी म्हाका नोकरी दिली. आयुर्वेदिक वखद दिवपी वैजांक बंगालांत कविराज म्हणटात! तर, सचीश कविराजांनी म्हाका दिल्ली नोकरी फिरतेची आशिल्ली. बंगालच्या वेगवेगळया भागांत म्हाका भोवंचे पडटालें. कित्याखातीर? तर तावज विकपाखातीर! असाध्य दुयेंस बरें करपाची शक्त ह्या तावजांनी आशिल्ली. सचीश कविराज पगाराबरोबर म्हाका प्रवास-भत्तोय दितालो.

हांवें निकतेंच जुवानपणांत पावल दवरिल्लें. आनी म्हजी पयलीच शिर्विस आशिल्ली. ताका लागून हांव उमेदीन म्हजें काम करतालो. ह्या कामाखातीर म्हाका साधुभाशेन भेस करचो पडटालो. हो भेस फकत वेवसायाखातीर एक मांडणी आशिल्ली. कारण भगवे कपडे घाल्ल्या मनशाकडेन लोक आपसूक ओडटात. हांव भगवी कफनी, कॅनव्हासाचे बूट आनी गळयांत रुद्राक्षांच्यो माळो, असो भेस करी. म्हज्या हातांत एक भगवी पोती आसताली. ते पोतयेंत विकपाचे तावज आनी गावठी वखदां आसतालीं.

ही शिर्विस तशी हांवें तीन वर्सां केली. पूण तिचेखातीर म्हजेर खूब ताण पडपाक लागिल्ल्यान निमणी हांवें ती सोडून दिली.

हे शिर्विसे निमतान हांव जो प्रवास करतालो तेविशीं हांव तुमकां सांगता.

एकदां हांव वर्दमान जिल्ह्यांतल्या मेमारी गांवांतल्यान माखमपूर गांवाकडेन वतालों. माखमपुराक हांव म्हज्या धंद्यानिमतान वच नाशिल्लो. माखमपूर हो सचीश कविराजांचो मावोडो. सचीशबाबूंक आपल्या मांवाकडल्यान थोडी जमीन भेट मेळिल्ली. आनी ती जमीन कसपी मुंडकाराकडल्यान शेतकाऱ्यांचो हप्तो वसूल करपाखातीर सचीशबाबून म्हाका माखमपुराक वचपाक सांगिल्लें.

पूण तरीय हांव भगव्याच भेसांत आशिल्लो आनी म्हजेकडेन तो तावज आनी वखदांची पोती आशिल्ली. तावज, वखदां खपलीं जाल्यारूच म्हाका कमिशन मेळटलें आशिल्लें.

हांव त्या भागांत नवोच आशिल्लों. दनपारच्या एक वराचेर हांव मेमारी स्टेशनार देंवलो आनी ना सोंपपी अशी वाट माड्डूंक लागलों. दोन वरां चल्ल्याउपरांत म्हाका एक थळावो बाजार लागलो. थंय थोडें खावन घेतलें आनी परतून चलपाक सुरवात केली.

वाटेवयल्या गांवांत हांवें तावज आनी गांवठी वखदां विकलीं म्हूण म्हाका मात्सो कळाव जालो. परत एक फावट एका ल्हानशा बाजारांत पावलो. थंयच्या एका भुसारी पसरकारान म्हाका रातचो णवापयलीं हांव कसोच माखमपुर पावपाचो ना अशें सांगलें. सगळयांनी म्हाका एकमुखान सल्लो दिलो, " ठाकूरमशाय, काळोख जातकच फुडलो प्रवास करूं नाकात. ह्या वाठारांत खूब चोर आनी लुटारू आसात. ते साद्या-बाबड्या वाटसुऱ्यांचेर हल्लो करून ताचेकडलो माल-संपत लुबाडटात. वाटेर लांब लांब तण मातलां. ह्या तणाच्या आडसाक आशिल्ल्या रानात दाव धरून ते बशिल्ले आसतात. चड करून हांगासावन स मैलांचेर आशिल्ल्या तळयालागसारच्यान वतना सामकी जतनाय घेयात. ती सुवात सामकी धोक्याची, नावाडगी. थंय खूब गुन्यांव.... "

हांवें तें तण हुपलें आनी त्या मनशांनी सांगिल्लेपरमाण म्हाका ताडांच्या झाडांनी रेवडायल्लें एक व्हडलें तळें दिसलें. आमोरी जायत येताली. लोकांनी म्हाका जें सांगिल्लें तें आयकून म्हज्या काळजांत धडधडूंक लागिल्लें. तळयाचे पलतडीं संजयपूर नावाचें एक खेडेगांव आशिल्लें कविराजांनी म्हाका रातचो थंय रावपाक सांगिल्लो. पूण काळोख जालो तरी हांव मात अजुनय ह्या तळयाचे आलतडीनच आशिल्लो. संजयपूर पावपाक कितलो वेळ लागतलो? .... काळोख तर पातळत आशिल्लो. म्हज्या मनांत भंय भरिल्लो. आतां कितें करचें? तावज आनी वखदां विकून आयिल्ले पयशे म्हजेकडेन आशिल्ले. पूण म्हज्या मनांत एक वेगळोच विचार आयलो. संकश्ट आयलेंच जाल्यार हांव धांवत वचूंक शकनाशिल्लो. चडूच जाल्यार म्हजेकडली पोती आनी पयशे म्हाका उडोवंचे पडटले आशिल्ले पूण म्हजो जीव तर हांव वाचोवंक शकतालो न्हय!

हांव भिये- भियेत त्या तळयाकडेन आयलों. तळयाभोंवतणी मातयेचो बांद आशिल्लो आनी त्या बांदाचेर उंच अशी ताडाचीं झाडां राखणंदाराभशेन दिसलीं. एक अशीर पायवाट त्या झाडालागच्यान गेल्ली. पूण नशीबान तो वाठार निर्मनीस आशिल्लो. आशी-कुशीक कोणच दिसनाशिल्लो. म्हजे सुरक्षिततायेक कसलोच व्हडलो धोको ना हें म्हाका होलमलें. म्हाका त्या तळयाक अर्दीं प्रदक्षणां घालचीं पडलीं. ती ताडाचीं झाडां आनी मातयेच्यो राशी हुपतकच एका व्हडल्या शेताफाटल्यान म्हाका एक गांव दिसलो. मळबाचे धारेवेले एके इल्लेशे तिकलेसारकें तो दिसतालों. संजयपूर आसूंक जाय! म्हाका सू ......जालें.

वाटभर कितलो भियेल्लों हांव! तो वाठार पाचवोचार आशिल्लो. गांवांतलीं गोरवां थंय संथपणान चरतालीं. ही सुवात भयाविरयतूच आसतली!

हांव असो विचार करीत चलता आसतना म्हाका तळयाचे पलतडच्यान एक मनीस येतना दिसलो. तो बरो धट्टो-कट्टो आशिल्लो. ताच्या गळयांत रुद्राक्षांची माळ आशिल्ली आनी हातांत एक धाकली पूण घट अशी बडी आशिल्ली.

ताणे म्हाका विचारलें, "ठाकूरमशाय, तुमी खंय वतात?"

"हांव माखमपूर सोदतां."

"माखमपूर? तें हांगासावन स मैलांचेर आसा. थंय कोणागेर वचपाचें आसा तुमकां?"

"सचीश कविराजांगेर."

"ठाकूरमशाय, तुमी कविराजाले वसुली अधिकारी आसात काय कितें?"

"ना. पूण सचीशबाबूंचे जमनीसंबंदान म्हजें थोडें काम आसा."

"ह्या वाठारांत तुमी कोणाक वळखतात? खंयसावन आयल्यात तुमी?"

"ह्या भागांत हांव पयलीं केन्नाच येवंक नाशिल्लो. ताका लागून हांव हांगां कोणाक वळखना. माखमपुराक ही म्हजी पयलीच खेप."

"अशें! म्हणल्यार माखमपुराक तुमी नवे. कोणूच तुमकां वळखना न्हय?"

"हय. हांगां म्हाका कोण वळखना."

तो मनीस मातसो विचारांत पडिल्लेवरी जालो.

मागीर ताणे म्हाका म्हणलें, "तुमची हरकत नासत तर, आयची रात आमगेर गरिबांगेर रावशात? आमी बारूई जातीचे लोक. आमच्या हातचें उदक ब्राम्हणांक चलता.... तुमी चंडीमंडपालागचे कुडींत रावशात तर तुमची बरी सोय जातली. तुमकां थंय रांदून जेवंकूय मेळटलें. उपकार करात आनी एक रात काय जायना आमगेर सोयरे म्हूण रावात."

तो मनीस इतलो आग्रो करता तें पळोवन म्हाका खोस जाली. त्या काळार अनवळखी मनशांची खातरदारी करपाची परंपरा आशिल्ली. असो आदर सत्कार लोकांक आवडटालो. हांव नशीबवान! नाजाल्यार बंगालच्या त्या परकी वाठारांत म्हाका रातच्या काळखांत आनी स मैल पांय धोडायत माखमपुराक वचचें पडपाचें.

त्या जाणट्या मनशालें घर गांवाचे उदेंत दिकेक एका व्हडल्या मैदानाचे कडेक आशिल्लें. त्या मनशाचें नांव नफरचंद्रदास आशिल्लें. हांवें त्या घराच्या चंडीमंडपांत पावल दवरिनाबराबर कोनशाच्या एका सुण्यान भिरांकूळ आवाजांत रडपाक सुरवात

केली.

सुण्याचें तें रडप म्हाका अपशकुनी दिसलें. कित्याक कोण जाणा, पूण हें घर आतिथ्यशील नासूंक जाय अशेंय म्हाका दिसपाक लागलें. तें घर म्हणल्यार अशुभाचें सांवट पडिल्लें एक मसंडशी दिसूंक लागलें.

खरें तर तें एक सधन शेतकाऱ्याचें घर आशिल्लें. आंगणांत धान्याचीं गुदावां आशिल्लीं. गाया-बैलांनी गोठो भरिल्लो. भितरले वटेन चार व्हडल्यो कुडी आशिल्ल्यो. आनी भायले वटेन दुर्गापुजेखातीर बांदिल्लो हो मंडप. ताका तेंकून एक ल्हानशी कूड.

आतां फुडली गजाल सारकी समजुपाक जाय जाल्यार तुमी लक्ष दिवन आयकूंची पडटली.

हांव जे कुडींत राविल्लो ती चंडीमंडपाक जोडुनूच आसा कशी दिसली तरी तिचें दार बंद करतकच ती घराचो भितरलो भागूच कसो दिस.

म्हाका ही कूड एके रातीखातीरूच दिल्ली. ते कुडीचे लागींच पूण अर्दी धांपिल्ल्या जाग्यार ताणी म्हाका रांदपाक दिल्लें. इतलें चलून चलून हांव हात धुवन मातसो विसव घेतालों.

तो जाणटो मनीस आयलो आनी म्हणूंक लागलो, "ठाकूरमशाय, जेवण करपाक सुरू करात. रात जाली."

हांव रांदनीर आयदन चडोवपाचे तयारेंत आशिल्लो, इतल्यांत त्या घरांतली एक तरणाटी बायल म्हजी नदर ओडून घेवपाक सारन मारीत मारीत थंय आयली. कुडीचीं दारां उगतीं आशिल्लीं. कुडींत सारन मारतना ताणे म्हजेंकडेन खुबदां पळयलें. म्हाका मातशें अजाप दिसलें. हांवें बारीकसाणेन तिचेकडेन पळयलें. तेन्ना म्हाका कळ्ळें कसल्या तरी हेतान ती म्हजेकडेन पळयता. म्हाका कशेंशेंच दिसलें. एक तर हांव त्या वाठारांत एकदम परकी आनी नवो! ही बायल एका घरंदाज घरांतली. तिच्या अशा वागपाचो अर्थ तरी कितें? घडये ही गजाल संकश्टाचीय आसूं येता आनी हांव कारण नासतना भितर घुसपूंय येता. त्या जाणटेल्याक म्हजे म्हऱ्यांत आपोवन ताचेकडेन गजाली मारल्यार बऱ्यो काय?

सारन मारून पुराय करून ती बायल गेली. पूण पांचूच मिणटांनी परतून आयली. मातशी भियेल्ली आनी चिंतेस्त दिसताली. म्हाका कितें तरी ती सांगपाक सोदताली. ती परत भितरले धाकले कुडींत गेली. पूण वता आसतना वळून वळून म्हजेकडेन पळयत रावली आनी मागीर अचकीत म्हज्या मुखार येवन म्हणूंक लागली, "ठाकूरमशाय, आत्तांच्या आत्तां ही अपशकूनी सुवात सोडून वचात. नाजाल्यार तुमी संकटांत सापडटले.

हे सगळे लोक नागोवणे. आयज रातचेच ते तुमचो खून करतले." इतलें उलोवन ती भितर गेली.

म्हजेर तर वीज पडिल्लेभशेन जाली. म्हज्या हातांत पळी आशिल्ली पूण म्हजे हात-पांय जशे कितें विजेच्या धपक्यान चलनाशे जाले. म्हाका घुंवळ येताशी दिसली. कांयच येवजना जालें...... इतलें बरें घर, धन-धान्याचीं गुदांवां, गिरेस्ती........ आनी हे लोक खंय नागोवणे!

पूण हांगांसरल्यान पळून वचप कशें? काळोख जाल्लो आनी चंडीमंडपांत तो जाणटो मनीस आपल्या शेजाऱ्यांकडेन गजाली करतालो. हांवें पळून वचपाचें थारयल्लेंच जाल्यार पयलीं म्हाका त्या लोकांक तोंड दिवंचें पडटलें आशिल्लें! भंयान हांव सामकोच भेरेल्लो.

म्हज्या हाता-पांयांतलें बळूच गेल्लें. धोंपरातलें, कोपरांतलें बळगेंच ना जाल्लें. तकलीय चलना जाली. घट जाल्लेवरी थंयच बसकण मारली.

इतल्यांत ती तरणाटी बायल परत म्हजे कुडींत आयली आनी म्हजेकडेन एकसारकी पळोवंक लागली. ती कितेंय उलोवंचे पयलींच हांवें तोंड उगडलें आनी म्हणलें, "तुमी कोण हें काय म्हाका खबर ना. पूण तुमी मायेस्त आसात हें खरें. उपकार करून म्हाका हांगासावन पळून वचपाचो मार्ग सांगात......."

ती ल्हवू आवाजांत उलोवंक लागली. "हय. तेंच सांगपाक हांव आयल्या. तुमचे पळून वचपाचे सगळे मार्ग ताणी बंद केल्यात. दर मार्गार ते राखूंक रावल्यात......"

"मागीर?"

"पूण तरीय एक मार्ग आसा. हांवें ताचेर विचार केला. आतां ह्या पुर्वजांच्या घरांत हांव एक्कय ...... आनी तोय बीन ब्राम्हणाचो खून जावपाक दिंवचीना. हांवें खूब दूःख भोगलां..... आतां आनी सोंसचीना ना. पूण ठाकूरमशाय, मातशे रावात. हांव भितर वतां. नाजाल्यार तांकां म्हजो दुबाव येतलो."

कांय मिनटांनी ती परत म्हजे कुडींत आयली आनी म्हाका म्हणूंक लागली, "आतां हांव कितें सांगता तें आयकात. आनी सारकी बरी याद दवरात. म्हजें म्हणणें सारकें याद दवरशात जाल्यारूच तुमी वाचतले. म्हजें नांव वामा. हांव ह्या घरची धाकली सून. म्हजे बाबा हरिदास मजूमदार आनी काका पाचकौडी मजूमदार. म्हजी व्हडली भयण वर्दमान जिल्ह्यांतल्या सामंतपूर तेवता गांवांतल्या एका कुटूंबांत दिल्या. तिचें नांव शांता. तिच्या मांवाचें नांव दुर्लभदास. आमी जातीन बारुई. म्हजी आई फाटल्या वर्सांनी मेली. पूण म्हजे बाबा आनी काका जिते आसात."

हे इतले म्हायतीचो म्हजे तकलेंत इतलो गोंदळ जालो म्हाका सारको विचारूच करूंक जायना जालो.

हांवें तिच्या कुटूंबाची सगळी म्हायती पाठ करपाचो यत्न केलो, पूण हे म्हायतीचो म्हाका कसलो फायदो जावपाचो आशिल्लो? म्हाका कांयच सुचना जालें, पूण ही सगळी म्हायती हांवें घट्ट याद दवरची असो वामाचो आग्रो आशिल्लो. ती परत परत भितर वचून वचून म्हजेखातीर म्हजे कुडींत येताली, "सगळें याद दवरलें? सांगात पळोवया? सांगात

–म्हज्या काकाचें नांव कितें ?"

"हरिदास मजुमदार."

"ना. ना. म्हज्या काकाचें नांव आसा पाचकौडी मजूमदार. हरिदास मजूमदार हें म्हज्या बाबालें नांव. आं. आतां म्हजे व्हडले भयणीचें नांव कितें? तिका लग्न करून खंय दिल्या?"

"तुमचे व्हडले भयणीचें नांव शांता. तिच्या घोवालें घर .... अं...... हें.. हें.......

"देवा सायबा! सगळो गोंदळ करतात तुमी. तिच्या घोवालो गांव सामंतपूर तेवता. आतां म्हणात.

सामंतपूर तेवता .... रामजदू दास..... ना! ना! तिच्या मांवाचें नांव दुर्लभदास राय."

सारकीं पंदरा मिनटांच्या धडक प्रशिक्षणाउपरांत तिच्या सगळया सोयऱ्यांचीं नांवां आनी ती कोणाची कोण तें हांव चुकनासतना सांगपाक शकलों.

मागीर तिणे म्हणलें, "ठाकूरमशाय, आतां तुमी शांतपणान जेवात. भियेवं नाकात. तुमकां म्हज्या कुळारची आनी म्हज्या बाबाची सगळी म्हायती खबर जाल्या. आतां हांव तुमकां वाचोवंक शकतली हाची म्हाका खात्री आसा. म्हजी चवकशी करात. शांतपणान आनी ठामपणान उलयात, म्हणजे तांकां कसलोच दुबाव येवंचो ना. म्हज्या मांवाकडेन तुमचें उलोवणे जातकच मागीर हांव परत येतां, चलात, बेगीन तुमचें काम करात. हांगासल्ले कितले सहजतायेन खून जातात तें तुमकां खबर ना."

म्हजी भूक मेल्ली. पूण हांवें जेवण रांदूंक नासलें जाल्यार तांकां दुबाव येतलो आशिल्लो. ते खातीर हांवें जेवण रांदलें आनी जेवलों. भायर गुपाट काळोख पातळिल्लो. रातचीं धा वरां जावन गेल्लीं आसूंक जाय. हांव कुडींत बसून विसव घेतालों. पूण ह्या घरांतले सगळे दादले म्हज्या खुनाचो बेत करपांत गुल्ल आसात हें म्हाका कळटालें. घडये ते म्हाका तोंपपाक सुऱ्याक धार काडटाले आसूंक जाय.

तो जाणटेलो म्हजे कुडींत आयलो. ताणे म्हाका पान दिलें आनी म्हणलें, "बरें ठाकूरमशाय. तुमचें जेवण जालें, आतां तुमी सुशेगाद न्हिदात. हांव तुमकां मच्छरदाणी लावन दितां. एद्या व्हडल्या प्रवासाउपरांत तुमकां न्हीद येता आसतली.

"खरें. पूण म्हाका कितेंतरी येवजता...... " हांवें म्हणलें. "म्हजे एक शिश्य आसात. पाचकौडी .. एँ .. हरिदास मजूमदार. ते रैना पुलीस ठाण्याचे हद्दिंतल्या कुसूमपूर गांवचे आसात...... आनी तागेली वामा नांवाची चली ह्याच वाठारांत खंयच्च्या तरी घरांत

लग्न करून दिल्या. ते लोकय तुमच्याच सारके बरूई समाजातले आसात. घडये तुमकां तिचो पत्तो खबर आसतलो. तिच्या काकाचें नांव दुर्लभराम... ना ऽ आपलें ... पाचकौडी. ताणी म्हाका वामाच्या घोवाघरा वचून येवपाक सांगलां... तें घर हांगाच खंयतरी आसपाक जाय.. आतां हांव हांगा आयलाच तर तिच्या घरा वचून येवपाचें चिंततालों.."

त्या जाणटेल्याच्या तोंडावयले भाव बदलिल्ले दिसले. तो गोंदळिल्लेवरी दिसलो. ताणे म्हाका विचारलें, "कुसूमपुरचे हरिदास मजूमदार? वामा? तुमी कशे वळखतात तांकां?"

हांवें थीर आवाजांत म्हणलें, "हांव तांच्या गुरूंच्या कुटूंबांतलो. ते म्हज्या बाबांचे शिश्य."

जाणटेल्यान गडबडीन म्हणलें, "एक मिनीट आं ठाकूरमशाय. हांव रोखडो येतां."

हांव ते निर्जन कुडींत बसून रावलों. अजून म्हज्या मनांतलो भंय आनी दुबाव तसोच आशिल्लो. कोण जाणा घडये ते म्हाका सोडूनूय दीत.

जाणटेलो रोखडोच परत आयलो. ताचे फाटल्यान वामा, एक राकट तरणाटो आनी एक मध्यम पिरायेची बायलमनीस. अशी तिगांजाणां आयलीं. निमणी आयल्या ती त्या जाणटेल्याची बायल आसूंक जाय अशें दिसतालें.

ताणे वामाकडेन बोट दाखयत म्हणलें, "ही म्हजी सून –वामा....... म्हजो व्हडलो पूत शंभू हाची बायल, वामा. शंभू! तुमी हांच्या पांयांर तकली दवरात! सूनबाय, तूं वळखता ठाकूरमशायांक?"

सूनबायन –म्हणल्यार वामान –आपूण बऱ्यापैकीं अभिनय करपाक शकता हें सिध्द करून दाखयलें. तिणे आपल्या तोंडावयलो घुंघट उखल्लो, मानेभोवतणी पदर ओडून घेतलो आनी आदरान म्हज्या पांयांक हात लायलो. हय! वामाच म्हजी जीण तारपी आशिल्ली. तिणेच म्हाका मर्णांतल्यान वाटायिल्लो. दुकांनी म्हज्या दोळयांत गर्दी केल्ली.

उपरांत वामा म्हजेखातीर उदक घेवन आयली आनी म्हणूंक लागली, "संकश्ट टळ्ळें. हांवें तुमकां पळोवं नाशिल्ले तर ह्या घरांत आनीक एका ब्राम्हणाचो खून जातलो आशिल्लो. हे कुडींत, ह्या हाथरुणाचेर कितलेशेच खून केल्या आसतले. कितलींशीच प्रेतां हे जमनीपोंदा पुरल्या आसतलीं."

वादळ सागरांत सांपडून फुटिल्ल्या जहाजांतल्यान वाचयल्ल्या तारवट्यांप्रमाण म्हाका दिसतालें. "पूण गांवकार वा पुलीस ह्या प्रकाराविशीं कांयच उलयनात? कांयच करिनात?"

"कोण तोंड उगडटले? हो सगळो गांवूच नागोवण्याचो आनी चोरांचो. हांगचे सगळे दादले हो एकूच उद्योग करतात, मागीर कोण कोणाची कागाळ करतलो? म्हज्या बाबाक ही गजाल खबर नाशिल्ली. म्हज्या लग्नाउपरांत हो भिरांकूळ प्रकार म्हज्या लक्षांत आयलो. आमकां एक भुरगो आसा. ह्या शापीत घरांत रावत तर भुरग्याचें जिवीत इबाडटलें ही गजाल हांवें म्हज्या घरकाराक सांगल्या. पूण म्हजो घरकार कितें करूंक शकता? तांचे बापूय आनी आजो ह्याच धंद्यातले आसात. पूण बाबा ठाकूर....... आतां तुमी न्हिदात."

रात शांतपणान गेली. सकाळ उदेली. हांवें तांचो निरोप घेतलो. त्या जाणटेल्यान म्हाका परतून नमस्कार केलो. म्हज्या हातार पांच रुपया दक्षणां दवरली.

वामा एकलीच दिसली तेन्ना हांवें तिका म्हणलें, "तूं म्हजी दुसरी आवय जाली. तुवें म्हाका राखलो! सुखी राव!"

वामापरस दुसरी हुशार बायलमनीस म्हाका आनीक मेळ्ळी ना. ही गजाल खूब खूब वर्सां पयलींची. आतां जाणटेपणांत जेन्ना जेन्ना म्हाका 'वामाची' याद येता तेन्ना तेन्ना म्हजे दोळे उपकाराच्या दुकांनी भरून येतात. बंगालांतल्या आडवटेनच्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या अशा बायलांविशीं म्हाका खूब आदर दिसता.

◆ ◆

8.

वागाचो मंत्र

त्या दीसा भायर खुबच शीं पडिल्लें. रायबहादुराचे बसपाचे कुडींत आमचो गजालींचो अड्डो बरो जमिल्लो. आमी खूब जाण आशिल्ले. हून हून च्या, चिप्स आनी चिवडो येत राविल्ल्यान गजालींचे हे कार्यावळीक बरोच रंग भरतालो.

रायबहादूर अनुकूल मित्र हे फिशाल शिकार आशिल्ल्ले. आमी सगळयानीच तांचे शिकारेच्यो, पराक्रमाच्यो गजाली आयकल्ल्यो. तांचे कुडींत भितर सरतकच चारूय वणटींचेर ताणी मारिल्ल्या वागांच्यो आनी वास्वेलांच्यो काती, तशेंच वाग-वांस्वेलाच्यो भुसो भरुन माऊंट करुन लायिल्ल्यो तकल्यो दिसताल्यो.ती कूड पळयतल्यान आपूण एखादल्या टॅक्सी डर्मिस्ट मनशाच्या कारखान्यांत बी आयला अशेंच दिसतालें.

पूण त्या दिसा एका लांब-रूंद, जाणट्या मनशाक रायबहादुराच्या शेजरा बसून कासाच्यो गजाली सांगता त्यो आयकून म्हाका खुबूच अजाप दिसलें. रायबहादुरांच्या मुखार कासाच्यो गजाली सांगपी मनीस हांवें केन्नांच पळोवंक नाशिल्लो. ज्या अनुकूल मित्रांनी आयजेवेरच्या तांच्या जिवितांत तीस रॉयल बेगॉल जातीचे वाग आनी पंदरा चित्ते मारिल्ले. अस्वल. आनी रानदुकर कितले मारले हाचो तर हिशेबच नाशिल्लो. तेशिवाय रेडे, गवे, अजगर, साळींदर, कावळे-बकीं, बदकां हीं लेगीत सुमाराभायर मारिल्लीं. अश्या मनशाच्या, रायबहादुराच्या म्हर्‍यांत बसून कासाच्यो काणयो सांगपी हो कोण सद्याचो नवो पुरुषावतार? म्हाका जाल्यार त्या मनशाविशीं जाणून घेवपाची उमळशीक लागली.

उपेनबाबू, म्हणल्यार आमचे उपेन माइती च्याचे घोट घेताले. ताका हांवें विचारलें, "कितें उपेनबाबू, हो मनीस कोण?"

उपेनबाबून कांचवेनूच म्हणलें, "आं? कितें म्हणलें?"

"अशे कांचवेनाकात. हे जाणटेले कोण?"

"ते?"

"हय. कासाच्यो खबरी सांगता. कोण ते सांगात?"

"ते मोटे फिशाल कासादोर. तांचें नांव निधिराम भट्टाचार्य."

ते नांव म्हाका एकादल्या नियाय पाठशाळेच्या संस्कृत पंडितांच्या नावांसारकें

दिसलें. तुमी तशेंच सांगात. – नैयायिक निधिराम सार्वभौम!

“ते केदे व्हडले शिकारी आसात खबर ना तुमकां ? तांचें ‘ शिकारयोग ’ पुस्तक वाचूंक ना तुमी?’ तीन आवृत्त्यो सोंपल्यो त्या पुस्तकाच्यो. येयात, तुमची तांचेकडेन वळख करून दितां! “

आमची वळख जाली. निधिराम भट्टाचार्य हे कितें दारानदार पुजा सांगीत भोंवपी गरीब पुरयत न्हय, हें तांच्या उलोवण्यावयल्यान पयलींच मतींत आयिल्लें. आतां तें आनीक स्पश्टपणान कळून आयलें. ते एक बरे सुसंस्कृत मनीस आशिल्ले.

वेग-वेगळया वाठारांत वागांची आनी वास्वेलांची कास कशेतरेन करतात, हें ताणी सांगलें. कितल्योशोच राती ताणी वागांक मारूंक रानांत तयार केल्ल्या माचणार बसून कशो काडल्यात, कशे एकदां वागाकडेन झूज दिल्या अशो तरेकवार गजाली ताणी सांगल्यो. ह्यो गजाली सुरबुसपणान सांगपातय तांची कळाशी आशिल्ली. अशे तपशीलवार तरेन आनी सोबीत पध्दतीन ते गजाली सांगताले की त्यो घडणुको तशाक तशो दोळयांमुखार घडटाच अशें आमकां दिसूंक लागलें. त्यो आयकतना आंगार कांटो उबो रावतालो. निधिराम सैममोगी आसा हें लेगीत मतींत आयलें. पुनवे रातीचें आनी श्रावणांतल्या पावशी रातीचें खूब सोबीत वर्णनय तांच्या गजालींतल्यान आयकलें.

हांवें म्हणलें, “एकादली अजापाची अशी घडणूक सांगशात?”

निधिराम भट्टाचार्यान म्हणलें, “रानांतल्यो सगळयोच गजाली अजापाच्यो. सगळयोच घडणुको नवलांच्यो.”

“तरीलेगीत ....”

“तरीलेगीत कितें? भुताटकेची गजाल? हांवें तर बाबा केन्ना भूत पळोवंकच ना.”

“भुतांचेर विश्वास आसा?”

“ना.”

हे तर विचित्र सभावाचे मनीस आशिल्ले. बंगाली आसून भुतांचेर विश्वास ना दवरपी मनीस हांवें आजवेर पळोवं नाशिल्ले. हांवें विचारलें, “तुमचें तंत्रशास्त्र भूत मानिना?”

“तंत्रशास्त्र काय हांवें वाचूंक ना. हांव मंत्र-तंत्राविशी उलयतां. ”

“ओ! कसले तरेच्या मंत्र-तंत्राविशी?”

“मंत्र-बित्र सगळें फट! ताच्यात कांयच दम आसना! ”

“खरेंच? ”

“हय. खरेंच फट! ”

“हांव तशें म्हणिना. मंत्रांत शक्ती-बळगें आसता हें सामकें खरें. ”

“असल्या विश्वासानच तर आपलो देश बुडला. इंग्लीश शिकूनय आमी मंत्राचें

सामर्थ्य मानतात! ''

आतां म्हजो निधिराम भट्टाचार्याविलो भावार्थ घट जालो. अजापाचेच मनीस! आर्विल्ल्या विचारधरणेचे जाणकार! हांवें विचारलें, ''तुमी सुंदरबनांत गेल्ले? ''

'खूबशे फावट! ह्या मंत्र-तंत्राच्या संबंदांतली थंयची एक घडणूक सांगतां.''

आमी तांचे आनीक लागीं वचून बसले. तो दिसूय असोच गजाली आयकुपाक फाव सो आशिल्लो.

ते सांगपाक लागले.

एकदां काकडांगा पोंयेच्या तोंडार आमी आमचें व्हडें बांदिल्लें. म्हजे शिकारविद्येंतले गुरू श्यामाचरण राय आमचेवांगडा आशिल्ले. खरें तर आमी तांचेवांगडा शिकारेक वताले अशेंच म्हणपाक जाय. कारण आमचेसारक्या साधारण लोकांक अशी आस्कळ -विस्कळ बोट हरशीं कशी मेळटली आशिल्ली? हे श्यामाचरण राय म्हणल्यार खुलन्याचे नामनेचे वकील सीताकांत राम हांचे पुतणये. कळळें ?

आमची ही मोटी बोट बांदिल्ली थंयच कालव्याचें तोंड आशिल्लें. दाट रानांतल्यान येवन ही पोंय न्हंयेक मेळटाली. हे पोंयेचो देखाव खूब सोबीत आशिल्लो. दोनय कुशींनी रानवटी रुखांची गर्दी आनी रानवटी ताडा-माडाचे रूख. उदकाच्या झोतांत टायगर-फर्नचें रान. ह्या टायगर फर्नच्या रानांतूय साधारणत मोटे मोटे वाग लिपून बशिल्ले आसताले.

तोंडांत तंबाखूची गुळी दवरून श्यामाचरण राय आमकां म्हणूंक लागले, ''चलात, सोडात व्हडें!''

व्हड्यांत बसून आमी पोंयेतल्यान वचपाक लागले जे केन्नाच सुंदरबनात वचूंक ना तांकां अशें व्हड्यांत बसून कालव्यांतल्यान वताना सुंदरबनाचें ह्रप कितलें सोबीत दिसता तें लक्षांत येवपाचें ना! तीं ताडाचीं झाडां, खंय रानलिंबाचीं झाडां, खंय खंय वेळाचें रान तर खंय कडूनिंबाचें झाड, खंय हळदुव्या फुलांनी लगडलेल्यो रानवेली, रानफुलाच्या सुवासान मत्त जाल्ली हवा!

खूब जाण म्हणटात - सुंदरबन एकलें एकसुरें आसा. अशें ताणी चान्नेराती ह्या रानाचें रूप केन्नां पळोवंक नासतलें. फांतोडेर, सुर्य उदेवचे आदीच्या तांबड्या उजवाडांतले वनश्रीची सुंदरताय पळयल्ली नासतली. सवण्याची किलबिल आयकल्ली नासतली. म्हजे गुरू श्यामाचरण राय हांकां हे इतलें आवडटालें आपूण मरतकच आपली कुड सुंदरबनातूंच पुरची, अशें ताणी घरा सांगून दवरिल्लें. तशें केल्यारूच आपल्या आत्म्याक शांती मेळटली अशें तांचें म्हणणें आशिल्लें. हांवें विचारलें, '' ते हयात आसात? ''

''ना. खूब दीस जाले ते भायर पडल्यार. ''

"मागीर सुंदरबनांतच तांकां पुरलें ? "

"ना. हिंदूची कूड दफन केली जाल्यार समाजांत निरशेवणेचो सूर येतलो आसलो. म्हूण तांचे इत्सेप्रमाण करप जालें ना. "

"च् च् च् च्! खूब दुःखाची गजाल. आसू, फुडें सांगात."

"सांगता. पूण एक गजाल. आतां कांयच उलोवपाचें ना. विचारपाचें ना. गजाल सांगून सोंपतकच उलयात. मदीं आडखळ हाडूं नाकात."

"बरें आसा. सांगात. "

निधिरामबाबून तंबाखुचो एक बरो झुरको घेतलो आनी धुंवर सोडून परत सांगपाक सुरवात केली.

आमी पोंयेतल्यान खूब पयस गेल्ले. खरें सांगपाचें जाल्यार शिकार करपाचे नशेपरसूय सुंदरबनाचे सोबीतकायेन म्हजें मन जिंकून घेतिल्ले. आमी सुमार मैलभर फुडें गेल्ले आसूं येता तितल्यांत कालव्याचे कडेक आशिल्ल्या झोपांतल्यान कोणेतरी उलो मारलो, "बाबू, बाबूलोक! " आमी आंग काडलें. व्हडें वल्होवपी तारयो 'राम राम' म्हणपाक लागलो.

श्यामाचरणबाबून देगेर पळयलें आनी मोटया आवाजांत म्हणलें, "वगी बसा सगळे! कोण रे थंय? "

"बाबू, हांव! हांव! " बारीक आवाजांत कोणेतरी म्हणलें.

"कोण तुमी? खंय आसा? मातशे मुखार येयात. "

"हांव हांगां आसा बाबू. झिलीलागीं बशिल्लों आसा. "

खऱ्यांनीच, आतांमेरेन तो मनीस दिसनाशिल्ल्यान हो आवाज खंयच्यान आयलो, भुताचो बीन आवाज न्हय मूं असो भ्रम जाल्लो खरो, पूण आतां मात तो मनीस सगळयांक दिसलो. तो झिलींचे उजवे वटेन बशिल्लो. तो पयलींय दिशिल्लो खरो पूण वत-सावळेच्या खेळांत तो मनीस काय झील हें सारकें बरें कळनाशिल्लें. ताका थंय एकल्याकच बशिल्लो पळोवन आमकां खूब अजाप दिसलें, कारण सुंदरबन म्हणल्यार कितें हें जाका खबर आसा; ते म्हणटात, पिसोलेगीत थंय एकलो बसपाक भियेतलो !

श्यामाचरण रायन ताका म्हणलें, "बरें आसा. पूण तुमी थंय बसून कितें करतात?"

"बाबू, हांगा बसून हांव काण्णां खाता. खूब भूक लागल्या. हांव एक गरीब मनीस!"

"हें तुजें म्हणणे पटपासारकें ना. भूक लागप हो शरीर धर्म. तातूंत अजाप करपासारकें कांय ना. आनी ह्या रानांत काण्णा सोडून आनी कांय मेळय ना. हेंय बरोबर. पूण तुमी हांगां कशे पावलें? "

"बाबू, हांव एक गरीब फकीर. हांवे भियेवन कशें जातलें? " म्हाका मातसो

तुमच्या व्हड्यांत घेयशात बाबू? रनूघाटाच्या तलावाकडेन म्हाका सोडलो जाल्यार मागीर हांव चलत पिराच्या दर्ग्याकडेन वचन, आनी थंय रात सारून सकाळी मागीर म्हज्या घरा वचन. घेयशात बाबू, तुमी म्हाका तुमच्या व्हड्यांत? "

"तुमचें घर खंय? "

"रनुघाटालागीं. माणिक सेन हांच्या वाठारांत. "

श्यामाचरण बाबू हाचेवयर कितें म्हणचेआदींच आमच्या व्हड्यांच्या दोगांय तारयांनी हे गजालीक न्हयकार दिलो. ते म्हणूंक लागले, "हाका व्हड्यांत घेवं नाका बाबू! हांगाची रीत तुमकां खबर आसा?' सुंदरबनांत चलत्या व्हड्यांत वाटेवयल्या वाटसुऱ्याक वायट नखलामी आसता. बाबू, बऱ्या कामाखातीर वतात तुमी! "

श्यामाचरण तापले, "कांय अक्कल ना तुमकां! "

"अशें कित्याक म्हणटा, बाबू? "

"म्हजी शिकार मेळूं ना मेळूं. ह्या बाबड्या मनशाक हांगा अशें वागाच्या तोंडांत सोडून वचप? घेयात ताका. "

हाचेवयर तारये आनीक कितें उलयतले? व्हडें थांबोवन आमी ताका व्हड्यांत घेतलें. आमकां दिसलें हो मनीस एखादलो फकीर आसतलो. ताचो अवतार पळोवन तरी अशेंच दिसतालें. तो हिंदू काय मुसलमान, हें ताच्या कपड्यावयल्यान वळखूंक येनासलें. आमी ओग्गी बसून रावले. श्यामाचरण रायन ताका विचारलें, "खंयच्या पंथाचे तुमी? कसले मंत्र येतात तुमकां? "

"म्हाका वागाक आपोवन हाडपाचे मंत्र येतात, सायब! "

हांवें म्हणलें, "ते कसले आसता? "

"आसतात बाबू! अशे मंत्र आसतात. हांव ते म्हज्या गुरूकडल्यान शिकला. "

श्यामाचरणबाबून विचारलें, "वागाक कशे आपलेवटेन ओडून हाडटात तुमी? मातयेच्या बुडकुल्यांत तोंड घालून, काय वागासारकी गरड घालून? "

"ना ना बाबू. लोहचुंबकान लोखंडाक ओडिल्लेवरी हांव वागाक मंत्रान ओडून हाडटां."

"आमी कासाकूच वतात. तुमी वागाक आमचेमुखार हाडलो जाल्यार धा रुपया इनाम दिवं आमी तुकां. "

"उपकार जातले बाबू! "

"आमकां फटवच्चेनात न्हय तुमी? "

"ना. ना. तसो विचारलेगीत करून नाकात बाबू! "

आमी आतां त्या फकिराभोंवतणी बसले. श्यामाचरणबाबू म्हणपाक लागले, "ह्या गांवांत अशे कांय लोक आसात जे पारध्याच्या दोळयांमुखार वागाक हाडून पयशे जोडटात.

मातयेच्या माठांत तोंड घालून वागासारकी गरड घालतात, हें म्हाका खबर आसा. तुमीय तांचेचसारके काय कितें? "

"हांवें तुमकां पयलींच सांगलां, बाबू, म्हजो मंत्र सामको अस्सल. तो वागाक ओडुन हाडटाच. "

आतां आमी निधिराम चटर्जींक विचारलें, "माठांत वागासारकी गरड घालप हो कितें प्रकार आसता? "

"थोड्या लोकांचो हो धंदोच आसता. ते झिलींनी लिपतात आनी माठांत तोंड घालून वागाभशेन गरड घालतात.ती गरड आयकून वाग ते दिकेन धावून येता आनी पारध्याचो सारको तीर बसता. लडायेपयलीं हे लोक चार रुपया घेताले. आतां तांची फी कितली तें खबर ना! " – निधिरामबाबून विसकटावन सांगलें.

आमी विचारलें, "ह्या प्रकारान वाग लागीं येता हें तुमी पळयलां? "

"खूब फावटीं पळयलां. पूण त्या लोकांचे यत्न खूब फावट फळाक येतातूच अशें ना. घडये त्या रानांत वाग नासताले वा आसलेच जाल्यार ते लागीं आसनात. वा मनशाची सुलूस लागल्यार पळून गेल्लो आसता. आतां आयक. हांव एक बरो अणभवी पारधी.

II CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

फकत मंत्राचो कितलो उपेग जाता पळय. जांकां कासाची आवड आसता, तांकांच एका वागाची कास करतना कितले कश्ट पडटात तें खबर आसता. रान विंचरा, हाकाऱ्यांक आडूंक सांगात नाजाल्यार माचण बांदून रातभर ताचेर जागेच रावात........ ''

''कितें कमी कश्ट आसतात? आनी मंत्रान जर वाग शिकाऱ्याचे नदरेंत येता जाल्यार शिकार करप कितलें सोपें जातलें आशिल्लें. उलयात. पांच रुपयांबदला धा रुपया बक्षीस दिवपाक कित्याक लोक तयार आसचेना?''

''सामकें खरें. मागीर? ''

उपरांत दोन वरां गेलीं. आमी कालव्याची अर्दी लांबाय हुपिल्ली. व्हडें थारयलें. नांगर ऊडयलो. सांज जाल्ली. काळोख जाल्ल्यान जमनीर पांय दवरुपाचें धाडस जायनाशिल्लें. रातचें जेवण आमी वांगडा हाडिल्लें. जेवन आमी व्हड्यांतच आड पडले. श्यामरावबाबूंक मात उमळशीक लागिल्ली म्हूण न्हीद पडनाशिल्ली. ते बशिल्ले थंय फकिरसायबाच्या अजब मंत्राची आनी त्या मंत्राखातीर फकिरसायबांनी केल्ल्या इतल्या काळचे साधनेची काणी आयकताले. सामके अटंग्या रानांत बसून फकिरसायबान वाग लागीं करपाच्या मंत्राची वर्सांची वर्सां साधना केल्ली. आनीकूय अश्योच कितल्योतरी गजाली ते सांगताले! दिसभर भोंविल्ल्यान रातची रोखडीच न्हीद येवपाक जाय आशिल्ली, पूण न्हिदेचें मातलेगीत चिन्न नाशिल्लें.

पूण फकिरसायब तर श्यामाचरण रायचे सोयरे आशिल्ले न्हय! तेखातीर आमकां ओग्गी न्हिदपाचें यत्न करचे पडले. निमणे फांतोडेर मातशी न्हीद लागली तितलीच!

“व्हडें कालव्याच्या तोंडार कित्याक सोडून आयल्यात? ”

“ताचें कारण सामकें सोपें. व्हडल्या व्हड्यांत बसून शिकार करप कुस्तार आसता. न्हंयचे एके धडेर दाट रान, दुसरे कडेची देग दिसना. धाकल्या, अशीर पोंयेन गेलेबगर दोनूय कुशीचें रान दिसना. रानांत तुमी काय वनभोजनाक वचनात....... वतात थंय शिकारेक! ”

निधिराम भट्टाचार्याक वाद घालपाक आवडटालें. कोणाचो विरोध मात सहन जायनाशिल्लो. देखून ते सदांच दुसऱ्याचेर हल्लाबोल करपाचे तयारेंत आसताले. म्हजें उलोवन सोंपलेबगर कोणेच मदीं उलोवंचे न्हय अशें ताणी कित्याक म्हणिल्लें तें आतां कळ्ळें. आमी तांकां समजयत म्हणलें, “आमी मदीं मदीं प्रस्न विचारतात ती फकत उमळशीक म्हूण; तुमच्या गजालींतल्यो खोडी काडपाक न्हय! तुमी फुडें सांगात! ”

निधिराम भट्टाचार्यानी म्हणलें, “बरें आसा. फुडें कितें जालें तें आयकात. आतां म्हजी ही गजाल सोंपतच आयल्या. कितें विचारपाचें आसल्यार, वाद घालपाचो आसल्यार गजाल सोंपतकच घालात, इतलेंच तर म्हणलां हांवें तुमकां! ”

तर, व्हडें थांबोवन रातभर त्या पोंयेत आमी रावले. तेन्नाच कितल्या भिरांकूळ जाग्यार आमी राविल्ले तें आमकां कळून आयलें. चान्ने रातीची शांतताय परतून परतून वागाचे गरडीन इबाडूंक लागली. काकडांगाचें वर्णन करतना श्यामाचरण रायान चूक करूंक नाशिल्ली. सकाळी उटून श्यामाचरण बाबूंक हांवें म्हणलें, “सारके फाव तेच सुवातेर आयल्यात आमी! ”

“तुमी तर सामके नवख्या पारध्यासारकें उलयतात! ”

“अशें कित्याक म्हणटात? ही सुवात कासाक फावसारकी ना? कितलेशेच वाग आसतले भोंवतणी. ”

पूण सायबा रानांतले वाग आनी शिकारेचो वाग एकसारके आसनात. सुंदरबनांत खूबकडेन तुमकां वागांच्यो गरडी आयकूंक येतल्यो, पूण वाग असो खंय दिसना. देखून तर ह्या फकिराक वांगडा घेतलो! आतां फकिरसायबांचे कृपेन.”

“आनी तुमच्या हातगुणान....”

सकाळीं वत येतकच आमी सगळेजाण व्हड्यांतल्यान देंवून रानांत घुसले. रानांत अर्दा मैलांचेर एक मेकळी सुवात आशिल्ली. तिका ‘हतल बादिया ’ अशें नांव पडिल्लें. थंयच दनपरां जेवण रांदून आमी जेवपाचें आशिल्ले.

आमी सामान वांगडा घेवनूच देंविल्ले. जाल्यार कोण परतून जेवणाचें सामान हाडपाक व्हड्याकडेन वतले, दोगा तारयाक वांगडा घेतले, कारण त्या निर्जन रानांत ते व्हड्यांत बसून रावपाक तयार नाशिल्ले.

दोनूय कुशींनी दाट झिली आशिल्ल्यो. पांयांपोंदा तण. काटेखुटे तोपचे न्हय म्हूण

जतनायेन पावलां उडोवचीं पडटालीं. पायवाट खुबूच अशीर आशिल्ली.

फकीरसायब सगल्यांत फुडें आशिल्लें. तांचेफाटल्यान आशिल्ले गुरूजी श्यामाचरण राय, तांचे फाटल्यान दोग मनीस, ते उपरांत हांव आनी निमणे ते दोग तारये.

अचकीत एका जाग्यार कसलोसो आवाज जालो. श्यामाचरणबाबू आनी दोग मनीस भियेवन थांबले, हांव म्हज्याच विचारांनी आशिल्ल्यान कितें जालें हें समजना जावन फुडें गेलो.

हांवें विचारलें, "कितें जालें? तुमी रावले कित्याक? "

तेन्नांच म्हज्या लक्षांत आयलें , सगळयांत फुडें आशिल्ले फकीरसायब खंय दिसना. हांव म्हणपाक वतालों, "म्हाका दिसता फकीरसायब.......... "

श्यामाचरणबाबू म्हणूंक लागलो, "आरेरे! देवा सायबा! असलो देखाव हांवें खंयच पळोवंक नाशिल्लो! आरेरे! "

तांच्या फाटल्यान आशिल्ले मनीस अजुनूय पुतळयासारके पळयत उबे आशिल्ले. एकल्यान म्हणलें, "ओ! बाबू, तुमचे उजवे वटेनचे झिलींतल्यान ...."

श्यामाचरणबाबून दुःखी आवाजांत म्हणलें, आरेरे! गरीब मनीस बाबडो! हांवेंच ताका मंत्र म्हणपाक सांगिल्लें! प्रकार कितें घडला हें त्या दोगाय व्हडेकारांकडल्यान समजलें. उजवेकडल्या टायगर फर्नच्या रानांतल्या एका भिरांकूळ रॉयल बेगॉल जातीच्या वागान उडकी घेतिल्ली आनी तो फकीरसायबांक ओडीत घेवन गेल्लो.

सारकें नियाळटकच उजवेकडल्या झोपांतले झाडांच्यो तेंगशो अजुनूय हालताल्यो.

आमी स्वास अंदून धरून विचारलें, "मागीर कितें जालें? फकीरसायब मेळ्ळें?"

सुंदरबनातल्या नरभक्षक वागान व्हेल्लो मनीस परत मेळटा? वाग ताचेर यथेश्ट ताव मारता. फकीरसायब परतून आयलेच ना. तांच्या गळयांतली माळ झाडाचे खांदयेक हुमकळटाली. आमी तांकां खूब सोदले. श्यामाचरण राय एदे व्हडले शिकारी, वागांच्यो सगळयो संवंयी तांकां पाठ. पूण तेलेगीत कांयच करूंक शकले नात. कोणाकडेन चवकशी करची म्हणली तर ह्या फकीरसायबांचें नांवय आमकां खबर ना.

म्हजे गुरू श्यामाचरण राय म्हणटाले, तो फकीर खऱ्यांनीच गुणी आशिल्लो. मंत्रबळान ताणे खऱ्यानीच वागाक लागीं ओडून हाडिल्लो. पूण आमगेल्या बेसावधपणान त्या फकीराचो जीव गेलो. ताका फकत वागाक लागीं हाडपाचो मंत्र येतालो; वागाचे तावडींतल्यान सुटपाचो मंत्र ताका खबर नाशिल्लो.

फकीरसायबांचो सोद घेवप थांबोवन त्याच दनपरां आमी काकडांगा पोंयेतल्यान न्हंयेंतल्या आमच्या व्हड्याकडेन परतले. जाल्ल्या प्रकारान आमी खूब दुःखी जाल्ले, कास करपाक उमेदूच उरूंक नाशिल्ली.

श्यामाचरणबाबूंक हांवें एक गजाल विचारली, "फकीरसायबांक सगळयांत मुखार

चलपाक कोणे सांगिल्लें? हातांत शस्त्र नासतना अशेतरेन फुडें चलपाचें आसना हें तुमकां खबर नाशिल्लें? ''

श्यामाचरण रायन म्हणिल्लें, ''तुमचेसारकोच म्हजोय त्या फकीराचेर विश्वास नाशिल्लो न्हय. तो फटकिरो मनीस अशेंच म्हाका दिसतालें. ''

♦ ♦

9.

हरुन - अल - रशीदाची सत्वपरिक्षा

आमची शाळा ही त्या वाठारांत एकली-एकसुरी शाळा आशिल्ली. हांगासावन थोड्या अंतरार आशिल्ल्या मोनिपूर गांवांतल्यान दोग मुसलमान भुरगे हे शाळेंत येताले. हे भुरगे गिरेस्त पूण निरक्षर घराब्यांतले. भाताच्या वेपारांतल्यान हातांत जेन्ना पयशे खेळूंक लागले तेन्ना तांच्या घरच्यांनी आपल्या भुरग्यांक शाळेंत धाडपाचें थारायलें. आपल्यो पिळग्यान पिळग्यो अशिक्षीत उरल्यो पूण आतां आपलीं भुरगीं तरी सुशिक्षीत जांवचीं अशें तांकां दिसपाक लगालें. शिकलेंउपरांत ह्या भुरग्यांक भात-विक्रेचो हिशेब दवरुपाक, जमा-खर्च बरोवपाक वा, रोजकीर्द तरी बरोवपाक कळ्ळयार पुरो.

मातलालागसारचें शेत हुपून हे दोगूय भुरगे हे शाळेंत येताले. उबाळांत आमची शाळा सकाळची सुरू जाताली. शाळेचे वाटेर तणातंल्या वालींचेर-झोपांचेर रंगयाळी रानवटीं पूण सुवासीक फुलां धोलतालीं. सकाळच्या पारार सुमाराभायर सवणीं चिंवचिंवतालीं. कुल्ल्यो तणांतल्यान चिखलांत धांवताल्यो. जाल्यार गायो आळसावल्लेसारक्यो सुशेगाद तणाचेर चरताल्यो. वसंत रुतुंतल्या ह्या मनभुलयण्या दिसांनी ह्या दोगूय भुरग्यांचे हात आपसूक आंबे फातरायताले. पूण शाळेची याद येतकच मात तांचे हे खोशयेचेर विरजण पडटालें. तांच्या ह्या आंबे फातरावपाच्या पराक्रमाउपरांत शाळेंतलो इतिहासाचो तास आनी बिपिनबाबूंच्या बडयांची याद सगळी खोशी झोपून घेताली, हेंय तितलेंच खरें.

हे दोगूय घट इश्ट आशिल्ले. एकल्याचें नांव हरून जाल्यार दुसऱ्याचें नांव अब्दूल कासिम. दिसपाक सादे-सुदे सामके गांवगिरे. ताणी अजून बोनगांव हो तालुक्यांतलो गांवलेगीत पळोवंक नाशिल्लो. अब्दुलाच्या हातांत मातलाच्या रेब्यांतल्यान हाडिल्ल्या साळकांचो एक तुरो आशिल्लो. फणिबाबू ह्या तांगेल्या सराक फुलां खूब आवडटालीं. म्हूण हीं फुलां सराच्या मेजार सजोवपाचो ताचो विचार आसलो.

हरुनान विचारलें, "अब्दूल, पणसा-कुवले काडटलो?"

"खंय आसात?"

"रस्त्याकडेन आशिल्ल्या पणसाचे काडुंया. तीं आडां सरकाराचीं. कोणेय तांची पणसुलां काडल्यार जाता."

"कोणाक ते कुवले? आं.... बिपिनबाबूंक ते दिवपाचो विचारबीन आसा काय कितें तुजो? "

"हय. आमी शाळेंत वता आसतना दोन पणसाचे-कुवलें तांच्या घरांत दिवंया. ते दितकच तरी सराल्यो बडयो खावपांतल्यान आमची सुटका जातली अशें म्हाका दिसता. "

बडयेच्या मारांतल्यान वाटावपाचें हें तंत्र तांकां खूब पयलीं मेळिल्लें. बिपिनबाबुल्या घरा पणसाचे कुवले दिले म्हणटकच बिपिनबाबू वर्गांत ह्या दोगांयकडेन आडनदर करताले. वर्गांतल्या हेर भुरग्यांक मात ते बडयेचो प्रसाद दिताले. तर, हरून पणसार चडलो आनी दोन मोटे कुवले तोडून ताणे ते जिखून धरपाखातीर सकयल उबो राविल्ल्या अब्दुलाकडेन उडयले. कुंवले भेट दिवपाचें फळ मेळटलें काय ना हाची मात तांच्या मनांत आयज दुगदुगच आशिल्ली. कित्याक तर इतिहासाच्या वराक प्रस्नांच्यो जापो दिवपा इतलोय अभ्यास ताणी करूंक नाशिल्लो.

बिपिनबाबूचें घर मुखेल रस्त्याचे कडेकच आशिल्लें. घर सामकें सादें. वयर पत्र्याचें पांखें.

घराभायर कोण दिसले ना म्हूण हडल्यानान व्हडल्यान उलो मारलो "सर! सर!"

बिपिनबाबूली बायल भायर आयली. तिची न्हीद मोडल्या आसतली हें तिच्या दोळयांवयल्यान दिसतालें. ती बरीच तिडकल्ली. ती आपलेच भितर तणतणली.

"इतलें सकाळे हे नावाडगे....... "

पूण कुंवल्यांचेर नदर वतकच तिचें उलोवणे तोंडातूच उरलें. तिची तिडकय निवळ्ळी आनी आवाजय देंवलो.

"वा! काय बरे पणसाकुवले! खंयसावन हाडले तुमी हे? "

बिपिनबाबू तेआदींच शाळेंत गेल्ले म्हूण भुरग्यांनी ते कुवले सरांचे घरकान्नीकडेन दिले. आयज बिपिनबाबूंचो पयलोच तास हरून आनी अब्दुलाच्या वर्गाक आशिल्लो. भुरग्यांक शाळेंत येवपाक पांच मिनटां जरी कळाव जालो जाल्यार उण्यात उणे आठ आणे तरी दंड अशी ख्यास्त आसताली.

तेखातीर ते धडधडट्या काळजानूच वर्गांत भितर सरले.

"हरून, अब्दूल हांगा येयात."

हरून भियेत-भियेत फुडें आयलो. बिपिनबाबू तिडकले, "खंय आशिल्ले रे तुमी? इतलो कळाव कित्याक जालो तुमकां दोगांकय? "

"सर, ते कुवले................"

"कितें? कुवले? यो असो यो. "

हरून समजुपाचें तें समजलो. आतां सर बडयो मारपाक सुरू करतलोच तेखातीर ताणे सरळ विशयाकूच हात घालो. " दोन कुवले तुमच्या घरा सर,............"

"दोन कुवले म्हज्या घरा कितें म्हणपाचें आसा तुका? "

"बरे मोटे कुवले आसात सर. बाईकडेन दिल्यात. सर, तेचखातीर आमकां नातसो कळाव जालो. ते काडपाक झाडार चडचें पडलें ना! "

हो उपाय सामको पथ्यार पडलो. बडी मारपाचे तयारेंत आशिल्ल्या बिपिनबाबूचे हात थांबले. ते एक उतरय उलयले ना. हरून आनी अब्दूल लडाय जिकिल्ल्याच्या थाटान वर्गांत बसपाक गेले. पयल्या बाकार बशिल्ल्या जुगलाक ताणी धुकलपाचो यत्न केलो. जुगल बरो भुरगो. ताणे उबो रावन बिपिनबाबूंकडेन कागाळ केली, "सर, हांव हे सुवातेर आदी सावन बसतां. हरून-अब्दूल उसरां शाळेंत येतात आनी आतां तर ते म्हजे सुवातीवयल्यान म्हाका उठोवपाक पळयतात. "

बिपिनबाबू जुगलाचेर तिडकले, "त्या दोगांकय थंय बसपाक जाय जाल्यार बसूं दी तांका थंय. तो बांक तुज्या एकल्याखातीर तयार करूंक ना. दी तांकां तो जागो. तांणी कितें थंय उबे रावप? मूर्ख खंयचो. "

जुगलाक फुडें धुकलून हरून थंय बसलो. अब्दूलान जुगलाक आनीकय फुडें धुकल्लो आनी त्या बांकार आपणेय सुवात बळकायली.बाबड्या जुगलाक थंयसावन उठून दुसरेकडेन बसपाक सुवात सोदची पडली.

त्या दिसा बिपिनबाबूचे त्या वर्गार सेगीत तीन तास आशिल्ले. देखुनूच हरून आनी अब्दुलान तांच्या घरा दोन मोटे कुवले भेट दिल्ले आनी बडयांचो मार चुकयलो. पूण ताचेपरस चड मोटें संकश्ट दाराभायर तांची वाट पळयतालें. दाराभायर एक घोड्यागाडी उबी राविल्ली ताणी पळयली.

"घोड्यागाडयेंतल्यान आयल्यात ते कोण रे? " - हरूनान चवकशी केली.

"म्हाका खबर ना. " अब्दूलान जाप दिली.

त्याचवेळार तांचे दुसरे एक शिक्षक शिवनाथबाबू तेवटेन वताले. ताणी भुरग्यांक धपकायले, "चलात रे सगळे वर्गांत. कोलकत्त्यासावन इन्स्पेक्टरबाबू आयल्यात. ते येतलेच तुमच्या वर्गांत. चलात. "

सगळेजाण भियेवनूच वर्गांत गेले. हरून आनी अब्दूलय भुरग्यांवांगडा वर्गांत वचून बसले. तांच्या वर्गांत हैदर अली नांवाचो एक भुरगो शिकतालो. तो लागींच्याच मुसलमान वस्तींतल्या रसूलपूर गांवांतलो. हरुन आनी अब्दूलाचेच पिरायेचो. हरूनान म्हणलें, "आमचे कपडे नितळ नात. इन्स्पेक्टरसायब आमकां तापयतले. "

"म्हूण कितें जालें? " हैदरान म्हणलें.

"आमचेर बडयो पडटल्यो. "

"अशें? आरे, इतलें सोपें ना तें." हैदरान धाडशीपणाचें सवंग पांगुरलें खरें पूण

इन्स्पेक्टरसायब कशे वागतले हाचो मनांतल्यान ताकाय दुबाव आशिल्लो. हरूनाक दिसतालें. फकत आमकां पिडापीड करपाकच हे इन्स्पेक्टर लोक कोलकोतासावन तांच्या गांवांत येतात. कांय मिनटां अशींच अस्वस्थतायेंत गेलीं. उपरांत थ्री-पीस सुटांतले इन्स्पेक्टरसायब वर्गांत आयले. तांचे फाटोफाट तोंडार हुस्को दाखयत हेडमास्तर आयले. तांकां मान दिवपाक बिपिनबाबू उटून उबे रावले.

इन्स्पेक्टरसायबान वर्गाविशीं चवकशी केली आनी विचारलें, “कसल्या विशयाचो तास हो? ”

“इतिहासाचो.” बिपिनबाबून सांगलें.

“वा !“ इन्स्पेक्टरसायबान हरुनाकडेन पळयलें आनी विचारलें, “नांव कितें रे तुजें?”

इन्स्पेक्टरसायबांक भियेल्ल्या हरूनान ल्हवू आवाजांत सांगलें, “म्हजें नांव हरून अल रशीद, सर ! ”

“अब्बा ! बगदादच्यान हांगा केन्नां आयलो तूं? ”

“कितें म्हणलें सर? ”

“आरे, तूं बगदादच्यान भेस बदलून आयला? ”

हरूनाक प्रस्नाचो अर्थ सारको कळूनाशिल्ल्यान तो गोंदळळेवरी जाल्लो. हेडमास्तराक मात हांसूंक येतालें.

“हांगां यो. इतिहास वाचला मरे तुवें ? ”

“हय सर. ”

“कुतुबुद्दीन कोण आशिल्लो? ”

“तो एक राजा आशिल्लो. ”

“खंयच्या देशाचो राजा आशिल्लो? खंयच्या देशांत रावतालो? ”

“विलायतेंत. लंडनाक रावतालो तो, सर. ”

“वा ! वा ! आतां म्हाका सांग, अकबर कोण आशिल्लो? ”

हरून चिंतनेंत पडलो, पूण रोखडेच ताणे जाप दिली. “अकबर सेनापती आशिल्लो.”

“कोणाचो सेनापती?”

“राजाचो सेनापती आशिल्लो.”

“खंयच्या राजाचो? ”

“लंडनच्या राजाचो सर.“

“वा ! वा ! वा ! खूब सुंदर ! बगदादचे राजे हरून-अल-रशीद, तुमचें इतिहासाचें गिन्यान अगाध आसा. तर कितें म्हणटा तुमचें बगदाद शार? ”

“बगदाद ” हें आपल्या गांवचें इंग्लीश नांव दिसता अशें समजून ताणें म्हणलें, “सगळें बरें आसा, सर ! ”

इन्स्पेक्टर आनी हेडमास्तर व्हडल्यान हांसपाक लागले. हेडमास्तर अशे मर्दीच कित्याक हांसले जायत काय हाचें कारण मात हरूनाक समजलें ना. ताणे हेडमास्तराच्या तोंडाकडेन पळयलें तर ते विश्वामित्रासारके रागीट नदरेन ताचेचकडेन पळयताले. आपले नदरेन ते आता हरूनाक भस्म करून उडयता अशे दिसताले.

साद्या-बाबड्या हरूनाक आपली कितें चूक जाली तेंच कळनाजालें. बिपिनसरलेगीत

तिडकल्यात आनी निरशेल्यात अशें ताका दिसलें.

इन्स्पेक्टरसायबान म्हणलें, "कितलो नेणार भुरगो हो? "

हेडमास्तरान मात पस्तावल्या सुरान जाप दिली, "सामकीं गांवगिऱ्या वाठारांतलीं भुरगीं हीं. सर, तांचे आवय-बापूय निरक्षर. "

"चलात, आमी दुसऱ्या वर्गांत वचुया. " इन्स्पेक्टरान म्हणलें.

सुमार एका वराउपरांत हेडमास्तर परतून हरूनाल्या वर्गांत आयले. ताणी हरूनाक म्हणलें, "आरे हरून, बादशाह हरून-अल-रशीद हो बगदादचो एक फांकिवंत राजा आशिल्लो. तुका ताचेविशीं कितेंच खबर ना? तो गरीब आनी गरजेवंतांक सदांच आदार करतालो, तेखातीर तो फकिराच्या भेसांत बगदादांत भोवतालो आनी आपले प्रजेच्यो कितें अडी-अडचणी आसात हांची चवकशी करतालो. हरून, तुकां त्या व्हड राजाचें नांव आसा हें मतींत दवर."

शाळा सुटचेपयलीं बिपिनबाबू परतून वर्गात आयले. तांच्या पांयांची तिडक मस्तकाक पाविल्ली.

"हरून, हांगा यो. इन्स्पेक्टरसायबामुखार तुवें तुमच्या वर्गाचें हांशें करून घेतलें. अक्कलशुन्य! मूर्ख हे बडयेन तुकां हांव सारको सरळ करतां राव."

हरूनाचे दोळे भरून आयले. ल्हव ल्हव पावलां घालीत तो बिपिनसराकडेन वचपाक लागलो. इतल्यान देव पावलो! हेडमास्तराचो शिपाय होरू वर्गांत आयलो आनी म्हणपाक लागलो, "इन्स्पेक्टरसायबान हरूनाक आपयला."

"या अल्ला! कसलें हें आनी संकश्ट? सकाळीं उठून कोणाचें तोंड पळयल्लें काय हांवें?" हरूनान मनांत म्हणलें.

इन्स्पेक्टरसायबान हरूनाक विचारलें, "तूं खंय रावता हरून?"

"जंगीपूर गांवांत, सर!" हरूनान भियेत-भियेत जाप दिली.

"हांगासावन कितलो पयस आसा तो गांव? "

"दोन मैल अंतराचेर आसा सर."

"आयज सकाळी कितें खाल्लें तुवें?"

"तांदळाची पेज, सर!"

"वा! म्हाका सांग. तो मसरूर आतां खंय आसा?"

हरून गोंदळ्ळो.

"तुका खबर ना? बगदादचो तो हिजडो मसरूर रे?" इन्स्पेक्टरान ताचीं फकाणां केलीं.

आपलो ताळो सुकत वता हें हरूनाक कळ्ळें, दुकां भरिल्ल्या दोळयांनी ताणे आपलीं फकाणां मारपी त्या इन्स्पेक्टरसायबाच्या तोंडाकडेन पळयलें आनी गोंदळून मान सकयल

WORLD KONKANI CENTRE

घाली. तशीच ताणे आपली नदर दाराकडेन वळयली. हातांत बडी घेवन बिपिनबाबू आपली वाट बीन पळना मूं? सकाळी तांच्या घरा दिल्ले ते कुवले फुकट गेले. म्हजें हरून-अल-रशीद हें नांव म्हज्या बाबान दवरलां. तातूंत म्हजो कितें दोश? हांव थोडोच जापसालदार हे गजालीक?

ताच्या दोळयांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं.

इन्स्पेक्टर मायेस्त काळजाचे आशिल्ले. ताणी हरूनाक म्हणलें, "पळय शाण्या, रडूं नाका. आतां घरा वच आनी एक गजाल सदांच मतींत दवर. एका खूब बऱ्या आनी व्हड अश्या उदार मनशाचें नांव तुका मेळ्ळां. इतिहासांतली एक म्हान व्यक्ती ती."

शाळेंतल्यान घरा परतताना अब्दुलान म्हणलें, "हरून आमी फाल्यांय सराक कुवले दिवपाचे? आयज सराक काय प्रस्न विचारपाक वेळ मेळ्ळो ना. फाल्यां सेर्त ते आमकां प्रस्न विचारतलेच.......... आनी आयक रे, इन्स्पेक्टरसायबान तुका आपोवनसो व्हेल्लो?"

हरून मोटे शिटूकसाणेन उलयलो, "हें पळय, आत्तांच्या आत्तां चार-पांच कुवले काड. आमी आयजच ते सराच्या घरा व्हरून दिवंया नाजाल्यार फाल्यां ते वर्गात आमची यथेश्ट करड काडटले. आयज मात सामको सत्वपरिक्षेचो दीस आसलो........ "

हरून आनी अब्दूल घरा पावले तेन्ना दनपार उलगून गेल्ली.

♦ ♦

10.

काशी कविराजांची काणी

काशी कविराज, हातांत एक धाकली बॅग घेवन सदांच म्हज्या आंगणां मुखावयल्यान वताना म्हाका दिसताले. काशी कविराज हे आयुर्वेदीक वखदां दिवपी एक वैज आशिल्ले. अशा वैजांक बंगालांत 'कविराज' म्हणटाले. ते वतना दिसले म्हणटकच हांव तांकां विचारी, "कितें? खंय चल्ले?" ह्या प्रश्नांक तांची जाप सदांच अशी आसताली – कनकपुराक चल्लों. एका पिडेस्ताव पळोवपाक. तो खूब दुयेंत आसा....... आनी..... "

एकदां ताणी म्हाका म्हणलें, "आयज हांव नैहाटीच्या एका पिडेस्ताकडेन व्हिजीटाक वतां आनी थंयसावन मागीर रामनगराक."

"वा! म्हणजे थंयलेगीत तुमचे पेशंट्स आसात दिसता!"

"आसात तर! कितलेशेच कडेन म्हजे पेशंट्स आसात! आरे, तुमकां खबर आसा? म्हयन्यांतल्यान दोनदां म्हाका कलकत्त्याक वचचें पडटा दुयेंतीक पळोवपाक !"

हांव भितरले भितर हांसलो.

1947 वर्सा भारताची फाळणी जाली तेन्नासावन काशी कविराज आमच्या गांवांत रावताले. ते पूर्व पाकिस्तानांतल्यान (आताचो बांगलादेश) आयिल्ले. आनी आशी-कुशीक गच्च पूण वाडिल्ल्या आमरायत मोडपाक पाविल्ले खोपींत रावताले. आमराय एखादल्या दाट रानासारखी आशिल्ली. किर्णांय भितर सरनाशिल्लीं. काशी कविराजांचे बायलेक हांवें हाडकूळे कुडीर सार्डा न्हेसून शीत रांदतना पळयल्लें. काशी कविराजांचो धंदो तर इतलो बरो चलतालो जाल्यार मागीर ते एका गरीब मनशासारके कित्याक रावताले?

आषाढ म्हयन्यांतल्या एका दनपरां मळब कुपांनी गच्च भरून आयिल्लें. खंयच्याय खिणाक पावसाक सुरवात जातली अशें दिसतालें. अचकीत काशी कविराज बेगीबेगीन म्हज्या आंगणामुखावयल्यान वता ते दिसले. तांच्या उजव्या हातांत सदचीच बॅग आशिल्ली.

हांवें तांकां उलो करून विचारलें, "कविराज मशाय, ओ कविराज मशाय! असल्या पावशी वाऱ्याचे खंय चल्ले? पावशी मळब पळोवंक ना?"

काशी कविराज खोशी नुरेन म्हजेकडेन आयले.

“ म्हाका एका पेशंटाक पळोवपाक रानघाटाक वचूंक जाय!”

“ पेशंट कोण?”

“ पेशंट एक मद्रासी. ताचो पांय सुजला आनी दोतोरान तो पांय बरो जावपाची आशाच सोडल्या. तीन फावटी ताणी इकस्रो (एक्स-रे) काडलो. पूण हांव म्हणटा, म्हाका त्या इकस्रा-बिकस्राची कांयच गरज ना. म्हाका म्हजे दोळेच पुरो. ”

म्हाका हांसचे कशें दिसलें. जर काशी कविराज येदे व्हडले दोतोर आशिल्ले, जाल्यार ते कड्डाचें पाखें आशिल्ल्या आनी गच्च वाडिल्ल्या तणातले खोपींत कित्याक रावताले? फकत फटाशो मारून काय ते व्हडले वैज जावंचे नाशिल्ले.

“बरें दादा, एक कप च्या घेता?”

“जाता! पावसूय येता. हांगां थोडोवेळ रावता.”

“तुमची प्रॅक्टीस बरी नेटान चल्ल्याशी दिसता हालीं? ”

“हालींच कित्याक? म्हजी प्रॅक्टीस सदांच नेटान चलता. म्हज्या तंत्रीक उपायांनी हांव असाध्य दुयेंसय बरें करूंक शकता.”

“खरेंच? ”

“तंत्रीक कविराजी पध्दतीन भूत काडून धांवडोवन लावपांत हांवें नांव जोडलां!”

“तुमी खऱ्यानीच भुतां धावंडावन पिडेस्तांक बरे केल्यात?”

“हो प्रस्न विचारता ते तुमी कितें पिशे? म्हज्या तंत्रीक शक्तीन हांवें कितली असाध्य दुयेंसां बरीं केल्यांत तें खबर आसा तुमकां?”

“खरेंच?”

“तुमचे सारकिल्ले अस्तंती शिक्षण शिकिल्ले लोक आमगेल्या पुर्विल्ल्या भारतीय गिन्यानाची फकाणां करतात आनी भुतां-खेतांचेर विश्वास दवरिनात. तुमचो विश्वास आसा भुतांचेर?”

हांव मातसो गोंदळ्ळो. आतां काशीनाथ भुतां-खेतां, समंध, वेताळ हांचेर भाशण सुरू करतलो असो म्हाका भंय दिसलो. हांवें म्हणले, “म्हजो ह्या सगळयांचेर विश्वास नासलो जाल्यार कसलो फरक पडटलो?”

“बरें आसा. म्हाका खबर आसा. तुमकां इंग्लीशवाल्यांक आमचे विशीं मात्तूय आदर ना. अस्तंती शिक्षणान तुमकां इबाडल्यात. गैरसमज करून घेवं नाकात दादा! हांवें तुमकां सत कितें आसा तें सांगलां. वा! च्या जाली! आतां तुमकां एक गजाल सांगता. खरी घडिल्ली घडणूक आं ही!”

इतले मजगती दडकांनी पावस सुरू जाल्लो. सूर्य कुपांआड लिपिल्लो. काशिनाथ कविराजान गजाल सांगपाक सुरवात केल्ली.

तांच्या तंत्रीक वखद-उपायांकलागून तांकां वेगवेगळया जिल्ह्यांतले पिडेस्त मेळिल्ले. सुमार धा वर्सांपयलींची ही खबर.हरिहरपूरचे जमिनदार शिवचंद्र मुखर्जी हाणी तांकां आपल्या दुयेंत भुरग्याचेर उपाय करपाखातीर आपयिल्ले.

"तुमी त्या गांवांत पयलीं केन्नां गेल्ले?"

"ना."

"तुमी त्या गांवाचें नांव केन्ना आयकल्लें?"

"हय तर. हरिहरपुरचे जमीनदार तर आमच्या वाठारांतले एक नांवांजते मनीस आशिल्ले."

"तुमी थंय केन्ना पावले? आमोरी जावंचे आदीं?"

"काळोख जावचे मातशे पयलीं, आतां आयकात........"

काशिनाथ कविराज सांगूंक लागले, ते भव्य बिल्डींगेचो फुडलो भागूच सुमार चौखण मैलाचो आशिल्लो. तो पळोवन तांकां खऱ्यानीच अजाप जालें. बिल्डींग खूब विशाळ आशिल्ली. आनी तिचे भोवतणी व्हडलो तट बांदिल्लो. कविराजांक एक व्हडलें दार दिसलें. त्या दारांतल्यान वतकच व्हडलो व्हरांडा आनी हॉल आशिल्लो. दाराचे दुसरे वटेन 'दोल'. होळी खेळपाखातीर बांदिल्ली देवळाची इमारत आशिल्ली. एक 'रास' मंच लेगीत आशिल्लो. पूण ते इमारतीचो समूह इतलो पोरनो आशिल्लो.......... आनी ते इमारतीचे खाचींतल्यान इतले पिंपळ किल्लून आयिल्ले ताचेवयल्यान केन्ना काळार ही सुवात सोबीत आनी समृध्द आशिल्ली, हें कळून येतालें. मंदिराच्या कळसाचेर साळोऱ्यो आनी रानवटी चानयानी आपले घोटेर केल्ले. मंदिरामुखार एक व्हडलो हौद आशिल्लो. पूण तातुंतल्या उदकाचेर शेळो दाटिल्लो.

काळोख जायत येतालो. त्या पोरन्या वैभवाच्या भागांकडेन पळोवन म्हज्या मनांत एक गूढ भावना दाटून आयली. " कसले तरेची भावना?" हांवें विचारलें.

"म्हाका ती सारकी स्पश्ट करून सांगपाक येना. दादा! "

ती भावना ना भयाची ना खोशयेची. पूण म्हाका मनांतल्यान सारके दिसलें, हें घर अपशकुनी आनी दुर्दैवी. आनी असल्या ह्या घरांत हांवें पावल दवरप न्हय. घडये तुमकां अशें दिसूंक ना आसतलें. पूण म्हाका मात ते आदींय दोनदां अशे तरेची जाणविकाय जाताली. आसूं. फुडली गजाल सांगतां..........

काशी कविराजांनी दुयेंतीक तपासलो. तो धा वर्सांचो भुरगो आशिल्लो. ताका टायफोइड जाल्लो. भलायकी चड इबाडिल्ली. काशी कविराजानी मंत्र पठनान आनी गूढ पध्दतीचे पुजेन आपले तांत्रीक पध्दतीच्या उपायांक सुरवात केली. झाडपाल्यापासून वखद तयार केलें. पिडेस्ताक त्या वखदाचे एके मात्रेनूच बरें दिसलें.

सारके मध्यानरातीच्या अदमासाक कविराजान आपले दुयेंतीवयले उपाय सोपयले. ते जेवले आनी दारालागसारूच आशिल्ले आपले कुडींत आयले. कूड बरी आशिल्ली. खाट बरी घाल्ली ताचेर सोबीत धव्योच चिरयो घाल्लीं उशी आशिल्लीं. किंमती मच्छरदाणी आशिल्ली. खाटीलागसार एक मेज आशिल्लें. ताचेर उदकान भरिल्लो रुप्याचो तांबयो-पेलो आनी पानाचो दबो आशिल्लो. काशी कविराजांक आनीक कितें जाय आशिल्लें?

हांवें म्हळें, "गिरेस्त जमीनदार अशेच तरेन येवकार दितात!"

" तें खानदानी घराणें आशिल्लें न्हय! तांची गिरेस्तकाय गेल्ली. पूण तांच्यो संवयो आनी रीत तांचें पोरने वैभव दाखयताली!"

" फुडें कितें घडलें?"

काशी कविराज फुडें सांगूं लागले. ते हाथरुणार आडवे मात जाल्यात, इतल्यांत तांकां धव्याफुल्ल चान्नाच्या उजवाडांत माथ्यार पदर घेतिल्ली एक बायल बेगी-बेगीन जमीनदाराच्या ह्या घरावटेन येता ती नदरेक पडली.ती दारांतल्यान भितर आयली. काशी कविराजांक अजाप दिसलें. कारण गांवगिऱ्या वाठारांतली कोणूय बायल इतले रातची परक्याच्या घरा वचप आडवादूच! कोण आसूंक शकता ती? ती सुंदर आनी बऱ्या घराण्यांतली दिसताली. तांका तिचे तोंडाचो थोडो भाग आनी हात दिसले. ताणी चिंतलें. असले गजालींत आपणे नाक रिगोवप न्हय. आपूण फकत एका दुयेंतीक बरो करपाक आयला. तांकां कितें करपाचें तें करूंया!

"तेन्नां कितलीं वरां जाल्ली?"

"मध्यानरात उलगल्ली. चड करून रातचें एक वर जाल्लें आसूंक जाय."

"ती बायल शेताकडल्यान आयिल्ले ते वटेन घरां आशिल्लीं?"

"ना. ना. कोडाली न्हंयेमेरेन शेकानशेक पातळिल्लें शेत तें. उबाळांत न्हंय चडशी सुकता आनी लोकांक चलत चलत पलतडच्या देगेर आशिल्ल्या बलरामपूर गांवांमेरेन वचूंक मेळटा."

"ती बायल बऱ्या घराण्यांतली आशिल्ली, हें तुमकां कशें कळ्ळें?"

तिच्या हाताचो आनी पांयांचो जो थोडो भाग दिसतालो ताचेवयल्यान ती गोरीपिट्ट आसूंक जाय. तिच्या तोंडार जरी पदर आशिल्लो तरी चान्न्यांत तिची गोरी कात कळटाली....... आनी तिची चाल भारदस्त आनी झेताची आशिल्ली.

"ती दारांतल्यान भितर सरली तेन्ना थंय दुसरो कोण आशिल्लो?"

"ना. कोण नाशिल्लो"

"तिणे तुमकां पळयलें?"

"ती लागीं लागीं धावतूच घरांत आयली. तिणे म्हाका पळयला आसतलो अशें

कांय म्हाका दिसना."

काशी कविराज बाबडे सादे-सुदे आशिल्ले. ते उदक पियेले. मच्छरदाणी सोडली आनी हाथरूणार न्हिदले. हुस्क्यान तांकां न्हिदच पडना जाली. ते बरे अणभवी कविराज आशिल्ले तेखातीर त्या दुयेंत भुरग्याची गंभीर अवस्था तांकां कळिल्ली. ते वखद करपाक आयिल्ले, न्हिदपाक न्हय. कांय मिनटांनी तांकां तीच बायल दारांतल्यान परतून भायर शेतावटेन वताना दिसली. तिची धवी साडी पयसुल्ल्यानूय स्पश्ट दिसताली.

"ती एकलीच शेतावटेन गेली?"

"हय एकलीच. तीय बीन मध्यान राती उपरांत."

"तुमकां कितें दिसलें?"

"म्हाका तर अजापाचो धकोच बसलो. अशी सुंदर बायलमनीस मध्यानरातीर एकली-एकसुरी मेकळ्या शेतावटेन वताना हांवें केन्नाच पळोवंक नाशिल्ली."

ते कांय वेळ चिंतीत उरले. इतल्यांत तांका भितरल्यान आपयले. भुरग्याची भलायकी परतून इबाडिल्ली. ते भितर गेले. भुरग्याची भलायकी इबाडल्या हें तांकां कळ्ळें पूण अशी अकस्मात कशी इतली इबाडली हाचें तांकां अजाप दिसलें. ती इतली इबाडपाचीच न्हय. खूब यत्न करतकच भलायकी मातशी सुदारली. काशी कविराजांक उपरांत शांत न्हीद लागली.

त्या दिसा तो भुरगो आनी ताचो बापूय जमीनदार बाबूलेगीत खोशी दिसले. पयले दीस ते निरशेल्ले. दनपरां जमीनदारबाबू कविराजांवांगडा बुद्दिबळाचो एक दाव खेळ्ळे आनी उपरांत तांका घेवन ते व्हडल्या तलावांत नुस्तें धरपाक गेले. दनपारां जेवण बरे आशिल्लें. बऱ्या तांदळाचें शीत, रोहू नुस्त्याचें हुमण, दूद, धंय, संदेश, मिठाय............ कितें आनी कितें! कविराज आनी जमीनदारबाबू खोशयेंत आशिल्ले.

पूण ते रातीय वेगळेंच अशें घडलें. काशी कविराजांनी तर असली घडणूक सपनांतलेगीत पळोवंक नाशिल्ली. भुरग्याची भलायकी सुदारत वताली म्हूण ते बेगीनूच जेवले आनी हाथरूणार आड पडले. पूण एक वेगळेच तरेची भावना तांकां सतावपाक लागली. न्हीद पडना जाली. रातचें एक वर जाल्ल्याचे ठोके पडले, तरी ते जागेच आशिल्ले. इतल्यांत तांकां तीच पदर माथ्यार घेतिल्ली बायल जमीनदाराचे हवेलींत भितरले वटेन वतना दिसली.

काशी कविराज गोंदळ्ळे. ते बायलेक रातचें एकल्यान येदें व्हडलें शेत हुंपून येवपाक भिरांत कशी दिसना? पंदरा वीस मिनटांनी ती बायल कविराजाचे कुडींत भितर सरली.

"ती तुमचे कुडींत आयली?" हांवें अजापान विचारले.

"हय. ती भितर आयली आनी म्हजेमुखार उबी रावली."

"तुमचें कुडींत दिवो पेट्टालो?"

"त्या भुरग्याक लागून म्हजे कुडींतलो दिवो रातभर पेट्टालो."

ती भितर सरली. तिणें तोंडावयलो पदर काडलो आनी कविराजांच्या दोळ्यांत पळयलें. ती खूब सुंदर आनी भारदस्त आशिल्ली. तिणे कविराजांक हुकूम केलो. "तुमी हांगा आनीक रावूं नाकात. ह्या घरांतल्यान वचात!"

गोंदळून आनी ओ करून काशी कविराजानी तिचेकडेन पळयलें आनी नमळायेन विचारलें, "बाईसायब, तुमी कोण हें मातशें सांगशात?"

"हांव कोण हें म्हत्वाचें न्हय. तुमी हांगासरल्यान वता काय ना?"

"बाईसायब, हांव एक वैज. आनी जमिनदारसायबान म्हाका तांच्या भुरग्याक बरो करपाखातीर हांगा हाडला. ताका बरो केलेबगर हांव हांगासरल्यान कसो वचूं?"

"तुमी काय ताका बरो करूंक शकचेच ना. फाल्यां सकाळमेरेन तुमी ह्या घरांतल्यान वचूंकच जाय!"

"तो भुरगो बरो जावंचोच ना, हें तुमी कशें खात्रीन सांगूंक शकतात?"

"हांव ताची आवय. ताची सावत्र आवय ताचो मानसीक आनी शारिरीक छळ करतात............ तें म्हाका सहन जायना. हांव ताका ताचे सावत्र आवयकडल्यान सोडोवन व्हरपाक हांगा आयल्या. तुमी काय ताका बरे करपाक शकचेना. तो म्हंजेवांगडा येतलो."

काशी कविराजांची तकली गरगरल्लेवरी जाली. ते गोंदळळे. तांच्या तोंडातल्यान धड उतरय फुटना जालें.

"म्हज्या मरणा उपरांत ताचो बापूय चार वर्सांनी दुसरें लग्न जालो. तांची ही दुसरी बायल म्हज्या भुरग्याकडेन दुश्टपणा करता. म्हज्या भुरग्याची दुकां म्हाका थंय शांतपणान रावूंक दिना. हांव एकली रावूंक शकना. म्हजो भुरगो म्हज्यावांगडा रावतलो. तुमी आमच्या दोगांमदीं कित्याक येतात? म्हज्या भुरग्याक बरो करपांत तुमकां यश येवंचें ना आनी लोक तुमकां दुशण दितलें. तेपरस तुमी हांगासावन परत गेल्ले बरे..........."

काशी कविराजांच्या आंगांतलें बळूच गेल्लेवरी जालें. तकलेंत सगळो गोंदळूच जाल्लो. पूण तांचे शिटूक बुद्दिनूच ताणी ते बायलेक हात जोडले आनी म्हणलें, " बाईसायब, एक गजाल तुमी मतींत धरूंक जाय. जमीनदारबाबूंचो म्हळयार तुमच्या घरकाराचो आपल्या पुताचेर खूब जीव आसा....... जर तुमी त्या भुरग्याक व्हेलो ...... तर जमीनदारबाबूंक ...... म्हळयार तुमच्या घरकाराक ...... कितलें दूख जातलें हाचो विचार करात...."

"तांचे दुसरे बायलेक तांचेपासून भुरगीं जातलीं आनी त्या भुरग्यांवांगडा ते मजेंत रावतले!"

"बाईसायब, तुमकांच जर तुमच्या घरकाराच्या सुखाचो हुस्को ना जाल्यार दुसरो कोण तांच्या सुखाचो हुस्को करतलो? तांच्या सुखाची जतनाय फकत तुमीच घेवपाक शकतलीं. हांव तांकां हें सगळें स्पश्ट आनी बरेतरेन सांगन. तुमचे घरकार जर दुसरे बायलेकडल्यान जावपी तुमच्या भुरग्याचो जावपी छळ थांबोवंक शकता जाल्यार तुमी म्हाका उतर दियात तुमच्या भुरग्याक ताच्या बापायकडेन रावपाक दितली म्हूण. "बाईसायब, हांव हेविशीं तुमच्या घरकाराकडेन, जमीनदारबाबूंकडेन उलोवं?"

"बरें आसा. तुमी यत्न करात."

ती कुडीभायर सरली आनी दरवटो हुपून मध्यानरातीच्या चाऱ्यांत नाच्च जाली.

"खरेंच?" हांवें अजापून विचारलें.

"हय. संर्त."

"पूण तुमकां ती स्पश्टतरेन दिसताली? ती धुंवर धुंवर कशी दिसनाशिल्ली न्हय?"

"ना. ती पूराय कूड बायलेचीच आकृताय आशिल्ली. गूढ, दुबावाचें अशें तिच्यांत कांयच दिसनाशिल्लें. हरशीं खंयचेय बायलेकडेन उलयता तसोच हांव हे बायलेकडेन उलयलो. कसलेच तरेचो भंय असो म्हाका दिसलो ना."

ती बायल काशी कविराजांचे नदरे पलतडीं पावली इतल्यांत कविराजांक घरांत आपयले. भुरग्याची भलायकी खुबूच खालावल्ली. पुराय दिसभर तो बरो आशिल्लो. वैजान ताचेर उपाय केल्ले. ताकालागून ताचें दुखप तितल्यापुरतें कमी जाल्लें. आतां फांतोड जावपाकडेन पाविल्ली. काशी कविराजांनी जमीनदारबाबूंक कितें खाजगींत सांगपाक जाय म्हूण कुडीभायर व्हेले.

"जमीनदारबाबू भायर आयले, तेन्नां तुमी तांकां सगळें सांगलें?"

"हय. सामकें सुरवातेपासून सगळें सांगलें." हांवें तांकां म्हणलें, "तुमी ज्या जाग्यार उबे आसात ते सुवातेर थोड्या मिनटांपयलीं तुमची पयली बायल उबी आशिल्ली."

" हे बाबतींत तुमी जमीनदारबाबूची खात्री पटोवन दिवंक पावले व्हय?"

" हय." तांच्या दोळयांनी दुकां भरलीं. ताणी म्हणलें, "हय. म्हाका सगळें खबर आसा. एक फावट दुयेंत पुता म्हऱ्यांत हांव बशिल्लों आसतना म्हाकाय तिची आकृताय एके राती दिशिल्ली."

हाचेफुडें मागीर सगळें सारकें घडून आयलें.

जमीनदारबाबून म्हणलें, "म्हजी दुसरी बायल म्हज्या पुताकडेन बरी वागना हें म्हाकाय खबर आशिल्लें. पूण इतलें म्हूण हांव नकळ आशिल्लो. हांव तुमकां उतर दितां, म्हज्या भुरग्याक हांव ताच्या मामाच्या घरा धाडटां. ताचें सगळें शिक्षण मामाच्याच घरा जावंदी. हांव ताका हांगा दवरीचना. हय. हांव ही गजाल म्हजे दुसरे बायलेक सांगता आनी तिका जाब विचारतां. म्हजी पयली बायल जर तुमकां परत मेळ्ळी, जाल्यार ही गजाल तिका सांगात......... आतां सकाळ जायत आयल्या....."

उपरांत तो भुरगो दुयेंसांतल्यान बरो जालो. इकरा दिसाउपरांत काशी कविराजान ताका सदचें सारकें अन्न घेवपाक हयकार दिलो.

"ताची आई तुमकां परत केन्ना दिसली?"

"ना. परतून केन्नांच दिसली ना!"

◆ ◆

11.

बडो बागदिनीचें मरण

शिरीश म्हाल्याच्या कुळागरांत बदामाचीं खूब झाडां आशिल्लीं. हें कुळागर महामार्गाक तेंकुनूच आशिल्लें. बदामांच्या झाडां भायर त्या कुळागरांत बाकीचींय झाडां आशिल्लीं. ते फळबागेंत रुखांची आनी वेगवेगळया तरांच्या झाडा-रोंप्यांची इतली दाट गर्दी आसली, दिसाची लेगीत थंय काळखी फाकिल्ली आसताली.

राखाल बाबू चलयताले ती आमची चवथी ते सातवी मेरेनची शाळा त्या कुळागरा सावन सामकी एका उल्याच्या अंतराचेर आशिल्ली. आमचे शाळेच्या मैदानांत एक खूब व्हडलें तुतीचें झाड एखाद्या पहारेकारा भाशेन उबें आशिल्लें. ताका लागून आमचे शाळेक लोक ' तुंततोला शाळा ' –तुतीच्या झाडा पोंदची शाळा– म्हणुनूय वळखताले.

आमचे शाळेंत आमकां दोन नामनेचे मास्तर आशिल्ले. पयलो मास्तर म्हणल्यार हिरालाल चक्रवर्ती. तांचें एक मातयेच्या आयदनाचें दुकान आशिल्ल्यान तांकां कुंभार गुरुजी अशें टोपण नांव आसलें. विद्यार्थ्यांक निर्दयपणान बडयेन मार दिवपी म्हूण तांची ख्याती आशिल्ली. तो यमदूत आमचे दिकेन येतना दिसलो म्हणटकच आमी भंयान थरथरताले. दनपारच्या वेळार म्हणल्यार दबो खावपाचे सुटयेंत आमचे मास्तर दनपारची न्हीद घेवपी. आनी तोच आमचे खातीर खूब उमेदीचो वेळ आसतालो. आमी त्या कुळागरांत आनी सरभोंवतणच्या शेतांत मेकळेपणान हेडटाले.

एका वरा भरयांत परत येवनूय आमचे नामनेचे मास्तर अजून न्हिदेंतूच आसात अशें आमकां दिस...... आमची 'दबो खावपाची सुटी ' जायते फावटी शिक्षकांची सुस्त न्हीद पुराय जाय मेरेन वाडत वच.....

रेल्वेची लायन आमचे शाळे साकून बरीच पयस आशिल्ली. एक दीस आमी मातलाच्या पुला मेरेन गेल्ले. एका वरा परसूय चड वेळा उपरांत आमी शाळेंत परतले तरी आमचो 'कुंभार गुरुजी' घोरेत पडिल्लो आशिल्लो.

नरेनान म्हणलें, "चलात, आमी म्हाल्याल्या कुळागरांतल्यान बदाम वेंचून येवंया!" ह्या प्रस्तावाक प्रत्येक जाण सामको खोश्शेन राजी जालो.

हांवें म्हणलें, "झाडा वेल्यान बदाम काडप म्हणल्यार सोपें काम न्हय आं!"

"पूण झाडा पोंदा कितलेशेच बदाम पडिल्ले आसतात!"

"चलात तर, बेगीन वचुंया आतां! "

तर अशे तरेन आमी पुला पोंदचे अशीर वाटेंतल्यान त्या कुळागरांत पावले.

दनपारचीं दोन वरां जाल्लीं. ऑक्टोबरांतल्या वताचो खर रखरख! एक विचित्र अशी गूढ शांतताय त्या वाठारांत पातळिल्ली.

निकत्याच सोंपिल्ल्या पावसाळयांतल्या शिंवरान त्या कुळागरांत खूब तण मातिल्लें. वांगडाच कांटयाऱ्या झुडपांचें मालेंय सगल्याक आशिल्लें.

कुळागरांतल्यान एक अशीरशी वाट बदामांच्या झाडा कडेन गेल्ली. ते वाटेचेरूय तण आनी जंगली रोंपे वाडिल्ले आनी झाडा वेल्यान हुमकळटया वालींनी आडखळी तयार केल्ल्यो. तें कुळागर खूब आस्कळ विस्कळशें आशिल्लें. तिचो विस्तार महामार्गा सावन गांवाचे शिमेवेल्यान व्हांवपी न्हंयेमेरेन गेल्लो. आमकां जायत्यो पेरीय दिसल्यो. पूण तांचे वेलीं फळां सामके ल्हान धोडे आशिल्लीं. तो पेरांचो मोसम नासलो. म्हाका बरे व्हडले, तयार जाल्ले बदाम जाय आशिल्ले. ते सोदीत हांव सामको न्हंयेच्या कांठामेरेन पाविल्लों. बारकेलीं बदाम फळां फातरांनी फोडपाचे लायकेचींय नाशिल्लीं. अचकीत म्हज्या लक्षांत आयलें, हांव म्हज्या इश्टां पसून बरोच पयस पावलां. आनी हें काय न्हंयेच्या कांठावेलें एखादें कुळागर न्हय तर तें एक सामकें जंगलूच. हांगां सगलें सामकें स्तब्ध आनी शांत आसा. लागीं लागसार कोणूच मनीस झळकुपाचो ना.

खोलयां वेल्यान कोलसुणे भोंवताले. एका चिंचेच्या झाडाचे तेंगशे वेल्यान कोण अनवळखी पक्षी अदीं मदीं एकसारकी शिळोणी घाली. भंय आनी रहस्याची एक अस्पश्टशी जाणविकाय म्हज्या मनांत जागी जाली.

म्हाका याद जाली, म्हजे वर्ग इश्ट जायते फावटी व्हडल्यान एक पद म्हणी –

"निकतीच दनपार जाल्ली आसता
तेन्ना भूत फातर मोखता–
भुताचें नांव आसा – राशी
नमो तीर्थक्षेत्र काशी!"

हो मंत्र म्हणलो म्हणटकच भूतां आपणाक कांयच करूंक पावनात; असो आमचो विस्वास आशिल्लो.

हांव एकलोच ते काळखे बागेंत आशिल्लों आनी वेळूय दनपारचो. दिसलें, हांवें तो मंत्र म्हणून तीर्थक्षेत्र काशीक नमस्कार केल्यार बरे काय किते!

पूण त्या भुताचें नांव 'राशी' अशेंच कित्याक आसचें? 'श्याम','कालो' वा 'निवारण' अशें कित्याक आसचें न्हय?

मोडणा कडेन एक दाटशें मानीचें बेट आनी एक उंच झुडुप आशिल्लें. थंय पावतकीर

म्हजें काळीजूच थांबिल्ले वरी जालें. कितें पळेतां हांव हें!

हय, म्हाका दिसली बडो बागदिनी. ती थंय बशिल्ली. ती त्या झुडपांच्या गच्चपणांत अर्दी धांपून गेल्ली. मुखावेल्या आंतेराच्या झाडाच्या खोडाचेर ती ओणव घालून आशिल्ली.

हांवें आनीक मात्सो लागीं वचून पळेलें. हय, हांवें सारकें पळेल्लें........ ती बडो बागदिनीच! ('बडो' म्हणल्यार पिरायेन व्हडली, वडील. बंगालांतली नुस्तेंमारी आनी शारीरिक श्रमाची कामां करपी जमातींतल्या अस्तुऱ्यांक बागदिनी म्हणटात.) देवा रे! ती पयलींच मरून गेल्ली, हाची याद जाल्ल्यान म्हाका सामको धक्कोच बसलो.

बडो बागदिनी गांवां भायर गोसांय लोकांच्या मोहल्ल्या लागीं राव....... तिची काळजी घेवपी असो कोणूच नाशिल्लो. ती एक पडके खोपींत एकलीच राव. ती खोंप आशिल्ली

एका पिंपळाचो रुख आशिल्ल्या कुरणांत. पालमशायांच्या घरांत ती वावराडी म्हुण काम करी. ती बरोच तेंप जोरान दुयेंत आशिल्ली अशें आमी आयकल्लें. ते उपरांत ती खंयच कोणाचे नदरेक पडूंक नासली.

सामकी दोन म्हयन्या फाटींच, मानींच्या राना लागीं, झुडपांचे जाळयेंत तिची मेल्ली कूड मेळिल्ली. बडो बागदिनी भाशेनूच, काळें किट्ट आनी हाडकुळें अशें तें मडें आशिल्लें.ताचो अर्दो भाग सुठ्यानी आनी कोलसुण्यानी खावन उडयल्लो. खर जोराचे भिर्केंत बडो बागदिनी रातची थंय उदक भरपाक म्हूण गेल्ली आनी घुंवळ येवन पडिल्ली, अशें लोक उलयताले.

आनी आतां तेच बागदिनीक हांव मुखावेल्या रुखाच्या खोडाचेर बागवल्ली पळेतालों! हांव गच्च तणाच्या आनी झिरकुटांल्यान रस्त्यावटेन बाण कसो धांवत सुटिल्लों. बदामाच्या झाडा पोंदा उबे आशिल्लो म्हज्या इश्टां म्हऱ्यांत पावलों, तेन्नां हांव भंयान सामको कडकडटालों.

म्हगेल्या सगल्या इश्टांनी म्हाका एका सुरांत विचारलें, "कितें रे, कितें जालें ? कितें पळेलें बी काय कितें रे तुवें "

हांव मोट्या कश्टांनी उलोवंक पावलों, "भूत! एक भूत!"

"खंय आसा ते? कोणाचें भूत? कोणें सांगलें तुका ? "

"पयस, न्हंयेच्या कांठा लागीं म्हाका बडो बागदिनी एका झाडा पोंदा दिसली. हय, सामकी स्पश्ट दिसली म्हाका !"

"अशें कशें जायत? अशें जांवच नजो!"

"पूण हांवें तिका स्वताच्या दोळयानी पळयलें न्हय रे? ती बडो बागदिनीच आसली, हातूंत कांय एक दुबाव ना. "

"आमकां वचून पळोवं दी. तूं फट मारता."

ते सगले जाण ते आंतेरीच्या झाडा कडेन धांवत वतले आशिल्ले, इतल्यांत निमाई बसून तांकां आडायले. निमाई ते टोळयेचो फुडारी आसलो. ताणें म्हणलें, "घडये आमकां शाळेंत परतुपाक खूब कळाव जायत. आमच्या मास्तर लोकांची आतां मेरेन बऱ्या पैकीं न्हीद जाल्लीच आसतली आनी आमचो कुंभार गुरुजी कितलो मारकुटो हें तर तुमकां खबरूच आसा! तांच्या संतापा पसून आनी बडयांच्या मारा सावन आमकां कोण वाटायतलो? हांव येना रे बाबानूं!...... तुमकां वचपाचें आसल्यार वचात. हो आमकां फटकिऱ्यो गजाली सांगता......"

कुंभार गुरुजीच्या माराक फुडो करपाची धिटाय तांचे मदल्या थोड्यांक निखालसा नाशिल्ली देखून तांगेली उमेद जिरली आनी आमी सगले जाण शाळेंत परतले. आमचे मास्तर सामके जागे आशिल्ले पळोवन आमकां कांपरेंच भरलें. कुंभार गुरुजी आमच्या वर्गा मुखार उतावीळपणान पासयो मारतालो. ताणी तिरकसपणाच्या सुरांत आमकां येवकार

दिलो: "येयात ! अखेरेक सायब लोक क्रिकेट खेळून परते आयले तर!"

मास्तराची न्हीद बरी जाली ह्या निमतान आमच्यांनीय ताका परबी दिवं येतालीं, पूण ताचो रागिश्ट तोंडावळो पळोवन आमकां कितेंच उलोवपाचें धाडस जालें ना.

आपणाल्या उजव्या हातांत वेताची बडी घेवन कुंभार मास्तर वर्गांतले आपणाले खुर्चेर बसलो आनी गर्जलो, "रत्ना, हांगां यो !" रत्ना म्हणल्यारूच हांव, भिये-भियेत ताच्या म्हऱ्यांत गेलों.

"इतलो वेळ खंय आशिल्लो तूं?"

कालीमाते मुखा'र बळी दिवपाक व्हरतात तसल्या बोकड्या भाशेन हांव तेन्ना भिरांतेन थरथरतालों. एके वटेन ती बदो बागदिनी थंय (घडये म्हजी वाट पळेत) बशिल्ली आशिल्ली आनी हांगां वर्गांत हो निश्ठुर कुंभार मास्तर बशिल्लो.

अर्जुना भाशेन हांवें म्हजे कडलें निमणें अस्त्र काडलें, आनी म्हणलें, "गुरुजी, म्हाका कित्याक कळाव जालो तें म्हज्या इश्टांक सारकें बरें खबर आसा. हांव बदाम आनी बोरां वेंचपा निमतान सर्वा म्हाल्याच्या कुळागरांत गेल्लों आनी थंय म्हाका एक भूत दिसलें-आं...... गुरुजी, एक खरेलें भूत..... एके आंतेरीच्या मुळसांत बशिल्लें....."

कुंभार गुरुजीच्या तोंडावेले भाव अचकीत बदल्ले. ताच्या चेहऱ्याचेर अविस्वास आनी भिरांत दिसूंक लागली. "भूत? कितें सांगता कितें रे तूं ? भूत ?"

"हय सर, भूत!"

"अश्शें, अश्शें! माकडूच तूं एक! भूत दिसलें व्हय रे तुका! खंय आसा तें भूत? आनी कसले तरेचें आसा तें भूत ?"

मागीर मात हांवें जें कितें पळेल्लें, तें गुरुजीक सांगलें. म्हज्या इश्टांनीय म्हाका तेंको दिलो. ताणी गुरुजीक सांगलें, हो खऱ्यानीच भंयान आनी हुस्क्यान अर्दमेल्लो जाल्लेवरी दिसतालो आनी बरोच खर्शत धांवत आयिल्लो.

कुंभार गुरुजीन दुसऱ्या गुरुजीक उलो मारून आपोवन हाडलो आनी विचारलें, "आयकलें मूं हाणें कितें सांगलां तें?"

राखाल मास्तर ब ऽऽ री न्हीद काडले उपरांत धुम्रपान करचे खातीर हुक्को भरतालो. ताणें थंडसाणीन विचारलें, "कितें म्हणटा?"

"मातशें आयक तरी..... हो माकड कितें म्हणटा तें! रत्ना म्हणटा, ताका सर्वा म्हाल्याचे बागेंत आत्तांच एक भूत दिसलें ?"

"हो सर्वा म्हालो कोण?"

"तो शिरिश म्हाल्याचो बापूय. ती तागेली बाग."

राखाल मास्तरा खातीर म्हाका ती सगली काणी परत एक फावट सांगची पडली.

राखालबाब हो कट्टर पुराणमतवादी ब्राम्हण आशिल्ल्यान शास्त्रांनी सांगिल्ल्या सगल्या गजालींचेर ताचो पुराय भरवंसो आशिल्लो. खंयच्या समयार शींक येतकच तिचो कितें अर्थ जाता, शिल्ल्याच्या आवाजाक लागून कसली अपशकुनी घडणूक जावं येता, तेलांत वा उदकांत रोग बरो करपाची तांक कशी आसता, ह्यो सगल्यो गजाली ताका खबर आसल्यो. हांवें सांगिल्ली गजाल आयकून ताणें गंभीरतायेन मान हालोवन आपणालें मत सांगलें, "भूत व्हय ? कित्याक दिसूं नजो तर? एक म्हणल्यार तिगेलें तें असैमीक, अपघाती मरण आशिल्लें ; दुसरें म्हणल्यार ताचेर निमणे संस्कार जावंक नासले. आत्मो अजुनूय...... "

कुंभार गुरुजी नास्तीक आसलो. ताचो ह्या सगल्या गजालींचेर विस्वास नाशिल्लो. ताणें म्हणलें, "तें भूत अशें दिसा उजवाडे, भर दनपारा कडार त्या कुळागरांत बसतलेंशें दिसता तुका? आनी तेंवूय एका झाडाक तेंकून? " तुमकां......

"आगा, म्हुण कितें जालें ? हांव झाडाक तेंकून बसचें ना अशें प्रतिज्ञापत्र काय त्या भुतान कोर्टांत मांडिल्लें ना मूं ? "

"बरें आसा. आमी आतांच थंय वचून प्रत्यक्षूच पळोवया....."

राखालबाबान म्हणलें, "तुमी सगले महामूर्ख लोक! तुमचे खातीर तें भूत अजुनूय थंयच बसून राविल्लें आसतलें अशें दिसता व्हय तुमकां? आमचे सरभोंवतणी कूड नाशिल्ले –अशरीरी आत्मेय आसतात. व्हय, केन्ना केन्ना ते दादल्याच्या वा बायल मनशेच्या रुपांत दिसूंय शकतात ; पूण हाचो अर्थ असो न्हय ...."

कुंभार गुरुजी उलयलो, "चलात, आमी ते बागेंत वचुयाच. आतांच खरें कितें आनी फट कितें ताची रुजवात जाल्ली बरी !"

ह्या प्रस्तावाक लागून आमी भितरल्यान खुबूच खोशी जाले. सगले मास्तर जर शाळे भायर गेले जाल्यार दनपारचें शिकोवप कशें जातलें? दनपरां सुटीच मेळटली! ताका लागून मास्तरांनी ताबडतोब त्या कुळागरांत वचून थंय भूत आसा काय ना हाचो सोक्षमोक्ष लावंचो, अशेंच आमकां सगळ्या भुरग्यांक दिसलें.

अशे तरेन, मास्तर फुडें आनी आमी सगळे विद्यार्थी तांचे फाटल्या चलूंक लागलें. गच्चअशें दाट झाडये म्हऱ्यांत व्हेले आनी ताणी स्वताच्या दोळ्यांनी पळेलें. हांवें थंय जें कितें पळेलें तें हांव केन्नाच विसरचो ना. इतल्या वर्सां उपरांत, रामको आजूय तो देखाव म्हज्या मनाच्या दोळ्यां सामकार म्हाका स्पश्ट बरो दिश्टी पडटा. आमी जंगलांतल्या त्या गच्च तणातल्यान आनी झुडपांल्यान ते आंतेरीच्या झाडा कडेन आयले, तेन्ना हांवें कितें पळेलें?

हांवें पळेले तें हें–

ते आंतेरी पोंदां दुर्गंधी पातळावपी, पिंजकारोसो एक आंगसो पडिल्लो आशिल्लो. उदकान अर्देशें भरिल्लें एक आयदन आनी चिंचे बोटां आशिल्लीं. आंतरांचे सालींची आनी बियांची एक रास पडिल्ली दिसताली. बडो बागदिनीच्या मड्या लागीं अर्दवट खाल्ल्या चिंचे बोटांची एक ल्हानशी रासूय आशिल्ली. बडो बागदिनीची जाणटेपणाक लागून मिरयो पडून आकशिल्ली मेल्ली कूड त्या आंगश्याच्या कुडक्याचेर पडिल्ली आशिल्ली. ती सामकी थोड्या वरां पयलींच मेल्ली जावंक जाय अशें दिसतालें.

तिचें मरण केन्ना जालें आसत? तिचें मडें थंय कित्याक पडिल्लें आसचें? तें रहस्य उगतें करपाची कोणाकूच उमळशीक नाशिल्ली.

आमी गांवांत परतले आनी ही गजाल चौकीदाराक सांगली. ताणें आनी ताच्या ऑफिसरान ते सुवातेक भेट दिली. बडो बागदिनी आपणाली खोंप सोडून त्या जंगलांत कित्याक लिपली, हें कोणाकूच खबर नासलें. तिच्या ह्या विचित्र वागपा फाटल्या कारणाचो अदमास कोणाकूच करूंक येनासलो. कोणेशें म्हणलें, खूब जोर आयिल्ल्यान ती सैरभर जाली जावंये आनी ताका लागून तर्कसंगत वागप विसरली जायत. दुसऱ्यान कोणेतरी म्हणलें, तिका भुतान झपाटलें आनी मरणा कडेन व्हेली.

पूण बडो बागदिनी कित्याक लागून मेली, तें म्हाका खबर आशिल्लें. ती जायत्या दिसांचे उपासमारयेक लागून मेली तशीच बंगालांत तेन्ना धुमशेण कांडटल्या मलेरियाच्या जोराक लागून मेल्ली. मरणाच्या खिणार तिका थेंबभर उदक लेगीत कोणें दिलें ना. गांवांतलो कोणूच तिचे लागीं मायेचें एक उतर लेगीत उलोवंक नासलो.

ते भायर, बडो बागदिनी ह्या दाट जंगलांत अशी रावता आसत अशे कोणाक दिसतलें? गांवकारांनी भश्टकार घाल्ले आनी एकाकी अवस्थेंत तिका मरण आयिल्लें.

बडो बागदिनीच्या मरणाचें रहस्य हें अखेरेक रहस्यूच उरलें.

◆ ◆

12.

भुताटकेचो पलंग

खूब दिसांनी म्हाका सतीश भेटलो. सांजवेळार बावडो बेगीबेगीन गर्दैतल्यान वाट काडीत बेंटिक स्ट्रीटच्या दावे कडल्या पासयेवयल्यान उत्तर दिकेन वतालो. सगळीं ऑफिसां सुटिल्लीं. शिंयाचे दीस आशिल्ले. मार्गार काळोख पातळटालो. हांव थकिल्ले कुडीन छकडागाडयेचे गतीन ल्हवल्हवू मार्गांतल्यान चलत वतालों. अचकीत मुखार म्हजो इश्ट सतीश दिसलो, ताचो शर्ट ओडून हांव आडुलों, "आरे, सतीश रे?"

फाटीं वळून अजापान म्हजेकडेन पळयत सतीशान म्हळें, "खगेन! माय गॉड! आरे, हांव तुकांच सोदतालों!"

"वा! म्हाकाच धुकलून तूं फुडें वतालो आनी सोदतालो म्हणटा? नशीब! हांवेंच तुकां उलो मारला!"

"सॉरी आं! हांव मातसो बोवाळांत आसा!"

"तें दिसताच! खंय चल्लो तूं ?"

"तूं लेगीत यो म्हजेवांगडा. चड पयस ना तें थळ, वतां तेन्नां सगळें सांगतां"

"अजाप बाबा!"

"हें पळय खगेन! तूं येना म्हळयार हांव आयकुपाचो ना. ओडीत व्हरतलों तुकां!"

हांव सतीशाक भुरगेपणासावन वळखतां. तो उलयता तसोच वागता. तांच्या आंगांत बरोच नेट आशिल्ल्यान चडशे फावट तो बळजबऱ्यां आपलें काम करून घेता. तेखातीर म्हाका ताचेवांगडा वचचो पडलो.

ताका वचपाचें आशिल्लें तें थळ सामकें लागींच आशिल्लें. तो थंय कित्याक वतालो तें ताणें म्हाका थोडेभितर सांगलें. त्या दिसा सकाळच्या दिसाळयांतल्या 'विकता-विकत्यो जाय' ह्या माथाळयासकयल एक जायरात उजवाडाक आयिल्ली.

"एक सामको आर्विल्लो आनी अजापीत चिनी पलंग

चडांत चड मोल फारी करप्यांक

विकपाचो आसा.

हो पलंग पुराय संवसारांत अद्वितीय असो आसा

संद वगडायल्यार पस्तावतले."

सतीशान आपल्या बोल्सांतल्यान ती जायरात भायर काडली आनी म्हजेकडेन दीत म्हळें, "वाच!"

"आयलें मतींत. हातूंतल्या 'अजापीत' ह्या उतराचो अर्थ कितें?"

"त्या उतरानूच तर म्हाका पलंगाची ओड लागल्या. 'अजापीत' ह्या उतरांतल्यान जायरातदाराक कितें सुचोवपाचें आसा तें कांय म्हाका समजना!"

सतीश रस्त्याचीं नांवां नियाळीत चलतालो अचकीत उडकी मारून तो आड्डुलो, "मेळ्ळी! ही ती गल्ली!"

सांजवेळार काळखी उजवाडांत ती गल्ली पळोवन कितें कोण जाणां म्हज्या आंगार कांटो फुल्लो. चिनी गल्लीतल्या, चिनी वातावरणांतलो अजापीत पलंग! सतीशाचो हात ओडीत हांवें म्हळें, "आमकां काय त्या पलंगाची गरज ना. सतीश, चल आमी वचुंया परतून! आमकां आमचे बंगाली पलंगूच बरे!" सतीशान म्हजो हात फाफडून म्हळें, "भित्री भागुबाय खयचे कडलो! इतले फुडें येवन आतां फाटी वचूंक मेळचेंच ना!"

गल्लीच्या मोडणार उजवेवटेन एक लिंबाचें झाड भुतासारकें माथें उबारून उबें आशिल्लें. लागींच्याच गड्डांणांतल्यान एखाद्रया कुशिल्ल्या उश्ट्याच्यो कुसट्टाणी येताल्यो. म्हज्या पोटांत ढवळूंक लागिल्लें. ओंकारो येता सो दिसतालो. नाकाक लेंस लावन हांव जड पावलां मारूंक लागलो.

दक्षिणेकडल्यान अचकीत वाऱ्याचो एक नेटाचो झोत येवन आमच्या आंगाक झोडपून गेलो. कांय गो पांखां फडफडयत तकलेवयल्यान उडत गेलीं. दोन हेडपीं सुणीं निशेधाच्या सुरान भोंकूंक लागलीं.

मार्गार एका मनशाची जाग ना.लागींच एका चिनी दोतोराच्या नांवांचो पोरनो फलक आशिल्लो. ताचेर रंगयल्ल्या हाडाच्या सापळ्याचें चित्र पिंजपाक पाविल्लें. खंयच्यानतरी पियानोचे हयन्हयशे सूर वाऱ्यार ल्हारेताले.

रोखडेच आमी आमकां जाय आशिल्ल्या पत्त्यार पावले. तसलें घर हांवें आयजवेरच्या म्हज्या जिवितांत केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें. विटो भायर दिसताल्यो, पडकें, खूब काळापयलींच्यो यादी सांबाळत आशिल्लें अशें एक पोरनें घर! चड करून नवाब अली वर्दी खानाचे कारकिदींत ह्या घराची बुनयाद घाल्ली आसूंक जाय! मोडक्या दरवट्यांतल्यान आमी सांबाळून भितर सरले. घरांत भितर पावतकच हांव अजापून गेलों. इतलीं मनशां आयलीं खंयसावन? जे शांत, निर्जन गल्लींतल्यान आमी आयिल्ले ते गल्लींत तर कोणाची सांवळीलेगीत आमकां दिसूंक नाशिल्ली! हो भुताटकी बीन काय? सगळयांच्या तोंडार

उमळशीक दिसताली. वेगवेगळया देशांतले लोक थंय एकठांय जाल्ले दिसताले. इतले लोक आशिल्ले खरे, पूण कोणाच्याच तोंडातल्यान एक उतरलेगीत भायर फूट नाशिल्लें. सूय पडल्यार लेगीत आवाज येतलो इत्तलो मोनेळ पातळिल्लो.

एका वरा उपरांत एक मोट्टो, जाणटेलो चिनी मनीस आमकां, अजापीत पलंग दवरिल्लो ते सुवातेर घेवन गेलो. त्या जाणटेल्याचे तकलेवयले सगळे केंस पिकिल्ले. तोंडांतले फुडले वयले दोन फटीचे दांत भांगराचे आशिल्ले आनी ताच्या दाव्या हातार सुरयेचें चित्र कोरांतिल्लें. आमकां हातान कुरवांनी सांगीत तो पलंगाचे कुडींत घेवन आयलो. तें घर दुर्भेद्य किल्ल्या वरी आशिल्लें.

वा! कसलो पलंग आशिल्लो तो! तसो पलंग उपरांत हांवें केन्नांच पळोवंक ना. तशें हांवें खूब पलंग पळयल्ले पूण अजापाचो चिनी पलंग पळयल्लो तो होच! सोबीत नक्षीकाम, बेसबरी बांदणी! एके वटेन भगवान बुद्धाची ध्यानस्त गंभीर कोरिल्ली मूर्त. पलंग आकारान व्हड नाशिल्लो पूण अजाप म्हळयार त्या पलंगाचो आकार वाडोवन ताचेर धा मनशांची न्हिदपाची सोय करपाक येताली हें पळोवन हांव थटाक जालों!

पलंग विकतो घेवपा खातीर पावणी सुरू जाल्ली. तो पलंग विकतो घेवपाची सगळयांकूच ओड लागिल्ली! पलंगाचें मोल वाडत वाडत वचूंक लागलें. पूण निमणो तो पलंग सतीशाच्याच नशिबांत आशिल्लो. एक हजार पांचशी रुपयांक!

तो पलंग घेवन सतीशाच्या घरा परतुपाक आमकां रातचीं धा वरां जालीं. जाणी जाणी तो पलंग पळयलो ताणी ताणी म्हळें, "वा! खूब सुंदर!"

सतीशागेर जेवन हांव घरा वचपाक भायर सरलों. वतना सतीशान म्हळें, " परत यो! म्हजें आमंत्रण तुकां !"

"बरें बरें. " अशें म्हणून हांव घरा आयलों.

दुसरे दीस सकाळीं हांव सतीशागेर वचचे आदीं सतीशूच म्हगेर आयलो. केंस इबाडिल्ले, तोंड बाविल्लें, दोळे तांबडेंगूंज जाल्ले. हुस्क्यान घडये ताका न्हीद लागूंक नाशिल्ली.

हांवें अजापान विचारलें, " कितें रे? कितें घडलां?"

" संकश्ट रे. म्हासंकश्ट!" मोट्या यत्नानी सतीशाच्या तोंडातल्यान उतरां भायर सरलीं.

" कसलें संकश्ट?"

" तो पलंग!"

कितेंतरी घडटलें; अशें म्हाका आदींच कळिल्लें. असली वस्त मुळान विकती घेवचीच न्हय! कितेंय जाल्यार तो अजापाचो गूढ पलंग!

आदले राती घडिल्ली सगळी घडणूक सतीशान म्हाका सागंली. रातची ताका सारकी म्हणटा तशी न्हीद पडलीच ना. तो त्या चिनी पलंगाचेर न्हिदिल्लो. मध्यानराती कोणतरी पलंग हालयता असो ताका भास जावपाक लागलो. उठून, बटन दामून ताणे दिवो लावन पळयलें जाल्यार पलंग सारको आसा. कुडींत तर दुसरो कोणूच ना. तो दिवो पालोवन परतून न्हिदलो, परत थोड्या वेळान ताका जाग आयली. कोणाच्या तरी भिरांकूळ आवाजान सगळी कूड थरथरताली! जसो काय पलंग वचून वणटीर आदळटालो!

धडपडत उठून ताणे परतून दिवो लायलो. पळय जाल्यार खंय कितें? सगळें घर शांत, मोनें आनी जशाक तश्शें! खंयच कसलोच आवाज ना!

तो परतून न्हिदलो. ह्या वेळार मात ताणे दिवो पालयलो ना. ताका मातशी झेम लागली, पूण कोणाच्या म्हूण कोण जाणा काकळुटेच्या रडपान ताका परतून जाग आयली. कोण तरी खाटीसरी बसून हुमसून-हुमसून रडटालो.

हांवें सतीशाक म्हळें, "हांवें तुकां आदींच सांगिल्लें, हो पलंग विकत घेवंची गरज ना. पूण तूं हट्टी! आतां तरी पटलें न्हय तुकां. काल जें घडलें ताचेवयल्यान तरी हांव सांगतालों तें खरें दिसता तुकां? कालचे घडणुकेवयल्यान तरी धडो शीक!"

" हें पळय खगेन, हांव तुकां सारकें विसकटावन सांगूंक शकना........ ह्या अभागी पलंगाचेर म्हजो सामको जीव बसला ! कशें सांगूं तुकां! हांव तो पलंग केन्नाच सोडूंक शकना.........."

"मागीर कितें मरता त्या पलंगाखातीर?"

"खगेन, म्हाका तुजो आदार जाय."

"म्हजो आदार?"

"हय. आयज रातचो तूं आमगेरच जेवपाक यो. दोगूय जाण आमी न्हिदनासतना रातभर त्या पलंगाकडेन बसुंया. पळोवया तरी कसलो प्रकार तो!"

"आनी म्हजें ऑफिस रे?"

"आरे पिशा, फाल्यां आयतार न्हय रे?"

हांव सतीशाक आदार दिवपाक सांजचो ताच्या घरा गेलों. तो म्हजी वाटच पळयतालो. उमेदीन तो आड्डुलो, "यो! यो! येवकार! येवकार!"

"ताचे उपरांत आनीक काय बोवाळ जालो ना मरे?" हांवें विचारलें.

"ना. दिसाचो कांयच बोवाळ ना."

सतीशाचे आईन म्हाका म्हणलें, "पळय रे बाबा खगेन, हांवें म्हाका कितलें सांगलें, वच आनी तो पलंग एकदांचो विकून उडंय. पूण हो म्हजें आयकल्यार मरे?" सतीशान

रोखडेंच म्हणले, " हें कितें म्हणटा तूं आई? भियेवन हांव हो पंदराशे रुपया मोलाचो पलंग विकूं?"

जेवन जातकच, रातभर जागपाची तयारी करून आमी दोगूय त्या पलंगाचे कुडींत गेले. म्हज्या हातांत दिपेन राय ह्या लेखकाची एक गुप्तहेर कादंबरी आशिल्ली आनी सतीशाच्या हातांत 'हेल्थ आनी हायजीन' हें पुस्तक.

पयले सुवातेर सतीशान न्हिदप आनी हांवें जागो रावप, मागीर सतीशान जागरण करप आनी हांवें न्हिदप अशें आमी थारायलें.

पुस्तक उगडून हांव बसून रावलों. एक अक्षरय वाचूंक शकलो ना. दोळे तटासून पळयत रावलों. भियेत भियेत कान लावन बसलो. मातलेगीत आवाज जालो तरी भियेवन आंग काडूंक लागलो....... भूत येवन म्हजो गळो अंदितालो अशे दिसतालें.

पयस खंयतरी दोन वरां जाल्ल्याचे थोके पडिल्ले आयकूंक आयले. अचकीत दिसलें, कोणतरी भायले पासयेवयल्यान चलून येता. तांच्या पावलांचे आवाज अदीक स्पश्ट जावंक लागले. म्हजें सगळें शरीर भंयान कडकडूंक लागलें. आंगार कांटो फुल्लो.

धाड् करून आवाज करीत उगडें जनेल बंद जालें. खिणांत दिसलें हांव हुमकळटां....... म्हजी सूद ना जायत चल्ल्या......... हांव जितो आसा वा मेलो हेविशींय दुबाव दिसूंक लागला....... हांवें भियेवन उलो मारलो, "सतीश! सतीश!"

सतीश धडपडत उठून बसलो, "कितें रे? कितें जालां?" भंयान आनी अजापान म्हज्या तोंडातल्यान उतरय भायर सरलें ना.

म्हज्या खांदाक धरून म्हाका हालयत सतीशान उलो मारलो, " खगेन, खगेन!"

हांवें कपलावयलो घाम पुशीत म्हणलें, "आरे! कितलो भंय दिसलो रे म्हाका!"

"दिसताच तें! तें आसूं. आतां तूं जागरण करूं नाकां. हांव जागो रावतां"

"ना. म्हाका न्हिदनय दिसना. आनी म्हाका न्हिदय येवंचीना....... "

"भित्रो खंयचो!"

त्या उपरांत हांव आनी सतीश वणटीक तेंकून बसून रावलो. ओग्गी! शांत! एक उतरय ना उलयतां. हांव उगड्या जनेलांतल्यान मळबाकडेन पळयत रावलों. मळबांत असंख्य नकेत्रां लखलखतालीं. जशीं कितें ती आमची मजा पळोवन हांसतालीं. आमी ओग्गी बशिल्ले. टक करून वीज गेली. दोगांयनी वांगडाच विचारलें, " कोण?"

कोणेतरी लायटीचो मेन स्वीच बंद केल्लो.

अचकीत एक विचित्र हांशाच्या आवाजान सगळी कूड भरली. असलो हांसो हांवें केन्नाच आयकूंक नाशिल्लो. पळोवंक नाशिल्लो. तें हांसप थांबच नाशिल्लें. आनी कसलो भिरांकूळ आवाज येतालो त्या हांसपाचो !

हा: – हा: – हा :– हि : – हि: – हि: – हो: – हो: – हो: – हे: – हे: – हे:

दिसलें, कोणतरी दाराकडेन बसून हांसता. म्हज्या आंगार कांटो उबो रावलो. सतीशान चट्ट करून बॅटरीदिवो दारावटेन घुंवडायलो. उजवाड पडटकच विपरीतूच घडलें. कोणतरी दाराच्या सारके उरफाटे दिशेक जनेलाच्या कोनशाक बसून काकूळटेच्या आवाजान हुंडक्या – हुंदक्यांनी रडटा. त्या रडण्यान ते व्यक्तीची भाशा कळनाशिल्ली. फकत एक करूण सूर सगळया घरभर भोंवतालो. तो आवाज पलंगार गेलो आनी थंयच्यान तो आवाज कांय हाल्लो ना. त्या व्यक्तीच्या दुकांनी पलंग भिजलो. त्या ना समजुपी भाशेतल्या करूण विलापी आवाजान मनांत अशी एक वेगळीचशी दुखापत तयार जाली, ताकालागून आमची सगली शक्तीच ल्हवल्हव सोंपपाक लागली. दिसलें, कोणतरी आमकां गूंगी लावन बेशुध्द करता आनी आमी ल्हवूल्हवू बेशुध्द जायत वतात ....:.........

सतीशाच्या आंगांत मातशें चडूच धाडस आशिल्लें. ताका लागून खाटीचेर बॅटरीचो उजवाड घालून ताणे मोठ्यान विचारलें, ''कोण? कोण आसा रे थंय?''

पूण खाटीचेर कोणूच दिसलो ना. कोणेच जाप दिली ना. अचकीत तो पलंग कुडभर नाचूंक लागलो. दिसलें, कितलेशेच नर-कंकाल जशें कितें पलंगाचे भोंवतणी नाचतात. तांच्या हाडांचो खट् खट् आवाजान कानाचे पड्डे लेगीत पिंजतात, अशें दिसपाक लागलें, म्हज्या काळजांत दुखपाक लागलें, त्या दुखण्यान छाती फुटून वतली अशें जालें.

ल्हवल्हव म्हजी शुध्द वचपाक लागली.

ते उपरांत कितें जालें तें म्हाका कळ्ळें ना........

जाणवलें, हांव खूब पयसुल्ल्या, एका चिनी मनशाच्या घरांत आयला. थंय एका ल्हानशां कुडींत रातचो एक दिवो मंद जळटालो. त्या कुडींत पिंजके शेनरेर एक मनीस मरणा अवस्थेंत जमनीर पडिल्लो. बरो नाशिल्ल्यान आयिल्ल्या अशक्तपणान बाबड्याची सगळी हाडां दिसतालीं. ताच्या म्हऱ्यांत स्टुलाचेर एक बायल बशिल्ली. ताची बायल आसुये. आंगलोटान मात ताच्यापेक्षा चौपट दिसताली.

तांकां तेकून एक पलंग आशिल्लो. तो पळोवन म्हाका धक्कोच बसलो. तो पलंग म्हणजे ज्या पलंगाक तेकून सतीशाचे कुडींत आमी बशिल्ले, तोच पलंग आशिल्लो. सात समुद्र, तेरा न्हंयो, हुपूंन तो पलंग हांगा कोणे हाडलो?

अचकीत त्या बायलेन ''हा ऽऽ '' करून मोठी जांभय दिली. मागीर मोट्यान दोन चुटक्यो वाजोवन तिणे कुडींत चारुयवटेन नदर मारली. म्हाका दिसलें ह्या दरम्यान तिचो घोव लव्हूच उठून त्या पलंगाचेर चडलो. एखाद्या संतप्त वाघिणी भशेन ते बायलेन ताका पलंगावयल्यान ओडून परतो सकयल शेनरेर दवरलो. ती मोट्यान तापूंक लागली आनी तिचो घोव पलंगाकडेन बोट दाखोवन काकुळटेन तिका विनवणी करूंक लागलो. घडये ताका त्या पलंगार न्हिदपाक जाय आसलें, पूण ताची बायल मात कशीच ताका त्या पलंगार न्हिदपाक दिनाशिल्ली.

उचांबळीत जावन खोंकता-खोंकता त्या मनशाच्या तोंडातल्यान रगत भायर पडलें. म्हज्या आंगार कांटो आयलो. मागीर ताची तकली एकेवटेन घुंवली आनी तो मेलो. ताची बायल शेजरा बसून हुंडक्यांनी रडूंक लागली.

हांव शुध्दीर आयलों, तेन्ना कूड सकाळच्या उजवाडान भरून गेल्ली. सतीशाची आवय म्हज्या दोळ्यांचेर, तोंडार उदर मारताली.

म्हजी शुध्द परत येतली पळोवन तिणे म्हणलें, ''खगेन, बाबा खगेन!''

हांवें विचारलें, ''हांव खंय आसा?''

''तळमजल्यावयले कुडींत.''

"सतीश खंय आसा?"

"सतीश अजुनूय बेशुध्द आसा."

मागीर म्हाका याद जाली रातचे चारांक आमी दाराच्या हुमऱ्याक आडखळून जमनीर पडिल्ले. सतीशाची आवय त्या आवाजान भायर आयली आनी तिणे आड्डून लोकांक जमयले. तीन वरां यत्न करतकच आमी शुध्दीर आयले. दोतोर येवन सांगून गेल्ले - "भिवपाचें कांय कारण ना. 'सडन शॉक' लागिल्ल्यान अशें जालां, दुसरें कांय न्हय. शुध्दीर येतकच तांकां थोडे ब्रोमाईड दी, सगळें सारकें जातलें."

सतीशाक शुध्द येतकच ताणेय म्हज्यासारके प्रस्न विचारले. हांव अजापान सगळयांकडेन पळयत रावलों. सतीशाच्या आवयन म्हणलें, "पयलीं तो पलंग घराभायर काडात, बाबा!"

पलंग विकपाक सतीशान दिसाळयांत जायरात दिली. दुसऱ्या दिसा सांजवेळां खूब लोक सतीशागेर जमले. पलंग विकलो. दोन हजार रुपयांक! एक ज्यू मनीस तो पलंग विकतो घेवन गेलो.

मदल्यामदीं सतीशाक थोडो फायदो जालो. पलंग विकूंक नाशिल्लो जाल्यार तो काडून भायर मारपाची पाळी येवपाची.

अजुनूय केन्ना-केन्ना त्या रहस्यमय पलंगाची म्हाका याद येता........ दिसता तो पलंग आता कोणाकडेन आसतलो? जाका ताची हुशार बायल खंयच्यातरी भंयाखातीर त्या पलंगार न्हिदपाक दिनाशिल्ली, तो अतृप्त आत्मो आतां तरी तृप्त जाला आसतलो? काय कोणूय दुसरो त्या पलंगार न्हिदचो न्हय, म्हणून आजूय तो सदांच रातचो त्या पलंगाभोंवतणी भोंवता आसतलो?

♦ ♦

13.

लाकडां तोडपी

आंब्याचीं बरीं जितीं झाडां निखटीं 'लाकूड' म्हूण विकपाची कल्पना म्हाका मात्तूय मानना. कोणूय एखादें झाड मारतना दिसलो जाल्यार म्हज्या मनाक खुबूच क्लेश जातात. खूब वायट दिसता म्हाका. रुख आनी झाडां-झुडपां ही देसाची संपत, अशें हांव लोकांक सांगीत आसतां. रुखांच्या फुलां-फळांक लागून, सांवळी दिवपी पानांक लागून, शेवण्यांक आलाशिरो दिवपी खांदयांक लागून ही धर्तरी गिरेस्त जायत आसता. देवाचें हें मोलादीक देणें म्हूण आमकां मेळिल्ली ही भेट ना करूं नाकात, अशें हांव लोकांक विनयतां.

देखुनूच, लोटिंगे आनी लाकूड व्हांवोवन व्हरपी एक तारूं जेन्नां गांवांतल्या न्हंयेच्या घाटाक लागिल्लें दिसलें, तेन्नां म्हाका मात्तूय बरें दिसलें ना.

मागीर थोड्या दिसांनी, हांव कितें तरी पळतालों तेन्ना एक जाणटेलोसो, खाडयो मुसलमान मनीस म्हज्या घराच्या आंगणांत आयलो. ताणें म्हाका सलाम केलो.

"बाब, तुमच्या भाटांक म्हाका थोडीं झाडां दिसतात. तुमकां ती विकपाचीं आसात व्हय?"

"खंयचीं झाडां ? "

"भाटकारा, तुमच्या पोरसांत आनी कुळागरांत खूब बरीं झाडां आसात."

त्या मनशाच्या उलोवपांत एके तरेचो हेळो आशिल्लो, ताचे वेल्यान हांव सहज वळखलों, हो एक जिल्ह्याच्या दक्षिणेकडलो मनीस आसूंक जाय.

"तूं दक्षिणेच्या वाठारांतलो न्हय? "

"हय, भाटकारा, हांव इच्छामती न्हंयेचे पलतडीं रावतां, बंशिरहाटा लागीं, टाकी श्रीपूरांत."

"हांगां तूं लाकूड विकतें घेवपाक येता व्हय? "

"भाटकारा, आमचें तारूं घाटाक बांदिल्लें आसा. आमी लाकूड आनी लोटिंगे हांगाच्यान कलकत्त्याक व्हरतले. हांगाच्यो कांय रायो भाटां आमकां लोटिंग्याखातीर विकत्यो घेवपाच्यो आसात. तुमचेकडेन आसात व्हय? "

तो मनीस झाड विकतें घेवपा खातीर आनी मारपा खातीर आयिल्लो. ताका लागून म्हाका तिडकूच मारली. हांवें ताका कांयच जाप दिली ना.

"तुमकां झाडां विकपाचीं आसात व्हय? "

"ना."

"भाटकारा, आमी बरो दर दितां."

"कितलें मोल फारीक करतात तुमी? "

"हें पळय भाटकारा, त्या व्हडल्या चातक रुखाचे आमी चाळीस रुपया दिवंक शकतां."

म्हाका खऱ्यांनीच अजाप दिसलें. दुसऱ्या संवसारीक म्हा झुजा पयलीं अश्याच कोणेंशें म्हाका तेद्याच झाडा खातीर फकत स रुपया दिवंक काडिल्ले. झुजाच्या काळांत तेद्याच झाडा पोटींचें मोल चवदा रुपयां मेरेन चडिल्लें. कसल्याच फळ दिनाशिल्ल्या झाडा खातीर तें मोल फावोशें आसा अशें म्हाका दिशिल्लें. खरें म्हणल्यार तो दर म्हजे अपेक्षे परस चडूच आशिल्लो..... आनी आतां हो मनीस त्या वांझकुट्या झाडा खातीर चाळीस रुपया दिवपाक राजी आसलो. सामकी पांच वर्सां पयलीं लेगीत कोणूच इतल्या मोलाची कल्पना करचो नासलो. म्हज्या ल्हानश्या भाटांतकडेन पांच-स चातकांचीं झाडां आशिल्लीं. वा! तांकां बरेंच मोटें मोल म्हाका मेळूं येता तर!

अचकीत, जोगला वरी एक गजाल म्हज्या मनांत लिकलिकून गेली, म्हाका रोमन सैमवादी बरोवपी प्लिनी हाची याद जाली. तो पयल्या शेंकड्यांत जावन गेलो. नेपल्सचे सामुद्रधुनीच्या कांठार तो एका झाडाचे सावळेंत बसून आपणाले ग्रंथ बरयतालो. निळो दर्या जसो कितें तागेलीं सपनां पयशिल्ल्या देसांनी व्हांवोवन व्हरतालो. अख्ख्या विश्वाक वेंगेंत घेवपी, भव्यदिव्य सपनां! एका चित्रमय पुस्तकांत हांवें नेपल्साचे सामुद्रधुनीच्या कांठावेल्या रुखांचीं चित्रां पळेल्लीं. बंगालांतलीं चातकाचीं झाडां सामकीं त्या झाडां भाशेनूच दिसतात जाल्यार म्हज्या चातक रुखांक हांव प्लिनीचे रूख म्हण.... मूठभर नाण्यांखातीर हांव ते रूख कशे नश्ट करीन? अशें जांवच नजो.

हांवें त्या मनशाक स्पश्ट सांगलें, तीं झाडां म्हाका विकपाचीं नात.

पूण इतलेंय आसून तो मनीस आमच्या गांवांत राबितोच करून आसलो. ताचें तारूं न्हंयेच्या कांठाक बांदिल्लें . ताणें तीन-चार व्हडल्या भाटांतलीं झाडां विकतीं घेतलीं आनी तांचे लोटिंगे आपल्या तारवांत भरले. ल्हानसान खांदयो आनी मोट्योश्यो बडयो ताणें सादारण मोलाक गांवकारांक जळोव म्हूण विकून उडयल्यो.

तो मनीस रायबाबाच्या पूजा मंडपाचे उत्तरेकडेन आपणाल्या मनशांवांगडा रावतालो. पूजा मंडपाची पडझड जाल्ली. एक जाणटेलो त्या मंडपाच्या कोनश्याक रावतालो. त्या लाकडां तोडप्यान परवानगी घेतली. थंय एक तात्पुरतो ताडाच्या पानाचो आलाशिरो तयार केलो. तो थंयच रांदतालो. आपणाल्या दोन सांगल्यांसयत रातचो थंयच न्हिदतालो. आपणालें

हातरुण पांगरुण तो एका पांटल्यांत दवरी आनी तो पांटलो एके उंच सुवातेर हुमकळून दवरतलो.

म्हज्या गांवाची गिरेस्तकाय आनी सोबीतकाय ना करपाक आयिल्लो तो मनीस म्हाका मातूय आवडलो ना. हांव ताचे लागीं उलयच नासलों.

ताचें तें तारू घाटाकडेनूच आशिल्लें. उंच वाडिल्ल्या तणाक लागून आनी जंगली वनस्पतेक लागून ती सुवात एखाद्या जंगलावरीच जाल्ली. दनपार वतकच हांव थंय एका लाकडाच्या लोळग्याचेर बसतालों. म्हाका ती सुवात मानवताली. कारण निळयाशार मळबाची भव्यताय म्हाका थंयच्यान बेसबरी पळोवंक मेळटाली. अनंतांतल्यान येवपी आशीर्वाद धर्तरेचेर देंवूंक लागल्यात, अशें कितेंशें म्हाका तो देखाव पळोवन जाणवतालें.

केन्नां केन्नां तो लांकडां तोडपी आपणाल्या तारवांतल्यान देंवून म्हजें म्हऱ्यांत येतालो.

हांवें ताका विचारलें, "आनीक कितले दीस रावतलो तूं हांगां? ह्या गांवांतलीं लागींलागीं सगलींच झाडां तुमी ना करून उडयल्यांत."

पूण म्हाका कितें म्हणपाचें आशिल्लें, तें ताका समजलेंच ना. झाडां नश्ट केल्ल्यान कितलें लुकसाण जाता, हाचो हिशोब करपा इतलीय अक्कल ताका नासली. ताणें फकत इतलेंच म्हणलें, "ना, भाटकारा, म्हाका काय व्हडलोसो फायदो जावपाचो ना. बरोचसो दुडू झाडांच्या धनयांक, झाडां मारप्यांक आनी मारिल्ल्या झाडांचे लोळगे व्हांवोवन व्हरपी कामगारांक दिवंचो पडटलों."

"कलकत्त्यांत ह्या लोळग्यांचो दर कितें ?"

"तुका खरें सांगतां हांव भाटकारा..... एका घनफुटाक साडे तीन रुपया."

तो 'मनीस काय चड शिकिल्लो नाशिल्लो. पूण 'घनफूट' बी उतरां ताका खबर आसलीं, कारण ती ताच्या वेवसायालागीं संबंदीत आशिल्लीं. ते भायर, म्हाका तो एक सादो-सरळ मनीस दिसला. तो शारांतल्या धूर्त बनियांभाशेन नाशिल्लो. केन्नां केन्नां तो म्हजेखातीर हुक्को भरून दितालो आनी आपणाल्या जिवितांतल्या आनी वेवसायांतल्या अडचणीविशीं तशेंच त्रासांसंबंदी सांगीत रावतालो.

पूण म्हज्या गांवांतलीं झाडां नश्ट करपाचो ताचो उत्साह मात खर आशिल्लो. एका फाटोफाट एक अशीं झाडांचीं भाटां तो उजाड आनी वैराण करीत आशिल्लो. म्हाका त्या मनशाविशीं तिटकारोच दिसूंक लागलो. दिसतालें, हीं मनशां पयशांखातीर कितेंय करतीत. सामकें कितेंय म्हणल्यार कितेंय! म्हाका तो मनीस रस्त्यार वा बाजारांत भेटलो जाल्यारूय तो म्हाका दिसुंकूच ना अशें हांव भासयतालों. हांव ताका सदांच टाळपाचो यत्न करतालो.

पूण तो म्हातारो मात बरोच वातड आशिल्लो. जायते फावटी तो असोच नकळयां म्हजे वांगडा गजाली करपाक येतालो. फाटले तीन-चार म्हयने तो आमच्या गांवांत रावतालो,

ताका लागून गांवांतल्या दर एकल्याक तो नांवान वळखतालो. प्रत्येक घराब्याची ताका सामकी तपशीलासयत खबर आशिल्ली. कोण खंय काम करता, कोणाक कितलो पगार मेळटा, कोणाची अर्थीक परिस्थिती कशी कितें आसा? तो म्हणल्यार आमच्या गांवांचें एक चलतें-बोलतें गॅझेटूच आशिल्लो. केन्ना केन्नां तो सांजवेळार म्हज्या घरा मातसो रावतालो. म्हजे वांगडा हुस्क्याचे झुरके घेतालो आनी एखाद्या लागींच्या शेजाऱ्याभाशेन खबरी मारतालो.

एक दीस ताणें विचारलें, "भाटकारा, तूं पुस्तकां बरयता? "

"हय."

"तीं खंय छापतात? "

"कलकत्त्यांत."

"एक पुस्तक छापपाक कितलो खर्च येता? "

"पांचशीं-सयशीं रुपया, केन्ना केन्ना एक हजार."

"भाटकारा, तूं कितलो नशीबवान! म्हजे फाटल्यान मात दळडीर आनी दुर्दैव कायमचें लागिल्लें आसा! म्हाका एक तरणाटो पूत आसा. तो टाकीच्या भाटकाराच्या ऑफिसांत काम करता. ताका आठ रुपया पगार. भाटकाराक तो आवडटा. भाटकार एक सारको ताका विचारीत आसता. केशीचें काम आसता तेन्नां तो कोर्टांत वता. तो ताका सायकलीचेर डबलसीट व्हरता. फाटल्या वर्सा तो दुर्गा पुजेक घरा आयिल्लो. तेन्नां ताणें आमचे खातीर चार विसो तांतयां आनी गायच्या दुदाचें शुध्द तूप हाडिल्लें!"

गजाली कश्यो रंगोवच्यो हें त्या म्हाताऱ्याक बेसबरें खबर आशिल्लें. जायत्या गजालीं संबंदान उलोवन, हुक्क्याचे झुरके मारुन तो परत गेलो.

जायते फावटी हांव ताका ताच्या फायद्याविशीं विचारतालों.

"भाटकारा, खऱ्यांनीच.... म्हाका कांयच सांगूंक येवंचें ना."

"पूण तुवें तर आजवेर कितलींशींच झाडां मारल्यांत न्हय गा !"

"आगा भाटकारा, तितलीं झाडां काय पावपासारकीं नात. पावसाळया पयलीं आमकां फावोसो पुरुमेंत करचो पडटा."

"तोमेरेन तुमकां बरोच नफो जाल्लो आसतलोच न्हय?"

"भाटकारा, म्हजेखातीर सरकारी पसऱ्यावेल्यान एखादें पुडवें मेळोवन दिवंक जाता जाल्यार पळय मगा. ना जाल्यार नागडोच भोंवचें पडूं येता!"

उपरांत बरोच काळ त्या जाणटेल्या कडेन म्हजी भेट जालीच ना. हांव जसो म्हज्या कामांत मग्न आसलों तसोच तोवूच ताच्या कामांत गुल्ल आसलो जावंक जाय.

हांवें ताचे लागच्यान जळोव म्हूण थोड्यो सुकिल्ल्यो खांदयो उदारेर विकत्यो घेतिल्ल्यो, पूण तो काय तांचे पयशे मागपाक आयलो ना.

मजगतच्या काळांत आमच्या शेजरा रावपी एका तरणाट्याक टायफॉडाचो जोर आयलो आनी तो हाथरुणार उरलो. ताका आपणाल्या शेताचें काम पळोवंचें पडटालें, बाजारांत ल्हानशें फळांचें दुकान चलोवंचें पडटालें; बायल आनी पांच भुरग्यांची जबाबदारीय ताचेरूच आशिल्ली.

इल्लें इल्लें करून ताचें दुयेंस वाडतूच गेलें. आमी, म्हणल्यार ताचे शेजारी, रातदीस ताची सुश्रुशा करूंक लागले. दिसांतल्यान चार-पांच फावटी दोन-तीन तरणाट्या मनशांक वखद, दोतोर, फळां वा झेल हाडपाखातीर शारांत धाडीत आसताले. ताची असहाय बायल आनी पांच भुरगीं पळेल्यार हें काम आमकां व्हडलेंशें जड दिसनासलें.

पूण आमचे सगळे श्रम फुकट गेले.

चोवीस दिसांच्या खर जोरा आनी यातनां उपरांत त्या तरणाट्याक मरण आयलें. विधवा जाल्ले ताचे घरकान्नीचें सांत्वन करचेखातीर गांवांतल्या तागेल्या शेजाऱ्यांनी जाताले

तितले परीन सगळें केलें. जाणट्या मनशांनी त्या गेल्ल्या मनशाचे मालमत्तेचे आनी दुडवांचे प्रस्न मार्गीं लायले.

दुख्खाची कळ ल्हवल्हव करून उणी जायत गेली.... आनी ते उपरांत म्हाका एक खुबूच काळजाक तेंकपी देखाव पळोवंक मेळ्ळो. तीच खरें म्हणल्यार सांगपा सारखिली मुखेल गजाल. आतांमेरेन जें सांगलें तें, हे गजालीची फकत प्रस्तावना अशें धरपाक हरकत ना.

एक दीस, तीनसांज जायत आशिल्ली. मळबांत सूर्य अस्तंत्या वेळार आसता तशी पसय पातळिल्ली. लागींचेच एके पोंयेवेल्यान हांव नुस्तें गरोवन, शितारी घेवन घरा परततालों. हालींच मरून गेल्ल्या त्या मनशाच्या घराकडल्यान पासार जातना म्हाका तो म्हातारो लाकडां तोडपी ते तरणाटे विधवेचें सांत्वन करतना दिसलो. रस्त्याकुशीकूच त्या घराची रांदची कूड आशिल्ली. आमच्या शेजाऱ्याची विधवा घरकाम करीत बशिल्ली. तो जाणटेलो सकयल आंगणांत बशिल्लो. ताचे सांत्वनाची उतरां म्हाका आयकूंक आयलीं. तो ते विधवेक सांगतालो, "मा, हें सगलें मनशाचें नशीब आसता..... देवाची इत्सा आसता. संवसारांत कोणूच एखादो अमर पटो घेवन येवंक ना. खूब वायट जालें...... तो इतलो जुवानपणांत गेलो. पूण आतां तुगेल्या असहाय भुरग्यांकडेन पळय. तांकां ल्हानाचीं व्हड करचेखातीर तुंवेंच मन घट्ट करचें पडटलें...... पेंगट बांदचें पडटलें. तुवेंच जर दुख्खाचेर मात केली ना जाल्यार तांकां कोण पळेतलो ? दुकां गळोवं नाका, मा ? म्हज्यान पळोवं नजो तें."

हांव म्हजे सुवातेर खिळायल्ले भाशेन जावन उबो रावलो. आपणाल्या खांदावेल्या लोळक्या वालक्याच्या पोंतान तो म्हातारो मुसलमान आपणालीं दुकां पुसतालो.

हाचे परस उदात्त दृश्याची हांव कल्पनाच करूं शकनासलों.

तो देखाव म्हणल्यार जशे परीं एक सुंदर भावगीतूच आशिल्लें. तातूंत एखाद्या गीताची माधुरी आशिल्ली.

◆ ◆

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी ग्रंथालय

14.

रंकिनीदेवीचें खड्ग

ज्या घडणुकांचें तर्कसंगत कारण सोदुनूय मेळना, अश्यो जायत्यो घडणुको आमच्या जिवितांत घडटात. तांकां आमी अजापांच्यो घडणुको म्हणटात. घडये, सोद घेतकच त्या घडणुकांचे फाटली कारणपरंपरा मेळटाय आसत. मनशाचे विचारशक्तेच्या वा अणभवसंचिताच्या आंवाठापेल्यानची ती कारण परंपरा आसूं येता. ते विशीं हांव काय वाद घालचों ना. फकत इतलेंच म्हणन, अशें तर्कसंगत कारण अशे घडणुके फाटल्यान आसलें तरीय आमचे सारकिल्ल्या सादारण मनशांक तें समजप अशक्य आसता आनी देखुनूच आमी अश्या घडणुकांक अजापाच्यो म्हणटात.

म्हगेल्या जिवितांत एक फावट अशी एक घडणूक घडली. तिचें तर्कसंगत कारण म्हाका तेन्नासावन आजमेरेन केन्नाच सोदूनूय मेळ्ळेंना. वाचप्यांमुखार ते घडणुकेचें वर्णन करुनूच हांव थांबन; ताणीं जर हे घडणुके फाटलें कितेंय सुसंगत कारण सांगलें जाल्यार म्हाका उमेदूच जातली.

आतां ती घडणूक सांगतां.

थोड्या वर्सां आदली गजाल. मानभूम जिल्ह्यातल्या चेरो नांवाच्या गांवांतले मुळावे शाळेंत हांव तेन्ना मास्तर म्हूण काम करतालों.

वतां-वतां सांगून दवरतां..... चेरो गांवांची सोबीतकाय इतली बरी आशिल्ली, थंय थोडो काळ रावले उपरांत बंगालांतल्या एका सारकेल्ल्या समतल, सपाट जमनीचो खंयचोच गांव बरो दिसनासलो. एका सादारण दोंगराचे देंवतेर लागींच ह्या गांवांतलीं सगळीं घरां आशिल्लीं. सगल्यांत निमणे रांगेंतल्या घरांच्या जनेलांतल्यान दोंगराचेर वाडिल्लें साल, महुआ, बेल आदि रुखांचें विरळ जंगल; एक प्रचंड वड, ताचे पोंदां बांदिल्लें पेड, ल्हानव्हड शिळो आनी कांटयारीं झुडपांचीं दाटी. असो देखाव दिसतलो.

हांव पयलेच फावट त्या गांवांत गेलों, तेन्ना एक दीस दोंगराच्या माथ्यार भोंवपाक गेल्लेकडेन एके सुवातेर शालवनांत एक भग्न जाल्लें खडपांचें देवूळ म्हाका दिसलें.

म्हजे वांगडा तेन्ना वयल्या वर्गांतले दोन विद्यार्थी आशिल्ले. ते मानभूमांतले बंगाली. एक गजाल सांगूंक जाय-चेरो गांवचे भोवतेक रावपी मुळचे मद्राशी, पूण तांकां बंगाली भास बरेतरेन उलोवंक येताली. जायत्यो बंगाली चाली-रितीय ताणीं आपणायिल्ल्यो. मानभूमी

जिल्ह्यांत येदे व्हडे संख्येन हे मद्रासी कशे येवन थिरावले हाचो इतिहास काय म्हज्यान सांगूंक जावंचोना.

दोंगराच्या माथ्यारूच तें देवूळ काळया फातरांनी बांदिल्लें आनी थोड्या अजापाच्या आकाराचें आशिल्लें. ते बरेंचशें चांचडा राजवाड्यांतले दुर्गा देवीच्या धा अवतारांच्या मंदिरासारके आसलें. ह्या प्रदेसांत हे तरेच्या आकाराचें देवूळ काय म्हाका दुसरें दिसूंक नासलें. ते भायर तें देवूळ लोकांनी उबंत उडयल्लें आशिल्लें आनी तातूंत खंयचीच देव-मूर्त नाशिल्ली. दक्षिणेकडले वणटीचो थोडो भाग कोसळिल्लो. देवळाक दार नाशिल्लें. फकत फातरांचो दरवज तितलो बाकी आशिल्लो. देवळाच्या भितरल्या भागांतूय तुळशींचें रान मातिल्लें. सांजवेळच्या मळबाचे फाटभुंयेर मुर्ती नाशिल्ल्या त्या भग्र मंदिराच्या दर्शनान म्हज्या मनांत एके आगळेच भावनेचो संचार जालो आनी अजापाची गजाल म्हणल्यार ती भावना आशिल्ली भिरांतेची. मोडकें देवूळ पळोवन म्हज्या मनांत भिरांत कित्याक जागी जाली, हाचेर हांव मागीर घरा पावतकच येवजीत पडलों. जाल्यारूय, त्या देवळांत ताचो भितरलो भाग सारको बरो पळोवंचो म्हूण हांव फुडें वचूंक लागिल्लों. इतल्यांत एक विद्यार्थी म्हणूंक लागलो, 'सर, थंय वचूं नाका !'

"कित्याक तर? "

"ती सुवात बरी न्हय. तीनसांजचो सोरपां-किडींचो बी भंय आसता. ते भायर लोक म्हणटात, थंय भुतांखेतांय आसतात. देखुनूच कोण थंय वचना!"

"हें मंदीर खंयच्या देवाचें? "

"हें रंकिनीदेवीचें देवूळ सर! पूण आमच्या गांवांतल्या म्हाताऱ्या लोकांनीय केन्नां तांचे हयातेंत ह्या देवळांत पुजा जाल्ली पळोवंक ना. बऱ्याच तेंपासावन ह्या देवळांत मूर्त लेगीत ना. आमच्या आज्याचे मुस्तीचे पयलींपसून हांगां जंगल मातिल्लें आसा.... चलात, सर! देवुंया आतां सकयल! "

तो विद्यार्थी दोंगरा सकयल देंवपाक मातशी चडूच ताकतीक करूंक लागलो.

रंकिनीदेवी वा तिचें देवूळ हांचेविशीं हांवें गांवांतल्या दोन-तीन जाणटेल्या मनशांकडेन वासपूस केली. पूण अजापाची गजाल म्हणल्यार, ते रंकिनीदेवी संबंदान उलोवप टाळटात अशें दिसूंक लागलें. म्हाका दिसलें, रंकिनीदेवी संबंदान उलोवपाक तांकां भिरांत दिसताली जावंये.

हांवेंय मागीर ह्या विशयाचेर कोणाकूच प्रस्न विचारप सोडून दिलें.

लागीं लागीं एक वर्स उलगलें.

शाळेंत विद्यार्थी उणे आशिल्ले, ताका लागून कामूय व्हडलेंशें नाशिल्लें. हे खातीर सुटी आसली म्हणटकच हांव लागींचे गांव पळोवपाक वचूंक लागलों. त्या गांवांतलीं

प्राचीन पटचित्रां, पोथयो, आयदनां, हांचो संग्रह करूंक लागलों. हो छंद म्हाका खूब पयलीं सावन आशिल्लो. नवे सुवातेर आयले उपरांत हो नाद वाडीक लागलो.

चेरो गांवांसाकून चार-पांच मैलांचेर जयचण्डी दोंगर आशिल्लो. त्या दोंगराच्या माथ्यार जयचण्डी देवीचें देवूळ आशिल्लें. पौश म्हयन्यांत थंय व्हडलीं जात्रा भरताली. बी. एन. लायनीचें एक ल्हानशें स्टेशनूय थंय आशिल्लें.

ह्या दोंगरालागींच एके ल्हानशे वस्तेंत मानभूमीत रावूंक आयिल्ल्या ओडिया ब्राम्हणांचीं घरां आशिल्लीं. तांचे भितरल्या चंद्रमोहन पाण्डा नांवाच्या एका जाण्टेल्या ब्राम्हणाकडेन म्हजी दाट इश्टागत जाली. तो म्हजेलागीं मानभूमचे बंगाली भाशेंत खूब गजाली करी. जायत्या तरांच्यो गजाली सांगतालो. पटचित्रां आनी पोथयो एकठांय करतना वेळ मेळ्ळो म्हणटुकूच हांवूच चंद्रमोहन पाण्डाकडेन वचालो. आनी ताच्या तोंडांतल्यान ह्या प्रदेसांतल्यो गजाली आयकतालो. चंद्रमोहन पाण्डा हो थळाव्या पोश्टांत पोस्टमास्टर म्हणुनूय काम करतालो. ह्या प्रदेसांत घोळटल्यो कितल्योश्योच सोरपांच्यो, भुतांच्यो, डाकूंच्यो आनी वागांच्यो (चड करून वागांच्यो.... कारण वागांचो उपद्रव ह्या भागांत खूब आसलो) गजाली हांवें चंद्रमोहन पाण्डाच्या तोंडसून आयकल्यो आनी ह्यो सगल्यो गजाली आयकुपाच्या मोहान आशाढांतल्या उटंगारांचो पावस आशिल्ल्या दिसाय त्या म्हाताऱ्या पोस्टमास्तराच्या घराकडेन वचून बसलों.

रानाचो हो मानभूमाचो प्रदेस सभ्य सुसंस्कृत जगाच्या केंद्रासावन खूब पयस आशिल्लो. हांगांची जीवन शैली मातशी वेगळे तरेची आशिल्ली. गजाल कितलीय मागीर अद्भुत आसूं, जयचण्डी दोंगराच्या मुळसांत आशिल्ल्या सालाच्या झाडांनी रेवडायल्ल्या ल्हानश्या गांवांत बसून जाणटेल्या चंद्रमोहन पाण्डाचे मानभूम भागांतले बंगाली बोली भाशेंत ती गजाल आयकतना अशें दिसतालें. ह्या भागांत अशें कितेंय घडप हातूंत अजाप तें कसलें?

गजालींच्या ओगांत चंद्रमोहन पाण्डान एक दीस म्हाका विचारलें, "चेरे दोंगरावेले रंकिनीदेवीचें देवूळ पळेलां ? "

थोडें अजापान हांवें ताच्या तोंडाकडेन पळेलें. रंकिनीदेवीच्या संदर्भांत तोमेरेन हांवें कोणाच्याच तोंडांतल्यान कांयच आयकूंक नासलें. त्या दिसा सांजवेळा म्हज्या विद्यार्थ्यांच्या तोंडांतल्यान जें थोडेंभोव हांवें आयकल्लें, तितलेंच !

हांवें म्हणलें, "देवूळ पळेलां हांवें; पूण रंकिनीदेवी विशींची म्हायती मेळोवपापासत आजवेर जाका जाका विचारलें, तो एक तर ओग्गी जालो वा ताणें विशय तरी बदललो !"

चंद्रमोहन पाण्डान म्हणलें, "रंकिनीदेवीचें नांव आयलें म्हणटकीर सगल्यांकूच भिरांत दिसता."

हांवें विचारलें, "अशें कित्याक तर? "

मानभूम जिल्ह्यांत पयलीं जंगली, आदिवासी लोकांची वसणूक आशिल्ली. रंकिनीदेवी

ही तांचीच देवता. मागीर जेन्नां हिंदू धर्मीय लोक थंय येवन स्थायीक जाले तेन्नां रंकिनीदेवी ही हिंदूंचीय देवता जाली. तेन्नां तांचें भितरल्या थोड्या लोकांनी हें देवूळ बांदलें. पूण रंकिनीदेवी ही हेर हिंदू देव-देवतांभाशेन ना. ती जंगली आदिवासींची देवता. पयली ह्या देवळांत नरबळी दिताले. सामकें साठ वर्सां फाटीं लेगीत त्या देवळांत नरबळी दिताले. रंकिनीदेवीचो कोप जालो, जाल्यार लोकांची धडगत ना, असो जायत्या लोकांचो भावार्त आसा. ती कोपली जाल्यार कितेंय अमंगळ जातलें, धाम येतली, अशें लोक मानतात. अशें जायते फावटी जाल्लेंय आसा. ह्या भागांत असोय एक समज आसा, एखादी धाम येवंची पयलीं रंकिनीदेवीच्या हाता सकयल एक खांड (खड्ग) रगतान माखून येवंचें. हांव जेन्नां पयलोच हांगां आयलों, तेन्नां, म्हणल्यार चाळीस वर्सां फाटीं..... हांगांच्या जाण्टेल्या लोकांकडल्यान ही गजाल हांवें आयकल्ली."

"रंकिनीदेवीची मूर्त पळेली व्हय तुमी त्या देवळांत?"

"ना! हांव ह्या गांवांत आयलों तेन्नां हांवें हें देवूळ मोडिल्ले अवस्थेंतूच पळेल्लें. हांगाच्यान कोणें तरी ती मूर्त उखलून दुसऱ्या खंयच्या तरी देसांत व्हेली. रंकिनीदेवीविशींच्यो ह्यो सगळयो गजाली हांव आयकतालों त्यो ह्या मंदिराच्या सेवेकऱ्यांच्या वंशांतल्याच एका जाणटेल्याकडल्यान. तागेलें घर ह्या चेरो गांवांतूच आशिल्लें. हांव नव्यानूच ह्या गांवांत आयिल्लों, तेन्नां जायते फावटी तागेर गेल्लों. देवीच्या हातांतलें खड्ग रगतान माखून वचपी गजालूय हांवें ताचेच कडल्यान आयकली. आतां त्या सेवेकाराच्या वंशांतलो कोणूच जितो उरूंक ना. ते उपरांत काय चेरो गांवांत म्हजें वचप जालें ना. जायते दीस जाले. आतां पिराय वाडल्या, ताका लागून चडसो खंय भोंवना हांव."

"मंदिरांतली मूर्त खंयचे देवतेची आशिल्ली म्हणलें?"

"हांवें अशें आयकलां, ती मूर्ती कालीची आशिल्ली. आदीं तिगेल्या हातांत खऱ्यांनीच नरमुण्ड आसतालें..... आदिवासीच्या काळांत तिका कितले नरबळी दिल्ले आसतले आदिवासींनी, ताचो कांयच हिशोब ना. अजुनूय देवळाचे फाटलेवटेन, जंगलांत एक दोंगुल्ली आसा. ती उस्तिली जाल्यार मनश्यांच्यो कवटचो मेळटात. ताका लागून हांगाच्या लोकांक भंय दिसता ''

हें सगळें आयकले उपरांत सांजवेळा उपरांत जयचंडी दोंगराच्या मुळसाकडल्यान येता आसतना म्हज्याय आंगार कांटो उबो रावलो.

ते उपरांतूय दोन वर्सां सुख-दुख्खांत अशीच पासार जालीं. तो गांव म्हाका इतलो आवडिल्लो, आनिकूय बरोच काळ हांव थंय रावन आसलों. पूण शाळेच्या वेवस्थापना संदर्भांत मद्रासी आनी बंगाली लोकांमदीं वाद सुरू जालो. मद्रासी लोक शाळेच्या वेवस्थापनाखातीर चड दुडू दिताले; ताका लागून स्कूल-कमिटीचेर मद्रासी लोक चड

संख्येन आसचे, इंग्लेज भास शिकोवपाक मद्रासी मास्तरूच आसचो अश्यो मागण्यो ताणीं लावन धरल्यो. ताकालागून म्हजी नोकरी धोक्यांत आयली. मजगतीं म्हज्याच गांवांत एक हायस्कूल सुरू जाल्लें. त्या हायस्कुलाच्या मॅनेजमेंटान म्हाका नोकरीय दिवपाची तयारी दाखयल्ली. पूण हांवें मलेरियाच्या भंयान तेन्नां ती नेमणूक स्विकारूंक नाशिल्ली. आतां आनीक उपाय ना, अशें जाणवल्ल्यान गांवांक पत्र बरयलें. पूण ह्या कारणाक लागून काय म्हाका चेरो गांवांतली नोकरी सोडची पडली ना. तो गांव हांवें कित्याक सोडलो ती काणी मागीर सांगतां.

ह्याच अदमासाक एक दीस चंद्रापाण्डा कसल्याश्या कामा निमतान चेरो गांवांत आयलो. हांवें ताका म्हज्या घरा च्याखातीर आपोवणें दिलें आनी खूब आग्रो करून ताका ताचे बैलगाडेसयत म्हज्या घराकडेन घेवन आयलों.

चन्द्रापाण्डा ताचे पयलीं केन्नाच म्हगेर येवं नासलें. घरांत भितर सरले बराबर सगळयाक नदर भोंवडायत ताणें विचारलें, "ह्या घरांत रावतात व्हय तुमी? "

हांवें म्हणलें, "हय, पयलींच हो गांव ल्हानसोच, सहज काय भाड्यान घर मेळनासलें...... पयलीं तर हांव शाळेचेच एके ल्हानशे कुडींत रावतालों. एका वर्सा फाटी आमचे शाळेचे सेक्रेटरी रघुनाथन हाणीं म्हाका हें घर मेळोवन दिलें."

पोरणे मुस्तींतलें, फातरांचे बांदणेचें घर आशिल्लें तें. बऱ्यो व्हडल्यो व्हडल्यो तीन कुडी आनी एके वटेन वारांद. बरें मजबूत घर. जसो कितें अल्लाउद्दीन खिलजीच्या काळांतलो एखादो किल्लो वा बंदखणूच अशें कोणाकूय दिसचें अशें तरेचें. हजारभार धरणीकांप जाल्यारूय ह्या घराक कांयच बादिकार जावंचो नासलो.

चंद्रपाण्डा शांत बरो बसलो आनी परतूय सगल्याक पळोवंक लागलो. म्हाका दिसलें घराची बांदणी ताका आवडली जावंये. हांवें म्हणलें, "पोरण्या काळावेलें बांदकाम आसा न्हय? खूब मजबूत. पुरायेन फातरांचें. "

चंद्रपाण्डान म्हणलें, "ना, ना; ते खातीर पळेना हांव. हांव ह्या घरांत तीस वर्सां पयलीं खूब फावटी येतालों. हें घर रंकिनीदेवीच्या सेवेकारांचें आशिल्लें. आतां तांचे वंशावळींतलो कोणूच जितो उरिल्लो ना. तुमी ह्या घरांत रावता तें खबरूच नाशिल्लें म्हाका. बरें, बेसबरें! जायत्या तेंपान ह्या घरांत पावलों न्हय, ताकालागून सगळें अजापाशें दिसता. पोरण्यो यादी येतात. तेन्नां म्हजी पिराय आशिल्ली तीस वर्सांची. आतां हांव साठ वर्सांचो जालां....."

मागीर आमी हेर गजाली केल्यो. च्या पियेले उपरांत चन्द्रपाण्डा आपणाले बैलगाडयेंत बसलो आनी घरा वचपाक गेलो.

ते उपरांतूय परतून थोडीं वर्सां गेलीं. गांवांकडले शाळेकडल्यान म्हाका नोकरेचीं जाप मेळिल्लींच. पूण हांव काय अजून थंय वचूंक नाशिल्लों. कारण हांगाचो मद्रासी-

बंगाली लोकांमदलो वाद सोंपिल्लो. ताकालागून म्हजे नोकरेकूय कांयच धोको नाशिल्लो.

चैत्र म्हयनो सोंपत आयिल्लो. धा-बारा मैलांवेल्या एका गांवांत रावपी म्हज्या एका विद्यार्थ्याच्या घरा हांव अन्नपूर्णा-पुजेचें आपोवणें आशिल्ल्यान थंय गेल्लो. मदीं आयतार आयिल्ल्यान शेनवाराच बैलगाडी करून गेल्लों. आयतारा-सोमारा थंय राबितो करून मंगळारा दनपरां घरा परतलों.

तेन्नां हांव आंकवार आशिल्ल्यान त्या घरांत हांव एकलोच रावतालों. राखोहरी नांवाच्या, शाळेच्या एका नोकराक हांव म्हजेवांगडा घेवन गेल्लों. भायलों दार उगडिना फुडें राखोहरीन कच्च करून आंग काडलें आनी म्हणलें, "देवा म्हज्या! हें कोणाचें रगत! पळयात सर!"

म्हाकाय अजापाचो धक्कोच बसलो!

खऱ्यांनीच! भायल्या दाराच्या हुमऱ्या सावनूच जशे परीं रगत रकत भितर गेल्लें. रगताची ती सलग अशी धार नासली. रगताच्या थेंब्याची सरळ अशी रांग आशिल्ली ती. सामकें ताज्जें रगत आसलें तें. –जशें कितें निकतेंच कोणाचें तरी मुंडकें कापून तें भितर व्हेलां आसुंये, अशे तरेचें!

हांव तर थटाकून आसलों. कोणाच्या रगताची धार जावंये ही? हें रगत आयलें तरी खंयच्यान? दोन दिसांसावन तर घर धांपुनूच आशिल्लें – मागीर घराचे फरशेचेर रगताचे हे दाग आयले तरी खंयच्यान? तातूंत आनी परत सामक्या ताज्ज्या रगताचे दाग!

माजरान एखादो हुंदीर मारला आसत अशें दिसलें –कारण तेंच सबावीक आसूं शकतालें. नोकराक हांवें म्हणलें, "मातशें पळय रे, ते रगताचें थेंब खंयमेरेन गेल्यात ते – नक्की आमच्या माजराचेंच हें काम आसतलें !"

जायत्या वर्सांसावन बंदूच आशिल्लें, इश्कादी पोंदचे चोरकोठये कुडीकडेन ती रगताची धार गेल्ली दिसली. प्रचंड काळोक आनी सगल्या तुटिल्ल्या-फुटिल्ल्या वस्तूंनी भरिल्ली अशी ती सामकी ल्हानशी कूड आशिल्ली. ताकालागून हांवें केन्नांच ती चोरकोठये कूड उगडी करूंक नाशिल्ली. चोरकोठये कुडीचें दार हुपून बंद कुडींत ती रगताची धार गेल्ली दिश्टी पडली. हो कितें प्रकार आसुंये हें काय कितेंय केल्यार मगेल्या लक्षांत येना जालें. कितलींशींच वर्सां ती कूड भायल्यान कलियाद लावन बंद करून दवरिल्ली आशिल्ली.... आनी जर काय घरांत माजर आशिल्लेंच, जाल्यार ताका चोरकोठये कुडींत वचपाखातीर वाट तरी मेळूंक जाय आशिल्ली काय ना! तशें तर कांयच दिसनासलें!

ते कोठये कुडीचें दार नोकरान फातर घालून उगतें केलें. दिवो लावन ताच्या उजवाडांत आमी भितर पळेलें. तेन्नां आमकां दिसलें, ती कूड जायत्या तरांच्या खूब पोरण्या वस्तूंनी भरिल्ली आशिल्ली- एक तुटिल्ली फुटिल्ली, चेपिल्ली पत्र्याची ट्रंक, एक पोरणी पिंजिल्ली गादी, खाटेचे तुटिल्ले दोंके, कळमेल्ले पत्र्याचे कुडके...... कितें आनी कितें! ते कुडीचे फरशेवेल्यान रगताचे दाग एका कोनश्याचे दिकेन गेल्ले. शोदतां-सोदतांना राखोहरी अचकीत व्हडल्यान आड्डुलो - "हें कितें ! हांगां इतलें रगत कशें लागलां ? "

ते उपरांत कसलीशी एक वस्त हातांत उखलून धरीत ताणें म्हणलें, "हें कितें तें पळयात बाब!"

तो ती वस्त घेवन भायर येता आसतना ताच्या हाताकडेन पळोवन हांव अजापलोंच!

ताच्या हातांत आशिल्लें एक मूठ नाशिल्लें, कळमेल्लें खड्ग वा खांड -ताची फुडली वट रुंद आनी वांकड्या आकाराची आशिल्ली. –त्या खड्गाचें रुंद पातें तांबड्यागूंज रगतान माखिल्लें , त्या खड्गाच्या पात्यावेल्यान आत्तां रगताचे थेंबे टप्-टप् करीत पडटाले.

त्या खिणाक म्हज्या मनांत जायत्यो गजाली लिकलिकून गेल्यो. दोन वर्सां पयलीं चंद्रपाण्डाच्या तोंडांतल्यान आयकल्ली ती गजाल..... हें घर रंकिनीदेवीच्या सेवेकारांच्या

वंशजांचें आशिल्लें. पोरण्या वस्तूंचो गुदांव आशिल्ले हे चोरकोठये कुडींत रंकिनीदेवीचें खड्ग चड करून ताणींच दवरिल्लें आसुंये..... रोगाची धाम येवंचे पयलीं मूर्तेच्या हातांतलें खड्ग आपसुकूच रगतान माखून येता असो लोकांचो समज...

म्हगेली तकली गरगरूंक लागली.

धाम खंय आयल्या, असो विचार म्हाका वेळ मेळिल्लो जाल्यार हांव करतलो आशिल्लों. पूण तितलीय वाट म्हाका पळोवंची पडली ना. दुसऱ्याच दिसा सांजवेळाच्या अदमासाक चेरो गांवांत कॉलेरा रोगाचो पयलो वायटकार.मेळ्ळो. तीन दिसां भितर कॉलेराची धाम भोंवतणच्या गांवांतूय पातळ्ळी. पयलीं चेरो गांवांत, मागीर काजरा ह्या शेजारच्या गांवांत. ल्हवल्हव करून शेजारच्या जयचण्डीतोला गांवांमेरेन धाम पातळ्ळी. लोक कॉलेराचो वसो लागून पटापट मरूंक लागले. चेरे गांवांतले लागींलागीं सगलेच मद्रासी लोक कॉलेरान मरून गेले.

धामीक लागून शाळा बंद दवरची पडली. हांव म्हज्या गांवांक पळून आयलों. ते उपरांत परतो केन्नाच त्या चेरो गांवांत गेलो ना. मे म्हयन्याचे पयलींच म्हाका गांवांतले शाळेंत शिक्षकाची नोकरी मेळ्ळी.

तेन्नाच्यान रंकिनीदेवीचेर म्हजी मनोम्न श्रध्दा जडली. कितेंय अमंगळ जावपाचें आसत, जाल्यार देवी ताची पूर्वसूचना दिवन सगळयांक शिटकायता. अजाण अशे सामान्य लोक गैरसमजुतीन ताकाच अमंगळाचें कारण अशें धरतात.

◆ ◆

15.

नीलगंजचे फालमनसायब

त्या ब्रिटीश सायबाचें नांव आशिल्लें ए. एन. फार्मर (A. N. Farmour) नीलगंजच्या निळीच्या मळेवाल्यांचे पुर्वज. हांव भुरगेपणासावन त्या सायबांक वळखतालो. शाळेंत वतालो तेन्ना 'नीलकुठी' नावाच्या तांच्यां घराय गेल्लो. त्या वाठारांतले लोक तांकां फालमन सायब म्हूण वळखताले. तेन्ना तांची पिराय कितली आशिल्ली काय? पन्नाशेकडेन पाविल्ली आसूंक जाय. हांव तांचे निलकुठीचेर गेलों तेन्ना ते गायेचें दूद काडपाचेर नदर दवरून बशिल्ले. तांगेर गायो खूब. दिसाक सुमार तीस शेर दूद मेळटालें. तें बोटीन थेट शारांत वताले. हांव सायबांक आवडिल्लों. ते फकाणांनी म्हण, "आरे वा! इतले सकाळीं आयलो तूं ! तुका खावपाक कितें आवडटा?"

तांची बंगाली भाशा आनी उच्चार पूर्व बंगालांतल्या खाशेल्या भागांतले आशिल्ले.

"कितें म्हणलें?"

"तुकां कितें आवडटा? दूद?"

"तुमी जें दिता तें, सर!"

"मोती, हाका चिवडो, गोड आनी दोन पेले दूद हाड रे! म्हजी च्या आतांच जाल्या. भुरग्या, बस!"

निळीच्या मळेवाल्यांचे ते समृध्दतायेचे दीस आसले. सायबांचे वडिल लालमनसायब (Mr. Larmour) त्या वाठारांतली 'बडी आसामी' आशिल्ली. रसायनीक निळीचो सोद लागले उपरांत सैमीक निळीचें उत्पादन बंद केलें. त्या उपरांत लालमन सायब अमाप इस्टेटीचे जमीनदार जाले आनी थंयच स्थायिक जाले. जमीनदारीचो थोडो भाग देमांदांनी गेलो आनी लालमनसायब देवागेर गेले.लालमनसायब जमनीची खूब मशागत करताले. दुभत्यो गायो आशिल्ल्यो. बदकां आशिल्लीं. कोंबयो, बोकड्यो, आनी मेंढरां आशिल्लीं. तांचे कुठीबाडीत सुमार तीस कड्डुणाचे गुदांव आशिल्ले. उदेंते वटेन आशिल्ल्या व्हडल्या हळदुवे रंगाचे कुडींत तांचे इस्टेटीची कचेरी आसली. कचेरीभायर जांबळया फुलांच्यो वाली आशिल्ल्यो. (आमी त्या फुलांक 'पातेन फूल' म्हणी) ते कचेरेचें कामकाज सायबांचे इस्टेटीचे मॅनेजर षडानन बक्षी पळयताले, ... म्हणल्यार मुखेलपणान कामचुकार

लोकांक ख्यास्त दिताले. लालमन सायबांच्या इंग्लंडांतल्या मूळ गांवाचें नांव आमकां खबर नाशिल्लें पूण तांच्या हॉलांतल्या, भांगराळी फ्रेम आशिल्ल्या तेलरंगांतल्या व्यक्तिचित्रासकयल बरयिल्लें –T. Larmour of Bournemouth, England. तांचें पूत फालमन हांचो जल्म नीलगंजात जाल्लो. तांच्या घरांतले सगळेच जाण पूर्व बंगालांतल्या जेस्सोर जिल्ह्यांतल्या अशिक्षीत गांवठी धाटणेंत उलयताले.

"कितली शिकता रे तूं?"

"इंग्लीश दुसरेंत सायब!"

"म्हणजे तूं अप्पर प्रायमरी परिक्षा (आयचे भाशेंत, यत्ता चवथी) पास जाला दिसता!"

"हय!"

"शिश्यवृत्ती मेळ्ळया?"

"ना."

"तूं म्हजे शाळेंत शिकना?"

"ना. हांव चितळमारी बाजाराकडले जिल्ला परिषदेचे शाळेंत शिकतां."

"म्हणजे तूं दुसऱ्या गांवांतल्यान हांगा आयला दिसता."

"हांगा म्हज्या मामालें घर सर!"

"कोण तुजो मामा?"

"भूषणचंद्र मजूमदार. ते हालींच भायर पडले."

"अशें! म्हणजे तूं मजूमदारांच्या घरांतलो! वा! नांव कितें तुजें?"

"रतनलाल चक्रवर्ती!"

"अश्शें! म्हणजे तूं चितळमारी शाळेंतले शिक्षक माखनलाल हांचो पूत तर!"

"हय सर!"

"आतां आयलें लक्षांत, तुजो बाबा आमचो इश्ट मरे! बस. आनी खा हें सगळें."

फालमन सायबांकडेन म्हजी वळख जाली ती अशी :

तांकां हांवें तांच्या सर्वेयरावांगडा चितळमारीच्या शेतजमनीची सर्वे करतना पळयल्ले. ते लांब आनी दिसपाक सारके ब्रिटीश. मात्तूय पोट फुडें नाशिल्ले.

सँडहर्स्ट कट मिशो दवरिल्ले आनी एखादल्या पक्क्या सायबां सारकें तोंड आशिल्ले. पूण ते सदांच सायबासारके कपडे घालिनासले. – केन्ना केन्नाय पुडवें न्हेसताले. तर केन्नाय पँट-जॅकेट आनी तोपी.

शेतांत ओंपणी वा हेर शेताचीं कामां चालू आसतना, फालमनसायब सदांच तांचेर नदर दवरतना दिसताले. म्हूण ते सगळ्यांचेच वळखीचे जाल्ले. तांगेर शेताखातीर तिसावयर

मानाय आशिल्ले, चाळीस नांगर आनी बैल, धा बैलगाडे. इतक्या व्हडल्या शेताचो सादो खेडवळ शेतकार विचारलेगीत करपाक शकचो नाशिल्लो. माथ्यार तोपी घाल्ल्या फालमन सायबांक आपल्या मानायांचेर नदर दवरतना हांवें पळयिल्ले पूण हुक्को ओडटना मात केन्नाच पळोवंक नाशिल्ले. हे गजालीन मात ते पक्के सायब आशिल्ले. ते पायप ओडटाले.

आपल्या शेतांत काम करतल्या गांवकाऱ्यांक ते अशे हुकूम दिताले, - "आरे ए, सोनाई मंडल, बाबलात लागीच्या जमनीची दुसरी नांगरट तूं केन्ना करतलो? थंय तण वाडूंक दिलें जाल्यार तुका चड नांगर जाय पडटले. थंयचे मातयेंत अजून ओलसाण आसा."

हें सगळें तें त्या प्रदेशांतल्या गांवगिरे बंगाली बोलीत उलयताले.

मागीर सोनाई जाप दिताले - "बाबलात लागींची माती ओलीच आसा, हें कोणें सांगलें सायब तुमकां?"

"ओली ना? काल सांजवेळा पॅट (फालमन सायबांचो मेवणो, तो शेतजमनीकडेन लक्ष दितालो) आनी हांव बाबतलाकडे गेल्लो. हय. थंयची माती ओली आसा."

"पूण आतां जमनीतल्यान हरभरे घेवपाचे दीस आसात."

"ना. अजून बियाणीं पिकिल्लीं ना. आनीक थोडे वताचे दीस वचूं दी, मागीर म्हजी खात्री पट्टली."

नदीनपूरचो गोपेश्वर बैरागी शेताकडल्यान वतना दिसलो, तेन्ना फालमन सायबान आपली तोपी थोडीभोव उखल्ली आनी उलो मारलो, "हॅलो ऽऽ...... गोपेश्वर, गोपेश्वर हांगां यो!"

गोपेश्वरान येवन सायबाक नमस्कार केलो. फालमन त्या वाठारांतले वजनदार मनीस आशिल्ले कारण खुबशे गांवकार सायबांची जमीन कसताले.

"खंय वता इतले ताकतिकेन?"

"फालमनसायब, म्हाका गांवचे पंचायतीकडेन वचूंक जाय. म्हजी चली दुयेंत आसा. तिची कांयच खबर मेळूंक ना. म्हजो जांवयूय गेल्या वर्सा मरता-मरता वांचला. ताच्या पोटांत खूब दुखतालें."

"जोर येतालो ताका?"

"आसत सायबा. आमी अडाणी मनशां. आमकां खंय कळटा कितें जालां तें?"

"बरें आसा. आतां आमकां राधा-कृष्णाचेर एखादलें पद म्हणून दाखय पळोवया."

"कृष्णाचेर?"

"नाजाल्यार कालीमातेचेर. तुकां जें आवडटा तें. आरे! विसरलों पळय. तुमी वैष्णव न्हय! मागीर कालीमातेचें स्तवन कशें गायतले? बरें आसा. तुकां जाय तें पद म्हण. भायर

वत कडकडट ..... बरें आसा; मातशें ह्या आंब्याचे सावळेंत येयात. थोडो विसव घेयात.''

गोपेश्वरान लजेन फालमनसायबाकडेन पळयलें. ताळो खांकरलो आनी गांवपाक सुरवात केली.

''कृष्णा रे, तूं खरो कोण आसा – सांग रे!''

फालमन खोशी जाल्ले. ताणी बोटांनी पदाचो थेको धरिल्लो–

“वा! वा! तुमचो आवाज खूब गोड आसा! वा! ही रचना कोणाली? दाशुरायाली काय नीलकंठ कवीची?”

“नीलकंठ कवीची, सायब!”

“मागीर आतां दाशुराय कवीची एखादली रचना म्हणून दाकय!”

फालमन सायबांची आज्ञा कोणूच न्हयकार नाशिल्ले. गोपेश्वराक दुसरें पद म्हणचेंच पडलें,

“वसुदेव आशिल्लो भियेल्लो। यमुनामाय ही समदुःखी
बसून तो न्हंयदेगेरी। दुकांर दुकां गळयी
ताका खंय खबर। देव आसा आपले हाती।
पाझरत काय कंसाचें। काळीज फातराचें।
शक्य ना ते कदापि। शक्य ना तें कदापि।
बाळकृष्ण बशिल्लो। आसा यमुनेचे तिरी।
शक्यच ना वाचोवंक। ताका प्रतिष्ठा कुळाची।
वसुदेव आशिल्लो भियेल्लो। यमुनामाय ही समदुःखी!”

फालमनसायब दोळे धांपून, पायपाचे झुरके घेत पद आयकताले. ताणी गोपेश्वराच्या खांदार थापटिलें आनी म्हणलें, “वा! वा! दाशुरायाक तर तुळाच करूं नज! त्या अलंकाराविशीं कोणूच ताचेकडेन सर्त करूंक शकचोना! गोपेश्वर, खंयचो तो अलंकार?”

“अनुप्रास!”

“हय! हय! अनुप्रास! अनुप्रास आयकुचे तर दाशुरायाच्या गितांतले! इतले कानांक गोड लागतात! खरेंच दाशुरायाक तुळाच ना.”

“सायब! आतां म्हाका वचपाची मान्यताय दियात!”

“बरें आसा! देव तुजें बरें करूं!”

सोम्यान गोम्याक मारलो वा गोम्याले गायेन सोम्यालें शेत खालें.......... अशें गांवांतले सगळें. वाद फालमन सायबांचे कचेरेंत मिट्टाले. थळाव्या प्रस्नांचो न्याय-निवाडो करपाखातीर चड करून षडानन बक्षी कदेलीर बसताले, पूण जर कागाळ व्हड आसत तर स्वतः फालमन सायब न्याय करी.

एकदां गांवांत विप्रितूच घडलें.

–गुडे कोळयाच्या भावाची बायल रामू मडवळाल्या अतूल नांवांच्या चल्यावांगडा पळून गेली. त्या दोगांकूय अरणघाटा रेल्वे स्टेशनार धरून, गोंदळ घालीत गांवांत हाडलीं. त्या दिसा फालमन सायब न्याय दिवपाक बसले. कारण फाटल्या धा वर्सांत गांवांत असली भानगड केन्ना जावंक नाशिल्ली. त्या निवाड्यावेळार हांव हजर आशिल्लो.

भंयान थरथरतल्या अतुलाक फालमन सायबांनी खर आवाजांत विचारलें, "हय रे? ते बायलेची पिराय कितली?"

अतुलाच्या तोंडसून हय न्हयशीं उतरां फुटलीं, " म्हाका खबर ना. सर!"

"ती तुजेपरस ल्हान काय व्हड?"

"व्हड सर!"

"तुजी पिराय कितली?"

"सर. म्हजी पिराय तेवीस!"

आतां फालमन सायबान रामू मडवळाकडेन पळोवन विचारलें, "खरें उलयता हो?"

"हय सायब!" रामून म्हणलें.

"आनी त्या कोळयाचे बायलेची पिराय कितली?"

गुडे कोळी मदींच म्हणपाक लागलो, "बत्तीस सर!"

"बत्तीस?"

"हय, सर!"

"गाढवा, आरे, ही बायल तुजी व्हडली भयण सोबतली. तुकां कितें अक्कल आसा काय ना?" तिडकीन तांबडे गूंज जाल्ले फालमन सायब अतुलाचेर गर्जले.

"सगळयांमुखार ताका धा जोडे मारात आनी ताणे पन्नास रुपया दंड भरूं दी." फालमन सायबान ख्यास्त फर्मायली.

सुनावणी. थंय वकील नाशिल्ले, ज्युरी नाशिल्ले, अपील नाशिल्ले आनी हाय कोर्टय नाशिल्ले. सायबांनी दिल्लो निवाडो प्रमाण आशिल्लो.

फालमनसायब दयाळू आशिल्ले तरी तांच्या शिरंतरांनी निळीच्या मळेवाल्या हुकूमशाह जमीनदाराचें निळें रगत व्हांवतालें. थळाव्या लोकांची पिळणूक करपाची आनी तांचेर आगळीक करपाचे कलेंत ते कुशळ आशिल्ले; पूण आतां काळ बदलिल्लो. सायब मातशे शांत आनी क्षमाशिल जाल्ले.

एकदां फालमन सायबांच्या कुळांमदीं वाद सुरू जालो.

मातला हांगच्या विशाळ पाणथळ जाग्याचे मालकेवयल्यान नुस्तें मारपी खारवी आनी आदिवासी बगदी हांचेभितरलो हो वाद आशिल्लो. हो जागो राणी राशमोणीच्या

स्वरुपनगर कचेरीन बागदी लोकांक भाड्यान दिल्लो. पूण, बागदी लोक भाडें म्हूण एक पयसोय दिनाशिल्ले. परिस्थितींत कांयच बदल जायना, अशें पळोवन ही कागाळ कोर्टांत गेली.

भैरव चक्रवर्ती ह्या इस्टेटीच्या धूर्त मॅनेजरान ती जमीन फालमन सायबांक धा वर्सांखातीर भाडेपट्टीन दिल्ली. इल्लोय पयसो पयलीं घेतलोना. अडीचशी रुपया वर्साचें भाडें थारायलें.

फालमनसायब ती जमीन कोळी आनी बागदी लोकांच्या हातांतल्यान झोपून घेतल्या असो अदमास भैरव चक्रवर्तींनी केल्लो. ताचो अदमास अचूक थारलो. एके पंद्रशी भितरच त्या पाणथळ जमनींत फुलिल्लीं साळकां रगतान तांबडी जालीं. हॅट घालून, घोड्यार बसून फालमन सायबान त्या दंग्याचें फुडारपण भूषयिल्लें.

अशें आसलें तरी पुलिसांनी मात रिपोर्ट दिलो, फालमन सायब दंग्यावेळार गालुगडा येवन कृष्णनगराच्या मिशनरी हॉस्पिटलांत आशिल्ल्या आपल्या मार्जोरी ह्या तांचे धुवेकडेन आशिल्ले. तिची सेवा करताले.

कोर्ट-कचेरी, देमांद करप, फटीचे गवाय उबे करप, उलटतपासणेक जापो दिवप; ह्या गजालींनी फालमन सायबांचो हात संबंद जिल्ह्यांत कोणूच धरूंक शकनाशिल्लो. डिस्ट्रीक्ट कोर्टांत कितलेश्योच केशी पडून आशिल्ल्यो.

फालमन सायबांची बोट कुठीघाटावयल्यान सकाळची सुमार सात वरांचेर भायर सरताली. आपले बोटींत फळांचो एक पाटुलो, उदकाचें आयदन, बाटलीभर दूद, हाथरूण; मॅनेजर षडानन बाबू आनी दोग तारये आसात काय ना हाची फालमनसायब पयली वासपूस करी. त्या दोन तारयांमदलो एक आशिल्लो गोपाळ बागदी – कृष्णाची पदां गावपांत कुशळ. उदकांतल्यान सायबांची बोट आर्माचे गुळेयच्या वेगान डिस्ट्रीक्ट कोर्टाकडे वताली. वाऱ्याकलागून सगळ्यांक उमेद येताली. गोपाळ पाईक धनयांच्या लागीं येताले. फालमन सायब तांकां कृष्णाचे वा काली मातेचें एखादलें पद गावपाक सांगताले. गोपाळ गावपाक सुरवात करी......

"सर्पाकार तुजी विणी । आगे निळे मदालसे
सांबाच्या दोळ्यांपरसय । तुजे सुंदर गे दोळे
तुजें मूख तेजिश्ट । चंद्रिमावरी जशें सोबे ।...."
मागीर दुसरें पद सुरू करी ....
"सोड रे श्यामा, म्हाका । वचूं दी म्हाका एकलेक
आशीकुशीक लोक कितले । आनी कामां तटलीं........ "

आपल्या उमेदीच्या वर्सांनी गोपाळ पाईक (पहारेकार) बंगालांतल्या जात्रा म्हूण

वळखतल्या लोकनाट्यांनी गायतालो. एकदां तो नीलगंजच्या नीलकुठींत पद सादर करपाक आयिल्लो. फालमन सायबांक ताचें गायन आवडलें आनी ताणी गोपाळाक आपल्या इस्टेटीचेर नोकरी दिली.

फालमनसायब थकबाकीदारांक माफ करिनासले; पूण जेन्ना ह्या लोकांक तांचेमुखार हाडटाले तेन्ना सायब तांकां एखादल्या राजासारके माफ करी. वकिलांचे शिकवणेवयल्यान कांय दुर्दैवी कुळांनी नीलगंज इस्टेटीआड केशी घाल्ल्यो. पयलीं फौजदारी, मागीर दिवाणी दावे. मागीर तीं कागदपत्रां हाल्लीं, सब डिव्हिजन कोर्टांतल्यान सब जज्ज कोर्टांत आनी रीट्रायलाखातीर धाडले सब-डिव्हिजनल मुन्सफ कोर्टांत; ह्या काळांत तें कूळ सामकेंच भिकेक लागपाकडेन पावलें, आनी इस्टेटय सेगीत सावध आशिल्ली; मागीर त्या कुळाचें भलें चिंतप्यांनी ताका सल्लो दिलो, "चल, सायबांची माफी माग." तें कूळ कोर्टाच्या आवारांतल्या वडाच्या झाडापोंदा उब्या आशिल्ल्या फालमन सायबांच्या पांयांर तकली तेंकोवन रडपाक लागलें.

"कोण रे? कोण?"

"सायब, हांव मुकूंद विश्वास."

फालमन सायबान तांचेर खोट मारली आनी आडुले, "नीच, चलूंक लाग हांगासावन, बदमाश!"

शारांत रावपी ब्रिटीशांप्रमाण फालमन सायबांक हिंदी गाळी येनाशिल्ल्यो. ते सादे बंगाली भाशेंत उलयताले. ते थळाव्या गांवकाऱ्यांच्या वांगडा, गांवांतल्या पाचव्याचार वनरायत, आंब्याच्या आनी वडाच्या झाडाचे सांवळेंत वाडिल्ले. तांची कूड आनी आत्मो बंगालान घडयल्लो. डॉर्सेटशायराच्या ब्रिटीश कुळांतले आसले तरी ते एक अस्सल बंगाली आशिल्ले -जाणी आपलें आनंदी तरणाटेपण शांती-समृध्देंत घालयलें, अशे ते एकुणिसाव्या शेंकड्यातले एक बंगाली जमीनदार.

मुकूंदा विश्वासान व्हडल्या व्हडल्यान रडपाक सुरवात केली आनी गर्दी जमयली. दर एकल्याक दिसलें, फालमनसायब कितलो हरामखोर मनीस ! कितलो अत्याचारी मनीस पळयात, ताणे ह्या मनशाक भिकेक लायलो! लज दिसूंक जाय तांका!

पूण मुकूंदा तेली कितलो आपसुवार्थी आनी धूर्त आशिल्लो हें कोणाकूच खबर नाशिल्लें.

"आतां कितें जाय तुका ? कितें ?"

"सायब, तुमीच म्हजे मायबाप. म्हाका वाटायात!"

"अशें ? कोर्टांत केस कित्याक घालींना तूं? हरीशबाबू, मातशे हांगा येयात. हो नीच कितें म्हणटा तें आयकात आं!"

हरीशबाबू हे नांवाजते वकील ते वाटेन वताले. फालमनसायबान उलो मारिल्ल्यान ते लागीं आयले, "गूड मॉर्निंग, मिस्टर फालमन ! कितें घडलां?"

"मातशे पळयात ह्या मनशाकडेन ! तुमी ह्या हरामखोर मुकूंद विश्वासाक वळखताच आसतले न्हय? एक नंबरचो बदमाश पाचपोताचो मुकुंदा. ताची सगळी चाल खबर आसा म्हाका! हरीशबाबू, हांवूय कितें बोमान दूद पियेना. नायबमशाई, कितें भानगड ती सगळी हरीशबाबूंक स्पश्ट करून सांग आं!"

कितें घडलां तें सगळें सारकें आयकून घेतकच हरीशबाबून मुकूंदा तेल्याक बरोच धारेर धरलो आनी बरो उपदेश केलो. "तुवें फालमन सायबांचे आड कोर्टांत केश केली? आरे, तूं एक किंकोत तेली आनी येदें धाडस कशें जालें तुकां? फालमनसायब, ह्या मूर्ख तेल्याक एकदांच माफ करात!" हरीशबाबून फालमनसायबांक विचारलें, "सायब, आयज कोर्ट म्हत्वाचो निर्णय दितलो. सगळे संपत्तीची पावणी करतले?"

"हय. हो मुकूंदा म्हजेर इतलो रागार जाल्लो की ताणें हालीं म्हजेकडेन उलोवपाचें बंद केल्लें आनी आयज तो म्हज्या पांयां पडटा."

हे घडणुकेची मजा दिसून षडानन बक्षीनूय आपल्या धनयाच्या उलोवण्यांत भर घाली. "मुकूंदा सायबाच्या फकत पांय्ंच पडूंक ना, तो असो कितें रडटा जसो कितें हाचो भुरगो मेला! आनी ह्या धूर्त कोल्यान आदींच आपले भोवतणी काकळूटदाराचीं गर्दीय जमयल्या!"

फालमनसायबान ते गर्देक लेखून म्हणलें, "हें पळय, तुमी सगळे बेगीनात बेगीन हांगासल्ल्यान वचात. वतात काय ना?"

वकील हरीशबाबूनय गर्दी करप्यांक म्हणलें, "कोर्टाकडेन वचपाचो मार्ग कित्याक आडायतात तुमी? मॅजिस्ट्रेट सायब तापयतले. चलात हांगासरले.......... हांगा कितें दुर्गापूजा चल्ल्या? "

इस्टेट मॅनेजर षडानन बक्षी फालमन सायबांच्या कानांत फुतफुतले. ह्या खटल्याखातीर इस्टेटीचो सातशे रुपयांपरस अदीक खर्च जाला.

तरीय, फालमनसायबान मुकूंदाक म्हणलें, "बरें आसा, माफ केलो हांवें तुका! नायबमशाई, ही केश मिटोवपाची सगळी वेवस्था करात."

षडानन बक्षीनी आपलो आग्रो चालूच दवरलो. "पूण सायब, हे केशीचेर तुमचो जो खर्च जाला ताचें कितें?"

तें मुकूंदाकडेन उलोवन थारायात तुमी. पूण एक गजाल मात जावंकूच जाय. त्या हरामखोरान म्हज्या घराच्या आंगणात नाक घासूंक जाय. हीच ताका ख्यास्त....... नाजाल्यार

मागीर ताणे कोर्टाचो न्याय मानूंक जाय. हो हरामखोर म्हज्या आंगणांत आपलें नाक घासपाक तयार आसा?''

मुकूंदा विश्वास असले ख्यास्तीक तयारूच आशिल्लो. ताका आत्ताच्या आत्तां घास म्हणल्यार कोर्टाच्या ग्राऊंडार लेगीत नाक घासपाक तयार आशिल्लो. फालमन सायबान ताका अभय दिलें आनी खोशयेन कोर्टाभायर सरून वाट चलूंक लागलो. ताचे छातयेवयलो भार ल्हव जाल्लो.

उपरांत कांय दिसांनी फालमन सायबांची घरकात्र कलकत्त्याच्या एका हॉस्पिटलांत भायर पडली. तांचे लिव्हर इबाडिल्लें. फालमन सायबांनी उगडासान नीलगंजच्या शेजरा आशिल्ल्या स-सात गांवच्या प्रतिष्ठीत ब्राम्हण कुटूंबाचें मत विचारिल्लें, ''तुमका जर मेल्ल्या मनशाच्या आत्म्याखातीर प्रार्थना करपाक आपयले तर तुमी श्राध्दाच्या जेवणाक येशात?''

त्या काळात समाजीक निती-नेम खूब खर पाळटाले. ख्रिश्चन सायबांच्या घरांत ब्राम्हण उदकलेगीत पियेनाशिल्ले. पूण हे ब्राम्हण दुबळे आशिल्ल्यान सर्वशक्तीमान फालमनसायबांकडेन दुस्मनकाय धरपाचो हिंमत कशी करतले आशिल्ले?''

कचेरेचे इमारतीमुखार काई खवय्यान दोन दीस यथेश्ट संदेश, रसगुल्ला आनी हेर मिठाय तयार केल्ली. कचेरेचे इमारतीतल्या व्हडल्या हॉलांत ब्राम्हण जेवले. तांकां इतलें रूचीक जेवण त्या वाठारांत हे पयलीं कोणेच वाडूंक नाशिल्लें.

फालमनसायब स्वता हात जोडून दारांत उबे राविल्ले आनी दर एकल्याक परत परत विचारताले, ''तुमी जेवलेत? तुमकां हांवें हांगां आपोवन त्रास दिले........ तुमी म्हाका माफ करूंक जाय.........''

आमंत्रित लोकांमदीं म्हजो लेगीत आसपाव आशिल्लो. हांव तेन्ना एक शाळेंत शिकपी भुरगो. पूण म्हाका फालमन सायबांची ती उंच, ताठ कूड, तांची नमळाय, दयाळू आनी सौजन्यताय आजूय याद जाता. आयज आमी जाती-काती, धर्मीक असहिष्णुतताय, हिंसा, दुस्वास आनी तिडक ह्या गजालींक लागून इतले त्रस्त आनी विखंड जाल्या आसतना; त्या सायबांचे तें हात जोडून उबें रावप......... हें जाती-पंथ आनी धर्म हे गजालींनी सगळया नकली वेगळेचार विभाजनांफुडें उदात्त दिसता, भव्य दिसता!''

जेन्ना जेन्ना जात्रा नाटकाचो (बंगालांत लोकनाट्याक 'जात्रा' अशें म्हणटात) खेळ आसतालो तेन्ना फालमनसायब फुडले रांकेतले कदेलीर बसपी पयले प्रेक्षक आसताले. जात्रा-पार्ट्यांच्या नाटकांचे आनी संगिताचें तांकां खूब कवतूक दिसतालें. तीं नाटकां तांकां

आवडटालीं.

"ए, व्हायोलीनवाले, आर्विल्ली एक रचना वाजयात. साथीदारांक साथ दिवपाक लायात!"

जात्रा-पार्टीतले नट, वादक आनी गायक फालमनसायबांक खोशी करपाखातीर सामके उतावीळ जाताले आनी कृष्णाची भुमिका करपी खंयच्याय नटाक सायबांकडल्यान ना चुकतां एक रुप्यापदक मेळटलाचें.

सायब उबे रावून जाहीर करी -"आतां ज्या भुरग्यान कृष्णाचे भुमिकेंत गायन केलां ताका हांव रुप्यापदक इनाम दितलों!"

उपरांत ते प्रसन्न नदरेन प्रेक्षकांकडेन पळोवन मोठ्यान बंगालींत आवाहन करी, "ताळयो, ताळयो." ते स्वतः उमेदीन ताळयो वाजोवपाक सुरवात करी ताकालागून प्रेक्षकय ताळयांचो कडकड करी. सायब बोटांनी आपले कुडीक आपडून 'क्रॉस' करी आनी 'आमेन' म्हणी. प्रेक्षकय मागीर तशेंच करी.

गांवकऱ्यांनी आयोजीत केल्ले कसलेय कार्यावळीक आनी रक्षकाली तशेंच शीतला पूजा ह्यासारख्या सगळया पुजांक सायब मेकळया हातान देणगी आनी वर्गणी दिताले. त्या काळार भौशीक दुर्गापुजा वा कालीपुजा उत्सव सुरू जावंक नाशिल्ले.

फालमनसायबांचे बायलेक मरण आयलें आनी तांचेवांगडाच नीलकुठीच्या जांबळया 'पातेन' फुलाची सोबितकाय बावली, न्हंयेदेगेवयल्या इमारतीचें सौदर्य ना नपयत जालें. आमरायेची सोबाय सोंपली. ल्हवूल्हवू नीलगंज इस्टेटिकडें नातें आशिल्ल्यो गजाली सामक्योच साद्यो दिसूंक लागल्यो. तांची रयाच गेली. फालमन सायब आनी तांची एक आदिवासी वावराडी हांच्या संबंदाविशीं खसखस सुरू जाली. मार्जोरी आनी डोरा ह्यो सायबांच्यो दोन धुवो लग्न जावन घोवाघरा गेल्यो. इंग्लडांत शिकपी फालमन सायबांचो पूत परत भारतांत आयलो ना. ताणें थंयच आपलो राबितो केलो. ब्रिटिशांची लोकसंख्या वाडोवपाक लागून तो इंग्लीश चलयेवांगडा लग्न जालो.

नीलगंजचे नीलकुठीत एक भिरांकूळ घडणूक घडली. मिस्टर मुडी नांवाचो एक ब्रिटीश भायल्या देशांतल्यान येवन थोडो तेंपमेरेन फालमनसायबांच्या घरांत रावलो. फालमनसायबांचो मेवणो पॅट हो तेन्ना थंय नाशिल्लो. लोक त्या नव्या सोयऱ्याक मूदीसाहेब (भुसारी पसरकार सायबः बंगालींत मूदीचो अर्थ भुसारी पसरकार असो जाता) म्हणटाले. मिस्टर मूडी चडच पियेतालो. एक फावट, मध्यानराती सुमार लोकांक त्या दोगूय सायबामदली तिडकीन उलयल्ली उलोवणी आयकूंक आयली. खरें कितें जालें तें नोकरांक खबर नाशिल्लें. पूण भितर फाराचो आवाज आयकूंक आयलो. नोकर जेन्ना तें कुडींत गेलें, तेन्ना तांका

मुडीसायबाची कूड रगताच्या कोंडांत पडिल्ली आनी एक तरणाटी वावराडी ते कुडीच्या एका कोनशाक भंयान थरथरत उबी आशिल्ली तांकां दिसली.

सदचेभाशेन पुलीस तपास जालो. पूण फालमनसायबांक सोडून दिले. घराच्या चार वणटींभितर कितें घडल्लिें तें भायल्या कोणाकूच कांयच कळ्ळें ना.

हे घडणुके उपरांत खूब काळमेरेन फालमनसायब जिवे आशिल्ले. ते एकलेच रावताले. तांच्या जाणटेपणांत तांच्यो धुवो वा तांचो पूत, कोणूच तांच्या आदाराक आयलो ना. फालमन सायबांचो भाव इंग्लंडासावन तांकां खूब फावटी चीट बरोवन इंग्लडांत येवन रावपाची विनवणी करी. पूण फालमन सायब म्हण, "म्हजो जल्म हांगां जाला. ह्या देशाचेर म्हजो मोग आसा. आतां आनी हांव खंय वचूं? हांव मरतकच म्हाका त्या विशाळ लिंबाच्या झाडापोंदा खोल पुरात....... म्हज्या आवय-बापायच्या म्हऱ्यांत. हांव हे मातयेंत जल्मला.मरतकच हेच मातयेंत म्हाका पुरात."

हय. फालमनसायब मरतकच तांची कूड ह्याच देशाचे मातयेंत पुल्डी.

सुमार पंचवीस वर्सांपयलीं ते मेले. 'नीलकूठी' म्हूण वळखूपी तांचे घर मोडून ताचे अवशेष आतां उरल्यात. ताचेर झाडां-झोपां वाडल्यात. बरेच फावटी थंय वाग आनी रानदुकरां दिसतात. दिसाची लेगीत ती सुवात भयाण आनी मनीसविरयत आसता. पूण सडसडीत गवळी तुमकां एका विशाळ लिंबाच्या झाडापोंदा आशिल्ले फालमन सायबांचे कबरीचे अवशेष दाखयतले. ती लेगीत आतां तण आनी झाडा-झोपापोंदा लिपल्या. सरकारान नीलगंज इस्टेटीची पावणी केली, तेन्ना आलमपूर परगण्याच्या जमीनदार दे चौधुरी हाणी ती इस्टेट पावणेंत सा करून घेतली.'

♦ ♦

KONKANI CENTRE

16.

खुकू

उमा हें हरी मुखर्जींचें चली. पिराय चार वर्सां. तिका दूद मात्तूय आवडनाशिल्लें. पूण आतां तिचे आवयसयत सगल्यां जगानच तिका शेंकड्यांनी गॅलन दूद घोटूंक लावपाचें व्हडलें कारस्थान केल्लें. तशें तिका ह्या दूश्ट अन्यायाआड झगडपाकच जाय आशिल्लें पूण तिची आवय दरेका खिणाक कागाळ करीत आसताली, खुकू (म्हणल्यार उमा) सामकें भागलां, हाडकुळें जालां. अशक्त जालां. दूद पियेवपाक गेलें रे गेलें नाका तें नाका म्हणटा. ताका दूद पियेवंचेपयलीं आवय ज्यो ज्यो मांडण्यो करताली, त्यो सगळयो खुकूक आतां तोंडपाठ जाल्ल्यो. काणी सांगप, गोड गोड उलोवप, मन वळोवप...... पूण ह्या मांडण्याचो कांयच उपेग जायनाशिल्लो. आवय दुदाचो पेलो घेवन आयली म्हणजे ते सरळ दूद नाका म्हूण सांगताली.

आवय मागीर तिडकून म्हण, ''तूं दूद पिवचेंना, धंय खावंचें ना. चल हांगां यो बेगीन.''

खुकू मागीर रडपाक सुरू करी. ताची आवय ताका धरताली आनी बळयां दूद पिवपाक लायताली. दोगांयचे ते लटापटींत अर्दो पेलो दूद जमनीर वोतून फुकट वतालें. खुकू सामकें भागिल्लें. हात-पांय बडयो जाल्ले, पूण आवयच्या हातांतल्यान सोडून घेतना मात ताचे कुडींत वाघिणीचें बळ रिगतालें. खुबशे फावट तिची हार ते मान्य करतालें. खुकू आंगणांत पळून वताले आनी आपल्या इश्टिणींक आपयतालें. ''ने ऽ नू ऽ हांगा यो !''

एक दीस खुकूचे बाबा म्हणूंक लागले, ''आतांच हांवें खुकूक थंय रस्त्याचे कडेक खेळटना पळयलें...... तें सामकें नाजूक आनी हाडकुळें जालां. पयलीं हांव ताका वळखलो लेगीत ना.''

खुकूचे आवयन म्हणलें, ''हांव तरी कितें करूं? दिसभरयाक एक पेलो लेगीत दूद पियेना. देखून ते इतके हाडकुळें जालां. हांव कांय हातांत दुदाचो पेलो घेवन ताच्याफाटल्यान धावूंक शकना. भोगतलें तेन्नां कळटलें. सकाळ ते रातमेरेन इतकीं इतकीं कामां आसतात.''

खुकू दिसानदीस हाडकुळें जायत वतालें. आतां आतां भाद्रपदाच्या म्हयन्यांच्या शेवटाक पावस मातसो थारलो; वत वाडूंक लागलें. धग सोंसना जाली. लोक तागाचे गठ्ठे गांवांतल्या तळयांत दवरूंक लागले. काशफुलां दुर्गापुजेच्या येवपाची गवाय दिवपाक लागले.

बीरू चक्रवर्ती हो मक्याचो व्हडलो व्यापारी. तागेलीं गुदावां भरून वोततालीं. वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान येवपी तांदूळ आनी ताग आशिल्ल्यो बोटी गंगेच्या घाटार नांगर उडयताल्यो. पडमूर हरीश जुगी तांदूळ जोखता जोखता एके लयेंत वजनाचे आंकडे मेजी -"ओ ऽ राम, राम ओ ऽऽ राम! दोन दोन दो ऽ न! वा तीन तीन -तीऽन!"

हुक्क्याचो झुरको घेत गफूर माझी तांकां म्हणपाक लागलो,"कायलमशाई, मातशें बेगीन बेगीन जोक नाजाल्यार भरती येतली आनी बोट परत व्हरप कठीण जातलें!"

इतले मजगतीं कायलमशाय वजनार फटींगपणा करतालो आनी भोळ्या बाबड्या खेडवळ लोकांक नाडटालो.

त्याच वेळार हरीश मुखर्जी खोशयेन हांसत हांसत गुदांवांकडेन येतना दिसलो. बीरू चक्रवर्तीनी मायेमोगान ताका येवकार दिलो. "येयात, येयात! एक झुरको हुक्क्याचो पियेवंया!"

"म्हजे चलयेक पळयल्या बीरू? अर्द वर जालें हांव ताका सोदतां. सकाळी णव

वरांचेर तें घरातल्यान भायर सरून गेल्लें तें अजून पत्तो ना.''

बरीच सोदासोद जाल्या उपरांत खुकू मार्गावयल्या धुल्लांत बसून कितेंतरी चोखीत बशिल्लें दिसलें. ''मस्तें खंयचें!'' अशें म्हणून हरीश मुखर्जीन ताका हांडीर घेतलें. उमाक खोस जाली आनी ताणे अखंड बडबड करपाक सुरवात केली. ''बाबा, हांव बरें चली न्हय? तो नंदू सामको बरो न्हय. तो दूद पियेना. म्हाका दूद सदांच आवडटा....... ''

''पूण तूं कितें चोखता?''

''लिमलेटचें पिपीरमीट. पुंटीच्या काकान कलकत्याकसावन हाडल्यात ती पिपीरमिटां.''

पूण ताची खोशी चड वेळ तिगली ना. ताची आवय हातांत दुदाचो पेलो आनी कुलेर घेवन आयली आनी तिणें खुकूक ओडून व्हेलें. खुकूक ती एक ख्यास्तच कशी दिसली आनी ताणे व्हड नेटान प्रतिकार केलो. तातूंत दुदाचो पेलो आडवो जालो. खुकूच्या विनवण्यांनी आवयचें फातरा काळीज मातलेगीत पाझरलें ना म्हूण खुकून तिडकीन पांय धोडावपाक सुरवात केली. आईन एक बरेंच थापट फुलयलें. ''हें चली धड जगूंक लेगीत दिवचें ना म्हाका. असल्या म्हारगायेच्या दिसांनी तुवे दूद सगळें ओतोवन उडयलें. रुपयाक स शेर इतकें दूद म्हारग आसा. पयलींच म्हारगायेन दीस कशेतरी काडटात आनी तातूंत हें नावाडगें''

खुकून आपले काटकुळे पांय पसरले आनी रडपाक सुरवात केली.

आमोरी जायत येताली. खुकून मनांत म्हणलें, ''बाकीच्या लोकांगेर खावपाक तरेकवार मिठाय आसता, खाण आसता पूण आमचे आईकडेन मात दूद आनी फकत दूदच आसता.''

आईन ताचे कपडे बदल्ले. खूकू भायर सरलें आनी बांबूचे रान हुपून रॉय कुटूंबागेर गेलें. कित्याक तर तांगेर बिस्कुत्यो आसताल्यो, लिमलेटाचीं पिपीरमिटां आसतालीं आनी तरेकवार खाणां आसतालीं. पूण मदींच पोपायेचेर पोपायो लागिल्ल्यो पळयतकच तें बिस्कुत्यो आनी पिपीरमिटांय विसरलें. ताका पोपायो आवडटाल्यो पूण त्यो खूब वयर लागिल्ल्यो.

दसऱ्याच्या कांय दीस आदीं कलकत्याकसाकून खुकूचो मामा आयिल्लो. मामान थंयसावन जिलब्यो, संदेश, मिठाय आनी संत्रां हाडिल्लीं. खुकून हें खाण पयलीं केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें.

दुसरे दीस सकाळीं खुकूचो मामा ताका घेवन आपल्या एका इश्टाक मेळपाक एका गांवांत गेलो. रस्त्यांत ताका सायकलीचेर बशिल्लो कोणतरी वळखीचो मेळ्ळो. खुकूच्या मामान ताका विचारलें, ''ह्या मनशाकडेन तूं लग्न करशीत?'' खुकून लजेनूच मान हालोवन हयकार दिलो.

भाद्रपद म्हयन्यातल्या त्या दिसा खूब खर वत पडिल्लें. ताका लागून खूकूक सामकें पुरो जाल्लेवरी दिसलें. ताचो चलपाचो वेग उणो जालो. एकसारक्यो जांबयो येवपाक लागल्यो. तेन्ना मलेरियाची धाम पातळूंक नासली. मलेरियापासून लोक हुस्क्यामेकळे

आशिल्ले. मामान म्हणलें, "खूकू, तुकां पुरो जाल्ल्यासारकें दिसता? जालें. गांव लागीं पावला."

"मामा, म्हाका शीं खाता." खुकून जाप दिली.

"इतकें वत आसुनूय तुकां शीं खाता? कांय ना. चल चल बेगीन."

खुकू कांयच उलयलें ना. पूण तें शिंयान कुडकुडटालें. ताणे मोट्या यत्नान म्हणलें, "मामा, म्हाका तान लागल्या."

"पूण हांव आतां खंयच्यान हाडूं उदक? आमी आदीं म्हज्या इश्टाच्या घरा पावुया. थंय मेळटलें उदक तुकां!"

पूण आपलो खूब तेंपाचो इश्ट मेळटकच मामा हें सगळें विसरुनूच गेलो. ताच्या इश्टाकडेन इतक्यो गजाली उलोवपाच्यो आशिल्ल्यो, तो खुकूक सामको विसरलो. बऱ्या वेळान ताणे पळयलें जाल्यार खुकू वोतांत बसलां.

"मामा, म्हाका तान लागल्या...... म्हाका उदक दी......."

"तुका जोर आयला. ...... तुजें आंग तापलां....... मलेरियासो दिसता. मातसो विसव घे. बरें दिसतलें तुका."

मामान ताका पेलोभर उदक घेवन पिवपाक दिलें आनी तो आपल्या हेर इश्टांक मेळपाक गेलो. सांज जावपाक लागली. मामाचो वेळ मुखर्जीकडे गजाली आनी च्या मारपाक गेलो. इतक्यांत ताका याद जाली, खुकू एकलेंच एके कुडींत न्हिदलां. तो भोंबलच्या घरा पावलो. तेन्ना टोनान, ताच्या व्हडल्या पुतान विचारलें, "काका, खुकू खंय आसा?"

"कित्याक? तें ते कुडींत ना?"

"ना. तें तुमकां सोदूंक म्हूण घराभायर सरलें. बरोच वेळ जालो तें रडटालें आनी म्हणटालें, आपणाक मामाकडेन वचपाक जाय!"

"आरे! तुमी ताका एकल्याक घराभायर वचपाक कशें दिलें? ताका जोर आसा. हांव खंय आसा, हें ताका कशें खबर आसतलें? कितले बेजापसालदार तुमी?"

मामा त्या गांवांतल्या ताच्या वळखीच्या सगळया घरांनी वचून खुकूक सोदूंक लागलो. तें खंयच मेळ्ळेंना. तें खंय आसा तेंच कोणाक खबर नाशिल्लें. फकत मोती मुखर्जीचो चलो म्हणूंक लागलो, ताणे त्या घराच्या आंगणांतल्यान एक धाकलों चली खर वोतांतल्यान भायर वतना पळयल्लों. तें रडटालें पूण हे गजालीक बरींच वरां जावन गेल्लीं.

निमणे खुकू गांवाच्या भायर मेळ्ळें. तें रडटालें. तें मामाक सोदूंक म्हूण भायर सरलें. मिठायेचो फकत एक कुडको ताच्या पोटांत गेल्लो तितलोच. हाचेबगर ताणे आनीक कांयच खावंक नाशिल्लें. मिठायेचो तो कुडको ताणे जोर आसतनाच चोखिल्लो. सगळे जाण मामाचेर तापार जाले.

सरकारमशाय म्हणपाक लागले, "खऱ्यांनीच, तुका कांयच अक्कल म्हणटा ती ना. हे ल्हान चलयेक जोर आसतना कडक वोतांतल्यान तुजेवांगडा दोन मैल चलचें पडलें. मागीर तूं ताका भायले कुडींत सोडून आयलो. दिसभर ताका दूदय मेळ्ळें ना आनी खावपाकय मेळ्ळें ना.... लज दिसपाक जाय तुकां!"

मामाक लज जाली. ताणे म्हणलें, "म्हाका खुकूक हांगा हाडपाचें नाशिल्लें पूण ताणेच म्हजेवांगडा येवपाचो हटच धरलो आनी म्हाका ...."

"बरें आसा. आतां चल. आमच्या घरा यो आनी तुजे भाचेक इल्लें दूद पिवय....... केदी लजेची गजाल....... दिसभर ताका दुदाचो एक थेंबय मेळ्ळो ना........."

खुकूचो मामा सामको बेचैन जालो. हातूंतलें कांयच आवयक सांगपाचें ना, अशें ताणे खुकूक शिकोवन दवरलें. ताणे म्हणलें, "जर तुवें आईक हांतूंतलें कितेंय सांगलें, तर हांव तुका कलकत्याक व्हरचोना!"

"मामा, हांव तुजेवांगडा कलकत्याक येतलें."

"अशें ? मागीर तुकां जोर आयिल्लो आनी तूं गांवांत शेणिल्लें ही गजाल सांगूं नाकां. जाल्यारच हांव तुकां कलकत्याक व्हरतलों........"

पूण खुकूच्या तोंडाकडेन पळयनाफुडें ताचे आवयक अदमास आयलो. "खुकू, थंय तूं दूद पियेलें?"

"हांवें थंय एक जिलबी खाली आई! इतकी बरी जाल्ली जाणा?" खुकू खोशयेन उलयली.

"जिलबी? दुसरें कांयच ना? सतीश, खुकूक थंय खावपाक कांयच दिलें ना?"

"हय, हय... दिल्लें तर.... पूण.... तुकां खबरूच आसा ताका भरोवप कितलें कठीण तें!"

आई भितर वतकच खुकू मामाकडेन ल्हवू उलयलें, "हांवें आईक कांयच सांगूं ना. फाल्यां तूं म्हाका कोलकोत्याक व्हर आं, व्हरतलो न्हय?"

"ना. हांव तुकां कोलकोत्याक व्हरचो ना. तूं भुरगें सामकें बरें न्हय. दिसभर तुकां कितेंच खावपाक मेळूंक ना अशें कित्याक सांगलें तुवें आईक? हांव तुकां खेळणी घेवन दिवंचो ना, मिठाय घेवन दिवंचो ना. बरें भुरगें न्हयच जाल्यार तूं?"

खुकूक मामाचो मुद्दो समजुकूंच ना. तें रडपाक लागलें. आपल्याचेर जाल्ल्या अन्यायाचें ताका सामकें वायट दिसलें. मामान ताका खावपाविशीं सांगपाक कांयच शिकोवंक नाशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा मामा उठून कोलकोत्याक गेलो. घरांतल्या बाकीच्यांचो निरोप घेतना तो खुकूकडेन एक उतरय उलयलो ना.

पावसाळो उलगलो. नवरात्र आनी दसरो त्या वर्सा ऑक्टोबरांत आयिल्लीं. पूण गांवांतलें दरेक कुटूंब मलेरियान दुयेंत पडलें. जाणटीं लेगीत म्हणटालीं, आयजवेरच्या तांच्या जिवितांत ताणी इतकें वायट वर्स पळोवंक नाशिल्लें.

उमाक आश्विन म्हयनोभर मलेरियाचो जोर येतालो. तें पयलींच अशक्त. म्हयन्याभराच्या त्या जोरान तर तें आनीकय हाडांचो पांजरो कशे दिसूंक लागिल्लें. जोर मातसो गेलो म्हणटक उमा आपल्या शेजारच्या गवळयांच्या वाड्यार आपल्या इश्टांकडेन खेळपाक वताले नाजाल्यार नव्या धोब्याच्या चिचेपोंदा खेळपाक वताले. घरा येतकच आवय मागीर ताका बरीच तापयताली.

खुकूचो मामा परत दुर्गापुजेच्या (नवरात्रांच्या) दिसांनी तांगेर आयलो. ताची पिराय वीस-एकवीस वर्सांची. बेकार! खुकूची आवय ही तागेली व्हडली भयण. आनी तिचेबगर आनीक ताका सोंयरीं-धायरीं नाशिल्लीं. तो नोकरी सोदतालो आनी हालींच ताच्या ह्या यत्नांक यश आयिल्लें. एका प्रिंटीग प्रेसांत लायनोटायप मिशीनाचेर काम करपी प्रशिक्षणार्थी म्हूण ताका घेतिल्लो. पगार आशिल्लो म्हयन्याक अठरा रुपया. ताणे येतना खुकूखातीर तरेकवार मिठायेवांगडा रंगरंगयाळे फ्रॉक्स, आनी फुलाफुलांच्यो साडयो हाडिल्ल्यो. ही इतली उधळपट्टी केल्या म्हूण भयणीन ताका मोगान तापयलो. "अशी पयशांची ओगीच उधळपट्टी करूं नाका. सारकें खाण-जेवण खा. पयलींच अशक्त दिसता. भलायकी बरी आसा मरे तुजी?"

"दिदी, तूं काळजी करुं नाका. म्हजी भलायकी ठणठणीत आसा. पूण म्हाका खूब काम करचें पडटा. सकाळीं णव वरां ती सांजेची समेरेन. केन्ना केन्नाय तर रातचीं आठ मेरेन! चडशे फावटीं आयतारचें लेगीत काम करचें पडटा. त्या कामाचे मातशे चड पयशे मेळटा. ह्या शिंयाळयांत हांव पुश्टीक खाण-जेवणाचेर चड लक्ष दितलों."

आपलो मामा परतून आयलो तें पळोवन खुकूक खूब खोस जाली. मामान हाडिल्ली मिठाय ताका खूब आवडली. "मामा, म्हाका तुमचेवांगडा कोलकोत्याक व्हरतलो मरे?" ताणे मामाक विचारलें.

मामान खुकूचे आवयकडेन खूकूक कलकत्याक व्हरपाची मान्यताय मागली. खुकूल्या आई-बाबान हयकार दिलो. हवा-बदलान खुकूची भलायकी सुदारतय अशें दिसून ताणी हय म्हणलें. भयणीचो हयकार मेळ्ळो म्हूण मामाक खोस जाली. ताणे म्हणलें, "खुकूक, 'महाकाली पाठशाळा' ह्या चलयांचे शाळेंत घालपाक मेळटलें. ते शाळेची आपली बस आसा."

खुकूच्या बाबाक पूण हो विचार आवडलो ना; पूण खुकूक थोडी सुटी मेळटली हाचें तांकां बरें दिसलें आनी मलेरियाचेर हो एक बरो उपाय अशें ताका दिसलें.

ट्रेन सुरू जाली तेन्ना उमाक मजाच दिसली. ट्रेनीचो डबो फुडें फुडें वता आनी सकयली जमीन फाटीं फाटीं वता. हें पळोवन पयलीं तें भियेलें! मामा हांसलो. आनी सगळयो ट्रेनी अशोच धांवतात अशें ताणे खुकूक सांगलें. पूण उमाक ट्रेनींत जिवाक बरें दिसना जालें. तरीय मामान "कशें दिसता?" अशें विचारलें तेन्ना ताणे "प्रवासाची मज्जा दिसता" अशी एकसुरी जाप दिली. ताका झेम येवंक लागली आनी तें न्हिदलें.

ट्रेन कलकत्याक पावलो. मामान एक रिक्षा केली आनी उमाक मेसार हाडलें. ऑफिसांत वचपी बाबू लोक पयशे वाचोवपखातीर असल्या 'मेसांत' भाडें दिवन रावताले. म्हयन्यांतल्या एक वा दोन फावट ते आपल्या गांवघरा वचून येताले. नाजाल्यार हरशीं मेसांतले काळखी-कुडींत रावताले. मेसातल्या हेर जाणांनी कोंगऱ्या केसांचें हें गोड चली पळयलें तेन्ना तांकां दर एकल्याक ताची अपुर्बाय दिसली. उमा आयिल्ल्यान आख्ख्या लेनींतली ती काळखी 'मेस' उजळ्ळी. मेसांत रावपी सगळेजाण मध्यम वर्गांतले लोक आशिल्ले. तांची चेपून उरिल्ली माया उमाचेर शिंवरूंक लागली. उमा सगळयांकूच जाय-जायशें दिसूंक लागलें.

पूण उमा सामकें गांवगिरें चली दिसतालें. ताचे कपडे फॅशनेबल नासताले म्हूण मामाक वायट दिसतालें. ताची दिदी, गांवगिऱ्या वाठारांत राविल्ल्यान शारांतल्यो फॅशनी तिका खबर नाशिल्ल्यो. पूण कोलकोत्यांतल्या बावलेभशेन दिसपी सानशे चलयांकडेन पळयतकच तांच्या आनी उमा भितरलो फरक लक्षांत येतालो.

ताणे खुकूक धरमतला स्ट्रीटवयल्या एका हेअरकटींग सलुनांत व्हेलें. खूकू जेन्ना थंयसावन फॅशनेबल हेअरकट करून भायर आयलें तेन्ना तें एखादल्या शारी चलयेसारकें ठाक-ठीक दिसपाक लागलें. रंगीत फ्रॉक, बॉब केल्ले केंस आनी पाचव्या कोराचीं स्लिपर्स अशा नव्या रुपांत खुकू सांजवेळा नियोगीमशाय हांचे कुडींत भितर सरलें. नियोगीमशाय ताका पळयतूच उरलें तें बऱ्याच वेळान त्या धक्क्यांतल्यान भायर सरलें.

उमाच्या मामान अभिमानान म्हणलें, "आतां पळयात खुकूक........ दिसता काय ना तें सुंदर? कुंडूमशाय, तुमकां कितें दिसता आतां उमाविशीं?"

उपरांत खुकूची भलायकी कशी सुदारतली हाचेर थंय एक चर्चासत्रच चल्लें. तेच गल्लींतल्या एका दोतोरान खुकूक 'कॉडलिवर ऑईल' आनी 'केप्लर्स माल्ट एक्स्ट्रॅक्ट' दिवपाक सांगलें. खुकू फकत कुपोषणाकलागून अशें अशक्त दिसता. ताका बरें बरें खावपाक दिवपाची गरज आसा अशें दोतोरान म्हणलें.

चवथ्या दिसा खुकू मलेरियान दुयेंत जालें. खुकूचो मामा छापखान्यांत कामाक वचनासतना दिसभर ताच्या उशाकडेन बसून रावलो. सांजवेळा जोर देंवलो. मेसांत रावपी सगळ्या जाणांनी खुकूखातीर द्राक्षां, संत्रां, दाळिंबा अशीं फळां आनी बिस्कुत्यो हाडल्यो. पूण खुकूक तें पळोवन खोशी जाली ना. ते वतकच तें हुंदके दिवन रडूंक लागलें, "मामा,

म्हाका घरा वचपाक जाय. म्हाका आईकडेन वचूंक जाय........"

"बरें बरें. तूं बरें जातकच हांव तुका आईकडेन व्हरून पावयतां आं."

तीन दिसांउपरांत खुकूचो जोर गेलो. पूण न्हिदेंत तें आपले आवयचे यादीन रडटालें. तें खोशी जांवचें म्हूण मामान ताका कलकत्याच्या हॉग मार्केट (आतांचें न्यू मार्केट) हांगां व्हेलें आनी सोबीत असो एक बावलो विकतो घेवन दिलो. तो बावलो विकतो घेवपाक ताका ताच्या एका पगाराचो तिसरो वांटो खर्च करचो पडलो.

अशे तरेन एक सप्तक उलगलों. आयतारा दिसा खुकूचो मामा आपल्या एका इश्टाक मेळपाक म्हूण बाजारांत गेलो. जाणटेले नियोगीमशाय खुकूक सांबाळीत मेसांत बशिल्ले. थोडो वेळ ताणी खुकूकडेन गजाली केल्यो पूण दनपरां तांकां न्हीद येवपाक लागली. ते जांबयो दिवपाक लागले. आनी उपरांत सुस्त न्हिदले. खुकून जनेलांतल्यान भायर पळयलें. भायर दोन दाढीवाले काबुलीवाले आपणाकडेनूच पळयतात तें ताका दिसलें. ताणे बेगीबेगीन आपली नदर दुसरेकडेन वळयली आनी रडपाक सुरवात केली. "मामा.....ऽ मामा...... खंय आसा तूं? तूं म्हजेसरी कित्याक येना?"

"काका .... काका......... मामा खंय आसा?"

निरोगीमशाय सुस्त न्हिदेंत आशिल्ले. न्हिदेतच जड आवाजान ताणी म्हणलें, "हो ऽ हो ऽ हो......." तांकां आपल्या भुरगेपणांतले दीस सपनांत दिसपाक लागले आनी आपणाक सपनांतूच कोणतरी उलो मारता अशें दिसलें.

खुकू उठून बसलें आनी ल्हवूच सकयल्या मजल्यार गेलें. दार उगतेंच आशिल्लें. रांदपी आनी वावराडी आपआपलीं कामां सोंपोवन घरा गेल्ले. खुकूक दारामुखावयली गल्ली दिसली. ताका दिसलें, रस्तो हुपतकच आपणाक मामा मेळटलो. तें दाराभायर सरलें आनी एका फाटल्यान एक अशो गल्ली हुंपत चलत रावलें. पूण ताका ताचो मामा खंयच दिसना जालो. फुडें फुडें ताका सगळे पसरे, घरां आनी रस्ते परकी दिसपाक लागले. तें गोंदळ्ळें आनी भियेवन रडपाक लागलें. भर दनपारचो वेळ. रस्त्यार कोणाचीच यो-वच नाशिल्ली. खुकू एका तांबड्या रंगाच्या घरामुखार बसून रडटालें. वावराडे सारकी दिसपी एक बायल फुडें आयली आनी तिणे खुकूक विचारलें, "खुकू, तूं कित्याक रडटा? तुजें घर खंय? हें ...... काय......?"

खुकू चडूच रडूंक लागलें. आनी म्हणूंक लागलें, "म्हाका म्हज्या मामाकडेन वचपाक जाय."

"तुजें घर खंय?"

खुकून समजनासतना कांय घराकडेन बोट दाखयलें.

"तुज्या बाबाचें नांव कितें?"

खुकूक आपल्या बापायचें नांव खबर नाशिल्लें. तें ताका 'पप्पा' म्हणटालें. तितलेंच ताका खबर आशिल्लें. तें ते बायलेकडेन पळयत रावलें. लागीं कोण ना तें पळोवन ते बायलेन गोड आवाजान म्हणलें, "खुकू, आतां तूं म्हजेवांगडा चल, हांव तुका तुज्या मामाकडेन व्हरतां...... चल."

ते बायलेन खुकूक एका झोपडपट्टीसारक्या एके खोपींत व्हेलें. ल्हवूच आवाजान तिणे आपल्याच सारक्या दिसपी दुसरे एके बायलेकडेन गजाली केल्यो आनी हे चलयेकडेन बोट दाखयलें...... त्या दोगांयनी खुकूक एके धाकलेशे, काळखे-कुडींत व्हेलें. ते कुडींत एक व्हडलो मातयेचो रांजण दवरिल्लो. खुकू भियेलें........ आनी त्या रांजणांत तर कितलींशींच भुरगीं भरून दवरतात अशें ताणे वाचिल्लें. भियेत भियेत ताणे म्हणलें, "म्हाका मामाकडेन वचूंक जाय..... मामा खंय ...... ?"

दुसरी बायल पयले बायलेक म्हणपाक लागली, "तूं हांगा येतना तुका कोणे पळोवंक ना खरें न्हय? काल पुलीस सैरवीच्या घरा येवन तिका पुलीस चौकेर घेवन गेल्ले. हांव तिगेलें भाडें दिवपाक गेल्लें तेन्ना हांवें ही भानगड पळयल्ली."

खुकूक हाडपी बायलेन फकणां केलीं, "हय. म्हूण तुवें दार उगतें दवरलां...... .जशें तुकां कांय खबरूच ना."

तिणे खुकूची खूब गोड उतरांनी समजूत घाली. ताच्या हातांतलीं भांगराचीं कांकणां बारीकसाणेन पळयलीं आनी ती ताच्या हातांतल्यान काडपाचो यत्न करूंक लागलीं.

म्हजीं कांकणां काडून घेवं नाकां...... हांव म्हज्या मामाक सांगतलें........ नाकां...... नाकां..... हांव मामाक सांगतलें.

पूण ते बायलेक खुकूचे शक्तीची समज नाशिल्ली. त्या दोगांयनी तागेले फकत अशक्त हात-पांयच पळयल्ले. पूण वेळ आयलोच जाल्यार कितले व्हडले शक्तीन ते झगडूंक शकता हाची तांकां कल्पना नाशिल्ली. खुकूचे आवयक हाची कल्पना आशिल्ली. त्या बायलांनी खुकूच्या तोंडात गुड्डो मारपाचो यत्न केलो तेन्ना तें वागीणीसारकें तांचेकडेन झुजलें. ते झटापटींत खुकूचें एक कांकण खाटीपोंदा शेणलें. दुसरे बायलेन खुकूच्या तोंडार हात धरलो आनी दुसरें कांकण काडपाचो यत्न करूंक लागली.

पयली बायल मात खरेंच भियेल्ली. "फोंडात वचूं हे चलयेक! तुवें तिचें तोंड अशें दामलें जाल्यार मरत बीन. हांव मार्गार सोडून येता ते हडळीक! मरूं दी थंय......... सुणें खंयचें........"

"ना. आमी खोतामोनीक आपोवया. ती करतली हें काम."

"म्हाका नाका भानगड! पळय म्हजे हात थरथरतात...... हांव ताका घेवन वतां.... हांगां कितें जालें तें कोणाक कळपाक ना......"

हेवटेन, खुकू ना जाल्ल्यान मेसांत बोवाळ जाल्लो. आनी ते लोक पिशाभशेन ताका सोदपाक लागले. सांजेच्या वेळार सेंट जेम्स पार्कच्या कोनशाक, नेबूतला वाठारांत तें मेळ्ळें. ताचे बॉब केल्ले केंस विसकटिल्ले, फ्रॉक पिनिल्लो, हातांत कांकणां नाशिल्ली...... तें रडटालें आनी फकत एकूच उतर म्हणटालें, “मामा ....ऽ मामा............ऽ ”

ताची माया आनी काकळूट दिसपी लोकांनी ताच्या भोंवतणी गर्दी केल्ली आनी ते ताका समजयताले. कोणेतरी पुलीसाक आपोवन हाडले आनी त्याच वेळार नियोगीमशाय, कुंडूमशाय, अखीलबाबू आनी खुकूचो मामा अशे सगळेजाण चिंतेस्त जावन थंय आयले.

सदचे सारको पुलीस चौकीर एफ.आय.आर. नोंद केली. पूण आपल्या हातांतली कांकणां कोणे काडून घेतलीं तें मात खुकू सारकें सांगूंक शकलें ना. सगळे जाण खुकूच्या मामाक ताच्या निष्काळजीपणा खातीर तापोवंक लागले आनी खुकूक ताच्या आवय-बापायकडेन पावोवपाक सांगलें. कोलकोत्यासारक्या धोक्याच्या शारांत एद्या ल्हान चलयेची काळजी कोण घेवपाक शकता? खुकूची समजूत काडपाखातीर ताणी भांगराचो मुलामो काडिल्लीं कांकणां विकतीं हाडून ताका भेट दिली.

दुसरे दीस खुकूचो मामा खुकूक घेवन भयणीकडेन वचपाक भायर सरलो. कोलकोत्याक जें घडलें, तांतूतलें एक अक्षरलेगीत घरा सांगप ना अशें ताणे खुकूक शिकयलें. ताणे म्हणलें, “तूं जर वोग्गी रावलें जाल्यार हांव तुकां इनाम दितलों.”

खुकू रोखडेंच तयार जालें. ताणें म्हणलें, “हय मामा. जाल्यार म्हाका एक गोरी बावली घेवन दी. जाल्यारूच हांव काय सांगीना. एक गोरो बावलो आसा म्हजेकडेन!”

◆ ◆

17.

म्हजे शिक्षक विधूबाबू

म्हाका शिकवणी दिवपी शिक्षक विधूबाबू फकत कांय म्हयन्यांखातीरच म्हाका शिकोवपाक आयले पूण हांव तांकां केन्नाच, कसोच विसरूंक शकना. तांचे चित्र म्हज्या यादींनी कोरांतून उरलां.

दीस आयतार. हांव संस्कृताच्या पाठाचो अभ्यास करतालो. इतल्यांत भायल्यान कोणाचो तरी आवाज आयलो, "हारानबाबूंक मातसो मेळपाक जाय आशिल्लो. ते हांगाच रावतात?"

हांवें जनेलाकडेन पळयलें आनी विचारलें,

"कोणाक मेळपाक सोदतात?"

"हारानबाबू हांगांच रावतात न्हय?"

"हय. म्हजे काका ते."

"तांकां मातशे हांगा आपयशीत?"

"तांचेकडेन उलोवपाक सोदतात तुमी?"

"हय. 'शिकवणी घेवपाक शिक्षक जाय' अशी दिसाळयांत एक जायरात आयिल्ली........"

म्हाका उगडास जालो. म्हज्या काकान थळाव्या दिसाळयांत अशी एक जायरात दिल्ली. हांव ती विसरुनूच गेल्लों.

हांवें त्या मनशाक विचारलें, "तुमी ती जायरात वाचली?"

"हय. वाचली."

"येयात. भितर येयात.... बसात. हांव आपयतां मेजोकाकांक !"

आंगान शिडशिडीत काळसावळोसो एक मनीस हॉलांत भितर सरलो.तो अस्वस्थ दिसतालो.

हांवें तांकां नमळायेन परतून बसूंक सांगलें.

आमचो एदो व्हडलो प्रशस्त हॉल पळोवन ते भिये-भियेत एका बांकार बसले. तांचेविशीं म्हज्या मनांत तयार जाल्लो आदर खंयचे खंय नाच्च जालो. हांवें तांकां बसपाक कदेल दिली. इत्सा नासतनाय ते कदेलीर बसले. हांवें फॅन चालू केलो आनी मेजोकाकांक

आपोवपाक हांव माळयेर गेलो. मेजोकाका हॉलांत येनाफुडें हो मनीस उठून उबो रावलो आनी ताणे हात जोडून नमस्कार केलो. मेजोकाकाच वांगडा घरांतल्या सगळया धाकल्यांची फौज आशिल्ली.

काकान त्या मनशाक विचारलें, "आं, म्हणजे तुमी ती जायरात वाचून आय़ल्यात तर!"

"हय." त्या मनशान म्हळें.

"ह्या पांच चल्या-चलयांक सद्दां सांजचे तीन वरां शिकोवंचें पडटलें आनी हांवें जायखतींत बरयल्लेंप्रमाण, शिकवणेचे म्हूण दर म्हयन्याक तुमकां सात रुपया मेळटले.

पूण तुमी चुकनासतना सद्दां शिकवणी घेवंचीच पडटली. आं!"

"हांव म्हजें काम नेमान करतां."

"तुमी खंय रावतात?"

"श्रीनाथ दास लेनींत."

"तुमचें नांव कितें?"

"बिधुभूषण चटर्जी."

"तुमचें शिक्षण कितलें जालां?"

"फाटल्या वर्सा हांव मॅट्रीक्युलेशनची परिक्षा पास जालां."

तांची शिक्षणीक पात्रताय आयकून मेजोकाका व्हडलेशे खूश दिसले नात. थोडो वेळमेरेन ते बोटांनी मेजाचेर ताल धरीत रावले.

"तुमी सातवे यत्तेच्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपाक शकतले?"

आमच्या घरांतल्या पांच भुरग्यामदीं हांवूच सगळयांत व्हडलो आशिल्लो आनी सातवे यत्तेंत शिकतालों. म्हजें हड्डे अभिमानान फुल्लें. हांव त्या मनशाक बारीकसाणेन पळोवंक लागलों.

"हय. हांव शिकयन."

"बरें आसा. तुमी सोमारा सांजचे सारके स वरांचेर येयात. मेजोकाकान तांकां सांगलें आनी म्हजेकडेन पळयत म्हळें, "हें पळय. आता हे तुजे शिकवणीचे नवे शिक्षक. ते शिकयता तें लक्ष दिवन शीक."

ते सर सोमारा दिसा सांजचे आमकां ट्युशन दिवपाक आयले. ताणी आमकां आमची नांवां विचारली. आमचीं पाठ्यपुस्तकां आनी घरपाङ्गाच्यो चोपड्यो तपासल्यो. म्हज्या इंग्लीश पाठ्य-पुस्तकांत ताणी खास उमेद दाखयली. ताणी म्हळें, "हें पुस्तक समजुपाक मातशें कठीण आसा."

म्हाका खोस जाली आनी अभिमानय दिसलो. हांवें नेटान म्हळें. "आमकां फिजिक्स आनी कॅमेस्ट्री इंग्लीशींतल्यान शिकयतात."

ताणी म्हळें, "अशें?"

हांवें तांकां विज्ञानाचें पाठ्य-पुस्तक पळोवपाक दिलें, "आमी 'प्रॉपर्टीज ऑफ एअर' आनी 'बॅरोमीटर', ह्या 'विशयावयलीं प्रकरणां पुराय केल्यांत."

म्हजी हुशारी पळोवन ते मातशे दबिल्लेवरी दिसले तेन्ना म्हाका मजाच दिसली.

मागीर ताणी रेवाक विचारलें, "तुजें नांव कितें गो छोटी?"

रेवा वर्सांनी ल्हान आशिल्लें. तें लजून पयलीं ओगीच रावलें. कांय वेळान लजत लजत ताणे सांगलें, "लेवा."

Accn No: 004179

'र'चो उच्चार काय अजून ताका सारको करूंक येनाशिल्लो सरानी म्हळें ''कितलें सोबीत गो नांव तुजे!''

जशेजशे दीस वताले तशेतशे आमचे हे शिक्षक भुरग्यांक चड आनी चड आवडूंक लागिल्ले. आमच्या दारामुखावयल्यान सदांच चिवडो आनी फरसाण विकपी एक फेरीवालो वतालो. तो आपल्या म्हालाची जायरात करपी धाकलीं धाकलीं कवनां म्हणीत वतालो. जेन्ना विधूबाबूक मेजोकाकांकडल्यान फी म्हूण सात रुपया मेळ्ळे तेन्ना ताणी फेरीवाल्याकडल्यान 'मलई-कुल्फी' विकती घेवन आमकां दिली. आमचे हे सर हेर सगळयांक जरी आवडटाले तरी म्हाका मात तितलेंशें आवडनाशिल्ले. हाचें कारण कितें तें म्हाका समजनाशिल्लें. मेजोकाका मात सदांच सर सांगता तें आयकात म्हूण आमकां तापयताले. घडये ह्याच कारणांक लागून विधूबाबू म्हाका आवडनाशिल्लें आसूं येत. तेचखातीर विधूबाबूंक मेजोकाकानी धावंडावंचे म्हूण हांव तांचे शिकवणेंतल्यो चुको सोदपाक सुरवात केली. एक दीस, सावपणाचे सवंग हाडून हांवें विधूबाबूंक विचारलें, ''मास्टरमशाय, पर्वताची उंची मेजपाक बॅरोमिटर लागता?''

''अशें? कोणें सांगलें तुका?''

''अशें म्हाका आमच्या विज्ञानाच्या सरान सांगलां आनी पुस्तकांतूय तशेंच बरयलां.''

''मातशें हांव तें पुस्तक पळयतां.''

हांवें आमचें विज्ञानाचें पुस्तक तांचेकडेन दिलें आनी सामको बाबडो जावन म्हळें, ''ह्या पुस्तकांतलें म्हाका कांयच समजना.''

''राव आं. समजतले तुकां सगळें'' असो विश्वास दिवन विधूबाबूंनी म्हाका तो मुद्दो सारको बरो शिकोवपाक सुरवात केली. पूण म्हज्या लक्षांत आयलें पुस्तकांत जें इंग्लीशींत छापिल्लें तें म्हाका ते बंगालीत अणकार करून सांगताले. थोड्या वेळान ताणी म्हाका विचारलें, ''समजता न्हय तुका?''

''ना. ना. म्हाका मात्तूय समजना.'' हांवें म्हणलें. मनांतल्यान मात म्हाका खातखुतल्यो जाताल्यो.

ही गजाल हांवें मेजोकाकांक सांगली. ते सदांच शिकवणेच्या वेळार आमचे म्हऱ्यांत बसून विधूबाबूंच्या शिकोवपाचेर नदर दवरूंक लागले. विधूबाबूंच्या चुकांकडेन तांचे बेस बरें लक्ष आसतालें. आनी त्या चुकांखातीर ते खूब फावटी विधूबाबूंक तापयतालेय.

एकदां ताणी सरांक म्हळें, ''मास्टरमशाय, वर्डस्वर्थाचे-ल्यूसी ग्रेय हे कवितेची निमणी दोन कडवीं तुमी आनीक बरे तरेन समजून सांगपाक जाय आशिल्लीं.''

मास्टरमशाय ह्या विशयाचेर कांयच उलयले नात. मेजोकाका थंय हाजीर आसा म्हूण ते आदींच मनांतल्यान भियेल्ले. आमच्या मास्टरमशायलें गणीत तितलेसें बरें नाशिल्लें. एक दीस एक संख्या 'क्ष' अशें मानून ते गणीत सोडयता आसतना मेजोकाकान सांगलें.

“ना, ना. मास्टरमशाय, अंक गणितातलें गणीत तुमी बीज गणीताचे पध्दतीन सोडोवं नाकात. हें गणीत वेगळे पध्दतीन सोडोवंक जाय.”

मास्टरमशाय काय तें गणीत सोडोवपाक जमलें ना. मेजोकाकान मात तोंड वांकडें केलें. उपरांत ताणी आमकां म्हळें, “हे शिक्षक तितकेशे बरे ना.”

थोड्या दिसांनी विश्वकर्मा पुजेची परब आयली. ह्या दिसा सगळीं जाणां पतंग हुबयतात. मळब रंगरंगयाळ्या पतंगानी भरून गेल्लेवरी दिसता. तेखातीर आमीय हट धरलो. “मास्टरमशाय, आयज तुमी आमकां पतंग आनी सुताचीं रिळां दिवंक जाय आं.” मास्टरमशाय रोखडेच तयार जाले. कारण तांकां निकतेच फीचे सात रुपया मेळिल्ले. एका रुपयापरसय चड पयशे खर्च करून ताणी सँट जेम्स चौकाच्या कोनशार आशिल्ल्या पसऱ्यारसाकून आमकां पतंग आनी सुताचीं रिळां विकतीं घेवन दिलीं. हो मास्टरमशाय आनी आमचेभितर गुपीत करार आशिल्लो. ह्या असल्या भेट-वस्तूंविशीं आमी कोणाक कांय सांगनाशिल्लीं. रेवाक खेळण्यांतली मोटार भेट मेळळी, तिचेखातीर आमच्या गरीब बाबड्या मास्टरमशायांक तीन रुपया खर्च करचे पडले.

विश्वकर्मा पुजा परबेउपरांत कांय दीस गेले. हांव एक दीस श्रीनाथ दास लेनींतल्यान वता आसतना म्हाका मास्टरमशाय दिसले.

“आरे पिंटू, खंय वता तूं?” ताणी विचारलें.

“तुमी खंय रावतात, मास्टरमशाय? हांगां लागींच?”

“तुमचेवांगडा हांव तुमच्या घरा येवं?”

ताणी म्हाका आपल्या रुमार व्हेलो. एका मातयेच्या घराच्या पयल्या मजल्यावयली ती एक ल्हानशी, म्हेळी कशी कूड आशिल्ली. ते इमारतीची इस्काद लेगीत अशीर आनी मोडपाकडेन पाविल्ली. हांव मास्टरमशायाफाटोफाट गेलो. ताणी कुडीचें कलयाद उगडलें. कुडीची वणत कॅलेंडरावयलीं चित्रां कापून लावन सजयल्लीं. त्या चित्रांनी विवेकानंदाचें एक चित्र आशिल्लें. कुडींत एक खाट आशिल्ली. खाटीर एक लोळिल्लें आनी तेलकट अशें उशें आशिल्लें. मास्टरमशाय म्हाका थोडो वेळ रावपाक सांगून भायर सरून गेले. तोमेरेन म्हाका ती कूड सारकी बारकायेन पळोवपाक मेळळी. सगळेकडेन भिरांकूळ दळदीरपणाच्यो कुरवो दिसताल्यो. खंय एक शर्ट लेगीत हुमकळिल्लो दिसनाशिल्लो. एका कोनशाक मात एक उमळूंक नाशिल्लो शर्ट आनी एकूच धोतर आशिल्लें. म्हाका आमच्या मास्टरमशायची खूब काकळूट दिसली. तांचेविशीं म्हाका आशिल्ली नावड एका खिणात ना जाली आनी ते सुवातेर तांचेविशी दिसपी मोग आनी काकळूट आयली.

हांव अशें चिंतता आसतना मास्टरमशाय म्हजेखातीर मिठाय घेवन आयले. हांवें भिडेनूच म्हळे, “सर, हें सगळें कित्याक म्हूण हाडलें तुमी?”

मातशे भियेवन कशीं अशीं तशीं उतरां तांच्या तोंडातल्यान भायर सरलीं.

"पूण........ हें तर कांयच ना कांयच ना!"

ही मिठाय विकती हाडपाखातीर तांकां कितलो खर्च करचो पडला आसतलो ह्या विचारानूच म्हाका गुन्यांवकारावरी दिसलें. हांवें मातशें गंभीरपणान म्हळें, "तुमी ओगीच अशे पैशे मोडप सारकें न्हय."

तांचे हांसते मुखामळ मातशें बाविल्लेवरी दिसलें, "पिंटू, तूं अशे कित्याक म्हणटा?"

हांव हाचेर फुडें कांय उलयलो ना. पूण हाचेफुडें तांकां आमचेखातीर मातूय खर्चाक घालप ना अशें सामकें थारायलें. ते फकत ह्या सात रुपयांचेर कोलकत्त्यांत अशे तशे दीस काडटाले.

एक दीस नाका तेंच घडलें. मेजोकाका म्हजी इंग्लीशींतल्या अणकाराची चोपडी तपासताले. ते मास्टरमशायाचेर तापले. "हें सगळें तुमी कितें शिकयतात ताका? तुमी 'आय लिव्ह इन अ बॉर्डींग' ह्या वाक्यांत 'इन' चे सुवातेर 'ॲट' बरयलां. वाक्यांतली चूक दुसरीच आसा. आनी 'एव्हरी बूश ॲण्ड एव्हरी ट्री वॉज इन बड' ह्या वाक्यांत तुमी ताका 'वॉज' हे सुवातेर 'वेअर' अशें बरोवपाक कित्याक सांगलें? इंग्लीश व्याकरणातलें तुमकां कांयच कळना, मागीर तुमी ह्या सातवेच्या विद्यार्थ्यांक कितें शिकयतले?"

आमच्या मास्टरमशायांक धक्कोच बसलो आनी अपराधी भावनेन मान सकयल घाली. तेन्ना म्हाका फुडल्या संकश्टाची सुलूस लागली. मेजोकाकान तांकां म्हणलें, 'तेचखातीर, भुरग्यांचे निकाल इतके कमी लागतात. पिंटू, तुजें प्रगती पुस्तक हाड पळोवया!"

हांवें म्हजें प्रगती-पुस्तक मेजोकाकाकडेन दिलें. ते मास्टरमशायांक म्हणूंक लागलें, "पळय. पळय हें प्रगती-पुस्तक! पिंटू इंग्लीश विशयांत नापास जाला. आनी हेर सगळ्या विशयांत ताका फकत पास जावपापुरतेच गूण पडल्यात. ह्या भुरग्यांक शिकोवप तुमकां जमना. आमकां दुसरो शिक्षक मेळटलो. फुडल्या म्हयन्याच्या दोन तारखेक तुमची फी घेवन वचात!"

ह्या उलोवण्याचेर मास्टरमशायाक कांयच उलोवंक जमलें ना. ते थंडपणान आमच्या घरांतल्यान भायर सरले. हांव तांच्या तोंडाकडेन पळोवंक शकलो ना कित्याक तर हें जें कितें घडलें ताका हांवूच जापसालदार आशिल्लों. आमच्या मास्टरमशायांच्यो चुको हांवूच नेमान मेजोकाकांक सांगून तांच्या मनांत मास्टरमशायांच्या आड वीख कालयतालों.

हांव एकलोच लजेन आनी निरशेल्ल्या अवस्थेंत बसून रावलों.

D KONK · II CENTRE

CENTRE

H179
Sh. Stories [illegible]
Jyo

विभूतिभूषण बंद्योपाध्याय (1894-1950) हांका आजच्या काळात रविंद्रनाथ टागोरा उपरांतच्या कालखंडातले एक सगळ्यांत महत्त्वाचे कादंबरीकार म्हूण वळखतात *पथेर पांचाली, अपराजित* आनी *आरण्यक* या अभिजात पांवड्याच्या कादंबऱ्याखेरीज तांणी विविध विशयांचेर दर्जेदार कथा बरयल्यात. एका अर्थान *पथेर पांचाली* ही तांची कादंबरी लेगीत भावपूर्ण कथांचीच एक माळ आसा. तांच्या सगळ्या साहित्य निर्मणेंत वंचित आनी गरीब लोकांविशींची करूणा दिसून येता.

ह्या कथा संग्रहांतल्यो कथा विसाव्या शेकड्यांच्या आरभांच्या बंगालचें दर्शन घडयतात. ह्या कथांनी आमकां बंगालच्या शांत गांवगिऱ्या वाठारांतल्या दळिद्राचें, गावकऱ्यांचे, बायलांचे आनी भुरग्यांचे दर्शन घडटा. त्याच प्रमाण बंगालांतल्या सोबित अशा वसंत ऋतुत सकाळीं मेकळेपणी शेतांत खोशयेन वाकुळपी भुरग्यांचेय वर्णन वाचपाक मेळटा. ह्या संग्रहांत भुतांखेतांचो संदर्भ आशिल्ल्यो कांय कथा आसात. सध्याच्या इलेक्ट्रानिक युगापरस विसाव्या शेकड्याच्या पयल्या भागांत असल्या कथांविशीं वाचप्यांक चड आकर्शण असलें. जंय विभूतिभुषणबाबूंनी खूब वर्सां शिकोवपाचे कांम केलें, त्या कोलकोत्याचे फाटभुंयवयल्यो कांय कथा ह्या संकलनांत आस्पावल्यात.

पुस्तकाचो कोंकणी आणकार करपी **ज्योती कुंकळकार** ह्यो कोंकणी आनी मराठी भाशेंत बरोवपी एक आघाडीच्यो लेखिका आसात. कविता, कथा, कादंबरी, चरित्रलेख अशा साहित्य प्रकारात ताची डझनावयर पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. त्या भायर अमृता प्रितम, कुर्रतुलऐन हैदर हांगेल्या कथांचेय ताणी कोंकणीत अणकार केज्यात. उत्कृष्ट साहित्य निर्मणेखातीर तांकां गोय, महाराष्ट्र, आनी कर्नाटक राज्य पुरस्कार तशेंच अ. भा. नभोनाट्य लेखन पुरस्कार लाबल्यात. एक सर्जनशील लेखिका, अनुवादक आशिल्ल्यो ज्योती कुंकळकार एक सिने-नाट्य कलाकार तशेंच नाट्य आनी सिनेमा निर्मात्यो आसात.

Man Bhulabanyo Kanayo (Konkani)
₹ 70/-

ISBN 81-260-2961-7